Price ₹20/- (₹25/- Outside Goa)

मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब

एप्रिल २०१४

हर हर मोदी, घर घर मोदी

देशाक घरघर लावपी मोदी

URBA

Luxury Service Apartments

Urba Luxury is located in the peaceful neighborhood of Nova Cidade, Behind PDA Colony, Porvorim and is in close proximity to fast-food joints (Dominos, Baskin Robbins, Coffee Café Day), restaurants, ATMs, clinics and hospitals. Goa's largest mall is being built just across the adjacent highway. It is 15 minutes away from Goa's popular beaches (Calangute, Baga, Anjuna, Vagator) and 4 kms away from the capital of Goa (Panaji) and its famous casinos.

Tel: +91 7798442115 / 8007542168
Website: www.urbaluxury.com

सारस्वत बँकेच्या विविध योजना

निश्चिंत लखपती
आवर्ती ठेव विमा सुविधेसह

अक्षय वेतन योजना

एलिट
चालू आणि बचत खाते

सुपर फास्ट
कार लोन

आरटीजीएस
सुविधा

इंटरनेट बँकिंग
सुविधा

डॉक्टर डिलाईट
अर्थसहाय्य योजना

उद्योगिनी– महिलांसाठी
अर्थसहाय्य

व्हिसा
डेबिट कार्ड

स्वीफ्ट
बिझनेस क्रेडिट

एटीएम सुविधा

प्रिव्हिलेज /ॲडव्हान्टेज
उच्चाधिकाऱ्यांसाठी
अर्थसहाय्य

स्वीफ्ट
पर्सनल क्रेडिट

एस्.एम्.ई. साठी अर्थसहाय्य /
ट्रेड ॲन्ड इंडस्ट्री

विमा सुविधा

वास्तू सिद्धी / वास्तू सजावट
कर्ज योजना

सर्व प्रकारची विदेश
विनिमय सुविधा

एस्एम्एस् बँकिंग
सुविधा

सरस्वती शैक्षणिक कर्ज

सारस्वत बँक

दि सारस्वत को-ऑपरेटिव्ह बँक लि. (शेडयुल्ड बँक)

गोवा झोन : मुश्तीफंड संस्था बिल्डिंग, डॉ. दादा वैद्य मार्ग, पणजी, गोवा ४०३००१ दूरध्वनी: २४२२१५१

Website:www.saraswatbank.com email:customerservicecentre@saraswatbank.com

कोंकणी मासिक

बिम्ब

१३ वें वर्स

HINDU PHARMACY
हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

वर्स: १३ अंक: ४
◆
एप्रिल २०१४
◆
मोल २० रुपया
◆
मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार
◆
मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार
◆
छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव
◆
वेवस्थापक
कामिनी किणी
◆
अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नायक
◆
वर्गणीचे दर
वर्सुकी ३५०रु./३ वर्सां १००० रु.
खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जावं येता. वर्गणीचो चेक 'BIMB MONTHLY' ह्या नांवान धाडचो
◆
संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशीं-गोंय ४०३२०४
दूरध्वनी: ०८३२ २४३८३५५
Email:bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचे कडेन सहमत आसतच अशें ना.

संपादकीय / ३
प्रतिबिम्ब / ४
उस्तवारी – नं. ध. बोरकार / १५
भुतकाळाचे बिदींतल्यान ४ – रमेश भ. वेळुस्कार / २०
पोसो – काश्मिरी पावसकार / २२
दिका – विन्सी क्वाद्रूस / ३२
इंद्रधोणू – आशा शानभाग / ३५
प्रासंगीक – नेसिओ डिसौजा / ४०
वोंवळां – शर्मिला प्रभू / ७०
भलायकी – राज वैद्य / ७८
उतरकुवाडें – संतोष हळर्णकार / ७९
रवीन्द्र विचार – रवीन्द्र केळेकार / ८०
प्रियदर्शन – दिलीप बोरकार / ८२

५

सुटी विशेश

अपर्णा गारुडी / २४
कुसूम अगरवाल / २७
हर्षा शेटये / २९
जॉन एम. आल्फोन्सो कार्मेलीत / ३७
कृ. म. सुखठणकार / ६७
रुपा कोसंबे /

३८

शीर्षकथा

हर हर मोदी, घर घर मोदी
देशाक घरघर लावपी मोदी
◆दिलीप बोरकार

मनसंवेदना

◆राजश्री सैल
◆डॉ. सुलभा कोरे
◆इंद्रजित गणपत घुले
◆अन्वेषा सिंगबाळ
◆आर. रामनाथ
◆उदय नायक

४२

भुरग्यांचें आंगण

◆माया अनील खरंगटे
◆इंदू अशोक गेरसप्पे
◆प्रकाश पाडगांवकार
◆सुषमा तिळवे
◆सुधा खरंगटे
◆श्वेता चोडणकार
◆स्मिता खांडेपारकार
◆किरण म्हांबरे
◆डॉ. भिकाजी घाणेकार
◆मीना काकोडकार
◆उषा ज. कामत
◆स्मिता तिंबले

Newly Opened Mobile Store ATTRACTIVE RATES
ESSENTIAL
MOBILES
(Mobiles, Accessories, Recharges, Repairs)
Happy Easter
LG Nexus 5 G2
Nokia Lumia
Samsung Galaxy Note
Sony Experia
I Phones 5s 5c
Micromax Canvas Bold
ESSENTIAL (MOBILE DIVISION), Shop No. 32, Kamat Arcade, Next to LG Shoppe, Near Madhuban Complex, St. Inez, Panjim. Tel: 2223066 Mob: 8605673366

संपादकीय

आशे-फातरांतले तांदूळ वेंचुया!

एप्रिल अंक 'बालविशेशांक' काडचो असो आमचो हावेस आशिल्लो. मार्च म्हयन्यांत आमच्या सगळ्या माणकुल्या इश्टांची परिक्षा सोंपून तांकां व्हडली सुटी पडटा ती एप्रिल म्हयन्यांत. मागीर बद्द १ जून मेरेन सुटीच सुटी. आमचे भुरगेपणार ही व्हडली सुटी, एप्रिल-मे अशे दोन म्हयने म्हळ्यार पावसा पयलींचो गडगड, जोगलावणें आनी वादळ-वारेंच आसतालें. आयच्या भुरग्यां खातीर जो तरातरांचो कार्यक्रम आसा तसलो कार्यक्रम सोडाच, तसलो विचार लेगीत नासतालो. सुटयेंत कांय दीस मामागेर जावं खंयच्याय सोयऱ्यांगेर वचप, तांचे कडल्यान अपुर्बाय आनी थातोमातो करून घेवप, वेगळ्या गांवच्या नव्या भुरग्यांकडेन इश्टागत जोडप, तांचे विचार, तांची संस्कृताय समजून, शिकून घेवप, दोंगरार वचून काण्णां-चुन्नां आपल्या हातांनी काडून खावप, भाटांनी वचून आडसरां, जांबळां खावप, आगरांनी, ओंड्यांनी उडक्यो मारून पेंवपाक शिकप आनी हांगच्यान थंयच्यान काणयांचीं पुस्तकां फैदासून चलता भोंवतना, बसता-उठ्ठतना तीं दोळ्यांनी घटाघटा भकप! हातुंतल्यान फुडाराच्या जिविता खातीरचें समृध्द गाठवल एकठावप!

आयज आमच्या भुरग्यां खातीर इतले कार्यक्रम आसात, तांकां सुटयो पावचनांत. इंटरनेट, आय-पॅड, टॅबलेट, मोबायल हांचेर इतल्यो नव्यो नव्यो गजाली आसात, त्यो सोदून सोदून काडटना वेळूच पावना. ते भायर संगीत, कराटे, खेळ आनी फुडल्या वर्साच्या अभ्यासाची तयारी करूंक कोचींग क्लासेस अशें पुराय दिसाचें वेळापत्रक तांच्या पालकांनी तयार केल्ल्यान सैमाचो, पुस्तकांचो सांगात तो खंयचो? तरी लेगीत तांच्यो सुटयो मजेंत सरतात. आयचे पिळगेंतले भुरग्यांचें विश्वूच वेगळें जाल्ल्यान तांच्या आवय-बापायनी तांच्या भुरगेपणार सारिल्ल्यो सुटयो ह्या भुरग्यांक अळणी वो अचंबीत करपी आसूं येतात. तेच पासत साहित्यिकांच्यो त्या काळच्यो सुटयो ह्या आयच्या भुरग्यां मुखार येवंच्यो आनी त्या वेळावयलो सुटयांचो आनंद कसो कितें आसतालो तो सुरबूस तरेन तांचे मेरेन पावचो अशी आमची कल्पना आशिल्ली. पूण हो विचार भोवतेक आमच्या बरोवप्यां मेरेन स्पश्टपणान पावलोना जावये वो तांकां तातुंतलें म्हत्व होलमलेंना जावये! तेच पासत जे तरेन सुटी विशेशांक काडपाची संकल्पना आशिल्ली ती बारगळ्ळी म्हळ्यार जाता आनी जाता तें बऱ्याकूच जाता.

सुटयांच्या ह्या काळांत आमच्या देशांत वेंचणुकांचे धोल वाजपाक लागले. लोकसभेची वेंचणूक जाहीर जाली आनी मतदानाची तारीकूय एप्रिल म्हयन्यांतूच थारली. सुटयांचे खोशे परस आमकां हे वेंचणुकेचें म्हत्व चड. हे वेंचणुकेचेर आमच्या देशांतल्या भुरग्यांचो फुडार निंबून आसा. तेच पासत भुरग्यांच्या सुटयेंतल्या मौज मजेचेर चड भर दिवचे परस ह्या सुटयांत जी वेंचणूक येवपाची थारल्या तिचेर थोडें भोव लक्ष दिवप आनी जमता जाल्यार एका वेगळ्या दिश्टीकोनांतल्यान विचार मांडप आमकां समर्पक दिसलें. वेंचणुकेच्या शिगम्यांतल्या ह्या रोमटांतलें आमचें फुटकें वाजंतर कितें व्हडलो बदल घडयतलें असली गजाल न्हय. पूण वेंचणुकेच्या नांवान जें कितें घडटा आनी देशाचेर जें अरिश्ट येवपाचें आसा ताची सुलूस आमकां लागल्या व्हय? हो प्रस्न वाचप्यां मुखार दवरपाचो प्रयत्न करप आमचें कर्तव्य थारता.

आदर्श सरकार निर्माण करप हें आमचें सगळ्यांत व्हडलें ध्येय. तेंच आमच्या सारख्या लोकशाय भक्तांचें पयलें कर्तव्य. लोकांचें, लोकांनी वेंचून दिल्लें आनी लोकां पासत आशिल्लें हें सरकार आसता. पूण आयज दुर्दैवान ही संकल्पना वखदाक लेगीत सांपडना. आयज लोकांचें सरकार येवचे बदला पक्षांचें आनी राजकीय सट्टेबाजी करप्यांचें सरकार वेंचून येता. वेंचणूक आयोगान कितलीय धडपड केली तरी हे राजकीय धंदेकार वेवस्तीत गुंतवणूक करतात आनी मागीर सरकार घडोवन दाम दुपेटीन कमायतात. आयज वेंचणुकेच्या वेळार खोटल्यांनी पक्ष मुखार सरतात ताचें कारण तेंच. हे पक्ष न्हय तर सरकार चलोवपा पासत धंद्यांत देंविल्ल्यो कंपन्यो, कॉर्पोरेट हावसेस!

ह्यो कंपन्यो एकठांय येवन आघाडी सरकार घडयतात. आयज आमकां आमच्या देशांत एकूय पक्ष दिसना जो लोकसभेंत भोवमत घेवन, स्वबळाचेर सरकार घडयतलो. देखुनूच काळाची गरज म्हुण ह्यो पक्षाच्या नांवान कंपन्यो घडटात. आयज सगळ्यांत व्हडली कंपनी म्हळ्यार भाजप. ईस्ट इंडिया कंपनी ज्या हावेसान, ज्या विचारान भारतांतलो उद्योग



वेवसाय चोपक्यांत घेवन गिळंकृत करूंक पळयताली, तशी भाजप ही कंपनी आयज त्याच हावेसान मुखार सरल्या. पूण आयज दरेक पक्ष जनतेच्या रगताक चटावल्ल्या कारणान जनता पक्षाचें सपन पुराय करपाक दिवचेनांत. जेमतेम १७०-१८० मेरेन सुवातो हातासपी ह्या पक्षाक सरकार घडोवप शक्य ना देखून तांच्या धंद्याक ओतो येतलो अशें दिसना. ह्या धर्मांध पक्षाक आनी पक्षान प्रधानमंत्री म्हुण जाका मुखार काडला त्या मोदीच्या हातांत देश सुगूर ना म्हणपाची कल्पना सगळ्यांक आसा. तसो अणभव ताणीं 'गुजरात पॅटर्ना'वेल्यान घेतला. देखून ह्या पक्षाक तेंको दिवन सत्तेर हाडपाचें धाडस खंयचोच पक्ष करचोना. म्हणटकच आयज पर्थून एक खेप कॉंग्रेसच्या फुडारपणा खाल सरकार स्थापन करपा शिवाय दुसरो पर्याय देशामुखार ना. कोणाक आवडूं वो ना आवडूं, हें मुळावें वास्तव आमकां सगळ्यांक मान्य करपाक जाय. तेच पासत लोकांनी आपल्या सरकारची निवड करतना हे वेंचणुकेंत थोडें तरी शाणपणां दाखोवंक जाय.

वेंचणूक म्हळ्यार एक उत्सव न्हय. वेंचणूक आयले बराबर आमी दरेकलो जशे फुलतात आनी फोल्गी जातात तशें घडूंक फावना. मतां पासत जे उदकावरी दुडू खर्चितात ते खंयचे? आनी कितले मेरेन अरगती पडूं येतात हें ते हातांत घेवचे पयलीं आमी विचार करूंक जाय. एका पक्षाचें सरकार ह्या मुखार येवंचेंना हें जरी खरें आसलें तरी समविचारी बऱ्यांतल्या बऱ्या पक्षांच्या हातांत आमचें सरकार वतलें हाचेर जणएकल्यान विचार करपाची गरज आसा. आमी सगळे ह्या पक्षांक, पक्ष फुडाऱ्यांक विटल्यात हें खरें आसा. पूण ताचेर उपाय 'रायट टू रिजेक्ट' न्हय. तो बटन दामल्यार आनीक गोंधळ निर्माण जातलो. म्हणटकच जो मेरेन आमी पूर्ण भोवमतान सत्तेर येवपी आदर्श पक्ष निर्माण करूंक शकनांत तो मेरेन आशे-फातरांतले तांदुळ वेंचुनच पेज्जे बुडकुलो चुलीर चडोवचो पडटलो. ते बगर दुसरो पर्याय सद्या तरी ना. ■

– दिलीप बोरकार

प्रतिबिम्ब

गोंय गोंय रावचें ना हाचें दुखख आसा

श्री. दिलीप बोरकार

तुमचो म्हजो परिचय ना. तुमी इतलीं वर्सां कोंकणी 'बिम्ब' मासिक चलयतात हेंवूय म्हाका खबर ना. योगायोग म्हणटात तसो एक दीस आयलो. हालींच हांव गोंयांत येवन गेलों. म्हगेलें नांव चंद्रकांत नाईक. जल्म वर्सां १९३२ डिसेंबर. आमोणें-केपें. आठ-णव वर्सांचो आसतना मुंबय आयलों आनी हांगाच रावप जालें. मागीर गोंयांत पांच, स वर्सांनी आमोणे येवप जातालें. पूण जालां अशें की 'माझे शरीर मुंबईत आणि प्राण मात्र गोव्याच्या भुमिंत' अशी परिस्थिती जाल्लेकडेन आसा. म्हजी कोंकणी, जी आमची आवयभास ती हांगाच राविल्ल्या कारणान इतलीशी बरी ना हें हांव जाणां. म्हणून हें बरोवप आनी उलवप इतलें बरें अशें म्हणू येना. तरीय कोंकणी भाशेचेर म्हजो मोग आसल्या कारणान कोंकणी उलोवप जाता. गोंयां येतकीच हांव जाता तितलें घरा कोंकणींतल्यानच उलयतां. दुसरें अशें की नामनेची लेखिका बाय जयंती नायक म्हजी पुतणी लागता. ताचोय म्हजेर खूब मोग आनी आपुलकाय आसा. म्हज्या घरा लागींच ताचेंय घर आसा. गोंयांत येतकीच मेळप जाता. ताणें म्हजेवयल्या मोगान वर्सां २००६ मदीं म्हज्या कवितांचो झेलो प्रकाशीत केलो. ताका मात मदीं मदीं म्हाका जमता तशो कविता करून धाडटालों. हो कवितांचो झेलो इतलो हास्यास्पद जाला की हांव कांयच उलवंक शकना. पूण बाय जयंतीन हें धाडस केलां. त्या झेल्यांतल्यो कविता हांव वाचतां आनी म्हजें म्हाकाच हासूं येता. तरीय म्हाका केन्नाय कविता करपाची उमळ येताच येता. इतली म्हजी वळख पुरो अशें दिसता. तर सांगपाची गजाल अशी कीं हालींच डिसेंबर जानेवारी म्हयन्यांत हांव गोंयांत घरा आयिल्लों. पुस्तकां वाचपाचे संवयेन कितेंय वाचपाक मेळटा जाल्यार पळयतालों तर म्हज्या हाताक तुमगेलीं २००६ मार्च आनी जून २०१० म्हयन्याचीं 'बिम्ब' मासिकां लागलीं. बरें दिसलें की कोंकणींत कितेंय वाचूंक मेळ्ळें. जून म्हयन्याच्या अंकांत नामनेचे अणूशास्त्रज्ञ डॉ. अनिल काकोडकर आनी गोंय शेतकी खात्याचे संचालक श्री. एस्. एस्.पी. तेंडुलकार हांचो 'शेतांचें रुपांतर चूड दाखोवन हाडिल्लो म्हारू' हे लेख हांवें वाचले. आनीकय बरेंचशें वाचलें. म्हत्वाचें अशें की श्री. तेंडुलकारांनी आपल्या लेखांत जें भायल्या लोकांविशीं बरयलां तें एकदम खरेंच आसा. हे फावटी हांव गोंयांत आयलों तेन्ना हांवेंय पळयलें कीं आमगेल्या गोंयची कशी कींव येण्यासारकी परिस्थिती जाल्या. सगळें गोंय परप्रांतीय भय्ये, बिहारी, मारवाडी ह्या लोकांनी खावन उडयलां आनी गोंयकार दोळे धांपून सगळें पळयतात. हाचें तांकां कांयच दिसना. प्रत्येक शारांत आनी गांवांगांवांत ह्या लोकांनी तांचे धंदे सुरू केल्यात आनी गोंयकारांच्या पोटार पांय हाडला. फळफळावळ, भाजीपालो, नुस्तें विकप हे सगळे धंदे ह्या लोकांनी आपल्या हातांत घेतल्यात. केंस कातरपाचीं सगळीं दुकानां तांचींच आसात. हाका कारणय गोंयकारच आसात. गोंयकारांनीच तांकां आश्रय आनी जागा भाड्यानी दिवन गोंयची वाट लावन वडयल्या. आनी कांय वर्सांनीं सगळें गोंय सामकें उत्तरप्रदेश आनी बिहार जावन रावतलें. गोंयच्या आवयभयणींची अब्रू कोण वाचयतलो? हे लोक वासनांध, खुनी आनी चोर दरोडेखोर आसात. एक भय्या येतकीच तो आनीक धा भय्यांक आपयता. अशेंच चलत रावलें तर गोंयचें कांय खरें दिसना. गोंयकारांचें रगत इतकें थंड कशें जालें. गोंयकारांक हे गजालीची लजूय दिसना. हो सगळो भायलो लोक येवन जर हे सगळे धंदे करूं शकतात तर गोंयकार हे धंदे कित्याक करूं शकनात? सगळें गोंय तांच्या हातांत वेतगीर गोंय तांचें जातलें आनी गोंयकार तांचो गुलाम जातलो हें तांकां कळना काय? म्हाका दिसता तुमकांय हें सगळें दिसता. तर तुमीय हातूंत लक्ष घालून लोकांक जागे करपाचो प्रयत्न सतत करत रावचें अशें म्हाका दिसता. कोंकणी साहित्यिकांनी हातूंत लक्ष घातल्या बगर हें जावचें ना. पोटतिडकेन हें काम करूंक जाय. गोंयांत हें जें राजकारण सुरू आसा तें गोंयांक घातक आसा. आप पार्टी हो एक मुखवटो

आसा. सगळें गोंय बी.जे.पी.च्या फाटल्यान लागलां कित्याक म्हुण? गोंयची, गोंयच्य खातीर, गोंयच्या भलायकी खातीर गोंय एक जावन गोंयची एकच स्वतंत्र पार्टी कित्याव जावंक शकना? गोंयकारांक एकठांय करपाचे काम तुमी करूंक जाय अशें म्हाका दिसता गोंयांत राविल्ल्या ह्या दोन म्हयन्यांत हांव खूब लोकांकडेन याविशीं उलयलों. तांचोय सूर थंडच दिसलो. तांचें म्हणप अशें कीं हें कोणी करप? जो उट्टा तो बोटीचेर वता, दुबय वता. दुड्ड जोडपा खातीर जाय थंय वता. हांगा आसात ते आपापल्या कामांत आसात. ह्यो राटावळी करपाक वेळ कोणाकडेन आसा? तांचेंय म्हणणें पळोवंक गेल्यार खरेंच आसा. दुसरे वटेन पळयत तर खूबशा लोकांक राजकारण खेळपा खातीर वेळ आसा, फुटबॉल मॅच पळोवंक वेळ आसा, बेकार गजाली करपाक वेळ आसा पूण हें म्हत्वाचें काम करपाक वेळ ना. सरकारय थंड आनी लोकय थंड. कितें करप? गोंय गोंय रावचें ना हाचें दुखख आसा. आतां गोंयच्या सगळ्या कुळदैवतानी कितेंय केल्यार मात हें जातलें अशें दिसता. म्हजो आपलो एक भाबडो विचार.

■

– चंद्रकांत नाईक
जिल्हा-ठाणे-मुंबय.मो. : ९८९००७१७३६

प्रतिबिम्ब

तुमच्या वावराक सलाम

प्रिय दिलीप बोरकार,

बिम्बचे एकापरस एक सोबित अशे तीन अंक – दिवाळी अंक, तपपूर्ती विशेशांक आनी जानेवारी २०१४ मेळ्ळे. पत्र बरोवपाक उशीर जालो. जाण्टे पिरायेर पिडा भोगतात तांतली एक म्हळ्यार आजचें काम फाल्यांचेर धुकलपाची पिडा.

तपपूर्तीचें अभिनंदन वेळार करूंक जाय आशिल्लें. तूं ज्या नेटान काम करता ताची तोखणाय वेळार करूंक जाय. 'बाळंतिलें खाण वेळार आनी व्हंकलेलें भांगर सव्यार.' अशी म्हण आसा.

बिम्ब पुरस्कार सुवाळ्या पयलीं धाडपाक जाय आशिल्लो तो चेक रु. १०००/- आतां धाडटां. फुडलीं तीन वर्सां अंक काडटलोच ह्या तुज्या निश्चयाक म्हजो 'सलाम' म्हणून. म्हजी वर्गणी म्हणून जमा करची.

माधवीची खबर आयकून खूब हुस्को जालो. तूं मुंबय येवन गेलो इतलेंच कळ्ळें. हरदत्त मेळिल्लो पूण ताकाय कांय खबर नाशिल्ली. माधवीक गूण पडून भांगरा सारकें हें भुरगें मुखावेल्या कामाक उबें जावं अशें मागप तितलें आमच्या हातांत आसा.

जायतें बरें मागून,

– मनोहर पै. धुंगट
बोले रोड, दादर, मुंबय.

उक्तावणी

(सेम. आं. ८ रजिस्ट्रेशन ऑफ न्यूजपेपर्स सेंट्रल रुल्स १९५९. फॉर्म आं. ४)

१. उजवाडावपी थळ	: धर्मलक्ष्मी, आगशी - गोंय ४०३ २०४.
२. उजवाडाक येता तो काळ	: दर म्हयन्याक
३. उजवाडावपी, छापपी आनी धनी	: दिलीप धर्मा बोरकार
राष्ट्रीयत्व	भारतीय
नामो	धर्मलक्ष्मी, सांत लॉरेन्स, आगशी - गोंय ४०३ २०४.
४. संपादपी	दिलीप धर्मा बोरकार
राष्ट्रीयत्व	भारतीय
नामो	धर्मलक्ष्मी, सांत लॉरेन्स, आगशी - गोंय ४०३ २०४.

हांव, दिलीप धर्मा बोरकार, अशें उक्तायतां की, वयर दिल्ली खबर, म्हजे म्हायतीक आनी समजुतीक धरून खरी आसा.

दिलीप धर्मा बोरकार
उजवाडावपी

म्हयनाळें मनांक भावता

मानेस्त दिलीपबाब,

तुमी मार्च २०१४चो बिम्ब मासिकाचो धाडिल्लो अंक पावलो. म्हाका थॉमस स्टिफन केंद्राचो फावो जाल्ल्या 'आंतोनिओ परैरा कोंकणी पुरस्काराची' विस्तारान बातमी तशेंच फोटो बिम्ब म्हयनाळ्यांत उजवाडावन म्हजो गौरव वाडोवन प्रतिश्ठा दिली देखून तुमचे तशेंच बिम्ब परिवाराचे मना काळजा थावन उपकार आठयतां.

बिम्ब म्हयनाळें हें कोंकणी अस्मितायेचो हारसो अशें हांव समजतां. जेन्ना जेन्ना हांव बिम्ब वाचतां तेन्ना एक गजाल निश्चित नदरे मुखार येता. ती म्हळ्यार, कोंकणीच्या अस्मिताये खातीर वेगवेगळ्या मळावेल्यान जो कोंकणी मनीस योगदान दिता (साहित्य, कला, समाजकार्य, संस्कृताय आदी) तांकां कोंकणी समाजा मुखार दवरून तांची तोखणाय करप हें तुमी ह्या म्हयनाळ्याचे संपादक म्हुण खरी जापसालदारकी समजतात. म्हणून हें म्हयनाळें मनांक भावता आनी काळजा मेरेन पावता. तुमच्या ह्या वावराक व्हड यश आवंडेतां आनी म्हाकाय ह्या म्हयनाळ्याचो एक सदस्य करचो अशें मागतां. परत एक फावट उपकारी.

तुमचोच,

– रामानंद रायकार
वास्को – गोंय.

Come, Discover India with...

YATRIK TRAVELS

Pioneers of Package Tours in Goa.

Bookings in full swing

Summer Special Tours to

ENCHANTING BHUTAN

22nd to 31st May

HIMACHAL SPLENDOUR

Starting 21st April upto May end.

EXOTIC KASHMIR

Starting 25th April upto May end.

FASCINATING NEPAL

27th April to 3rd May & 3rd May to 9th May

Individual Tours to RAJASTHAN & KERALA

Honeymoon Special Tours to KULU MANALI

Till March End

For more details & bookings contact

YATRIK TRAVELS

MARGAO: Baboy Commerce Centre, Nr Hari Mandir Ph: 2734968 / 2713455

PANJIM: Sarathi Travels, Sindhur 'B', S.V. Road. Ph. 2436943 / 664256

CANACONA: Travel People, Mangalvan Complex, Chawdi. Ph. 2643934

E-mail: yatrik_travels@rediffmail.com

- दिलीप बोरकार

शीर्षकथा

हर हर मोदी, घर घर मोदी देशाक घरघर लावपी मोदी

आयज आमचो मतदार आपल्या सुवार्था पासत थिगळां थिगळांचो कौल दिता तो बंद जावन एक संपूर्ण देश हे नदरेन विचार करून मतदान जावपाची गरज आसा. धर्म, जात, पयसो हांच्या नाड्यार जावपी मतदान बंद जावन एक राष्ट्र ह्या उद्देश्यान मतदान जावपाक जाय.

संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हड लोकशाय देशांतले मतांचे लडायेक आतां आरंब जाला. ७ एप्रिल सावन आरंब जावपी हे लडायेचो शेवट १६ मे ह्या दिसा जातलो. हे लडायेंत जो कोण जैतीवंत जातलो त्या पक्षाचें सरकार सदरेर येतलें. तेच पासत सगळे पक्ष तयारेक लागल्यात. आमच्या देशांत आयज इतले पक्ष अळमी कशीं वयर सरल्यांत आनी ह्या पक्षांचो त्या त्या थारावीक वाठारांत प्रभाव आशिल्ल्यान तांचे एक दोन खासदार वेंचून येतातूच. ह्या दोन आकड्यांक जरी मुल्य नासलें तरी २०० हे संख्येमुखार तो दोन आंकडो दवरलो जाल्यार ताका हिसपा भायलें मोल येता. अशेच तरेन एक, दोन, चार अशे संख्येंतले ह्या पक्षांचे खासदार चडांतचड सुवातो जिखिल्ल्या पक्षाक वेंसण घालून नाचयतात. खरें म्हळ्यार हें आमचे लोकशायेचें दुर्दैव्यूच म्हणूंक जाय.

आमची लोकशाय ही आदर्श लोकशाय म्हुण संवसार आमकां तोखेता. आदर्श सरकार घडोवप हें आदर्श लोकशायेचें सगळ्यांत व्हडलें काम. सरकार हें लोकांनीं लोकां खातीर वेंचून दिल्लें लोकांचें सरकार आसता. तेच पासत सरकार घडोवपाची खूब व्हडली जापसालदारकी लोकांचेर आसता आनी ताणीं योग्य उमेदवाराक आपलें मत दिवन आपलो प्रतिनिधी वेंचून दिवंचो आसता.

भारत स्वतंत्र जावन ह्या देशांत गणराज्य तंत्रप्रणाली उदेली तेन्ना सावन पयलीं कांय काळ ह्या देशांत लोकशायेक फुलोर आयलो. हे प्रणालीचो वावर पळोवन संवसार अजापलो. तांचीच नदर लागून बी काय कितें हे वेवस्तेक देंवती कळा लागली आनी १९८४ वर्सा मेरेन ती तिगली. ह्या वर्सा राजीव गांधीच्या फुडारपणा खाल काँग्रेसीक ४०० परस चड सुवाती मेळ्ळ्यो. पूण उपरांत मात विश्वनाथ प्रताप सिंहा सावन आरंब जावन आमी मदल्या काळांत उणे अदीक काळापासत सात प्रधानमंत्री पळयले. तातुंतलो निमणो प्रधानमंत्री म्हळ्यार आतांचो डॉ. मनमोहन सिंग. ह्या सगळ्यांनी आघाडी सरकारचें फुडारपण केलें. हें सगळें कित्याक जावंक पावलें जाल्यार आमच्या राजकारणाचो राजकारण्यांनी धंदो करून उडयलो. राजकारणांत येवपी दरेकाक वेंचणूक म्हळ्यार धंदो दिसूंक लागला. तेच पासत उमेदवारी मेळोवपाक आनी मागीर वेंचून येवपाक कोट्यानी रुपया खर्च करूंक लागले. वेंचून येतकच भ्रश्टाचार करून गुंतवणूक केल्ली रक्कम दामदुपेटीन वसूल करपाक लागले. आयज वेंचणूक जाहीर जाले बराबर दरएकलो बाशींग बांदून तयार रावला ताचे फाटलें कारण हेंच आसा. हाकाच लागून अळमी कशे पक्ष जल्माक येतात. राष्ट्रीय पक्षाची उमेदवारी मेळना जाल्यार थळाव्या पक्षावतीन वो अपक्ष म्हुण वेंचणूक लडयतात. हाका लागून खंयच्याच राष्ट्रीय पक्षाक पूर्ण भोवमत मेळूंक पावना. मागीर सत्तेर येवपा पासत सट्टेबाजीक आरंब जाता. अपक्षाक लेगीत दर येता. एकूच उमेदवार वेंचून आयिल्लो पक्ष आघाडी सरकाराचो घटक जाता आनी आपल्या उमेदवाराक मंत्रीपदाची मागणी करपा वांगडाच पक्षांतल्या कचाबच्यांक म्हत्वाचीं पदां मागतात. सरकार घडोवपा पासत



आनी तिगोवपा पासत हें ब्लॅकमेलींग सरकाराक सोसचें पडटा. हे असले परिस्थितींत खंयचें आदर्श सरकार आनी खंयचें कितें? आयज हेच मनोवृत्तीक लागून आघाडी सरकाराक पर्याय ना. हें आघाडी सरकार फुडाराक चालूच उरतलें. आयज आमच्या देशांत असो एकूय पक्ष ना जाका पूर्ण भोवमत फावो जातलें. मदीं आम आदमी पक्षान मतदारांमदीं एक आस्त जागयल्ली. तेच पास दिल्ली संघप्रदेशाचे वेंचणुकेंत आम आदमी पक्षाक कौल दिल्लो. पूण दिल्लींत सरकार घडोवन, लोकशायेचींच फकांडां चलयलीं ह्या पक्षान. पक्षाचें नेतृत्व आपले सत्तेचो गैर फायदो घेवन मर्कट लिला करूंक लागलें. ही अराजकता देशाचे नागरीक मान्य करपाक तयार नात.

दिल्लीची ही घडणूक ताजी आसतनाच लोकसभेची वेंचणूक जाहीर जाल्या. देशाक पर्यायी, आदर्श सरकार दिवपाची वल्गना हो आम आदमी पक्ष करता. पूण ताचेर जनतेचो आतां विस्वास उरूंक ना. ताच्या उमेदवारांक मतां पडटलीं. कांय कडेन उमेदवार वेंचून येतलेय बी. पूण चड कडेन ह्या पक्षाचे उमेदवार भारतीय जनता पक्षाच्या उमेदवारांचीं मतां फोडटले आनी हाचो फायदो एक तर कॉंग्रेस पक्षाक जातलो वो ह्या पक्षावेलो राग तसोच उरलो जाल्यार थळाव्या पक्षाच्या उमेदवारांक जातलो. हेच पक्ष मागीर आघाडी सरकार घडयतलें.

आयच्या धंदेवाईक राजकारण्यांनी आमच्या देशाचे लोकशायेक वेठीक धरल्या. तिच्यांतली विस्कळताय आनी पारदर्शकताय म्हळ्यार आपल्याक देशाक लुटपाची दिल्ली संद असोच कितें तरी ह्या लोकांनी अर्थ लायला आनी दुडवांच्या नेटार लोकांचीं मतां विकतीं घेवप, तांकां आस्वासनां दिवप आनी वेंचून आयल्या उपरांत ह्या आस्वासनांचो विसर पडप ह्यो गजाली दर वेंचणुकेंत घडटात. मागीर सगळेच विसरून वतात. उमेदवारूय आनी मतदारूय. पांच वर्सांनीं जेन्ना पर्थून धोलार तोणी पडटा तेन्ना ह्योच गजाली पर्थून एकदां उसकतात. आमी हें अशें चलूंक दिवपाचें?

आमचो देश हो १०० कोटीं परस चड लोकसंख्या आशिल्लो देस. दरेकाच्यो इत्सा आकांक्षा वेगवेगळ्यो. त्यो पुराय करप म्हळ्यार भोवच कठीण गजाल. देशांतल्या दरेक नागरिकाचे पुराय क्षमतेचो वापर करून घेवपी सरकार सदरेर येवपाची गरज आसा. नागरिकाचें सबळीकरण जावपाची गरज आसा. पूण तें जावंक पावना. हाका सरकारूच न्हय तर आमची जनताय जापसालदार आसा. आयज आमचो मतदार आपल्या सुवार्था पासत थिगळां थिगळांचो कौल दिता तो बंद जावन एक संपूर्ण देश हे नदरेन विचार करून मतदान जावपाची गरज आसा. धर्म, जात, पयसो हांच्या नाड्यार जावपी मतदान बंद जावन एक राष्ट्र ह्या उद्देश्यान मत जावपाक जाय. देशांतल्या दरेक नागरिक मतदाना खातीर मुखार काडून शंबर टक्के मत जावपाक जाय. हालींच जाल्ले विधानस वेंचणुकेंत वेंचणूक आयोगान तसो प्रय केल्लो. ते वेळार माओवाद्यानीं वेंचणुके बहिश्कार घालपाचो आदेश दिवनूय छत्तीसगड मोठ्या प्रमाणांत मतदान जालें काय ना? लोक मतदानांत रस आसा. पूण तांकां फावो सवलत दिनांत. आयज आमी तंत्रज्ञाना स्वीकार केला. पूण इ-व्होटींग करपाक मान्यत ना. पोस्टांतल्यान मतदान करूंक शकनां आयज आमी 'नोटा'चो (हातुंतलो एकलो न्हय) आस्पाव मतदान यंत्रांत केला मागीर कोण मतदान केंद्रार वचूंक शकनांत, जे आपल्ल म्हत्वाच्या वावरांत घुस्पल्यात तांकां मतदा पासून वंचीत कित्याक करप?

आयज १८ वर्सांचे पिरायेर मतदानाचो हक प्राप्त जाला. ही युवा पिळगी राजकीय विचारा परिपक्व जाल्ली आसा. ताचें कारण म्हळ्या आयच्या संगणकीय तंत्रगिन्यानान तांकां गिन्या बद्द घरांत हाडून दिल्लें आसा. तांकां पुरा संवसारांतलें ज्ञान उपलब्ध जालां. पूण सुवाथ राजकारणी तांचे शक्तीचो दुरूपेग करतात जातीच्या, धर्माच्या नांवान आनी दुडवांच्या नेटा तांचें मन करप्ट करतात. हांकां राजकीय प्रक्रियें आस्पावन घेवपाची संद दिवपा बदला तांची ट उडयतात. राहुल गांधी होय एक तरनाटो. ताचे



भितर आयचे युवा शक्तींतले सगळे गूण आसात. तो पंडित नेहरुंचो नातू आसत, ताचेकडेन पंडित नेहरूंकडीन आशिल्ली तशी विद्वत्ता आनी प्रगल्भता नासत. पूण ताचे पिरायेचे नदरेन आनी अणभवांचे नदरेन ताचेकडेन राजकीय प्रगल्भताय आसूंक जाय ती आसा. पूण ताचे कडेन पळयतना गांधी घराण्यांतलो राजकुमार म्हुण पळयतात. तसो प्रचार करून ताच्यो बकच्छायो करतात. ताच्या कर्तृत्वापासून ताका विचलीत करतात. ताचो विचार फकाणाचेर व्हरतात आनी हें सगळें शिस्तबद्द चल्लां.

आमचे मुखार आयज दोन पर्याय आसात. आमी मोदी सारकें खुचट, धर्मांध, सनातनी नेतृत्व स्वीकारतले काय राहुल गांधी सारख्या एका तरण्या रक्ताक वाव दितले? राहुल गांधी, गांधी घराण्यांतलो आसा हो ताचो दोश न्हय. आयज देशांत पंत प्रधान जावपाचो हावेस बाळगून वावुरपी तरनाटो मुखार येवंक ना. तसो येवपाची गरज आसा. तसो प्रयत्न जावंक जाय. तो मेरेन राहुल गांधी सारख्या तरनाट्याचेर, जो राजकारणांतले मुशींतल्यान तयार जावन आयला ताचेरूच निंबून रावचें पडटलें. आयचे युवा पिळगेक देश जर अराजकतेंतल्यान साल्वार करपाचो आसत जाल्यार ताणीं राहुल गांधीचें फुडारपण स्वीकारचें पडटलेंच. राहुल गांधीच्या सांगातान आपलेंय नेतृत्व देशाक दाखोवचें पडटलें. मोदी सारकें एक हाती नेतृत्व देशाचेर लादपाचो प्रयत्न करप म्हळ्यार देशांत हुकूमशाय हाडप.

गोंयांत दोन वर्सां आदीं परिवर्तन जालें. मनोहर पर्रीकारान मोदी वरींच मतदारांक तरातरांचीं आस्वासनां दिल्लीं. ताच्या उतरांचेर विसंबून रावून लोकांनी ह्या पक्षाक भरभरून मतां दिलीं. संपूर्ण युवा शक्त पर्रीकारावटेन रावली. पूण आयज पर्रीकाराचें खरें रूप कळून आयलां. युवा शक्तीक आपणें केलें कितें आनी जालें कितें अशें दिसून पश्चताप जाला. विरोधकूच न्हय तर भाजपचेच लोक पर्रीकार सरकाराक विटल्यात. केन्ना एकदां पांच वर्सां उलगतात हाचो हिशेब चल्ला. गोंयांत जी परिस्थिती निर्माण जाल्या तेच दिकेन लोकसभेंत वेंचणुकेची प्रक्रिया चल्ल्या. गोंयांत जालां तशें देशांत जावंचें हे नदरेन प्रयत्न चल्ला. गोंयांत जें कितें जालां तें आमी अणभवतात. तेंच देशांत जावंक फावना अशें दिसता जाल्यार मोदीच्या नांवान जो एक धर्मांध रोटो हुळहुळटा तो आतांच चिड्डून उडोवपाची गरज आसा. गुजरातचो मुख्यमंत्री म्हुण ताची कारकिर्द ही अत्यंत घाणयारी आनी विकृत आसा. उदरगतीची जायरात जी ह्या सरकाराकडल्यान जाता ती फटींगपणाची म्हणपाचें दाखल्यां सयत आयज लोकांमुखार आयलां. हें सगळें सत आमचे मुखार आसतना देशाक अराजकतेच्या इफेर्नांत आमी उडयतले काय कितें हाचो विचार हे वेंचणुकेंत जावपाची गरज आसा.

हर हर मोदी घर घर मोदी

भारतीय जनता पक्षान गुजरातचो मुख्यमंत्री नरेंद्र मोदी हाका प्रधानमंत्रीपदाच्या उमेदवारीचो तिबो लावन जगार सोडला. आपुणूच प्रधानमंत्री जालों आनी आतां पांच वर्सां आपूण हे कदेलीचेर बसून थयथयाट करतलों ह्या सपनांत वावरत, त्याच हावेसान मेळत थंय भाशणां ठोकपाक मोदी लागला. पूण ताच्या ह्या आपघोशीत प्रधानमंत्रीपदाक ताच्याच पक्षांतल्या ज्येश्ठ फुडाऱ्यांची हरकत आसा. ताचे हे धरबंद नाशिल्ले वागणुकीचेर हे फुडारीच जेन्ना नाकां किल्लुसतात तेन्ना भारतीय जनता पक्षाचे अध्यक्ष राजनाथसिंह आनी नरेंद्र मोदी ही जोडगुळी खंयच्या नेटार केंद्रांत सत्ता भोगपाचीं सपनां रंगयतात काय म्हणपाचो प्रस्न पडटा.

नरेंद्र मोदीक पक्षाचे ज्येश्ठ फुडारी लालकृष्ण अडवाणी आनी सुषमा स्वराज हांचो प्रचार मुखेली करपाक विरोध आसतनाय ताका प्रचार मुखेली केलो. इतल्यारूच रावलेनांत तर प्रधानमंत्रीपदाचो उमेदवार असो जाहीर तिबो लावन ताका धुमशेणां कांडपाक सोडलो. अशें करतना हो लोकशायेचो अपमान, मतदारांचो अपमान म्हणपाचें भान ह्या पक्षाक उरलेंना. खंयच्याय लोकशाय मानपी देशांत सरकाराचो मुखेली हो वेंचणुके आदीं थारायनांत. ताका अपवाद आसाच. जर एखाद्रयाची सेवा राज्याक वो देशाक जाय अशी सरकाराक दिसता आनी ती व्यक्ती वेंचणुकेक रावून वेंचून आयिल्ली नासत जाल्यार तिची आदीं नेमणूक करून मागीर एखाद्रया मतदारसंघांतल्यान स म्हयन्या भितर तिका वेंचून हाडची पडटा. हांगा काय तसलो प्रकार ना. हांगा पुराय देशाची वेंचणूक जावंचीच आसा. वेंचणुकेक जो पक्ष भोवमतान वेंचून येता त्या पक्षाचे लोकनियुक्त प्रतिनिधी आपलो फुडारी वेंचून काडटात. आदर्श सरकार घडयतले जाल्यार ही प्रथा लोकशायेंत चलता. पूण हांगा वेंचणूक जावंचे आदींच, मतदारांनी आपलो कौल दिवचे आदींच सरकारचो मुखेली थारावप म्हळ्यार एकाधीकारशायच म्हणपाची. आमी आमकां जाय तो फुडारी वेंचला. आतां तुमी ताका मतां मारात अशें सांगप म्हळ्यार तो हुकूमशायेंतलो आदेश अशेंच म्हणचें पडटलें. हे हुकुमशायेक भारतीय जनता पक्षांतले ज्येश्ठ फुडारीच विरोध करतात. राहुल गांधीन भाजप म्हळ्यार एके व्यक्तीचो पक्ष अशी टिका केली तेन्ना अडवाणीन ताचें समर्थन केल्लें. ते भायर भाजप

२०० परस चड सुवातो जिंकतलो काय कितें म्हणपाचो दुबाव उक्तायल्लो. जेन्ना पक्षांतलेच ज्येश्ठ फुडारी असो दुबाव उक्तायतात तेन्ना मतदारांक कांयच कळना, ते बोंडे, ते मोदीचें भाशण आनी बातां आयकून ताका मतां मारतले आनी प्रधानमंत्रीपदार बसयतले म्हणप म्हळ्यार पिशांचोच बाजार म्हणचें पडटलें.

भाजपाचे अंतर्गत धुसफुसीकडेन आडनदर करूंक फावना. भारतीय कम्युनीश्ठ पक्षाचे ज्येश्ठ फुडारी कॉ. ए. बी. वर्धन हाणीं भाजपाक हे वेंचणुकेंत कितलीय धडपड केली तरी १८० परस चड सुवातो मेळप शक्यूच ना म्हणपाचें भाकीत केलां. कॉ. वर्धन हे विरोधा खातीर विरोध करपी, वो नाका जाल्लीं विधानां करपी न्हय. खंयच्याय विशयाचेर अभ्यास करूनच मत उक्तावपी ते जबाबदार राजकारणी. भाजप पक्षांतली धुसफूस उक्ताडार पडिल्ल्यान आनी ह्या पक्षांतले रागार फुगार जाल्ले अडवाणी, सुषमा स्वराज, शिवराजसिंह चौहान, मुरली मनोहर जोशी सारके पक्षाचे कार्यपध्दतीचेर खूश नाशिल्ले ज्येश्ठ फुडारी पक्षाक देडशां परस चड सुवातो मेळूंक फावनांत असो यत्न करतले असो राजकीय जाणकारांचो अदमास आशिल्ल्यानूच वर्धन हाणीं आपलें मत उक्तायलां. गोंयचीच गजाल घेतली जाल्यार राजकीय जाणकार म्हणटात उत्तर गोंयांत श्रीपाद नायक वेंचून येवंक फावना म्हुण खासा मुख्यमंत्रीच प्रयत्न करतात. तेच पासत ताणीं वेवस्तीत सेटींग केलां. ह्या असल्या राजकारणांत भाजपाक १७० परस चड सुवातो मेळप शक्य ना आनी भाजपा सारक्या पक्षाक सत्तेर हाडूंक आनी खास करून मोदी सारख्या धर्मांध मनशाक प्रधानमंत्री करूंक हेर खंयचेच पक्ष आपलो तेंको दिवपाचो ना. आयज 'हर हर मोदी घर घर मोदी' अशी घोशणां भाजपचे आनी चड करून मोदीचे समर्थक दितात. आमच्या देशांत हर हर हें महादेवाक भजतना म्हणटात. दुसरें मराठे मुस्लीमाआड झुंजताना हर हर म्हणटाले. पूण तेंय स्फूर्त येवपा पासत महादेवाचें नांव घेवन म्हणटाले. आयज हर हर मोदी म्हुण जे

नवो नकाराधिकार घातक

सद्या नकाराधिकार बटनाची चर्चा चालू आसा. मतदाराक जो उमेदवार वो पक्ष पसंत आसा त्याच पक्षाक वो उमेदवाराक आयज मेरेन मत दीत आयिल्लो. दुसरो पर्याय नाशिल्ल्यान ह्या उमेदवारां मदल्या उण्यांतउण्यां फटींगाक मतदान करून आपलो मतदानाचो हक्क पुराय करतालो. पूण हें सगळें अनिच्छेन घडटालें. पर्याय ना म्हुण घडटालें. पूण आतां ह्या 'प्रगल्भ' मतदारांक पर्याय उपलब्ध जाला. मतदान करूंक वचचोंन आपल्याक जाय तसो उमेदवार वो पक्ष हे वेंचणुकेंत ना, तेन्ना मना विरूध्द मतदान करून आपल मत कित्याक इबाडप? हो जो विचार आशिल्लो आनी जाका लागून मतदान टाळप जातालें ताक पर्याय म्हुण सर्वोच्च न्यायालयान फाटले वर्सा मतदारांक 'रायट टू रिजेक्ट'चो अधिकार दिवपाच सुचोवणी केंद्र सरकाराक केल्ली. ह्या आदेशाक लागून मतदारांक उमेदवारां विशींचो वो पक्षाच राग वो मत उक्तावपाची संद प्राप्त जाल्या. हालींच लोकसभा वेंचणुकेचो कार्यक्रम जाहीर कतन मुखेल वेंचणूक आयुक्त व्ही. एस्. संपत हाणीं हे वेंचणुकेंत सगळ्याच मतदान यंत्रांचेर 'नन ऑप द अबोव्ह' म्हळ्यार नकाराधिकाराचें बटण आसतलें म्हणपाचें जाहीर केलां.

मतदारांक नकाराधिकार जाय म्हणपाची मागणी देशांत विचारवंत करतालेच. समाज वावुरपी अण्णा हजारे हाणीं २०११त जनलोकपाल विधेयका पासत दिल्ली उपासाक बशिल्ले तेन्ना मतदारांक नकाराधिकार (रायट टू रिजेक्ट) आनी लोक प्रतिनिधींक फाटीं आपोवपाचो (रायट टू रिकॉल) अधिकार लाबचो म्हुण मागणी केल्ली. अण्णा हजारे कडेन केंद्र सरकार चर्चा करताले तेन्ना रायट टु रिजेक्टचेर चर्चा जाली. तेच वेळार केंद्र सरकार बाडगना तें पळोवन 'पीपल्स युनियन फॉर सिव्हिल लिबर्टीज' हे संघटनेन मतदारांक नकाराधिकार मेळचो म्हुण सर्वोच्च न्यायालयांत याचिका घाल्ली. सर्वोच्च न्यायालयान निकाल दितना मतदाराक हो अधिकार दिवंचो म्हुण आदेश दिलो.

हे आदीं हो अधिकार नाशिल्लो अशें न्हय. पूण ते पासत वेंचणूक कायद्याच्या नेमा प्रमाण ४९ ओ हो फॉर्म भरचो पडपाचो. तातूंत मतदाराची पुराय म्हायती भरची पडटाली आनी हाका लागून हें मतदान गुप्त स्वरुपांत उरनाशिल्लें. आयज मतदान यंत्राचेर 'हातुंतलो कोणूच न्हय' हो बटन उपलब्ध करून दिला आनी हे वेंचणुकेंत ताचो वापर जातलोय.

आतां प्रस्न येता, हो बटन वापरून आमचो प्रस्न सुट्टा? ५० टक्क्या परस चड मतदारांनी जर हें मतदान केलें जाल्यार त्या मतदारसंघांत पर्थून वेंचणूक घेवची पडटली. चडशे उमेदवार पयशे खावोवन मतदारांक तयार करतात. तांकां मत कोणांक दिवपाचें तें आदींच खबर आसता. ह्याच प्रकाराक उबगून ही 'नोटा'ची पध्दत आयल्या. पूण वेंचणुकांक उबगल्ले गंभिरतायेन ह्या बटणाचो उपेग करतले काय कितें असो प्रस्न पडटा! लोकशायेच्या नांवान आमी माकडां कडेन मतदान हक्काचें कोलीत दिलां. खूबशा जाणांक मतदानाचें म्हत्व खबर ना. आयच्या धंदेवाईक राजकारण्यांवेलो खुन्नस काडपा पासत स्वताक अती विद्वान समजुपी मतदार 'नोटा' दामीत गेले जाल्यार पर्थून वेंचणूक घेवंची पडटली. गोंदळ माजोवपी विकृत विचारांचे मतदार आमच्या देशांत उणे नात. ताचो अणभव हे वेंचणुकेक येतलो. एके तरेचो आतंकवादूच हो. 'नोटा' बटन गांभिर्यान वावुरपी मतदारां पासत आसा. लोकशायेचीं फकाणां करप्यांक न्हय. म्हणटकच पर्थून वेंचणुको घेवपा इतली आर्थीक परिस्थिती आमच्या देशाकडेन आसा काय कितें हाचेर विचार जाल्लो दिसना.

पूण एक गजाल, हे व्यवस्तेक लागून मतदान चड टक्क्यांनीं जावपाची शक्यताय आसा. जे लोक घरा बसतालें ते भायर सरतले आनी तांच्या मतदानाक लागून लोकांची मानसिकता, इत्सा कळूंक पावतली.

रेजिनाल्ड जिकूंक जाय

दक्षिण गोंय मतदार संघांत रेजिनाल्डा सारको एक सगळ्या लोकांकडेन बरेपण जोडून आशिल्लो उमेदवार काँग्रेसीक मेळ्ळा. विधानसभेंतलो रेजिनाल्डाचो वावर पळयत जाल्यार हो धाडसी तरनाटो लोकसभेंत आपलें अस्तित्व दाखोवंक पावतलो अशेंय दिसता. पूण ताचे उमेदवारीक नखलामी घडटा आनी तातूंत कांयच नविदाद ना. काँग्रेस पक्षाची ती संस्कृतायूच जावन आसा. दक्षिण गोंयची उमेदवारी सार्दीनाक मेळटली हें निश्चित जाल्लें. सार्दीन फाटले खेपे ह्याच मतदार संघांतल्यान लोकसभेर गेल्लो. ताणें आपलो प्रतिस्पर्धी भाजपचो नरेंद्र सावयकार हाचो १४ हजार मतांनी पराभव केल्लो. हीं मतां तशीं चड न्हय. सावयकारान आनीक थोडो प्रयत्न केल्लो जाल्यार वेंचून येवंक शकतालो. हे खेपे ताका बरी संद आसा. दक्षिण गोंयांत भाजपाचे वटेन क्रिस्तांव लोक आसात. फाटले विधानसभा वेंचणुकेंत तें दाखोवन दिलां. ते अजून थंयच आसात काय बदलल्यात हें वेंचणुके उप्रांत कळटलें. तरी आमी धरून चलुया ते थंय आसात. अशें आसत जाल्यार तें सार्दिनाक मारक थारपाचें. म्हणटकच त्या मतदार संघांत रेजिनाल्डा सारको उमेदवार जाय आशिल्लो जाचो वेगवेगळ्या घटकां कडेन संपर्क आसा. ताका फातोर्डेचो अपक्ष आमदार विजय सरदेसाय हाचो पुरायेन तेंको आसा. विजय हो तांकीचो राजकारणी आनी मतां घुंवडावपाची ताच्यांत राजकीय कळाशी आसा. हाचो फायदो रेजिनाल्डाक जातलो. काँग्रेस पक्षान होच विचार करून हो निर्णय प्रगल्भतायेन घेतला. पूण ह्या निर्णयाक चर्चिल आलेमांवां सारको आपकेंद्रीत फुडारी नखलामी करपाक मुखार सरला. फाटले विधानसभा वेंचणुकेंत काँग्रेस पक्षाक मातयेभरवण जावंचें पडलें तें चर्चिल आलेमांव घराण्याचे घराणेशायेक लागून. ह्या घराब्यान पुराय पक्ष वेठीक धरिल्लो जाका लागून दक्षिणेक तो काबार जालो. आज दोन वर्सां सरता थंय आसा, पक्ष वयर काडपा बदला हेंच आलेमांव कुटूंब तो आनीक फोंडांत घालपाक पळयता. माविन गुदिन्हो तर पर्रीकाराची शेपडी कसो भोंवत आसा. ताणेंय नरेंद्र सावयकाराक वेंचून हाडपाचो वावर चालू दवरला. सार्दिनाक उमेदवारी दिता अशें सांगून निमणे खिणामेरेन हुमकळायलो आनी ताच्या तोंडांतलो घास काडून घेतलो. तोय दुखावला आनी ह्या व्यक्तीगत सुवार्था पासत काँग्रेस उमेदवार उडोवपा पासत सार्दीन आपली शक्त वापरतलो.

हें सगळें पळयत जाल्यार ह्या लोकांक देशाचें कांय पडून गेल्लें ना. तांकां पक्षाचें पडूंक ना. तांकां पडलां तें आपल्या सुवार्थाचें. ह्या लोकांक कितलो काळ आमी माथ्यार घेवन नाचतले? आड्डतात ते मोदीक देव करूंक सोदतात काय देशांत धर्मां धर्मां मदीं लढाय घडोवन हाडूंक सोदतात हें खबर ना. पूण घर घर मोदी म्हणत हे देशाक घरघर लायतले काय कितें हें काळ थारयतलो.

गोंयच्या मतदारांनी शादूर रावंक जाय!

गोंयांत लोकसभे पासत १२ एप्रिलाक मतदान जातलें. आदीं वेंचणूक आयोगान ही तारीक १७ फेब्रुवारीक थारायल्ली. पूण १७ तारकेक, ब्रेस्तार पडटा आनी एप्रिल म्हयन्याचो हो ब्रेस्तार माँडी थस्डे म्हुण क्रिस्तांव धर्मांत म्हत्वाचो आसा. हे दिसा मतदानाचेर परिणाम जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यान तो दीस बदलपाची विनवणी वेंचणूक आयोगाकडेन केल्ली आनी ते प्रमाण आतां १२ एप्रिल ही मतदाना पासत तारीक थारल्या. हे दिसा जरी मतदान जालें तरी मतदानयंत्रांत आशिल्ल्या मतांचो आबेर्तुर मात सगळ्या राज्यांतली मतदान प्रक्रिया उलगल्या उप्रांतूच १६ मे हे दिसा जातलो. ते मेरन आमचे उमेदवार काळजांत धाकधूक घेवनूच दीस सारतले.

गोंयांत मुखेल पक्षाचे अशे तीन-तीन स च उमेदवार आसतले. तशें पळोवंक गेल्यार आदीं दोनूच आशिल्ले, भाजप आनी काँग्रेस वो राष्ट्रवादी काँग्रेस. आतां केजरीवालाचो देशभर बोवाळ घालपी आम आदमी पक्ष म्हळ्यार 'आप' मुखार सरला आनी बदलावाचें वारें देशांत अदीं मदीं पासय मारून वता देखून होय पक्ष नदरेंत भरपा सारकीं मतां काडटलो. म्हणटकच गोंयांत हेर उमेदवार आसात तांचे वांगडा ह्या पक्षाक मेजप समा जावपाचें ना. ताकाय मुखेल पक्ष म्हणचो पडटलो.

जे मुखेल पक्ष वेंचणुकेंत आसात तातुंतल्या भाजपाचे श्रीपाद नायक उत्तर मतदार संघांत जाल्यार दक्षिण मतदार संघांत ॲड. नरेंद्र सावयकार आसा. तांच्या आड उत्तरेक रवी नायक आनी दक्षिणेक रेजिनाल्ड लॉरेन्स हे काँग्रेस पक्षाचे उमेदवार आनी डॉ. दत्ताराम देसाय



उत्तर गोंय मतदारसंघांत भाऊ काय भाई?

श्रीपादभाऊ चवथे खेप उत्तर गोंय मतदार संघांतल्यान वेंचणूक लडटा. फाटलीं पंदरा वर्सां ह्या मतदार संघांत आपणें उदरगतीचीं खूबशीं कामां केल्यांत तरी करपाचीं उरल्यांत असो भाऊचो दावो आसा. ताचीं तीं कामां पुराय करपाक ताका संद मेळटली काय कितें काय रवीभाई ताची संद हिसकावन घेतलो तें पळोवंचें पडटलें. रवी नायकाचो मतदारसंघ मडकय. ह्याच मतदारसंघांतल्या रवी नायकाचो पराभव करून श्रीपाद नायक विधानसभेंत गेल्लो. तेन्ना ताका 'जायंट किलर' म्हुण वळखताले. आयज उत्तर गोंय मतदारसंघांतल्यान तीन खेपो लोकसभेर वचपी श्रीपाद नायकाचो पराभव करून रवी नायक मडकयच्या पराभवाचें उट्टें काडटा काय कितें हाचे कडेन लोकांचें लक्ष आसा. आयची एकंदर राजकीय परिस्थिती पळयत जाल्यार रवी नायक 'जायंट किलर' थारतलो अशीं चिन्नां दिसतात.

एक गजाल खरी म्हळ्यार रवी नायकाचो उत्तर गोंयांत आसूंक जाय तितलो संपर्क ना. सोळा वर्सां आदीं १९९८ वर्सा काँग्रेस पक्षाच्या हाताचेर रवी नायक वेंचून येवन लोकसभेंत गेल्लो. १९९८ उप्रांतचे लोकसभा वेंचणुकेंत उत्तर गोंय मतदारसंघ काँग्रेसीन राष्ट्रवादी काँग्रेसीक दिलो. राष्ट्रवादी काँग्रेसीन डॉ. विल्फ्रेड डिसौजाक उमेदवारी दिली. विलीक फक्त राष्ट्रवादीक कितलीं मत मेळूं येतात हाचो अणभव घेवपाचो आशिल्लो. ताणें मात्नूय प्रचार करूंक ना. घरा बसून चर्चीचेर निंबून रावून ताणें ही वेंचणूक लडयली. दिवचलचे मुखार उत्तर गोंयचो वाठार आसा हें लेगीत ताणें मानून घेतलेंना. ते भायर ताच्या कोल्ली सभावाक लागून काँग्रेसीनूय ताका मजत केली ना. श्रीपाद नायकाच्या हेंच पथ्यार पडलें आनी ही सुवात भाजपाक आलायतीच मेळ्ळी.

फाटले वेंचणुकेकूय हो मतदारसंघ राष्ट्रवादी कडेनूच उरलो. कित्याक राष्ट्रीय पावंड्यार युती आशिल्ली. ते पासत काँग्रेसच्या जितेंद्र देशप्रभूक ऐन वेळार काँग्रेस सोडून राष्ट्रवादी काँग्रेसींत वचचें पडलें. ते वेळार श्रीपाद फक्त स हजार मतांच्या फरकान वेंचून आयलो. शेवटा शेवटाक जितेंद्राक राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षान कुशीकच उडयलो. काँग्रेस कार्यकर्त्यांनीं थोडो जरी प्रयत्न केल्लो वो जितेंद्र काँग्रेसचो उमेदवार आशिल्लो जाल्यार श्रीपादाच्या ही वेंचणूक जिखपाचें नशिबांतूच नाशिल्लें.

आतां चवथे खेप श्रीपाद नायक ह्या मतदारसंघांत उबो आसा. रवी नायक ताचे आड उबो आसा. दोगूय भंडारी समाजाचे फुडारी! आयज उत्तर गोंयच्या भंडारी समाजाक पर्याय आसा. श्रीपादभाऊ परस रवीभाऊ ह्या समाजाक चड आकर्शक दिसता. भाई खातीर भाजपाचीं मतां काँग्रेसवाटेन घुवूंक शकतात आनी काँग्रेस पक्षांतले वावुरपीय दोन वर्सां आदीं काँग्रेसच्या जाल्ल्या पानीपताचो राग हे वेंचणुकेंत काडपाचे आसात. विली आनी ताचे सांगाती रवीक तेंको दिवपाक फुडें सरल्यात. म्हणटकच श्रीपादभाऊक ही वेंचणूक दिसता तितली सोपी वचपाची ना. ताका थळाव्या राजकारणाचे जे वेद लागिल्ले ताची पुर्तताय जावपाचो दीस लागीं आसा.

आनी स्वाती केरकार हे आपचे उमेदवार आसात. ह्या स उमेदवारां मदले दोन उमेदवार गोंयांतल्या मतदारांक वेंचून काडपाचे आसात आनी १० लाख ४३ हजार मतदार तें काम करपाचें आसात.

गोंयांत आम आदमी पक्षान आपले दवरूंक जाय म्हुण दोन उमेदवार दवरल्यात आसले तरी हो पक्ष गोंयांत नवो आसा. गोंयचे मतदारसंघ हे देशांतल्या हेर राज्यांतल्या मतदारसंघां परस खूबच ल्हान. गोंयचे पुराय मतदार जितले आसात तांचे परस तीन चार पटीनी चड मतानी हेर राज्यांत उमेदवार वेंचून येता. हाचे वेल्यान त्या राज्यांतल्या एका एका मतदारसंघांतल्या मतदारांची संख्या कितली आसतली हाची कल्पना येतली. असल्या मतदारसंघानी 'आप'च्या उमेदवारांक मतां पडटात. बदलावाचें

निधर्मी मतदाना खातीर फतवो

लोकसभा वेंचणुकेंत निधर्मी भारता खातीर मतदान करचें असो उलो गोंयचे इगर्जमातेन केला. भाजपाचे प्रधानमंत्री पदाचे उमेदवार नरेंद्र मोदी आपकेंद्रीत राजकारणाक उर्बा दिता देखून असली व्यक्ती घातक थारूं येता अशी सुचोवणी सामाजीक न्याय आनी शांती मंडळ ह्या गोंयच्या इगर्जेच्या सामाजीक फांट्यान केल्या.

जातीय आनी वेवसायीक कंपन्यांनीं भारताची निधर्मी बांदावळ खिळखिळी करून उडयल्या. फाटल्या साबार वर्सांत हे शक्तीनी निधर्मी सभावाचेर हावळ हाडल्या आनी ताचे परिणाम गोंयांतूय दिसपाक लागल्यात अशें शांती मंडळाचे कार्यकारी सचीव फादर सावियो फेर्नांडीस हाणीं जाहीर केलां. येवपी लोकसभा वेंचणूक ही अध्यक्षीय वेंचणूक आशिल्लेवरी लोकसभेचो प्रचार एका मनशाक मुखार काडून चल्ला हें समा न्हय म्हणपाचें इगर्जेच्या सामजिक न्याय आनी शांती मंडळाचें म्हणणें आसा. मुख्यमंत्री पर्रीकाराक साबार फावटी जाहीर आश्वासनां दिवन आनी दाबो करून लेगीत भ्रश्टाचार आडावपाक अपेस आयलां. गोंयांत आनी गुजरातांत जें सुप्रशासन आसा असो दावो करतात तें एक काल्पनीक चित्र आसा म्हणपाचेंय ह्या मंडळान म्हणलां.

अजापाची गजाल म्हळ्यार फाटले २०१२चे विधानसभे वेंचणुकेंत गोंयच्या क्रिस्तांव मतदारांची भाजपाक सत्तेर हाडपा पासत म्हत्वाची भुमिका आशिल्ली. गोंयचो आजवेरचो राजकीय इतिआस काडून पळयल्यार वेंचणुकेंत इगर्जीचो म्हत्वाचो वांटो आसा. तेच पासत पक्ष इगर्जेचें वायटपण घेवंक सोदिना. फाटल्या काँग्रेस सरकारान माध्यम प्रस्नाचेर मिळमिळीत धोरण घेतिल्लें ताचे फाटलें कारण तेंच आसा. आयज पर्रीकारूय दिल्ल्या उतराक नेगार गेला ताचेय फाटलें कारण इगर्जेन लोकसभा वेंचणुकेंत आपले उमेदवार उडोवचे न्हय देखुनूच. अशें आसतना शांती मंडळान केल्ली ही सुचोवणी वो आदेश हे वेंचणुकेंत भोव म्हत्वाचो थारतलो. भाजप हो धर्मांध पक्ष हें सगळ्यांक खबर आसा. ह्या पक्षा कडेन गोंयचो क्रिस्तांव मतदार सदांच फाट करून राविल्लो. पूण ताकाय फुडो करूंक लावपाची किमया पर्रीकारान फाटले वेंचणुकेक केल्ली. दक्षिण मतदार संघांत मोठ्या प्रमाणांत क्रिस्तांव मतदार आसा. हांचीं मतां निर्णायक आसात. म्हणटच इगर्जेचो हो फतवो ह्या मतदारांनी गांभिर्यान घेतलो जाल्यार भाजपाक ताचें मोठें लुकसाण जावं येता. ल्हार थंय परिणाम करता. पूण गोंयांत 'आप'च्या दोनूय उमेदवारांक आनी त्या पक्षाच्या फुडाऱ्यांक तसो कोणूच वळखना. उमेदवार आनी पक्ष फुडाऱ्यांचो लोकसंपर्क ना. तरी लेगीत मतदान यंत्रावेलो 'हातुंतलो एकलोय न्हय' हो बटन दामचे परस 'आप' वाल्यांक मत दिवया अशें चिंतून मतदान करपी गोंयांत काँग्रेस आनी भाजपाचेर उबगल्ले लोक आसात. हे लोक नाय म्हळ्यार नदरेक भरपा सारके आसात आनी ताणीं जर आपवाल्यांक मतां दिलीं जाल्यार ताचो भाजपच्या उमेदवारांचेर परिणाम जातलो. पूण खरें झुंज जावपाचें आसा तें भाजप आनी काँग्रेस हांचे मदींच.

भाजप आनी काँग्रेस ह्या दोनूय पक्षांनी आपले उमेदवार जाहीर केल्यात. भाजपचे दोनूय मतदारसंघातले उमेदवार आदींच निश्चित जाल्ले आनी स म्हयन्यांआदीं सावन ताणीं अधिकृत प्रचार सुरूय केल्लो म्हळ्यार जाता. दक्षिण गोंयांत रेजिनाल्डाक उमेदवारी दिल्या म्हुण सार्दीन, चर्चिल आनी मॉवीन खुवळ्ळ्यात आनी पक्षा आड वावुरपाची ताणीं धमकी दिल्या. उत्तरेक आपूण काँग्रेसीक तेंको दितलों अशें दक्षिणेक काँग्रेसची उमेदवारी मेळूंक नाशिल्लो सार्दीन सांगता आनी आपल्या पुताक दक्षीणेक अपक्ष म्हुण उबो करता. चर्चिल काँग्रेस पक्ष सोडून तृणमुल काँग्रेसची उमेदवारी भरता. ताका ते पासत पर्रीकारान मुखार काडला म्हणपाचें आज लोक उलयतात. काँग्रेसीक काबार करतलों अशें आयज चर्चिल गोंयभर आड्डी मारीत सांगता. 'तुमी जाय तें करात आमकां पर्वा ना. पक्षा आड वावुरश्यात जाल्यार आमी कारवाय करतले' अशें सांगपाची धमक काँग्रेस पक्षाकडेन ना आनी हे बंड करपी लोक असले धपकावणेक भिवपीय न्हय. तरी लेगीत ह्या म्हा झुजांत अपक्ष उमेदवार आनी हेर पक्षाचे उमेदवार कोणाचीं मतां फोडटात ताचेर दक्षिण गोंयांतलो जैतिवंत थारतलो.

उत्तर गोंयांतलो उमेदवार आनी सद्याचो खासदार श्रीपाद नायक फाटले तीन खेपो वेंचून आयला. श्रीपादभाऊ बरो, सभ्य, मवाळ अशें ताच्या पक्षांतले लोक उलयताच आनी विरोधकूय उलयतात. पूण खासदार म्हुण फाटलीं पंदरा वर्सां श्रीपाद नायकान कांयच करूंक ना आनी ताचो प्रभावूय पडना अशें सगळेच उलयतात. पूण ही वेंचणूक ह्या पक्षाची प्रतिश्ठेची जाल्ल्यान प्रभाव पडना आसलो तरी भाऊच वेंचून येवपाक जाय अशें पक्षाक दिसता आनी ते पासत सगली ताकत वापरून भाजप वावुरतलो. श्रीपादभाऊ आड उबो आसा काँग्रेसचो रवीभाई. रवीभाईय श्रीपादभाऊवरींच भंडारी समाजाचो फुडारी. फाटलीं १६ वर्सां उत्तर मतदार संघांत काँग्रेसचो वावर ना. राष्ट्रवादी काँग्रेस आनी काँग्रेस हांची राष्ट्रीय युती आशिल्ल्यान उत्तर मतदार संघ देवाक सोडिल्लेवरी राष्ट्रवादी काँग्रेसीक सोडिल्लो आनी ह्या पक्षाच्या उमेदवारांनी जिकपा पासत कसलोच केन्ना प्रयत्न केलोना आनी युती धर्म पाळपाचे नदरेन काँग्रेस पक्षानीय केन्ना तांकां मजत केली ना. तेच पासत फाटलीं १५/१६ वर्सां लोकसभे खातीर 'हात' खंयच हाललोना. तो आतां रवीभाई धुवन पुसून तयार करपाचो आसा.



काँग्रेस जाहीरनाम्याचें खाशेलेपण

राहुल गांधी देशांतल्या विंगड विंगड वाठारांत भोंवताना थंयच्या लोकांक समजून घेतालो. तांचेकडेन भासाभास करतालो. हे चर्चेंत लोकांनी आपल्यो अपेक्षा उक्तायतना कांय सुचोवण्योय केल्ल्यो. लोकांच्या ह्या अपेक्षांचो आनी सुचोवण्यांचो आसपाव ताणें वेंचणूक जाहीरनाम्यांत केला. गरिबी पयस करतले, १० कोटी लोकांक रोजगार दितले, अर्थवेवस्ता नेटान वाडोवपाक म्हत्व दितले, सगल्यांक पेन्शन दितले, बेकारी ना करतले, भलायकेच्यो सुविधा सगल्यांक दितले, २० वर्सां एकाच घरांत भाड्यान रावल्यार त्या घराचे मालकी हक्क बिराडकारांक दितले, खासगी क्षेत्रांत आरक्षण, अन्न सुरक्षेवरींच भलायकी सुरक्षा, अपंगुळांक आनी ज्येश्ठ नागरिकांक निवृत्ती वेतन, शारांतल्या खोपींचे सुवातेर २०१७ मेरेन पक्की घरां जातलीं, १० लाख लोकसंख्या आशिल्ल्या शारांनीं हायस्पीड ट्रेन अशा येवजण्यांचो ह्या जाहिरनाम्यांत आसपाव आसा!

रवी नायक आनी श्रीपाद नायक हे दोनूय भंडारी समाजाचे फुडारी अशें भंडारी समाज मानता. हे आदीं भंडारी समाजाच्या ह्या फुडाऱ्यांमदीं केन्नाच थेट लडाय जावंक ना. हेच खेपे श्रीपादा आड रवी अशी लडाय जाता. उत्तर मतदारसंघांत भंडारी समाज मोठ्या प्रमाणांत आसा. फाटल्या तिनूय वेंचणुकांत कोणाक मत मारचें हो प्रस्न ह्या समाजाक पडूंक नाशिल्लो. आयज रवीभाई काय श्रीपादभाऊ हो प्रस्न तांचे मुखार आसा आनी ताका लागून मत विभागणी ही जातलीच. कोणाचें दालें जड तेंच हे वेंचणुकेक थारतलें.

श्रीपाद नायक हे आदीं भाजप सरकार केंद्रांत आसतना राज्यमंत्री आशिल्लो. पूण श्रीपाद हो मवाळ सभावाचो. ताका प्रभाव पाडपाचो गूण ना. ते पासत ताका जीं खातीं दिल्लीं तीं पर्थून पर्थून बदलताले. मंत्री आसतना श्रीपाद नायकान गोंयच्या खूब तरनाट्यांक नोकरेक लावं येतालें. पूण ताचो होच मवाळ सभाव ताका नडलो आनी गोंयच्या ताच्या मतदारांचें ताणें व्हड लुकसाण केलें. श्रीपादाक तरी आसतना उत्तरेकडची उमेदवारी पक्ष दितालो तो भंडारी समाजाक खूश करूंक. श्रीपाद नायक दिल्लीच्या राजकारणाक उबगला. फाटले विधानसभा वेंचणुकेक श्रीपाद विधानसभा वेंचणुकेक रावंक पळयतालो. पर्वरी मतदारसंघ ताणें वेंचिल्लो. पूण मनोहर पर्रीकाराक तो ना आशिल्लो. तो वेंचून आयल्यार आप मुख्यमंत्री पद ताच्या गळ्यांत घालचें पडटलें ताका खबर आशिल्लें. म्हणटकच श्रीपादभा दिल्ली आसा तेंच मनोहरभाईक फायद्या आशिल्लें. पूण आतां ह्या भाऊक गोंयांत बसोव पासत काँग्रेस पक्षान खेळी खेळ्ळ्या कर्नाटकांतलो एक मतदारसंघ राष्ट्रवादीक दि उडयला आनी ताचे बदला उत्तर गोंयच मतदारसंघ घेतला आनी एका भंडाऱ्या आ दुसऱ्या भंडाऱ्याक उबो केला. भाऊ आड भा अशी लडाय सुरू केल्या. आतां प्रस्न आस भंडारी समाजाचो. तांकां भाऊ काय भाई चिंतपाचें आसा. भाऊन पंदरा वर्सां कि कालयलां तें मतदारांक खबर आसा. भाऊ परस भाई उजवो आसा. ताचो लोकसंग्रह प्रचंड आसा भाऊ परस भाई कडेन धडाडी आसा. भाऊव उबगल्ले मतदार भाईक मतां मारतलेच. तेच भायर भाजपान माध्यम प्रस्नावेल्यान देशी भाश प्रेमींचो विस्वासघात केला अशी भावन लोकांमदीं ताजी आसा. मनोहर पर्रीकारान वेंचणुकेवेळार आश्वासन दिवनूय वेंचून आयल्य उप्रांत नेगार गेला हें मतदारांक कळ्ळां. ते भायर माध्यप्रस्ना खातीर झुजपी तरनाट्यांनी भाजपाक बुध्द शिकयतले म्हणपाचें जाहीर केलां. पर्रीकारान आपूण तुमकां भीक घालीना अशेंय जाहीर म्हणलां. तरनाटे तेमाक पेटल्यात. ते भायर उत्तर गोंयांत भोव संख्येन हिन्दू भोवजन समाज आशिल्ल्यान आनी ते देशी भाशांचो संबंद संस्कृतायेकडेन आनी धर्माकडेन लायतात देखून पर्रीकारान केल्ल्या विस्वासघाताचें पानवळ ताका भाजपाचो उमेदवार आपटून भोगोवपाचे आसात. म्हणटकच श्रीपादभाऊची दिल्ली वचून ताच्या नशिबांत गोंयची गल्ली आयल्या हें निश्चित.

■

– दिलीप बोरकार
आगशी – गोंय.
मो. : ९८२२१३६८८५

- नं. ध. बोरकार

हांव बरो मनीस केन्नाच ज्ञावंक शकना

बरो मनीस म्हणल्यार हांसत्या तोंडाचो, थंड सभावाचो, ल्हानविकायेचो, गोड उतरांचो, शेजाऱ्यापाजाऱ्यांकडें बरे भशेन वागपी, तांकां कितें जाय-नाका तें पळोवपी, तांच्या बऱ्या-वायटाची चवकशी करपी. वाटेवेल्यान येता-वतासतना 'गुडमोर्निंग' ना तर 'देव बरो दीस दिवं' अशें बी म्हणपी.

हातुंतल्यो खूबशो गजाली करप म्हज्या हातांत आसा. हांव त्यो करतांय बी. मुजरत न्हय, संद मेळटा तेन्ना. ताकाच लागून कांय जाणांकडें गट्टी जमोवन आसां.

तरी चडशा लोकांकडें म्हजें जमना. कारण हांव तांकां जाय तसो वागलों जाल्यार तांकां बरें दिसतलें, पूण तांकां आनी म्हाकाय बी वायटाक पडटलें, हाची म्हाका पुराय खात्री आसता आनी म्हजें खंयी पावूं, हेरांक वायटाक पडटा तसलें काम करप, हाका हांव व्हड पाप समजतां.

म्हजो एक शेजारी आशिल्लो. मरून पांच-स वर्सां जालीं. बायल हांतरुणार पडून आसा. पूत पोटापुरतें कमायता.

म्हजो शेजारी सज्जन मनीस आशिल्लो. म्हाका खूब मानतालो. ल्हानग्या पुताक घेवन घोव-बायल मुंबय आसतना घर म्हज्या ताब्यांत आसतालें. कसल्याय कामाक मजत लागल्यार ती म्हजे कडल्यान घेतालो. म्हजो सल्लो घेतल्या बगर कसलेंच काम हातांत घेनासलो. हांवूय ताचेकडें मानान आनी नमळतायेन वागतालों.

अशें आसलें तरी बऱ्या मनशाकडें आसूंक जाय तसो प्रमाणीकपणा ताच्यांत म्हाका दिसनासलो. पूण तो ताचो प्रस्न आशिल्लो. म्हजो न्हय. हांव म्हजे वाटेन चलतालों, तो आपले वाटेन.

ह्या जगांत मनीस कितलोय बरो वागलो, तरी केन्ना ना केन्ना, कसलीं ना कसलीं ताचे वाटेर आडमेळीं येतातच. हे पासत मनशाक सदांच सादूर रावचो पडटा.

म्हज्या शेजाऱ्याक आतां इल्लें चडच म्हातारपण आयिल्लें. पूत जोडी खातीर भायले देसांत गेल्लो. घरांत दोगांय म्हातारीं एकटीं आशिल्लीं. तांकां कोणाचोय तरी आदार जाय आशिल्लो.

एकदीस अकस्मात दोन तरणाटे, आमोरेचो वेळ सादून, शेजाऱ्यागेर भितर सरले. तरणाटे देखणे आनी देशेंत आशिल्ले. तांच्या तोंडांतल्यान म्होंव गळटालें. वेऱ्यावेल्यान नमळताय तेंवताली. शांत सभावांच्या तरणाट्यांक उणीच एक रात तरी रावपाक सुवात जाय आशिल्ली. तांणी बोल्सांतली पांचवी नोट म्हाताऱ्यां मुखार नाचयली.

म्हातारीं नोट पळोवन भुल्लुसलीं. तांणीं तरणाट्यांक मायेमोगान एके राती पुरतो आसरो दिलो.

दुसरे दिसा तरणाटे सक्काळीं उठले. चार लोकांक पावता तितले, पदेराकडल्यान पांव घेतले. तांच्या बॅगांत चाये सामान आशिल्लें. तरणाट्यांनी च्या करून म्हाताऱ्यांक पिवयली. म्हातारीं खूश!

म्हाताऱ्यांची खुशालकाय पळेवन तरणाटे दोब्राद खूश जाले. तांणीं म्हाताऱ्यांक सांगलें की ते दनपारचें जेवण तांच्या सांगातान करतले. रांदपाचें कामय तेच करतले. रांदपाचें काम ते बेसबरे जाणांत. तांणीं म्हाताऱ्यांक हेंय सांगलें, दनपारां जेवल्या उपरांत ते घर सोडून वतले.

दोगूय तरणाटे बाजारांत गेले. नुस्तेंपास्तें, वेर्दूरबिर्दूर भरपूर हाडलें. सुवादीक जेवण करून म्हाताऱ्यांक घालें.

म्हातारीं असलें रुच्चीक जेवण जल्माक जेवंक नासलीं. इतलो मोगूय तांकां कोणें दिवंक नासलो. तांकां दिसलें. तरणाट्यांकडल्यान जर

इतलें सगळें मेळटा, तर रावनात बाबडे थोडो तेंप!

म्हाताऱ्यांनी तरणाट्यांक म्हणलें, ''बाबांनो, तुमकां सुवातेची गरज आसा. आनी आमचेकडेन एक कूड रिकामी आसा. भांगरा सारके भुरगे तुमी. रावात थोडो तेंप आमगेर. आमकांय जाग जातली.

कुड्डो मागता एक दोळो, आनी देव दिता दोन, तसली भास तरणाट्यांची जाली. दोगांनीय म्हाताऱ्यांचे पांय धरले. पांयांचेर दोन दुकांय गळयलीं. दोगूय म्हाताऱ्यांचे पूत जावन रावले. आमकांय आनीक दोन बरे शेजारी मेळ्ळे. म्हज्या भुरग्यांचेय बरे इश्ट जाले. आमकां सगळ्यांक तांणीं ओड लायली. सगळ्यांक जाय-जायशे दिसूंक लागले.

दोनूय तरणाटे आतां सकाळीं-सकाळीं घराभायर पडून रातचे, म्हणल्यार आमोरेचेर घरा येवंक लागले. खंय वताले देवाक खबर! भायर वतना म्हाताऱ्यांच्या जेवणाची वेवस्था करून वताले.

एक दीस दोग मनीस म्हजेकडें आयले. त्या दोनूय तरणाट्यांची चवकशी करूंक लागले. खंयच्याय तरी अर्थीक आस्थापनाचे मनीस आशिल्ले ते. आस्थापन तरणाट्यांचेर दुडवांची व्हड जापसालदारकी सोपोवंक सोदताले. ताका लागून ह्या तरणाट्यांची पुराय म्हायती तांकां जापसालदार मनशांकडल्यान जाय आशिल्ली. हांवें तरणाट्यांविशींची बरी म्हायती त्या अधिकाऱ्यांक दिली.

हे गजालीक आतां खूब दीस जाल्ले. एक दीस शेजारी म्हज्या म्हऱ्यांत आयलो. म्हणूंक लागलो, ''सोर, आमजेर ते दोगजाण भुरगे रावनाय तेहां हूय इल्ली दुडवां चोड गोरोज आहा. कित कोरया? भुरगे एकदम बोरे.''

''भुरगे आसत गा कितलेय बरे. पूण तुजेकडें आसा मगा दुडू तांकां दिवंक?'' हांवें प्रस्न केलो.

''मुकोडें हुंयचे आसतोले? ते बांकाकोडल्यान रीण घेवंक सोदताय आनी म्हूक फियादोर राब येशें म्हुण्टा. कित केल्यार बोरें?''

''बँकेक तूं फियादोर चलता खंय?'' हांवें शंका उक्तायली.

''ते म्हुगे घोर घाणाक दवर म्हुण्टाय.'' म्हाका कच्च जालें. शेजारी म्हजो सल्लो घेवंक आयला. ताका कायदेशीर आनी बरो सल्लो दिवप म्हजी लागणूक. हांवें ताका न्हयकार दिवंक सांगलें. वांगडा हेंय सांगूंक लायलें की पूत भायर आशिल्ल्यान, ताका विचारले बगर घरा बाबतींत आपूण निर्णय घेवंक शकना.

हांवें जर ताका सल्लो दिवंनाशिल्लो, तर म्हजो शेजारी एक तर उबंत पडटलो आशिल्लो, ना तर कोर्टकचेऱ्यो करतां-करतां मरून वचपाचो.

कांय दिसांनीं पेपरांनी बातमी आयली, अमक्या गांवांत, एका आस्थापनाक फसोवन दोन तरणाटे आठ लाख रुपये घेवन पळून गेले.

हेच आशिल्ले ते म्हज्या शेजाऱ्यागेर रावपी दोन तरणाटे!

कोणूय म्हणटलो, घडून गेल्ले घडणुकेचो आनी म्हज्या वैयक्तीक बऱ्या-वायटाचो कितें संबंद आसा?

आमी कुटुंबा खातीर, समाजा खातीर जेन्ना कितेंय बरें करतात तेन्ना आमचो कितेंय तरी हेत आसताच. बरें केल्ल्याचें फळ बरेंच मेळचें अशें आमकां दिसता.

म्हजो शेजारी आतां ह्या संवसारांत ना. ताच्या बऱ्या उतरांक लागून म्हज्या आनी ताच्या घराब्याचें बरें जमतालें. कितेंय चुकून वायट घडलें जाल्यार झगड्यांचेर केन्नाच व्हेलेंना.

आतां म्हजो शेजारी सोंपलो आनी ताचो पूत भायर सावन घरा आयलो.

शेजाऱ्यांलो पूत इल्लो सुवार्थी. पडटा थंय ओडटा तसलो. रजांव-बिजांव कळना तसलो.

म्हजी घरकान्न मात्सी सादीभोळी. शेजारधर्म पाळपी. शिजलें-करपल्लें मायेमोगान, फाटल्या दागांतल्यान इल्लें लागसारच्या शेजाऱ्यांगेर पावोवपी.

शेजाऱ्याल्या पुताक, म्हजे घरकान्नीलें हुमण चड आवडटालें. 'शेजान्नीली 'कोडी' एकदोम बोरी जाता' अशें म्हणून सदांच तो चुकनासतना आयदण घेवन मागीलदारांत हाजीर रावतालो.

म्हजे घरकान्नीचे दिश्टीन हें अती जाल्लें. एकदां दोनदां शेजाऱ्याक हुमण दिवप तिका परवडपा सारकें आशिल्लें, पूण सदां न्हय. तिणें शेजाऱ्याल्या पुताक सरळ सांगलें, हे फुडें कडी मेळी न शेजाऱ्याल्या पुताक आनी ताचे आवयक इतलें निमित्त पुरो जालें. हे फुडें 'टेस्टी' कोडी मेवो जाल्यार शेजाऱ्यां कित्याक जायीं?

शेजारीं आवय-पूत म्हजे घरकान्नीचेर राग जालींच. ते भायर हेर शेजाऱ्यांकडेंय दुस्मानक - चड करून, म्हजे घरकान्नीची - वाडर म्हुण चाडयो आनी नसत्यो कागाळ्यो करपाचे धंदो सुरू केलो.

शेजऱ्यांल्या उचापतींनी म्हजे घरकान्नी आनी पर्यायान म्हजें, व्हडलेंशें कांयच लुकसा जालेंना. पूण घरकान्न मात तांचेर नदर पडनाफु बेजार जावंक लागली आनी कित्याक जावं न्हय तिणें बेजार? इतलें सगळें बरें करूनूय त एका क्षुल्लक कारणाक लागून बदलतात, मनां वायट धरून रावतात? तेंय हुमण मेळपाचें बं जालें म्हणून?

एकामेकांक अडि-अडचणीक पावप ह मनशाचो खरेलो धर्म आसता. म्हाकाय कोणाकू मजत करीनशी दिसता आनी करतांय बी. पूण याद धरून बसना.

पूण आतां मात म्हजें मन इल्लें अस्वस्थ जालें. हो शेजारी मुंबय आसतना ताच्या घराची देखरेख हांवें केली. ते भायर घर घाणाक कशे पडटलें आशिल्लें तें हांवें वयर बरयलांच, इतलेंच न्हय, शेजाऱ्यालो पूत गल्फांत आसतना, आठ-आठ दिसांनी तो आवय-बापायक फोन करतालो. तांगेर फोन नाशिल्ल्यान, रातीच्य बारा-एकाक फोनाची वाट पळेत आमगेर येवन बसतालीं. हें म्हज्या भुरग्यांक त्रासदिणें आसतालें तरी सगळें सोंसून, शेजारधर्म पाळपा खातीर आमी ओग्गी बसतालीं!

अशें जरी आसलें, तरी हांव सामकोच फात नाशिल्लों. आमी शेजाऱ्यांचेर केल्ल्या उपकारांचो ताणीं इल्लो तरी धेंक धरचो, अशी आमची अपेक्षा आशिल्लीच. अशें जेन्ना घडलें ना, तेन्नाच म्हज्या आनी म्हजे घरकान्नीच्या वांट्याक निर्शेवणी आयली.

आयज म्हजो शेजारी म्हजो दुस्मान जावन शेजराक वावुरतालो. ताका जर म्हजे घरकान्नीन हुमण दिवपाचें चालूच दवरिल्लें, तर तो घडये आमचो गुलामूय जावन रावतलो आशिल्लो.

असलो आशेचो मनीस केन्ना कोणाचो इश्ट आनी कोणाचो दुस्मान जायत हाचो नेम नासता.

कांय लोक समाजाकडल्यान कितलीय बुध्द शिकले, तरी आपलें बरेपण कडासेक खोवन समाजांत वावरूं शकनात. हांवूंय तातुंतलोच एक.

हांव स्वताक बरो म्हणून घेवन पातकाचो धनी जावंक सोदिना. पूण म्हज्या जिवितांत जे प्रसंग घडल्यात, ते वाचप्यां मुखार दवरपाचो हो एक प्रयत्न. हाचे वेल्यान हांव बरो काय वायट तें वाचप्यांनी थारावपाचें.

म्हजे यादी प्रमाण १९७०तलो प्रसंग. एके बँकेंतल्या कर्मचाऱ्याकडें म्हजी इश्टागत जाली. आमी दोगूय हातांत हात घालून भोंवूंक लागले. हांव हॉटेलांत च्या बी पिवपी न्हय. पूण इश्ट आग्रो करता म्हुण आत्रेपयऱ्यान म्हज्याच खर्चान हॉटेलांत वचून च्या पिवंक लागले. जायते फावट सिनेमाकूय गेले. आमची इश्टागत घट्ट जाली.

म्हज्या इश्टाक म्हजे इश्टागतीचो लाव घेवपाची आयतीच संद मेळळी. जालें अशें –

म्हज्या इश्टाचो आनीक एक इश्ट आशिल्लो. गोमंतक मराठा समाजांतलो. ताचो मोग एके भटणीकडे जालो. मोग इतलो घट्ट जालो, की लग्नाशिवाय दुसरो पर्याय उरलो ना.

न्हवरो-व्हंकल लग्नाक तयार. पूण दोगांयच्याय घरच्यांचो लग्नाक विरोध. न्हवरो शिकला पूण बेकार. व्हंकल बालवाडींत शिकयता. पगारान संवसार चलपा सारको ना. आतां कितें करतलो? लग्न तर जावंकच जाय. पूण मंगळसूत्र करतलो म्हणल्यार न्हवऱ्याकडें दुडू नात.

म्हज्या बँकवाल्या इश्टाक न्हवऱ्याची दया आयली. ताणें एका इश्टाक मजत करपाक दुसऱ्या इश्टाचो, म्हणल्यार म्हजो उपेग करून घेवपाची माण्णी केली.

ताणें आपूण काम करता ते बँकेंतल्यान न्हवऱ्याक दोन हजार रुपये रीण काडून दिवपाचें आश्वासन दिलें.

एक दीस बँकवालो इश्ट म्हज्या म्हऱ्यांत आयलो. ताणें न्हवऱ्याचें दुख्ख तिखट-मीठ लावन, दोळ्यांत अडेचीं दुकां हाडून म्हज्या मुखार मांडलें. वासराक पळोवन गायेक पानो फुट्टा, तसो म्हज्या बँकवाल्या इश्टाच्या दोळ्यांतलीं दुकां पळोवन म्हजे दोळे पाझरले.

हांवें चिंतलें, एक आंतरजातीय विवाह घडटा. राष्ट्रीय प्रस्न आसा. शक्य जाल्यार मजत करची.

''आतां हांवें कितें करपाचें?'' हांवें इश्टाक प्रस्न केलो.

''तूं कांयच करूं नाका. फक्त कागदांचेर सय कर. न्हवऱ्याक दोन हजारांक फियादोर राव. बँकेच्या मॅनेजराचें मत तुजेविशीं बरें आसा. तूं फियादोर रावत जाल्यार लोन रोकडेंच मंजूर जातलें.''

''आरे, पूण न्हवरो गांवांभायलो मरे.''

''पूण तूं गांवांतलो आसा न्हय आनी हांव बँकेंत आसां. तुका सय करपाक भिवपाची कसलीच गरज ना.''

बँकमॅनेजरान दोन हजार रुपयांचें कर्ज मंजूर केलें. तेंय म्हज्या तोंडाक पळोवन. १९७०तले दोन हजार म्हणल्यार आतांचे उणेच सव्वा लाख रुपये.

न्हवरो दुडू घेवन गेलो. लग्न जालो. भुरगेंय जालें. पूण बँकेचे हफ्ते भरप ना. नोटीशेर नोटीसो येवंक लागल्यो. मॅनेजर मेळत थंय म्हाका हफ्त्यांची याद करूंक लागलो. म्हज्यांतल्या बरेपणान म्हजो सुखांतलो जीव दुख्खांत उडयल्लो.

म्हज्या पगारांतले पयशे कापून घेवपाची तयारी चलताली. इतल्यान मॅनेजराक म्हजी दया आयली. एक दीस तो मुजरत म्हज्या घरा आयलो. म्हणूंक लागलो, ''बोरकार, हांव जाणां, आमचे बँकेंतल्या एका कर्मचाऱ्यान तुका त्रासांत घाला. एका वळखपाळख नाशिल्ल्या पयसुल्ल्या मनशाक ताणें तुका फियादोर रावंक सांगलें. तूं ही गजाल हेडऑफिसाक कळय. हांव तुका ह्या कामाक मजत करतां. हो कर्मचारी जाका तूं इश्ट मानता – आनी थोड्या दिसांनी ट्रांसफर जावन वचपाचो आसा. तेन्ना तूं आतांच शिटूक जा.''

इतलें सांगल्या उपरांत मॅनेजरान आपल्या त्या कर्मचाऱ्याक आफोवन घेतलो. हांव ताच्या आड हेड ऑफिसाक कागाळ करूंक सोदतां म्हणपाची गजाल ताच्या कानार घाली.

हें आयकनाफुडें म्हज्या इश्टाची पॅण्ट खिणांत ओली जाली. म्हाका घेवन दुसरे दिसा आपल्या इश्टाचे बायले म्हऱ्यांत गेलो. घोवान घेतिल्ल्या रिणाची पुराय गजाल तिच्या कानार घाली. म्हजीय तिका वळख करून दिली आनी सांगलें की हांव तिच्या घोवाक फियादोर रावलां. हप्ते फारीक जायनांत म्हुण म्हज्या पगारांतल्यान बँक पयशे वसूल करून घेतली.

बायल समजीकायेची आशिल्ली. आपल्या घोवान एका सज्जनाक फटयल्ल्याची जाणविकाय तिका जाली. रडकुऱ्या चेऱ्यान तिणें म्हजेर नदर मारली. म्हजे पांयां पडली आनी घोवाचे वतीन म्हजी माफी मागली. प्रत्येक म्हयन्यांत हप्तो धाडून दिवपाचें हमिपत्र तिणें बँकेक बरोवन दिलें आनी म्हाका मेकळो केलो.

वयल्या प्रसंगांनी तरी हांव शाणो जावपाचों! पूण ना. स्वस्थ बसप म्हाका केन्नाच जमलें ना. मनांत नासून लेगीत वगतार कसलेंय तरी बरें काम करपाची प्रेरणा म्हाका कोण तरी दीत आसता आनी म्हज्यान तें करिनासतना रावंक जायना.

शेतकार म्हणल्यार म्हाका देव! देशाचो तो अन्नदातो. ताणें घाम गाळून अन्न पिकयल्यारच संवसारार आमचीं शाणेपणां चलपाचीं. ताका लागून शेतकाराचेर कसलेंय संकश्ट आयल्यार ताचे मजतीक नागरीकांनी धांवपाचें, अशें म्हजें मत्त.

एका शेतकारान पळेलें, म्हजी बँकेच्या मॅनेजराकडें बरी वळख आसा. हे वळखीचो लाव घेवन शेताच्या नांवान थोडें रीण मेळटा जाल्यार पळोवया.

शेतकार बँकेच्या मॅनेजराकडें वचून उलयलो. फियादोर म्हणून म्हजें नांव सांगलें. तेंय म्हाका विचारी नासतना.

मॅनेजरान कांकूं करिनासतना शेतकाराक एक हजार रुपये मंजूर केले आनी कागदांचेर सय करपाक म्हाका हाडपाक सांगलें.

ह्या शेतकाराची आनी म्हजी व्हडलीशी वळख नाशिल्ली. हां, एक मात खरें, आमी दोगूय एका गांवांत रावताले. वाटेर खंयी दोडले जाल्यार एकामेकाक हात हालोवन दांत दाखयताले. केन्ना केन्नाय ताणें म्हाका 'बाँ मरे' म्हणून फुडें वच्चें. इतले पुरतीच आमची वळख. एकामेकांकडें सलगी करपा सारकें केन्ना कांयच घडूंक नासलें.

तरी मॅनेजराकडें उलोवन जातकीर तो म्हाका सोदीत म्हज्या म्हऱ्यांत आयलो. तो जमानो काश्टेकारांचो आशिल्लो. चडशे शेतकार काश्टी मारून भोंवताले त्या तेंपार. गोंय सोतंत्र जालें तरी शेतकारांनी, रेंदेरांनी, खारव्यांनी बी काश्ट्यो मारपाचें सोडूंक नाशिल्लें.

तरी हो शेतकार हेरां परस मात्सो सुदारिल्लो आशिल्लो. सुदारिल्लो म्हणचे परस 'पोब्रफिदाल्ग' म्हणपाचो. एका दोळ्यान कुड्डो. मोटव्या काल्सांवाचेर फेर्राद खोमीस घालून गांवांत भोंवपी. तोंडांत सदांच चड करून मागून घेतिल्लें शिगार! ताच्या ताब्यांत एक शेत आसा म्हुण तो शेतकार, ना तर एलेमपेड्डेर. ही गजाल म्हाका ताचेकडें वेव्हार करतकच खूब उसरां कळ्ळी.

''सोर, मात्सो राव पळोवया. माजें तुजेकोडें एक ल्हानशें काम आसा.'' हांव रावलों. ताणें म्हज्या खांदार हात घालून कोण ना थंय व्हेलो. हांगा-थंय पळोवन हळूच कानाक लागलो - ''सोर, मीर्ग लागीं पावलो... माजें शेत रोवपाचें उरता. तें रोयतलो जाल्यार एका हजाराची गरज आसा. हांव तुजेकोडें मागना सोर. बँक दिवंक तयार आसा. तूं फोकोत कागदांचेर आशिनात कोर...''

''तें बरें आसा. पूण म्हजी सय चलता काय ना तें पळोवंक नाका?'' हांवें म्हजी चिंता उक्तायली.

''चोलता सोर. हांव मॅनेजराकोडें उलयलां. तेंणें सांगलां, आशिनात कोरूंक तुका घेवन यो म्होणोन.''

''अच्छा! म्हणचे म्हाका विचारले बगर तूं मॅनेजराकडें उलयलो?'' हांवें अजापान प्रस्न केलो.

''तूं म्हाका ना म्हणचोना, हेची म्हाका खात्री आसली सोर.'' शेतकारान माथ्यें खरपीत जाप दिली.

ताच्या उलोवण्यावेल्यान आनी झेतावेल्यान शेतकार म्हाका वेगळोच लागलो. तरी तागेलें शेत रोवपाचें उरचें न्हय म्हणून एका हजाराक फियादोर रावपाक हांव तयार जालों.

शेतकारान रीण घेतलें. शेत रोयलें. ह वेळार फारीक करीत रावलो. खंयीं मेळ जाल्यार, आदले परस म्हाका चडच आतेस दिवंक लागलो. म्हाकांय दिसलें, जावं सायब उपकार मानपी लोक अजून आसात ह संवसारांत.

म्हज्या ह्या विधानाक फुडें आनी बळक मेळ्ळी. आतां दिवाळी लागीं आयिल्ली. ए दीस शेतकार हातांत पिसवी घेवन घराक आयलो. कितें आशिल्लें ते पिशवेंत? सुम पायलीभर फोव.

शेतकारान हो वेळ मेरेन बँकेचें रीण फारी केल्लें. फोवांमदें पवित्रताय घमघमताली दुभावाक वाव नाशिल्लो. दिवाळे दिसा आवय आनी घरकान्नीन सगळे तरेचे रुच्चीक फो केले. 'फोवदाता सुखी भव' म्हणून वाना कांडिल्ल्या घराव्या फोवांनीं, व्हडा दबाजा दिवाळी मनयली.

आतां व्हडली दिवाळी आयली. तुळशीच लग्न जालें. शेतकारान आपले धुवेचेंय लग करपाचें थारायलें.

एक दीस शेतकार म्हज्या भुरग्यांचो माम जावन म्हाका मेळूंक आयलो. येतना भुरग्यांव पिपिरमिटां हाडूंक विसरलो ना. खरेल्या मामान आपल्या भाचरांक केन्नाच एक पिपिरमीट हाडू दिलें ना. तेन्ना हो नवो मामा परत-परत येवंचो अशें भुरग्यांक दिसूंक लागलें.

म्हजी घरकान्नूय शेतकाराचेर खूश आशिल्ली. दिवाळेचे गांवठी फोव तिच्या मुखा हांसताले.

भुरगीं आनी घरकान्न शेतकाराचेर खूश आसतना हांव कित्याक कपलाक मिरयो घालूं हांवें शेतकाराक हुनहुनीत येवकार दिलो. ताच्य घरच्यांची चवकशी केली. ताणें दिवाळेक मुजरत दिल्ल्या फोवांची हांवें तोखणाय केली.

शेतकार फुल्लो. ह्याच वातावरणान आपल्य मनांतलें उलोवन दाखोवपाची संद ताक आयतीच मेळ्ळी.

''सोर, तुयें रीण काडून दिल्ल्यान म्हागेली दिवाळी बरी गेली. चार भातागोटे घरांत येवन पडले आनी भुरग्यां ताळ्यार पेजे निवोळ पडलो. देव तुजें बरें कोरूं.''

शेतकारान म्हजे उपकार मानले. मनीस प्रामाणीक दिसलो, बरें दिसलें.

''सोर, आनी एक उपकार कोर म्हाजेर.'' शेतकारान माथ्यें खरपीत म्हणलें.

''आनी-आनी कसले उपकार?''

''सोर, तुळशी लग्न जाल्या उपरांत, व्हडले धुयेचें लग्न करचेलो इचार आसा. पूण खर्चाक दुडू जाय न्हू? रीण काडल्या बगर आमच्या असल्या गरिबांचीं लग्नांकार्यां जावचेलीं आहा केन्ना?''

''समजलें म्हाका. कितलें रीण काडूंक सोदता?''

''तीन हजार सोर.''

''तीन हजार चड जावंचे ना रे!''

''लग्नाक तितले तरी जायच न्हू सोर.''

शेतकारान आमच्या कुटुंबाकडें सलगी केल्ली. ते भायर एकदां बँकेकडल्यान काडिल्लें रीण रोखडेंच फारीक केल्लें. दुसऱ्या रिणाक ना कशें म्हणटलों?

शेतकारान बँकेकडल्यान तीन हजार रुपये घेतले. धुवेचें लग्न जालें काय ना देवाक खबर एक-दोन म्हयने वाटेर मेळ्ळ्यार हांसत्या तोंडान 'बाँ मरे' बी म्हणलें.

पूण ते उपरांत मात तो हांव दिसल्यार कूस मारूंक लागलो. म्हज्या लक्षांत आयलें, हीं चिन्नां बरीं दिसनांत. शेतकार म्हाका फटोवंक सोदता. म्हजेकडें इश्टागत जोडून, गोड-गोड उलोवन म्हजे कडल्यान तीन हजार रुपये गडप करपाची ताची माण्णी म्हज्या लक्षांत आयली. कितलेच फावट ताका ताच्या घराकडें मेळूंक गेलों. पूण तो लिपून रावंक लागलो.

एक दीस ताची आनी म्हजी अचकीत गांठ पडली. दिशिल्लें, हो आदले भशेन नमळायेन उलयतलो. पूण म्हजेकडें तो कितेंच उलोवंक तयार जालोना. उलट बैलाभशेन कोरें करून थंयच्यान नाच्च जालो.

हांवें चिंतलें, बँक आतां म्हजेकडल्यान शेतकारालें रीण कोणायभशेन वसूल करतलीच, बँकेचो पूण कसलो गुन्यांव आसा! फियादोर तो पागादोर.

हांवें चिंतलें, म्हाका कितलेंय लुकसान जाल्यार उपकारता, पूण ह्या तड्डकी शेतकारा आड खर कारवाय करतलोंच.

दुसरे दिसा एका आदोवगादाक मेळ्ळों. आदोवगादान शेतकाराक अशीऽ नोटीस धाडली, की ती वाचिनाफुडें शेतकाराची हाफपॅण्ट ओली जावंची!

बँकेचें रीण फारीक जालेंना जाल्यार, शेतकाराच्या घराचेर कायदेशीर जप्ती हाडपाची धमकी आदोवगादान नोटीशेंत दिल्ली.

शेतकार तड्डकी आशिल्लो, पूण पिसो नाशिल्लो. तो म्हज्या म्हऱ्यांत येवचो सोडून, ताणें बँकेच्या मॅनेजराचे पायें धरले.

मॅनेजरान ताका उलोवपाची संदच दिली ना. थकबाकी पयलीं फारीक कर आनी फुडें उलय अशी मॅनेजरान ताका कडक शिटकावणी दिली.

शेतकारान चिंतलें जावंये, बँकमॅनेजर आनी फियादोर एक जाल्यार ते आपल्याक म्हारग पडटलें. शिवाय आदोवगादाले नोटीशेक जाप दिवचीच पडटली अशें कोणेंय तरी बुदवंतान ताका सांगलें.

कटकट नाका म्हुण ताणें आतां बँकेचे हप्ते, नेमान भरपाक सुरुवात केली.

अशें आसलें तरी शेतकाराक मजत करून... हांवें गांवांत आनी एक दुस्मान तयार केलो. 'बाँ मरे' म्हुण हांसपी शेतकार आतां म्हाका पळोवन तोंड काळें करूंक लागलो.

वयल्या देखींनीं हांव बुध्द शिकलों आनी फुडें कोणाचे मजतीक वचपाचे भानगडीक वच्चोना, अशें मात कोणें समजुचें न्हय. ह्या संवसारांत सगळेच मनीस दुश्ट, फटींग, तड्डकी, नाड बी आसात अशें म्हजें मन मानपाक तयार ना. मनीसपणाचेर म्हजो विश्वास आसा आनी मनीसपण म्हाका सोडूंक तयार ना.

एक हरिजन म्हगेर नाल्ल पाडूंक येतालो. धंदो करपाक ताका सरकाराकडल्यान उणे व्याजान रीण मेळटालें. पूण ताका बऱ्या फियादोराची गरज आशिल्ली. हांव फियादोर रावन कितल्याशाच येवजण्याखाला ताका रिणां काडून दिलीं. ताणें ताचो केन्नाच दुरुपेग केलोना.

आयज तो हरिजन ह्या संवसारांत ना. पूण ताचे भुरगे म्हाका विसरूंक नात. मेळिल्ले फावट हांवें केल्ल्या उपकारांची ते याद करून दितात.

म्हजो अणभव म्हाका सांगता, ह्या संवसारांत बरो मनीस म्हुण वावुरतलो जाल्यार कसल्याच अधिकारार रावंक फावना. एकदां मनीस कसलोय अधिकारी जालो रे जालो, ताच्या अवतीं-भोंवतीं लोक मूस कशे धांवन येतात. तातूंत सोयरे-धायरे, इश्टमित्र, शेजारी-पाजारी बी सगळे तरेचे लोक आसतात. तांचें म्हणणे एकूच आसता की तूं आतां मेळटा तें भरपूर खा. तूंय खा आनी आमकांय खावंक दी. तुज्यान जर तशें जायना, जाल्यार तुका एक दीस आमी खोल्ले केल्याबगर कशेच रावचेनात.

तांचें म्हणणें आशिल्लें, आयच्या काळांत भ्रश्टाचार केले बगर खंयचेंच आस्थापन बरेतरेन चलपाचें ना. तेन्ना, एक तर तूं आमच्या म्हणण्या प्रमाण वाग, ना तर सत्तेपसून पयस राव.

म्हाका सल्लो दिवपी थोडेच आशिल्ले, तरी ते राजकारण्यांचे चमचे आशिल्ले. राजकारणी आनी तांचे हे चमचे एकठांय आयले जाल्यार, म्हाका फुडें कशेच सुखांत जगूंक दिवचे नात हाची म्हाका खात्री जाली.

हांवें पदाचो राजिनामो दिलो.

कोण कितेंय म्हणूं, आयच्या काळांत कोणाचेंय बरें करूंक वचत जाल्यार ताचें फळ बरें मेळटलेंच अशें सांगूं नज. बरेपणाचे सुवातेर वायटपण मात ओडून घेवचें पडटा. तरी म्हजे सारकिल्लो फळाची आस धरिनासतना कर्म करीत आसता. कर्म केल्या उपरांत दुस्मानाची संख्या वाडपाची शक्यताय आसुनूय!

केन्नाय दिसता, लोकांमदें बरो जावन वावुरचो. पूण कितें करतलों? लोकांमदें बरो जावन रावतलो जाल्यार लोकांक जाय तसो वागूंक जाय.

तेंच तर म्हजेकडेन जायना!

■

– नं. ध. बोरकार
मास्करेन्यस वाडो, गोवा वेल्हा.
फोन : ०८३२-२२१८१४७

भुतकाळाचे बिदींतल्यान- ४

१९६० ते ७० मेरेनच्या दिसांर परत नदर मारतना...

- रमेश भगवंत वेळुस्का

एक आसली मिठाकण
पिशे आशेन उडल्या
दरया येदी जाता म्हण
धावन दर्यांत बुडल्या

ही कविता१९६०-७० ह्या दसकांतली. पूण हे कवितेचीं पाळां मुळां आमकां दुसऱ्या म्हाझुजाच्या काळांतूच (१९३९ ते १९४५) पळोवपाक मेळटा. ताचो परिणाम जो भारताचेर जाल्लो पळोवंक मेळटा तो १९४७. ते उपरांत भारतांतल्यो सगळ्यो परकी सत्ता वचत गेल्यो. वयल्यो वळी आसात आमच्या मंगळुरच्या इश्ट कविच्यो, भौ.चार्लस फ्रांसीस डि कॉस्टा हांच्या संवेदनशील काळजांतल्यान उन्मळून आयिल्ल्यो. कोंकणी मनशाचे जिणेचें अळणीपण ना करपी ही मिठाकण. ताचे जिणेक सुवाद हाडपी ही मिठाकण. जाचे जिणेंतली भूक पयस जाता तेन्ना त्या समाधानांतल्यान सृजनाक कोंब फुटपाक लागता. हांतल्यान आकाराक येता एक समृद्ध जीण. हे समृद्धतायेची जाणीव कवीक जेन्ना गोंय स्वतंत्र जालें त्या दसकांत जाल्ली आसूंक जाय.

१९६०-७० हें दसक एका सत्तांतर पुर्णतायेचें दसक. हें दसक, एका विश्वसत्तेच्या पराभवाचें दसक, जाल्यार एके नवे विश्वशक्तिच्या जैताचें दसक आसलें. हें दसक नव्या जाणिवांक, नव्या कल्पनांक, नव्या संकल्पनांक आकार दिवपी दसक आसलें. हें दसक एके पोन्ने भाशेच्या कोंकणीच्या पुनरुत्थानाचें आनी तिच्या नवसृजनाच्या भाराचें आसलें. १९६१ त गोंयची सुटका जाली. गोंयच्या गोंयकारांनी तशेंच तमाम भारतीयांनी आपली जीण ज्या गोंयच्या सोडवणुकीखातीर दिली आनी कांय जाणांनी ओंपलीय, ताका अमृतफळां येवपाचें हें दसक. पुर्तुगेज सत्तेन गोंयच्या आनी हिंदु धर्मीयांच्या जिवितांत तमाम बदल घडोवन हाडले. जाका लागून गोंयचें सामाजिक तंत्र हालून गेलें. हें दसक गोंयचे नदरेन आनी भारताचे नदरेंतल्यान अत्यंत म्हत्वाचें. ह्या दसकांत भारतांतली आनी गोंयची पुर्तुगेज सत्ता सोंपली. संवसाराचे नदरेनूय हो एक इतिहासिक खीण. गोंयच्या मनाचेर अनेक प्रकारे दबाव आनी आडमेळीं हाडपी साडेचारशें वर्सांची उल्त्रामारीन सत्ता भारतान खंयचे भूंयभरवण केल्ली. हाका लागून भारतीय राष्ट्रीय सत्तेक परिपूर्णताय आयली. गोंय परकी राजसत्तेखाला आसलेल्यान भारताक अपूर्णताय आसली. अशा दोट्टी उमेदीचें आनी आनंदाचें हे दसक आसलें. पूण हे घटणेची दखल भारतान म्हटल्यार भारत सरकार चलोवपी नेत्यांनी फावो तशी घेतली ना. ह्याच दसकांत गोंयांत शेंकड्यांनी शाळा आकाराक आयल्यो. गिन्यानाच्या स्पर्शान कवकवीत भुरग्यांच्या मनांत फुडाराच्या जैताचे आकाशदिवे मळबाकडें स्पर्धा करपाक लागले. पराधिनतेचो सगळ्या गोंयांवयलो पेज देंवनाफुडें एक आकांताळी शक्त लोकांत संचारताली. कैक वर्सांच्या चेपणाक लागून जो सामाजीक मानाचो मेरुदंड आडवो जायत वयतालो ताका नवी उभारी आयली. ह्या दसकामदी गोंयच्या शरद राव आनी लालू वागळो ह्या दो विद्यार्थ्यांनी पुणे बोर्डाक पयलो येवपाचो विक्रम स्थापीत केलो. पूण जाणी कोंकणी भाशेव आपल्या नवसृजनान नटोवपाचें काम केलें तांतल कांय म्हत्वाचीं नांवां म्हाका याद जातात. ही नांवां कलेच्या मळार आपलीशी खाशेली कुरु सोडपांत यशस्वी जालीं. म्हाकां हांगा फकत हांगा कोंकणीच्या मळार आयिल्ल्या आनी आपल्या सृजनाच्या मालवजार एक नांव, एक कुरु निर्माण करपी कांय साहित्यिक आमका ह्या काळांत मेळ्ळे, तांचे संबंदी विचार करचो आसा. कारण कोंकणी. त्या काळार कोंकणी बरोवपी म्हटल्यार सामके हाताच्या बोटार मेजपी आसले. आनी हे बरोवपी म्हटल्यार शणै गोंयबाब, बयाभाव, शां. वि. कामत, मनोहरबाब सरदेसाय, रवींन्द्रबाब केळेकार, चंद्रकांत केणी, अभिजीत, बाकीबाब, दत्ताराम सुखठणकार, उदय भेंब्रे, नागेश करमली, फा. आ. पेरैरा, फेलिसियु कार्दोज, फा. आल्वारु रेनातू मेंदीश, गजानन रायकार, चा. फ्रा. डिकॉस्टा, फा. लाक्तांसियु आल्मैदा अशीं आनीकूय कांय नांवां आमका मेळटलीं. ह्या लोकांपयलीं इगर्जेच्या वाटारांत कोंकणी जम घेवपाक लागलेली. इगर्जेन ती लोकांक एकठांय करपाक म्हण वापरलेली. ती तांच्या सांस्कृतिक उदरगतीची आनी जिविताचो विकास साधपाक केल्ली भास केन्नाच नासली. आपल्या फायद्या खातीर पुर्तुगेज भाशेचो उपेग ते करताले. आनी खरी धार्मिक भास लातीं आसली. गोंयचें स्वातंत्र्य मेळ्ळ्या उपरांत लेगीत कितलीशींच वर्सां इगर्जेन मिसां आनी लादिनी, लातीं भाशेन जाताल्यो.

आमच्या घराफाटल्यान आसलेल्या खुर्साची लादीन करपाक शेजारच्या गांवांतल्या क्रिस्तावांक आपोवन हाडटाले. कारण आमच्या गांवांत एक्क क्रिस्तांव ना. ते चार पांच लोक लादीन म्हणटाले. खऱ्यांनीच ते कितें म्हणटात तें कळनासलें म्हण हांवें तांतल्या एकट्याक जो मात्सो म्हजे वळखीचो आसलो, ताका विचारलें, ते जें कितें म्हणटाले तें म्हाका कांयच कळनासलें म्हुण. जाल्यार तो म्हाका सांगूंक लागलो की तो कितें म्हणटा, तें ताकाय कळनासलें. आनी हाचें कारण आसलें, तो जे भाशेंत तें म्हणटालो, ती भास आसली लातीं. तो मनीस कांयच शिकूंक नासलो. तसो निरक्षरुच म्हटल्यार जाता. हेच तरेची एक गजाल म्हाकां फेलिसियुबाबानूय सांगलेली. तो म्हणटालो की इगर्जेक लोकांक कोंकणी शिकोंवकूच नाका आसली. ती गजाल जर तांकां पटलेली जाल्यार पाद्री स्टिफन क्रिस्त पुराण मराठींत केन्नाच बरोवंचो नासलो. पुर्तुगेज येवंचे पयलीं गोंयच्या लोकांक आयचेवरीच हेर लोकांची रेडिमेड भास वापरपाची सवंय आसली. गोंयचो कोंकणी मनीस आपल्या धार्मिक वावराखातीर मराठी ग्रंथांचो वापर करतालो. गोंयकारांचे हे वृत्तीचो परिणाम म्हण आनी बाटाबाटी उपरांत इगर्जेन लोकांची सांस्कृतिक आनी मानसीक गरज लक्षांत घेवन, क्रिस्तपुराण मराठींत बरोवन काडलें. कारण त्या काळार बाटलेल्या लोकांक आपल्या मूळ धर्मांतल्या ग्रंथांची याद येवंची न्हय, म्हण केल्लो हो परिणामकारी मानसशास्त्रीय उपाय आसलो. आनी हें बरयतना बरेच कोंकणी उतरावळीचो वापर केला. आनी हातूंत भुंय, वैकुंठ सारकीं उतरांय वापरलीं. बायबलांत स्वर्ग आसा, पूण वैकुंठ खंय आसा? वैकुंठ हें उतर आनी खंयचेच भाशेंतल्या भाशांतरीत बायबलांत ना. तें फकत कोंकणी मनशांखातीर बरयल्ल्या मराठी क्रिस्तपुराणांत (बायबलांत) आसा. हें वैकुंठ प्रकरण ह्या ग्रंथाचेर आसलेलो वैश्णव संप्रदायाचो प्रभाव आसा, हेंच दाखवता. हाचेवयल्यानूच हाचो सारको अभ्यास केल्यार तें इल्लेशें पाद्री स्टिफनाचें आनी चडशें धर्मांतरीत वैश्णव विद्वानांचें आनी वैश्णव भक्तांचें आसा, अशें दिसून येवं येता. काळ आपल्यो कुरवो, पुसून उडोवपाच्या मनशांच्या प्रयत्नां उपरांत लेगीत त्यो दिसून येवं येतात. बदलून घेतलेल्या धर्मांत पुर्वाश्रमींच्या धर्म ग्रंथाचो उणाव दिसचो न्हय म्हण ही रेमेडियल कृती आसली अशें आपलें साशंक मन फेलिसियुबाबान उक्तें केलें. हें सगळें ताणें म्हाका पर्वरी गोवा बोर्डाचेर पाठ्यपुस्तक मंडळाचे वांगडी आसतना सांगलें. आमी खूब फावटीं तेन्ना मेळटाले आनी बोर्डाचे इमारती भायल्या खडपांचेर बसून गजाली करताले. ताचें हेंय म्हणणें आसलें की साठ ते सत्तर हाचे मदलो काळ कोंकणीचे विकासाचे नदरेंतल्यान अत्यंत म्हत्वाचो असो काळ. दामोदर मावजो, मीना काकोडकार, शीला नायक, प्रकाश पाडगांवकार, रमेश भगवंत वेळुस्कार, माधव बोरकार, पुंडलीक नारायण नायक, एन. शिवदास, पुरुषोत्तम सिंगबाळ, काशीनाथ शांबा लोलयेंकार आनी शंकर परुळेकार हीं नांवां खूबूच पेजाद आसात अशें ताचें म्हणणें आसलें. ताणें फुडेंय सांगलें की जशे तरेन बाकीबाब, पंडित, मनोहरबाब, केणी हीं नांवां म्हत्वाचीं आसात तशींच हींय साठ ते सत्तर हाच्या मदल्या काळांत आसलेल्या ह्या तरण्या साहित्यिकांचीं आसात. आमी ह्या वर्तमानांत आसात म्हण आमकां ह्या भूतकाळ जाल्ल्या इतिहासाचें म्हत्व कळना. आयज फेलिसियू कार्दोज हें व्यक्तिमत्वूच इतिहास जावन गेलां. पूण म्हजे मुखार आज साठ ते सत्तर हाच्या मदल्या काळांतल्या ह्या साहित्यिकांचीं नांवां आसात आनी तांचें कर्तृत्व साहित्यिक मळार लखलखता.

१९६० ते ७० हाच्या मदलो काळ हो अत्यंत चेतनामय काळ म्हटल्यार अतिताय जावंची ना. कारण ह्या काळांत साडेचारशें वर्सां उपरांत गोंयच्या मनशाक मुक्त मनान जगपाक मेळटालें. म्हाकां सुर्वेकूच याद जाता ती पांडुरंग भांग्यांची. ते तशे पिरायेन हे पिळगेच्या वयांतले न्हय. पूण ताणीं कविता बरोवपाक सुरु केलें तें मात गोंयमुक्ति उपरांत. देखून ते हे पिळगेंत येतात. आपलें जें आसा ताचो साक्षात्कार जाता ताचो आनंद उपाट आसता. आनी हो आनंद वेग वेगळे तरेन जाता तें चित्रण ह्या ओळींना पळोवपाक मेळटा.

रगतांतलें झाड म्हजें
भोंवता दिगंते
अदृश्टाचे मोर लागले
नाचूं भितोडे

कवितेंत कवी विस्वास व्यक्त करता की ताच्या रगतांत झाड आसा. बरेच फावट कवी जें कितें बरयतात तें काल्पनीक आसता अशें म्हणटात. आनी चड करुन ह्यो गजाली शाळांनी आनी कॉलेजांनी सुरु जाल्ल्यो आसतात. आनी अशे तरेन भुरगो वाडटा म्हटल्यार कवींसंबंधान बरे पयकीं गैरसमज तयार जातात. तर संवसारांत कांय सुवातांचेर मनशाचो संबंद झाडांकडें लायतात. वड म्हटल्यार ब्रह्मदेव रावपाची सुवात अशें मानतात. तो ह्या विस्वाचो निर्मातो. देखून बरेचकडें असल्या सुवातांक ब्रह्म्याची सुवात अशें म्हणटात. ह्या वृक्षाक पाळां वयल्यान येतात. ताच्यो खांदयो मदलेमदीं येतात. ताचीं मुळां पाताळाकडें नातें जोडून आसा. ब्रम्हो हो स्वर्ग, मृत्यु आनी पाताळ हांचो स्वामी. आनी ताच्याच पसून आपलीय निर्मिती जाल्ल्यान मनशान आपलेंय अस्तित्व ह्या झाडांत गुंथून उडयल्लें पळोवंक मेळटा. आनी अशा वेळार रगतांतलें झाड म्हजें / भोंवता दिगंते / अदृश्टाचे मोर लागले / नाचूं भितोडे ह्यो ओळी मनाक आकलनाच्या एका वेगळ्याच दालनांत व्हरता. तें दालन आसा अदृश्टाचें. आनी थंयचे मोर तर आतां हांगा येवन नाचूंक लागल्यात. हे सगळे संकेत तांच्या स्वातंत्र्याच्या आनंदाचेच तर न्हय मू? कारण त्या काळानच तर तांच्या मुखार ही मुक्ततायेची संद निर्माण करुन दिल्या. मनीस स्वतंत्र जाता तेन्ना ताच्या मनांतली भिरांत पयली ना जाता. आनी भिरांत ना जाली की मनशाक खंयचेय गजालीक मनमेकळेपणान पळोवं येता. तिचेर तो आपलें मत विनासंकोच दिवंक शकता. आनी अशाच वेळार ताका गजालींक नव्या नददेरेंतल्यान पळेवपाकूय शक्य जाता.

(चलता...)

२८-३-२०१४

■

– रमेश भगवंत वेळुस्कार
पाळें, शिर्दोन – गोंय मो.: ९४२०६८८४६१

स्वाध्याय

- काश्मिरी पावसकार

हालींच्या तेंपार 'भोग' हिवूय एक समस्या जाल्या. भोग ही तशी सभावीक भावना पूण आयचे घडयेक तें एक नवें 'आव्हान' जावन पडलां. फाट्ल्या सप्तकांत अशीच एक इकरावेची विद्यार्थीनी इंटरवला उपरांत शाळेंतल्यान नाच्च जाली. बॅग शाळेंत, पूण चली ना. सगल्यांचेर आकांत आयलो. तसो ताच्या आवयबापायक आपोवणो धाडलो. उपरांत तें चली आपल्या भोग्या वांगडा पुलापलतडीं सापडलें.

अशें म्हणटात मनीस खंय अणभवांतल्यान गिरेस्त जाता. तसोच शिक्षक होवूय एक मनीस आशिल्ल्यान तोवूय अणभवांतल्यान गिरेस्त जाता. असो गिरेस्त जाल्लो शिक्षक मागीर आपलें तशेंच हेरांचें जिवीत समृध्द करूंक पावता. ते पासत शिक्षकाक पयलीं 'मनीस' मागीर 'शिक्षक' म्हुण आपलें पुराय जिवीत सारचें आसता. ना जाल्यार ताचो शिक्षकी पेशो नांवा पुरतोच उरून वाजेवणो जाता. आपलो हो खाशेलो वेवसाय अर्थपूर्ण करपाक शिक्षकाक भुरग्यांकडेन केन्ना इश्टागत जोडची पडटा, तर केन्ना तांचेकडेन सहानभुतीन वागचें पडटा. आनी हें करतना शिक्षकान फकत 'हांव एक शिक्षक' हो एकूच विचार मनांत बाळगी नासतना 'हांव तांचो इश्ट वा सांगाती', 'एक बरो मागपी' अशें मानल्यार तें सगल्यांच्या हिताचें जावं येता.

म्हज्या एकूण पंचवीस वर्सांच्या अणभवांतल्यान ही वयली गजाल शंभर टक्के खरी म्हणपाचें हांव छातीठोक सांगूंक शकतां. कारण आतां मेरेन हजारांनी भुरगीं म्हजे जिणेंत येवन गेलीं. तांतलीं सगलींच यादस्तींत उरलीं वा उरतात अशें ना पूण शेकड्यांनीं भुरगीं खंयतरी म्हज्या काळजा कुरकुटांत सासणाचें घर करून आसात. ह्या पुराय विदांत तीं म्हजे लागच्यान आनी हांव तांचे लागच्यान जायत्यो गजाली शिकूंक पावलीं. तशें पळयल्यार हांव जे संस्थेंत काम करतां थंय केजी धरून बारावी मेरेनचीं भुरगीं आसात. ताका लागून हांगा म्हाका भुरगेंपण धरून किशोरावस्था मेरेनच्यो दोनूय अवस्था अणभवूंक मेळटात. तरीकूय म्हजो चड लागींचो सहवास येता तो 'प्लस टू' च्या म्हळ्यार इकरावेच्या आनी बारावेच्या विद्यार्थ्यांकडेन. असो हो 'टीनेजाचो' काळ मनशाच्या जिवितांतलो म्हत्वाचो काळ आसता. हो काळ सुरू जावचे पयलीं आनी सुरू जाल्या उपरांत जायत्यो बऱ्यो-वायट घडणुको तांच्या जिवितांत घडत आसतात. हांगा येवपी हीं चडशीं भुरगीं पंदरा ते सतरा वर्सांच्या पिरायेचीं आशिल्ल्यान तांचो तो 'फॉरमेटिव्ह पिरियड' आसता. हे पिरायेर तीं चड संदेनशील आसतात. देखून केन्ना तांच्या मनांत भावनांचो भूंयकाप तर केन्ना सुनामी चालूच आसता. पूण हालींच आयिल्ल्या कांय अणभवांतल्यान तांचे भितर एक तरेचो ज्वालामुखी चालू आसता अशें दिसूंक लागलां.

तशें पळयल्यार दर एका विद्यार्थ्यांच्या उदरगतीची गती वेगळी आसता. तातूंत हालीं तेंपार शिक्षणपध्दत पोन्नी आनी पिळगी नवी अशी परिस्थिती निर्माण जाल्ल्यान अध्यापनांत तरेकवार समस्या, आडखळी येवंक लागल्यात. आमच्या उच्च माध्यमिक विभागांत प्रवेश मेळोवपी चडशीं भुरगीं उण्यांत उणीं पंदरा-सोळा वेग वेगळ्या शिक्षण संस्थेंतल्यान आयिल्ल आसतात. देखून तांच्या उदरगतीची गती हातू जमीन-आसमानाचो फरक आसता. त्या भाय हीं भुरगीं वयांत येवपी आशिल्ल्यान तीं सामव नाजूक मनस्थितींतल्यान वतना पळोवंव मेळटात. असो हो सामको घातकी काळ आसत देखून हे पिरायेर तांचेर आडनदर जाल्यार व



केल्यार तांचे भितर एक तरेची विकृती निर्माण जावं येता. अशीं विकृतींत सांपडिल्लीं भुरगीं मागीर घराकडेन पालकांक आनी शाळेंत शिक्षकांक त्रास करतात. मागीर हीं भुरगीं बरीं जावचीं, बऱ्याक पावचीं म्हुण जावं ते पालक वा शिक्षक कितेंच करपाचें सोडिनात. तांच्या बऱ्याखातीर रक्ताचें उदक पसून करतात. पूण हांगाय केन्ना आमचें प्रमाण, प्रकार आनी प्रणाली चुकीची जावन आमी तांचे इश्ट जावचे बदला बऱ्यापयकीं दुस्मान जावन पडटात. मागीर त्या विशीश्ट भुरग्याक आमी 'प्रॉब्लेम चायल्ड' नांवाचें लेबल लावन सोडटात. पूण हांगा म्हाका 'देर आर नो प्रॉब्लेम चिल्ड्रन बट प्रॉब्लेम पैरेन्टस्' अशें कोणा एका समुपदेशकान म्हणिल्लें याद जाता. हाचेर म्हाका चड उलोवचेलें ना. पूण हाच्या उरफाटें म्हाका आनीक एक गजाल सांगीन दिसता ती म्हळ्यार 'चायल्ड' हें खरें प्रॉब्लेम नासून, आयची साधन सुविधा, आयचें तंत्रगिन्यान देखीक फेसबूक, मोबायल, कम्प्युटर, टू व्हिलर हांचो अती वापर हींच खरेलीं प्रॉब्लेमां आसतात. ते खातीर दर वर्साक एक वा दोन विद्यार्थ्यांक सुदरावपाचो हांव एक नवो संकल्प, स्वाध्याय हातांत घेतां आनी हें म्हज्या खूब फायद्याचें जाता. आनी हें हांव 'मोग' आनी सहानुभुतीच्या बळग्याचेर मेळयतां. आतांच्या नवे शिक्षण पध्दतीप्रमाण आमकां विद्यार्थ्यांक 'प्रकल्प' वा 'स्वाध्याय' दिवचे आसतात. हांगा इल्लो बदल करून 'मोगाचो', 'आत्मियतेचो वा आपुलकेचो' नवो प्रकल्प तशेंच स्वाध्याय तांचे खातीर राबयता. फकत हांगा सिंपथी परस एंपथीचेर इल्लो चड भर दिता इतलेंच!

ही एंपथी दाखयतना इकरावेक नवीन येवपी भुरग्यांकडेन जाता तितक्या बेगीन नातें जोडटा. विशयाक हात घालचे पयलीं तांच्यो अडचणी समजून घेता. कारण शिक्षणशास्त्राचें एक सूत्र आसा, 'शिक्षक अजयाक कोंकणी शिकयता.' हें वयलेवयर सादें दिसपी वाक्य खरें! पूण हातूंत एक मोलाचो संदेश आसा. हो संदेश अजयाक न्हय तर ताका शिकोवपी शिक्षकाक आसता. म्हाका जर अजयाक शिकोवंक जाय जाल्यार वाक्यांत जसो अजय हो शब्द कोंकणी शब्दाच्या आदीं येता तेचप्रमाण कोंकणी पयलीं 'अजय कसो आसा?' हाचें गिन्यान म्हाका आसप चड गरजेचें आसता. हें गिन्यान मेळोवनूच मागीर शिकोवचें आसता.

आयज अध्यापनाची पंचविशी पुराय करतना अशे जायते अणभव हांव पुंजायत आसां. ह्या अणभवांतल्यान हांव दिशींदिशीं गिरेस्त जायत आसां. असोच एक अणभव सांगीन दिसता. अंदूच्या शिक्षणीक वर्साच्या आरंबाकूच अचकीत एके चलयेन सकाळफुडें तासिका चालू आसतना मदींच धांवत येवन दुसरे माळये वेल्यान सकयल घालून घेतलें. वेळार हॉस्पिटलांत व्हेल्ल्यान ताचो जीव वाटावलो. पूण दावो पांय मोडलो. हे चलयेचें उडकी मारपा फाटलें कारण कितें काय म्हळ्यार ताचे वर्ग शिक्षिकेन वर्ग चालू आसतना तागेलो मोबायल धरिल्लो. हे घडणुके उपरांत वांगड्यांनीं ताचेर बहिश्कार घालो. चडशा शिक्षकांनीय ताका सोडून दिल्लें. बऱ्याऽ म्हयन्या भरांत तें परतें शाळेंत रुजू जालें. एक दीस प्रार्थना सभेक वतना ताणें म्हाका काकुळटेक येवन विचारलें, ''टिचर कॅन आय पूट माय हॅन्ड ऑन युवर शोल्डर?''

तशें हांवें ताका चलपाक तेंको दिलो. देंवतना ल्हवपीक आवाजान ताणें म्हळें, ''टिचर, आय येम प्रॉब्लेम फॉर ऑल ऑफ यू?''

तशें हांवें ताका समजायत म्हळें, ''यु आर नॉट प्रॉब्लेम बट युवर मोबायल वॉज द प्रॉब्लेम.''

ह्या उतरांनीं ताचेर कितें परिणाम जालो हांव नकळों पूण रोखडोच शिक्षक दीस आसलो. हांव ताचे कुशींच्या वर्गांत आशिल्लें. इतल्यांत ताणें दारार येवन मारलें. ''टिचर कॅन आय कम इन? आय वॉन्ट टू सिंग फॉर यू!''

तशें भितर येवन गोड आवाजांत ताणें "Nothing can change my love for you." हें पद म्हणलें.

पद म्हणून ताणें आमकां खोशी केल्लीं खरें, पूण त्या निमतान आपले चुकीचें प्रायश्चित तें भोगतालें जावं ये! ताच्या हातांतल्यान चूक जाल्ली खरी! पूण मागीर आमीय ताका माफ केलें. हो आशिल्लो ते दिसाचो पयलो स्वाध्याय!

हालींच्या तेंपार 'मोग' हिवूय एक समस्या जाल्या. मोग ही तशी सभावीक भावना पूण आयचे घडयेक तें एक नवें 'आव्हान' जावन पडलां. फाटल्या सप्तकांत अशीच एक इकरावेची विद्यार्थींनी इंटरवला उपरांत शाळेंतल्यान नाच्च जाली. बॅग शाळेंत, पूण चली ना. सगल्यांचेर आकांत आयलो. तसो ताच्या आवयबापायक आपोवणो धाडलो. उपरांत तें चली आपल्या मोग्या वांगडा पुलापलतडीं सापडलें. चलयेल्या बापायन तिडकीन त्या चल्याक बरोच पेटयलो आनी चलयेक घेवन घरा गेलो. कांय दीस शाळेक गैरहाजीर रावन तें चली पर्थून शाळेक येवंक लागलें. वांगड्यांनी विचारल्यार म्हणूंक लागलें, ''आवय बापायन म्हाका दोन वर्सांनीं लग्न करून दितां म्हळां. तुमकांय आतांच आमंत्रण दिवन दवरतां.'' पळयात आवयबापायन समजाविशी करून प्रकरण निबयल्लें. हो जालो पालकांचो स्वाध्याय! दोन दिसांच्यान म्हाका आनीक एका विद्यार्थ्याचे आवयचो फोन येता. ती आपल्या पुताक एके चलयेचो नाद सोड म्हुण तूं समजाय म्हणटा. हांवें तिका तशें उतर दिलां. पूण परिक्षे उपरांत. हो आसा नवीनूच हातांत घेतिल्लो स्वाध्याय!

अशे दर वर्साक एक दोन स्वाध्याय हांवूय हातांत घेतां आनी कांय विद्यार्थ्यांकूय दितां. कारण हांव एक शिक्षक. म्हजीय समाजाखातीर कितें तरी लागणूक आसा. तुमीय अशेच एक दोन स्वाध्याय स्वताखातीर राबयात आनी 'एकामेका करूं साह्य. अवघे धरू सुपंथ' हें संत वचन खरें करून दाखयात.

■

– काश्मिरी पावसकार
बामण वाडो, शिवोले – गोंय.
मो. : ९४२११९२८५८

सुटी

- अपर्णा गारुडी

फुडें १९७९त गोंयांत येतकच मामागेर मायाच्या म्हयन्यांतूच वचप जातालें. गोंयांत मायाच्या म्हयन्यांतली सुटी काजीच्या दोंगशर मुट्टे, काण्णां, चुन्नां सोदीत भोंवपाक वतालीं.

दिलीपबाबान म्हळें, ''भुरगेपणांतले तुजे सुटयेविशीं बरय आनी आमच्या आतांच्या भुरग्यांक सुटये खातीर तातुंतल्यान कितें मेळटा जाल्यार पळय.'' हांवें वेळ केलो ना. सोमतेंच बरोवपाक सुरवात केली. सुटी म्हळ्यार आनंद, आराम, उमेद आनी दिसपट्ट्या कामांत घडिल्लो बदल. सुटी भुरग्यांपसून जाणट्यां मेरेन सगल्यांक जायजायशी दिसता. सुटी हो सगल्यांचेच आवडिचो विशय. भुरगेपणांत सुटी म्हळ्यार मामागेर वचप हें थारिल्लेंच आसतालें. सुटी, मागीर ती ल्हान व्हड कसलीय आसूं शाळेंत शिकता आसतना हांव शेनवारची वाट पळयत आसतालें पुण्यांत म्हज्या कुळारासावन मामालें घर दोन किलोमिटरांचेर. शेनवारा शाळा सुटली काय जेवप, पुस्तकां दवरप, म्हजे आनी भावाचे कपडे पोतयेंत भरप आनी धाकट्या भावाच्या हाताक धरून मामा घराची वाट धरप. पयलेक आसतना आवय पावपाक येताली. पूण दुसरेक हांवच भावाक घेवन वचपाक शिकलें. मामी वाटूच पळयत आसताली. मामागेर खूब अपुरबायो जाताल्यो. तांची शिस्तूय कडक आशिल्ली. मामालीं भुरगीं आमचेच पिरायेचीं. दिसभर खेळप. मस्ती करप चलतालें. सांजवेळार आमी पुण्यांतल्या शाहु उद्यानांतल्या तळ्यांत पेवपाक वतालीं. पेवप जाल्या उपरांत बागेंत खेळटालीं. खूब भूक लागताली तेन्ना आज्यान दिल्ल्या धा-धा पयश्यांची याद जाताली. बागेभायर आशिल्ल्या भेळवाल्या कडल्यान पांच पयश्यांची बशीभर भेळ घेतालीं. वांगडा दोन पशांचे चिंचारे आनी तीन पयशांचो बोरांचो वांटो घेतालीं. सगलीं जाणां 'धा-धा' पयश्यांनी पोटभर खातालीं. ही गजाल १९७२-७३ वर्सांतली. खेळून जाल्या उपरांत सात जावचे पयलीं मामागेर भितर सरचें पडटालें. भितर सरनाफुडें हात पांय धुंवन 'शुभं करोति' म्हणचे पडटालें. मागीर आजो सगल्यांक एके रांकेंत उबे करून. १ ते ३० पाढे म्हणपाक लायतालो. पावकी, निमकी, अडेजकी शिकयतालो. आयज लेगीत तोंड पाठ आसा. मामी सामकें रूच्चीक जेवण रांदताली. शेनवारा रातीं तुरचे दाळीची मसाला खिचडी, कुळीथाचें पिठलें वा झुणको, जोंधळ्याची हुनहुनीत भाकरी आनी ताचेर ताजें घरावें तूप वो लोणी. हो जेवणाचो बेत आसतालो. म्हजे आवडिचें वांगडा ताक वा मठ्ठा, तरेकवार पापड, कुरड्यो आनी चटण्यो. जेवणां उपरांत आजो सगल्या नातरां वांगडा गजालींक बसतालो. तो दोतोर आशिल्लो. अफ्रिकेंतल्या आदिवासी भागांत ताणें कितलींशींच वर्सां दोतोरकी केल्ली. रानांतल्यान रातच्या वेळार पेशंटाक तपासपाक वचचें पडटालें. तेन्ना आयिल्लो अणभव तो काणयेच्या रुपांत सांगतालो. ताच्यो त्यो काणयो आयकत आमकां न्हीद पडटाली. सकाळीं बेगीन उठोवन मामा सगल्या भुरग्यांक व्यायाम करपाक लायतालो. मामाच्या बंगल्यांत फाटले वटेन व्हडलो जागो आशिल्लो. थंय आमी लिपच्यांनी, लगोऱ्यांनी खेळटालीं. केन्ना 'कॅरम' तर केन्ना आज्या वांगडा 'बुध्दीबळ' खेळटालीं. आयतार सोंपचोच न्हय अशें दिसतालें. आयतारा सांजेवेळार घरा वचपाक भायर सरतालीं तेन्ना परत आजो आमच्या दोगांयच्या हातार धा-धा पयशे दवरतालो. सगल्यांचो निरोप घेवन फुडल्या शेनवारचीं सपनां पळयत आमी घरचे वाटेक लागतालीं. वाटेक बाजार लागतालो. थंय हांव 'धा' पयशांचीं एक डझन केळीं घेतालें. फुडले चार दीस शाळेंत वतना केळ्यांचें शिकरण आनी चपाती टिफिनांत व्हरतालें. भाव मात आपले पयशे कशेंच मोडिनाशिल्लो. मिलेरांत घालतालो. व्हडल्यो सुटयो लेगीत अशयोच मामागेर मजेंत वताल्यो. मावशेलीं भुरगींय सोलापूरच्यान येतालीं. दिवाळेचे, नातालांचे सुटयेंत मामा आमकां पिकनिकेक कर्जत, लोणावळा, माथेरान, महाबळेश्वर, सिंहगड अश्या जाग्यांचेर व्हरतात खूब मजा येताली. वर्सां सोंपलीं. आयज मा मावशी ह्या संवसारांत ना. पूण सुटी म्हट काय मामालें घर आनी ते सुटयेंतले खीण दोळ मुखार उबे रावतात.

फुडें १९७९त गोंयांत येतकच मामा मायाच्या म्हयन्यांतूच वचप जातालें. गोंय मायाच्या म्हयन्यांतली सुटी काजीच्या दोंगश मुट्टे, काण्णां, चुन्नां सोदीत भोंवपाक वताली आठवे उपरांतच्यो चडश्यो सुटयो हांवें सत्कार लायल्यात. म्हाका विणप, भरतकाम, पेंटी करपाक आवडटालें. सुटयेंत खेळां वांगडा अश जायत्यो कला हांव शिकलें. आटयेवयले तुवाले वुलान विणिल्लीं कुशनां, कपयाळीं जोड गोजड्यो, यु-पीनीवयले तुवाले आनी गांचावय विणकाम. हें सगळें हांव शाळेंत आसत आवयकडल्यान शिकलें. ह्या कामां वांगडा सुटयें गांवांतल्या वाचनालयांतलीं बरीं-बरीं पुस्तक हाडून वाचपाचो छंद लागलो. जिणेंतलो एकू खीण फुकट वगडावप ना. केन्नाच बेकार राव ना हें हांवें ल्हानपणांतूच थारायल्लें. सुटयें भुरगेपणांत जें कितें शिकलें तातुंतलें वाच आनी विणप हे दोन छंद आयज मेरेन तिगू आसात. फुडें कॉलेजींत वतन म्हाड्डोळसावन मडगां मेरेन बशींतलो वेळ वतना हां वा च



करतालें आनी येतना विणप. विणप हातार इतलें बशिल्लें काय चलतना, भोंवतना, उलयतना हात चालूच आसताले. इतली सवंय जाल्ली की पळयनासतना लेगीत विणपाक येतालें. फुडें मडगांवां शिकपा खातीर आमी चार इश्टीणींनी दोन वर्सां बिराड केल्लें. तांचे कडल्यान हांव क्लॉथ पेंटींग, नीब पेंटींग, ग्लास पेंटींग, सिरामीक पेंटींग आनी ॲम्बॉसींग ह्यो कला शिकलें. कांय वर्सां पयलीं सुटयेंत जनशिक्षण संस्थेच्या जोडपालवान शिवोले गांवांतल्या भुरग्यां खातीर आनी बायलां खातीर विनामूल्य प्रशिक्षण शिबिरां आयोजीत करून ही कला भुरग्यांमेरेन पावयली. खंयचीच कला वा शिक्षण फुकट वचना. भुरग्यांनी सुटयेंत असल्या शिबिरांक वचपाक जाय. फकत टिव्ही पळोवपाक आनी कंप्युटराचेर गेम्स खेळपाक सुटयेचो वेळ वगडावचे परस मेंदवाक आनी शरिराक चालना दिवपी जायते छंद स्वताक लावन घेवपाक जाय. शारांतलीं भुरगीं सुटयेंत बालभवनांत वतात, स्विमिंगाक वतात, शिबिरांक वतात आनी सुटी सार्थकी लायतात. पूण गांवगिऱ्या वाठारांतल्या भुरग्यांखातीर असलीं प्रशिक्षणां वा शिबिरां चड करून जायनांत.

तांचे खातीर 'वेल्थ आवट ऑफ वेस्ट इज द बेस्ट'. गांवगिऱ्या वाठारांक सैमान भरभरून दिलां. ह्यो सैमांतल्यो वस्तू आमी विनामूल्य मेळोवंक शकतात. जाय फकत कलात्मक नदर आनी सृजनशील मन. दर्यादेगेर रावपी भुरगीं वेळेर मेळपी शंख, शिंपयो, कोंगे, कवड्यो एकठांय करपाक शकतात. शिणाण्यांचीं कल्लां, कालवांचीं व्हडलीं करपां एकठांय करून तीं धुंवन सुकोवप, तांचेर सुंदर पेंटींग करूं येता. ह्या शेल पेंटींगाक फाटल्यान डबलटेपीन मॅग्नेट लावन कपाटाचेर, वण्टीचेर खंयच्याय लोखणाच्या वस्तूंचेर दसोवन त्यो सोबीत करूं येतात. कोंग्यांच्या शंखाक कंवचेचीं पायपां घालून माणकुल्यो बॅली लावन घराच्या हॉलांत, बल्कांवांत लावपाक किणकिणपी झुंबर करूं येता. शिणाण्यांचीं कल्लां पेंट करून पुठ्ठ्याचेर ताचो सोबित डिझायन तयार करपाक मेळटा. अशे दोन-तीन पुठ्ठे जोडून ताचें वॉलहँगींग करपाक मेळटा. पोरन्या मॅगझीनांचीं दाट सुळसुळीत रंगीत पानां (चड करून जायरातींचीं) काडून ताचे कुडके करून सुंदर कोलाज तयार करूं येता. हे खातीर एक दाट चार्टपेपर घेवन ताचेर व्हडलो मोर, वाग, हत्ती वा हेर चित्रां काडून हे कुडके रंग भरिल्लेवरी त्या चित्रांत दसयल्या उपरांत कोलाज तयार जाता. हे कोलाज वण्टीर लायतकच खूब सुंदर दिसतात.

गांवां गांवांनी पिंपळाचीं झाडां आसतात. झाडांपोंदा पडिल्लीं पिंपळा पानां एकठांय करून कांय दीस तीं पुस्तकांत दवरप. मागीर एके कायलींत रेंव घेवन तांकां रेंवेंत पुरून दवरप. कांय म्हयन्यांनी ह्या पानांचेर सोबीत जाळी तयार जाता, तांचेर पेंटींग करून ग्रिटींग कार्डस् करूं येतात. कांय पानांक फाटल्यान पानांच्या आकाराचो चार्ट पेपर लावन ताचेर सुविचार बरोवन 'बुकमार्क' करूं येतात. ह्या बुकमार्काक सॅटीन रिबन ना जाल्यार रंगीत सूत लावन सोबीत करूं येता.

सगल्यांच्याच घरांकडेन जायत्यो लग्नपत्रिका (व्होंवळीको) आसतात. ताचेर गणपतीचीं तरेकवार चित्रां आसतात. देखून आमकां ह्यो पत्रिका भायर मारपाक आवडनांत. पत्रिकेचे फाटलेवटेनचो आयाताकृति कागद सोबीत आनी रंगयाळो आसता. तो कातरून ताचेर फुडलेवटेनचे गणपती (outcut) दसोंव येतात. पत्रिकेची चकचकीत भांगराळी बॉर्डर कातरून ह्या कागदाचेर दसयतकच ताचो सुंदर बुकमार्क तयार जाता. गणपतीच्या चित्रासकयल सुविचार वा कवितेच्यो चार वळी बरोवं येतात.

चडश्या जाणांच्या दारांत फुलांची बाग आसता. कुंड्यो आसतात. सुटयेंत ह्यो कुंड्यो साफ करून तांकां रंगोवन तांचेर शिंपयो लावन सोबीत करूं येतात.

म्हज्या शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर दर वर्सा हांव wealth out of waste ची सर्त

शणै गोंयबाब प्रतिश्ठान

Shennoi Goembab Pratishthan
C/o Warde Walaulikar
Udayan Apartment
Bhatkar Wadde, Porvorim
Goa 403 501

शणै गोंयबाब अभ्यासवृत्ती

शणै गोंयबाब प्रतिश्ठानान कोंकणी भाशेंतल्या सोद वावराचे निर्मणेक हातभार लागचो म्हणून एक लाख रुपया मोलाची अभ्यासवृत्ती जाहीर केल्या. तिचे खातीर अर्ज धाडपाची निमणी तारीक ३० एप्रील २०१४ ही आसा.

ते खातीर अभ्यासकांनीं अभ्यासाचो विशय, आटाप, सर्वसादारण आयट, ताचे पासून कोंकणी समाज, भास, संस्कृताय हांचे उदरगतीक कसलो आदाव जातलो अशे तरेची सगळी म्हायती आपल्या हातान बरोवन अर्ज करचो. विशय पी.एच डी वा तत्सम अभ्यासाक घेतिल्लो आसूंक जायना. अभ्यासकां खातीर पिरायेची अट ना. तरी काळमर्यादा एका वरसाची आसतली. अभ्यासक (संवसारांत खंयय रावपी आसलो/ली तरी) मूळ कोंकणी आसूंक जाय. आनी बरप देवनागरींत सादर करूंक जाय. मुलाखतीक येवपा-वचपाचो खर्च अभ्यासकान करचो पडटलो.

अर्जीपत्रां धाडचो नामो : C/O वर्दे वालावलीकार, उदयन अपार्टमेंट, भाटकार वाडो, परवरी बारदेज गोंय, ४०३५०१. संपर्क : ९८८१७३०८०२

– शांताराम वर्दे वालावलीकार

आनी प्रदर्शन दवरतां. वर्सभर तांकां मार्गदर्शन करतां. पूण भुरगीं आपली सृजनशीलताय वापरून म्हजे कल्पने परस चड, एका परस एक सुंदर वस्तू तयार करतात. शिकपा खातीर संवसारांत कला खूब आसात. पूण बरो आनी नितळ मनीस जावप, स्वावलंबी जावप ही एक कला आनी तिचो विकास सुटयेंत करूं येता. म्हज्या शाळेंतल्या पांचवी ते धावी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांच्या निरिक्षणा उपरांत हांवें तांचे खातीर सुटयेचो एक उपक्रम तयार केला. तो तांच्या सारक्या सगल्या भुरग्यांनी करूं येता. गजाली साद्यो आनी सोंप्यो दिसतात तितल्यो सोंप्यो नासतात. त्यो शिकच्योच पडटात. उपक्रम असो–

१. ज्या चलयांक स्वताची विणी स्वता घालपाक येना ताणीं ती आवयची मजत घेनासतना सुटयेंत घालपाक शिकप.

२. युनिफॉर्माचो उसयल्लो स्कर्ट वा शर्ट वा तुटिल्लो बुतांव सूय सूत घेवन आपणें शिवपाक वा लावपाक शिकप.

३. स्वताचे शाळेचे बूट आनी गणभेस स्वता धुवपाक शिकप.

४. पुस्तकांक वेवस्तीत कव्हरां घालपाक शिकप.

५. शाळेचें बॅग म्हयन्यांतल्यान एक फावट तरी धुंवप.

६. घर नितळ दवरपाक आनी रांदचे कुडींत आवयक मजत करप.

७. आपल्या कपड्यांक आपणें इस्त्री करप.

८. आवय घरा नासतना आपलें पोट भरपाक शकता अशीं दोन (खाणां) जिनस रांदपाक शिकप.

९. मध्यान्ह आहार घेतल्या उपरांत घरा वतकच आपलो डबो आनी उदका बाटली बॅगांतली यादीन काडून वेवस्तीत धुंवप.

१०. सुटयेंत इश्टां वांगडा आपलो स्वताचो गांव भोंवन पळोवप आनी गांवची पुराय म्हायती बरोवन काडप.

११. गांवांतल्या वा शाळेंतल्या वाचनालयांतलीं पुस्तकां हाडून वाचप आनी दर दिसा दिसाळें वाचपाची सवंय लावन घेवप.

१२. न्हंयचे वा दर्याचे देगेर रावपी भुरग्यांक पेवपाक येवप सामकें गरजेचें. ताणीं पालकांच्या मार्गदर्शना सकयल पेवपाक शिकप.

अश्यो जायऽ त्यो गजाली भुरग्यांनी करूं येतात. अशा गजालीं खातीर शिक्षकांनी मार्गदर्शन शिबिरां आयोजीत करून भुरग्यां खातीर सुटयेचो आपलो थोडोसो वेळ सत्कारणी लावं येता.

म्हज्या 'ज्ञान दीप वाचनालया वतीन' जेन्ना हांव भुरग्यां खातीर कसलीय कार्यावळ वा शिबिरां आयोजीत करतां तेन्ना म्हज्या इश्ट – इश्टीणींचो तातूंत व्हड वांटो आसता. सगळींच जाणां 'शिक्षक' आशिल्ल्यान भुरग्यांविशीं तळमळ तांचे भितर आसा. विचारचे आनी मागचे पयलींच सगलीं जाणां भुरग्यांखातीर कितेंय करपाक तयार आसतात. कोण च्या–पाणयाचो खर्च उखलता, कोण बक्षिसां स्पॉन्सर करता. अशे तरेन सगल्यांच्या सहकार्यान भुरग्यां खातीर आमी जायत्यो गजाली करत आनीकय करपाक सोदतात. 'एकमेकां सह करूं अवघे धरूं सुपंथ' ह्या वळीं प्रम सगल्यांनीच चड करून शिक्षकांनी भुर खातीर वेळ दिवन सुटयेंत अशीं आयोजनां क जाय जेणे करून हे बालशक्तीक संघटीत क तीं योग्य मार्गक्रमण करतलीं. निर्मितीचें जाणा जावन घेवपाचो वा शिकपाचो आ भुरग्यांक मेळ्ळो जाल्यार तांची सुटी सत्कार लागली अशें म्हणूं येता.

– अपर्णा गारु

शिवोले – गोंय, मो. : ८८०६३०८०९

The Goa Inquisition

The Terrible Tribunal for the East



This book presents a dispassionate and objective account of the Inquisition against the background of the religious policy of the Portuguese. It is based on authentic archival documents and correspondence of the Jesuits. Dr. Dellon's experiences as a prisoner are also reprinted at the end.

by A. K. PRIOLKAR

A-5 , 320 Pages
H/B Price : ₹ 695/-
ISBN 81-7810-694-9

राजहंस

Publisher : RAJHAUNS VITARAN
1 - Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji 403 001 Ph. : 2220320 / 2232177
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

- कुसुम अग्रवाल

सुट्येंतले बेत

आमच्या वैभवाकूय हे सुट्येंत तरी आपलें अक्षर सुदारपाक सांगात. तुमी ताचें अक्षर पळयलां मरे? सामके कोंब्याचे ढोके शे. वाचपाक लेगीत जायना. हांव, ताचो डॅडी आनी ताच्यो टिचरी ताका सांगून सांगून थकल्यो. तुमचे लगाडीक लागून, बसतलो तुमचे बरोबर.

सदचेभशेन खेळून जातकच सगळीं भुरगीं एकठांय बसलीं आनी उलोवपाक लागलीं. विशय एकूच. सुटयेंत खंय वचपाचें? नवें कितें शिकपाचें? कशी मज्जा करपाची? समीरान आपल्याक विचारच्या पयलींच पट्ट करून सांगलें, ''हांव बाबा मामागेर वतलों.''

''खंय रावता रे तुजो मामा?'' संजयान विचारलें.

''बाणावले साश्ट म्हालांत. आमकां दर्या सामको लागीं. चलून पंदरा मिनटांनी पावतात. उदकांत न्हावपाक, रेवेचीं घरां करपाक खूब खूब मजा येता.''

''म्हणजे तूं ह्या वर्सा बालभवनाच्या शिबिराक नासतलो तर?'' संजयान विचारलें.

''आसतलों तर. तें शिबीर चुकोवपाक जाता? गेल्या वर्सा थंय आमी खूब कितें शिकले. शिबिरांत नाच, देशभक्तीचीं गितां, नाटकांत अभिनय कसो करप हें शिकले. रंगीत कागदापासून तरातरांच्यो वस्तू करपाक शिकले.''

''आनी तुका आप उलोवपांत पयलें इनाम मेळ्ळें. सांग मरे लजता कित्याक?'' नागेशान म्हणलें.

''म्हजी तुस्त हांवूंच कसो गायतलों? म्हुण ओगी रावलों.''

अशें म्हुण संजय लजलो. गोरो पिट्ट आशिल्ल्यान ताचे पोले तांबडेच जाल्ले.

''पूण कितेंय सांग. कितल्यो ताळयो पडल्यो रे तुज्या आपउलोवपाक! आज लेगीत म्हाका उगडास जाता!'' नागेशान हड्डें मुखार काडून आपल्या इश्टाची तुस्त केली. ''इश्टानो हे फावटी हें शिबीर कोणेंच चुकोवचें न्हय.''

''नागेश शिबीर जावन खंय वचपाचो तुजो बेत आसा?'' समीराक नागेश कितें सांगता हाची उमळशीक लागिल्ली. दर सुटयेंत तो कितें ना कितें नवें शिकतालोच. सगलीं भुरगीं सुपायेदे कान करून आनी थीर नदरेन तो कितें सांगता तें आयकुपाक तयार रावलीं, नागेश उलयतालो.

''आमच्या गांवांत काथ्याचो कारखानो आसा. थंय काथ्यापासून सूम, पांयपुसणी, राजू तयार करतात. तांचो व्हडलो वेबसाय आसा. थंयचो अंकल म्हज्या डॅडीचो इश्ट. सदांच म्हाका पळोवपाक आपयता. थोडे दीस थंय वचून हांव शिकपाक पळयतां. पळोवनूच जायना, प्रत्यक्ष करपाक एक वेगळोच अणभव आसता. करतना एक वेगळीच खोस भोगता.''

''राजवाचो धंदो बी करपाचो विचार आसा काय कितें?'' संजीवान हुतहुतेपणान विचारलें.

''संजीव तूं जाणा म्हाका नवें नवें शिकपाक खूब आवडटा. गेले सुटयेंत हांव चुडटाचें मल्ल आनी व्हिरांची सान्न करपाक शिकिल्लों. काथ्यापासून व्हडले आनी मोटे राजू तयार करतात. साद्या काथ्यापासून सूम, राजू कशे तयार जातात तें पळोवपाक खूब मजा येता.''

''हांव बाबा बूक आसां.'' रामचंद्रान व्हडल्यान सांगलें.

''अब्बा तुका कोणें नोकरी दिता म्हुण सांगलां काय कितें रे?'' समीरान विचारलें.

''ना रे आमकां आनी नोकरी कोण दितलो? नोकरी दिल्यार तोच बाबडो त्रासांत पडटलो. आयक, म्हजो शेजारी दुदाच्यो पिशव्यो घराघरांनी वचून विकता. तो बरो ना. ताचें ल्हानशें ऑपरेशन आसा. ताणें पंदरा दीस म्हाका, दूद घराघरांनी पावोवपाक सांगलां. त्या पिशव्यांचेर जो फायदो मेळटा तो म्हाका दवरपाक सांगला.''

''म्हणजे तूं हें काम पयश्यां खातीर करता काय कितें?'' सुभाषान फकांडां करीत हांसत म्हणलें, ''पयशे दिना जाल्यार लेगीत हांव काम करतलोंच आसलों. अडी अडचणीं वेळार शेजारी, शेजाऱ्याक पावना जाल्यार कोण पावतलो? अश्या आलायत्या पयशांचो उपेग हांव शाळेच्यो वस्तू घेवपाक करतलों. आपल्या कश्टान मेळयल्ल्या पयशांतल्यान वस्तू घेवपाक आनी ती वापरपाक वेगळीच मजा आसता. गेल्या वर्सा हांवें आमच्या शेजाऱ्याक काजूच्यो बियो एकठांय करपाक मजत केली. ताणींय म्हाका पयशे दिल्ले. त्या पयशांनी हांवें म्हाका आनी मम्मीक नवे कपडे हाडले.''

''सांजचे दोंगरार वचपाचें मात आमी सोडचें न्हय. काजू, चुन्नां खावया. जांबळांचेर ताव मारुया. आंबट - गोड चारां आनी काण्णांची याद काडना बरोबर

तोंडाक उदक सुट्टा.'' इतलो वेळ ओग्गी आशिल्ल्या रणबीराक कंठ फुटलो.

''म्हाकाय दोंगरार वचपाक आवडटा. थंयचीं वेगवेगळ्या रंगाचीं, आकाराचीं सवणीं पळोवपाक खूब आवडटा. पूण मदीं मदीं सळसळत वचपी जिवाण्यांचो भंय दिसता. हांव बाबा येना थंय.'' नागेशाची धाकटी भयण मनिषान तांच्या सुरांत आपलो सूर मेळयलो. नागेशान आपले भयणीक समजायत सांगलें, ''आगो, तीं जिवाणीं कांयच करिनात. तांचेर फातर मारपाक जायना. तांकां दुखोवपाक जायना. रान तांचें घर. भोंवतात तीं बाबडीं हांगा थंय. तांकां तांचेवटेन वचूं दी आमी आमचे वटेन वचुया.''

खबरो करतां करतां आमोरी जायत आयली. शेजारचो बाप्पा तेन्नाच पासयेक वचून घरा वतालो. ताणें एकठांय बशिल्ल्या भुरग्यांक विचारलें, ''पोरांनो, कसल्यो खबरो चल्ल्यात?''

''बाप्पा आमी सुटयेंत कितें करपाचें येवजिलां तें उलयतालीं.'' समीरान नमळायेन बाप्पाक जाप दिली.

''सुटयेंत कितें करतले हाचो बरो बेत चल्ला तर! दीसभर खेळुनूच सुटी सारपाचो विचार ना मरे?''

''ना बाप्पा.'' नागेश जाण्टेपणाचो आव हाडून बाप्पाक सांगपाक लागलो.

''हांवें काथ्याच्या कारखान्यांत वचून काथ्या पासून वस्तू कश्यो करतात हें शिकपाचें थारायलां. रामचंद्र दुयेंत आशिल्ल्या आपल्या शेजाऱ्याच्यो दुदाच्यो पिशव्यो घराघरांनी पावोवपाक मजत करतलो.''

''आवयस! अपुरबायेचीं म्हजीं नातरां तीं, बरींच शाणीं जाल्यांत.'' बाप्पान तांची तोंडभर तुस्त केली.

''वाचन बी करतले मरे?'' बाप्पान तांकां प्रस्न केलो.

''तें तर आसाच. आमच्या सरान वाचनालयांतल्यान पांच तरी काणयांचीं पुस्तकां वाचपाक सांगल्यांत. सर मागीर आमकां त्यो काणयो वर्गांत सांगपाक सांगतलो.'' रामचंद्रान हांसत सांगलें.

''आमच्या वैभवाकूय हे सुटयेंत तरी आपलें अक्षर सुदारपाक सांगात. तुमी ताचें अक्षर पळयलां मरे? सामके कोंब्याचे दोके शे. वाचपाक लेगीत जायना. हांव, ताचो डॅडी आनी ताच्यो टिचरी ताका सांगून सांगून थकल्यो. तुमचे लगाडीक लागून, बसतलो तुमचे बरोबर.''

''बाप्पा तूं चिंता करूं नाका. ह्या वर्सा तो नितळ आनी सुंदर अक्षरान बरोवपाक शिकतलो. आमी ताचेकडल्यान बरोवन घेतले असो आमी संकल्प करतात.'' नागेशान शब्दांचेर जोर दीत सांगलें.

''पोरांनो तुमचे विचार करपाचे पध्दतीची म्हाका अपुरबाय दिसता. इतल्या ल्हान वयांत तुमी वेळेची आंखणी करपाक शिकल्यांत. शेजाऱ्यां पाजाऱ्यांक मजत करून समाजकार्य करतात. बरें काम करून दोन पयशे जोडपाकूय शिकल्यांत. कोण म्हणटात आतांचीं भुरगीं मस्तीं म्हुण! म्हाका तर तीं सामकीं आरुणी सारकीं आज्ञाधारक आनी शाणीं भुरगीं दिसतात. तुमकां सगल्यांक एक एक चॉकलेट दितां. घेयात आनी घरा वचात.''

■

– **कुसुम अग्रवाल**, शिवोले – गोंय.मो. : ९८६०२०७९७६

ASSURE your CAREER with...

RAJHAUNS

GCET

PREPARATORY SERIES 2014

NOW ON STANDS

• PHYSICS • CHEMISTRY • BIOLOGY • MATHEMATICS

- DTE guidelines followed
- All India appropriate CET MCQs included.
- Helps prepare well for the exam
- Sets for unlimited practice
- Dispels exam fear • 8th consecutive year

राजहंस

Publisher :

RAJHAUNS VITARAN

1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177 E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

- हर्षा शेट्ये

सुटयेंतली मजा

आमच्या भुरगेपणांत आमी सुटयेंत कितें करतालीं? एका उतरांत ह्या प्रस्नाची जाप दिवपाक जाता. 'धुमशेणां' घालतालीं. आमकां तेन्ना तीन सुटयो आसताल्यो. पयलीं बावीस दिसांची दिवाळेची सुटी, मागीर एका आठवड्याची नातलांची आनी मागीर सगळ्यांत व्हडली गरमेची सुटी. सुटी म्हळ्यार 'मजा' हो आमच्या भुरग्यांच्या कोशांतलो समानार्थी शब्द. सुटयेंत आनी भुरग्यांक क्लासाक बी घालप आसता हें तेन्ना आमच्या जाणट्यांकूय आनी भुरग्यांकूय खबर नासूये. ते खातीर आमी 'बिनधास्त' जाय तें करतालीं. आतां हांव आनी म्हज्या बरोबरचीं तेन्ना कितें कितें करतालीं हें पळयतलीं जाल्यार आमच्या शैक्षणीक जिवनाचे तीन भाग करचे पडटले. पयलो, पयली ते चवथी मेरेनचो काळ. मागीर पाचवी ते णववी मेरेनचो. ताचेफुडें म्हळ्यार धावे नंतरचो.

पयलीं ते चवथी मेरेनची गिमाळी सुटी हांवें म्हज्या आजोळा घालयल्या. म्हजें आजोळ साखळे. घरा भायर व्हडलें पोरसूं आनी पोरसांत भितर पालास कशें आज्यालें घर - पोरसूभर सगळ्या जातीच्या आंब्यांचीं, पणसांचीं, पेरिंचीं झाडां. मुसराद, मांगेलाल, शावियेर, आफोंस... मुंबयच्यान म्हजी मामेभावंडां येतालीं. तांचे वांगडा तांचीं मामेभावंडां, मावशेभावंडां येतालीं. मागीर कितें, पोरसांत धुमशेणां. कुडभर आंबे पिकत घाल्ले आसताले. वचून वचून जाय तितले खा. तेभायर झाडपिकीं घोटां पडटालीं. तीं कोणाक मेळटा काय म्हणून दिसभर दोळो दवरून आसतालीं. घराफाटल्या गोठ्यांत गोरवां आसतालीं. तांबू, काळू, गोरूं, बाळी... असलीं नांवां दवरून ही म्हजी, ती तुजी करून गोरवां वाटून घेतालीं. घराफाटल्यान व्हडलो दोंगर आशिल्लो. सांजवेळचो आजो दोंगरार घेवन वतालो. भेळसां, काण्णां, चुन्नां आपल्या हातांनीं काडून खावंक मेळटालीं.

म्हजो आजो १०४ वर्सांचेर गेला. तो वचचे पयलीं बरो चलता भोंवता आसतना हांवें ताचीं फकाणां केलीं. 'आरे पापा, तूं आमकां दोंगरार घेवन वतालो. तसो आतां पंटुरांक व्हरता रे?' काय म्हणून. आतां आज्यालें पोरणें घर मोडून थंय बिल्डिंग बांदल्या. ताणें म्हाका भायर गॅलरींत व्हेलें आनी सांगलें. 'हांव तांकां बरो व्हरन गो, पूण हांगा दोंगर खंय आसा तो मात्सो दाखय.' पळयत जाल्यार घराफाटल्या दोंगरार आतां कुचकुचीत घरां आशिल्लीं. आमच्या भुरग्यांपणांतल्या दोंगराची थंय कसलीच कुरू नाशिल्ली.

आज्याल्या घरामुखार राधाकृष्णाचें देवूळ. थंय मंडपांत लेगीत आमी खेळत आसतालीं. दिवाळेचे सुटयेंत साखळे गेल्यार आजो शियां कुडकुड्यांत उठोवन काकड्यां आरतीक घेवन वतालो. माया म्हयन्यांत आज्यागेर उकडे तांदूळ करपाक भात उकडताले. तातूंत आमकां आवडटा म्हणून पणसा भिकणां घालतालो. मागीर तीं हातरीर पातलायल्ल्या भातांतल्यान वेंचून खावप. पोरसांत खोबरें सुकोवपाक घाल्लें आसतालें. तातुंतलो एक एक कुडको तोंडांत उडोवप. मदीं मदीं आमचे खेळूय सुरू आसताले. रिंगानी, लोगोऱ्यांनी, नळकुटयांनी, मिठांनी... आनीक एक गजाल म्हळ्यार सिनेमा थिएटरांनी सिनेमा पळोवप. चडशे पौराणीक. पांडव वनवास, महासती अनुसुया, रामभक्त हनुमान, सतीसावित्री...

मागीर पांचवेक बी पावतकीच इश्टिणींचो एक ग्रुप तयार जालो. वाड्यावयल्या इश्टिणींचो, शाळेंतल्या इश्टिणींचो. तेन्ना पंचवीस सव्वीस एप्रिलाक आमचो रिजल्ट आसतालो. तो रिजल्ट जातकीच आमी खंयूय वचपाक मेकळीं जातालीं. पूण गिमाची सुटी म्हळ्यार आमी बेकार उरनाशिल्लीं. घरचीं वाड्यावयलीं

जाण्टीं आमची परिक्षा केन्ना सोंपता काय म्हणून वाट पळयत रावतालीं. पापड करपा खातीर. एकदां भुरगीं सुटयेंत खंयूय गेलीं म्हणटकीच हाताक मेळपाक कठीण म्हणून. आज हांगेर फाल्यां तांगेर करून पंदरा दीस वाडोभर पापड सुरूच आसताले. आतां येवजिल्यार पांच पांच वरां सकयल बसून पापड कशीं लाटतालीं काय दिसता. म्हजी आजी आपल्या भुरगेपणांतल्यो गजाली सांगतना आतां त्यो सगळ्यो काणयो जाल्यात म्हणटाली. खरेंच तें! म्हज्या भुरगेपणांतली सुटीय बी आतां काणीच जाल्या.

भुरगेपणांतली सुटी सैमाच्या सांगातान तशें पुस्तकांच्याय सांगातान गेली म्हळ्यार फट जावचें ना. दिसभर हेडप नाजाल्यार पुस्तकां वाचप. म्हयन्या म्हयन्याक चांदोबा विकते घेतालेच. तातूंत एक 'तिळ्या बहिणी' म्हुण काणी खिस्ती खिस्तीनीं येताली. फुडें कितें जातलें तें वाचपाची उमळशीक लागताली. तेंबगर फुलबाग, किशोर, अमृत हींय मासिकां वाचपाक मेळटालीं. आमच्या शेजाऱ्यालें पुस्तकांचें दुकान आशिल्लें. म्हळ्यार आजुनूय आसा. थंय हीं पुस्तकां विकपाक आसतालीं. तांच्या घरांकडेन पोरणीं पुस्तकां आनी दिवाळी अंक आसताले. तातुंतलीं काडून हाडून हांव वाचतालें. आमच्या भितर वाचनाची आवड आशिल्लीं दोग तीग जाणां आशिल्लीं. पूण आवडलेली कथा, काणी बाकीच्योय इश्टिणी आवडीन आयकताल्यो. म्हजी एक इश्टीण तर ती काणी रंगोवन रंगोवन सांगताली. ही आमची सवंय मात आमी लग्न जाय मेरेन उरली.

सवेक सातवेक पावतकीच आजोळा रावपाचे दीस मातशे कमी जाले. मडगांवां इश्टीणी बरोबर जार्दीनांत, सिनेमांक, कोलव्यां वेळेर वचपाक आवडूंक लागलें. आमचेर कोणाच्याच घरच्यांनी केन्नाच बंदनां घालीं नांत. नवो सिनेमा लागलो रे लागलो आमी गेलींच म्हणून समजुपाचें. तो बरो आसूं वा नासूं चलतालें. दनपारां दोन वरांच्या वताच्या कडार झरीकडल्यान वयर सरून पाजीफोंडांतल्यान कार्मेल मोनेस्ट्रींतल्यान सकयल देंवून सिनेविशांतान पावतालीं. मॅट्रोपॉल थिएटर तर आमकां लागींच आशिल्लें. सांजवेळचीं चार वरां जाता म्हणसर जार्दीनांत वचपाचे वेध लागताले. झोपाळो, मेरी गो रावंड, घसरगुंडी... घसरगुंडेचो पत्रो फुटिल्लो आसतालोच. कितलेतरी व्हिस्तीद त्या घसरगुंडेच्या पत्र्याक लागून पिंजल्यात. खेळून खेळून पुरो जातकीच पंदरा पयशांचो आयस्क्रूट आनी चण्यांची भेळ सामकी भुरगेपणांत पंदरा पयशांक मेळटाली. मागीर चार आणे जाली. ती खावन जाली म्हणटकच जार्दीनांतलो एक दीस सोंपतालो.

केन्ना केन्नाय आमची टोळी कोलव्यां वताली. कोलवेंची बस लोहिया मैदानाकडल्यान सुटताली. अर्दवरान काय वरान एक बस सुट्टाली - एकदां आमी कोलव्यां वचपाक बसस्टॉपार गेलीं जाल्यार बस सुटल्या. बसीची वाट पळोवपाचें आनी आमकां पासियेंस नाशिल्लें. 'चलत या कोलव्यां' एकट्यान म्हळें. 'हय या,' म्हणत लागलीं कोलवेंच्या रस्त्याक. कदम कदम बढाये जा करत एकदांचीं कोलव्यां चर्चीकडेन पावलीं. आतां इल्लीशी वाट उरिल्ली पूण पांयांत गुळे आयिल्ले. जु आमच्या शेजाऱ्याली टॅक्सी मेळ्ळी. ड्राय वळखिचो आशिल्लो. ताणें व्हरून कोल वेळेर पावयलीं. त्या तेंपार चलयांक व्ह कोणूय कितेंय करत बी असलो नाशिल्लो.

आमगेर माया म्हयन्यांत कोण ना कों सोयऱ्यां आयिल्लीं आसतालींच. तांगे भुरगीं आसतालीं. शेजाऱ्यांगेरूय आमच वयाचीं भुरगीं आयिल्लीं आसतालीं. भुरगीं जर मुंबय पुण्याची बी आसलीं जाल्य तांकां वालोर येतालो. तींय मागीर मुं पुण्याच्यो खबऱ्यो रंगोवन रंगोवन सांगताल हरशीं तशें पळोवंक गेल्यार तांचे परस आम जनरल नोलेज चड बरें आसतालें. पू मुंबयकारां म्हणून तांकां मान मेळटालो.

पाचवी पास जातकीच हांव मा म्हयन्यांत पयले खेपे मुंबय गेलें. वतना कोंक सेवक बोटींत गेल्लीं. भाऊच्या धक्यार बो थांबिल्ली. मुंबय म्हज्या बापायच्या माव भयणीचें लग्न आशिल्लें. धक्यावयल्या गिरगांवांत खटाव बिल्डिंगेंत बाबाचे मावशेंगे रावपाक गेल्लीं. खटाव बिल्डिंग म्हणल्य पांच मजली चाळ. चाळींत भितर सरतना व्हडलो दरवंटो. त्या दरवंट्या सकय उशीकांड्याचो रोस काडटाले. मावशेलें घ



म्हळ्यार सगळेच अडेज रूम. तांचो रूम कोनशा वयलो आशिल्ल्यान वाटकुळीच व्हडली गॅलरी आशिल्ली. थंयच्यान चारूय रस्ते दिसताले. तांबड्यो डबल डेकर बशी, घोड्या गाडयो. चर्नी रोडार एक लग्नाचो हॉल आशिल्लो. ते खातीर घोडयेर बसून वचपी न्हवरे, वराती वांगडा नाचपी लोक... सबंद दीस गॅलरींत उबें रावल्यार वेळ पासार जातालो. थंयच्यान गिरगांव चौपाटी सामकी लागीं. पयलीं भेळपुरी, पानीपुरी हांवें थंय खाल्या.

ते सुटयेंत बाबान आमकां मुंबयचीं सगळीं पर्यटन थळां, राणीची बाग, प्रिन्स ऑफ वेल्स म्युझियम, हँगींग गार्डन, गेट वे ऑफ इंडिया, तारापोरवाला ॲक्वेरियम सगळें व्हरून दाखयल्लें. मागीर आठवेचे सुटयेंत हांव परतें मुंबय गेलें. ही सुटी मात मुंबय हांवें खऱ्या अर्थान ॲन्जोय केली. मॅट्रो थिएटरान बॉबी सिनेमा पळयलो. खटाव बिल्डिंगेंत मावशेल्या शेजरा ऋता वागळे म्हुण एक चली रावतालें. तेंय म्हज्याच वयाचें. ताणें आनी हांवें भोंव भोंव भोंवप. सिनेमा पळोवप. सॅन्ट्रल, रॉक्सी, ऑपेरा हावज, इम्पेरियल, गंगा, जमुना, मराठा मंदिर गिरगांव लागसरच्या ह्या थिएटरांनीं हांव बाबाचे मावशेभयणीबरोबर आनी ऋताबरोबर गेलां. तेदेवेळार आमकां अमिताभ बच्चनाच्या पिक्चरांची क्रेज आशिल्ली. तेन्ना सिनेमा मुंबय पयलीं रिलीज जाताले. गोंयांत खूब उसरां येताले. मिनर्व्हात ७० एम. एम. स्क्रीनाचेर हांवें शोले दोन वर्सांत दोन खेपे पळयला. तेन्ना म्हाका तें व्हडलें दिसतालें. आतां येवजिल्यार हांसूंक येता.

म्हजो मामा तेन्ना माहिमाक रावतालो. थंयूय हांव वतालें. पूण खटाव बिल्डिंगेतली मजा थंय नाशिल्ली. खटाव बिल्डिंगेंत म्हज्या वयाचीं भुरगींय खूब आशिल्लीं. दिसभर इस्पीकांनी खेळप, अंताक्षरी खेळप, चौपाटेचेर वचप, मज्जा करप. ते खातीर दर वर्सा सुटयेंत मुंबय वचपाचें पिशें लागलें. सुटी पडली रे पडली, मुंबय वचपाक सांगाताक कोण मेळटा काय म्हुण हांवें सोदप. इतली म्हाका ते खटाव बिल्डिंगेची माया लागिल्ली. मावशेल्या शेजरा उदय पै म्हुण एकलो चलो आशिल्लो. तो तर म्हजे परस कितलोसोच ल्हान. ताची आनी म्हजी इश्टागत कशी जाली तें म्हाकाच खबर ना. ह्या उदयान म्हाका पिक्चरांच्यो तिकेटी मेळूंक नात तेन्ना खंयच्यान तरी फैदासून हाडून दिल्यात. एकदां तर हांव मुंबय सावन गोंयां येवपाक दोन दीस आसात म्हणल्यार मुंबय अमिताभाचो 'त्रिशूल' रिलीज जाल्लो. तेन्ना ताणें मुंबय सबर्बांत ताची मावशी रावताली थंयच्या थेटरांत व्हरून म्हाका त्रिशूल दाखयला. म्हाका खंय वता थंय म्हजेर अशीच माया करपी लोक मेळ्ळ्यात आनी म्हज्यो सगळ्यो सुटयो आनंदांत गेल्यात.

आतांच्या भुरग्यांक ह्यो असल्यो सुटयो अणभवपाक मेळनांत, म्हणून आमचें भुरगेपणूय अनमोल आनी आमच्यो सुटयोय अनमोल.

■

– हर्षा शेटये
कृष्णप्रेम, अंबाजी, फातोड्डें.मो. : ९८५०५३०१५२

तीन झाडां

- विन्सी क्वाद्रुस

पाद्री झेवियरान कबलात केल्ल्या प्रमाणें थोड्या दिसां भितर जेरुजाल्याचो तो दोंगोर पर्थून एक फावट नितळ आनी बोडको जालो. कातरून उडयल्लीं झाडां आनी शिंकाळून उडयल्लीं पानां तश्योच बडयो त त्या धनयान व्हेलीं. पाद्री झेवियरान दोंगराचेर पर्थून उदकाची वेवस्था के आनी बाजारांत वचून आदले भशेनूच नवीं बियाणां हाडलीं.

दोन हजार वर्सां आदली ही गजाल. जेरुजाल्यां देसांत थंयचे इगर्ज संस्थेचो एक दोंगर आसलो. ताचेर खूब ल्हान व्हड झाडां आसलीं. पूण थंयच्या स्थानीक गरीब आनी गरजेवंत लोकांनी हीं झाडां रांदपाक लागून वा घराचे आडोस करपा खातीर कातरून कातरून त्या दोंगराक बोडको करून उडयल्लो आनी ताचेर नवीं झाडां किल्लोवंक कोणेंच कश्ट घेतले नात.

त्याच दिसांनी, झेवीयर, हो दुसऱ्या देसांतलो एक तरनाटो पाद्री बदली जावन ते इगर्ज संस्थेंत आयलो. त्या दोंगराची अवस्था पळेवन ताका ताचे चुरचुरे दिसले. ताणें दोंगरार झाडां शिंपपाक उदक मेळटलें हाची वेवस्था केली आनी बाजारांत वचून जायत्या तरांचीं बियाणीं हाडलीं. थोडीं ल्हान झाडांचीं जाल्यार थोडीं व्हडल्या उंच झाडांचीं. आपले संस्थेंत काम करपी मनशांच्या आदारान ताणें तीं दोंगरार व्हरून रोयलीं आनी सद्दां वचून तांकां उदक घालूंक लागलो. सवका सवका बियांचीं झाडां जालीं आनी तीं झाडां वाडपाक लागलीं.

थोड्या वर्सांनीं पाद्री झेवीयराची बदली जाली आनी तो दुसऱ्या देसांत गेलो. पूण तीं झाडां ताच्या आशिर्वादान वाडत रावलीं. संस्थेंत काम करपी वचून केन्ना केन्ना तांकां उदक घालताले. पूण तीं व्हड जातच सगल्यांनींच तांकां सोडून दिलीं. दोंगरा वेलीं झाडां देव शिंपता हें आमकां सगल्यांक खबर आसाच, तसो त्याय झाडांक आतां देवाचोच आसरो मेळूंक लागलो.

एक दीस एका झाडान दुसऱ्या झाडाक प्रस्न केलो. ''म्हाका सांग, तूं व्हड जातच तुजे पासून मनशान कितें केल्लें जाय?'' दुसरें झाड आयकून अजाप जालें. पूण ताणें ताका सांगलें ''मनशान म्हजे पासून एक अखंड आरमार केल्यार हांव खुशाल जातलें. कित्याक मनीस आरमारींत उंची मोलाच्या कपड्यां बराबर भांगर, रुपें आनी हेर मोलादीक वस्तु दवरता.'' ताची जाप आयकून पयलें झाड खुशाल जालें.

''पूण तुवें आपणां पासून कितें केल्यार बरें जातलें ही गजाल सांगूंक ना.'' दुसऱ्या झाडान पयल्या झाडाक म्हणलें.

''म्हजी कांडी पळे कितली अखंड आनी रूंद ती. कोणेंय म्हजे पासून एक व्हडलें तारूं केल्यार हांव आनंदीत जातलें. आतां जायतो लोक तारवाचेर प्रवास करता, तांकां सुरक्षीत म्हज्या गोपांत घेवन हांव जायत्या देसांनी दर्यांतल्यान भोंवडूंक सोदतां.'' पयल्या झाडान जाप दिली.

तांच्यो गजाली आयकतल्या बारीक पूण लांब अशा तिसऱ्या झाडाक दिसलें आपणेंय कसली तरी इत्सा प्रगट करची. देखून ताणें शेंडो देंवयत तांचे मदीं जाप घालीत सांगलें, ''म्हाका जाल्यार वयर वयर वचूंक जाय जे वरवीं हांव मळबाक तेंकतलें आनी देवाच्या सांगाताक सर्गाक तेंकून रावतलें. तेन्ना संवसारांतलें लांब झाड म लोक म्हजी तुस्त करतले.''

अशे तरेन इश्टागतींत आयिल्ल्या ति झाडांनी आपापल्यो इत्सा प्रगटावन मन उ केलें आनी आपल्या चिंतनां प्रमाणें जिवित घडून आयल्यार पुरो म्हुण ताणीं हा बाळगिलो.

इगर्ज संस्थेचो दोंगर पर्थून एक फा चंवरून आयलो आनी झाडांच झा एकामेकाच्या गोपांत म्हणिल्ल्या भशेन झेलू लागलीं. कितलीं सवणीं थंय आपले घोंटर कर रावूंक लागलीं. माकड उडक्यो मारून नाचू लागले. चानयो आनी सोंशे खेळूंक लागले. दोंगर म्हणल्यार जनावरांचें आनी सवण्यांचें ए जिवाळ कुटूंब जालें. तेन्ना मात लोकांक धाड जालें ना. पर्थून थंय वचून जळवाक वा आडोसा झाडां कातरून व्हरूंक.

आनीक थोड्या वर्सां उपरांत तीं सगलीं झाडां सामकीं व्हडलीं जालीं आनी जून जालीं. थोडीं झाडां उंच उंच भरारी मारूंक लागलीं. तातूंत हीं हावेस बाळगून आशिल्लीं झाडां आपल्या सपनांत जियेतालीं. केन्ना केन्ना आपल्या भितरूच तीं देवाक होरायतालीं आपलीं सपनां साकार करूंक.

तेन्नाच पाद्री झेवीयर परत एक फावट ते इगर्ज संस्थेंत पावलो. आतां तो जाण्टो जाल्लो. ताका तशी झाडांची जावं दोंगराची आवड उरूंक नासली पूण आपल्या हातांनी हरयाळी निर्माण केल्ली ती पळेवंक तो एक दीस दोंगरार भोंवूंक गेलो. आपणें रोयल्ल्या बियांचे येदे व्हडले रूख जाल्यात आनी ते सैमाकडें मिसळून आसात तें पळेवन तो खुशाल जालो. पूण त्याच खिणाक ताच्या मनांत एक नवो विचार आयलो. 'आनीक थोड्याच तेंपान हीं झाडां जाण्टीं जातलीं आनी थोडीं सुकून वतलीं. मागीर हांगाचे लोक तांकां आपल्या जळवाक ना जाल्यार आडोसाक कातरून व्हरतलीं. तेन्ना हो दोंगोर पर्थून एक फावट बोडको जावन पडटलो. त्या परस ह्याच वेळार हीं झाडां कातरून, तांचो बरो उपेग करून, तांच्या जाग्यार दुसऱ्या नव्या झाडांचीं बियाणीं घालीं जाल्यार आनीक कितलीशींच वर्सां हो दोंगोर चंवरून उरतलो.'

आपलो विचार ताणें वडिलां मुखार घालो आनी कशे परी तो दोंगोर चंवराक हाडिल्लो तें सांगलें. तें समजून घेतच वडिलांनी ताका झाडां कातरूंक परवानगी दिली. त्या प्रमाणें ताणें सरकारी सोपस्कार पूर्ण करून झाडां कातरप्यांक हाडले आनी झाडांविशीं तांचें मत घेतलें. ते तरेतरेचे धंदेकार आसले. देखून तांच्या मनांत वेग-वेगळे विचार येवंक लागले. तांचे नदरेंतल्यान हीं तिनूय झाडां चुकूंक नात.

पाद्री झेवियराचे संमतीन खंयचीं झाडां कोणें घेवपाचीं तीं वांटून घालीं आनी तांचे कडेन आपली पयशांची कबलात करून तो गेलो. तशे जण एकलो आपापल्या मनशांक घेवन झाडां कातरूंक मुखार सरले.

एकलो इत्सा प्रगट केल्ल्या पयल्या झाडा फुड्यांत येवन ताका बारीकसाणेन पळेवंक लागलो. ताणें म्हणलें, ''हें झाड एकदम अखंड दिसता. तें एका थवयाक विकल्यार ताचे आमकां

जायते दुडू मेळटले.'' आपलो विचार अस्तित्वांत घालूंक ताणें थवयाक आपोवन हाडलो आनी चड पयशांची मागणी करून तें ताच्या सुवादीन केलें. झाड खुशाल जालें. कित्याक तें जाणां आसलें एका थवयान आपल्याचेर काम केल्यारूच आपलें सपन पूर्ण जातलें म्हण. दुडू, भांगर, उंची मोलाचे कपडे घालपाची आरमार तोच करूंक शकता, हें झाडाक खबर आसलें. थवयान झाड कातरूंक सुरू केलें.

इत्सा प्रगट केल्लें दुसरें झाड जाणें घेतिल्लें तो ताका पळेवन म्हणूंक लागलो, ''हें झाड बरेंच अखंड आनी रूंद. ताची बांदावळ पळेल्यार तें एका तारूं करप्याक विकल्यार म्हजो खूब फायदो जातलो.'' ताणें आपल्या एका मनशाक आपयलो आनी तारुं करप्याक सोदून हाडूंक सांगलें. तो गेलो. दुसरेंय झाड खुशाल जालें. कित्याक ताकाय खात्री जाली आपल्या पासून तयार जातल्या तारवांत घालून आपूण जायत्या लोकांक दर्यांत भोंवडायतलें म्हण.

पूण जाच्या वांट्याक इत्सा प्रगटणार तिसरें झाड पडिल्लें, ताणें कसलीच प्रतिक्रिया दाखयली ना. ताणें सरळ आपल्या मनशांक आपयले आनी तें झाड कातरूंक हुकूम घालो. तें झाड भियेलें. कित्याक तें हेर झाडां भशेन कसलेच नदरेन आकर्शीत नासलें. तें लांब जाल्लें पूण ताच्यो खांदयो मेळत तश्यो पसरिल्ल्यो. फकत उज्याक घालूंक आपलो वापर जालो जाल्यार आपलें सपन भंग जातलें म्हण तें चिंतेस्त जालें.

ताचे फुड्यांत झाडां मारपी आयले. तातुंतल्या एकल्यान म्हणलें, ''पात्रांव, तूं चिंतता तितलें हलकें झाड न्हय हें. ताची कांडी बारीक पूण कितली लांब आसा ती पळे.'' उलयता आसतना ताणें त्या झाडाची कांडी हातानूच मात्शी वाजोवन पळेली. ''पात्रांव, पाटयो करूंक तें सामकें उपकाराक पडटलें. तूं आतां नवें घर बांदपाचो आसा. ताचे खातीर तुका ताचो भरपूर आदार जातलो.'' आपल्या कामदाराचें म्हणणें पात्रांवान मानून घेतलें आनी ते दिशेन झाड कातरूंक सांगलें. ते झाड कातरूंक लागले.

पाद्री झेवियरान कबलात केल्ल्या प्रमाणें थोड्या दिसां भितर जेरुजाल्याचो तो दोंगोर पर्थून एक फावट नितळ आनी बोडको जालो. कातरून उडयल्लीं झाडां आनी शिंकाळून उडयल्लीं पानां तश्योच बडयो त्या त्या धनयान व्हेलीं. पाद्री झेवियरान दोंगराचेर पर्थून उदकाची वेवस्था केली आनी बाजारांत वचून आदले भशेनूच नवीं बियाणां हाडलीं. ताच्यान आतां आदले भशेन दोंगोर चडूंक जायनासलें, म्हण संस्थेच्या तरनाट्या कामदारांक बियो रोवपाचें ताणें मंत्र दिलें. त्या प्रमाणें ते तरनाटे कामदार बियो पेरूंक गेले. दोंगराचेर नव्यान काम सुरू जालें.

आतां पळेवया त्या इत्सा प्रगटणाऱ्या तिनूय झाडांचें कितें जालां तें. पयलें झाड थवयाच्या घरा पावलें. ताणें गाडयेर घालून तें भोंगसाळींत व्हेलें आनी ताचे ल्हान ल्हान कुडके केले. मागीर ताचीं ल्हान ल्हान फळीं काडलीं. बारीक खांद्यां पासून लोळगे काडले. हो थवय कितें करता तें झाडाक कळना जालें. एक बरिशी आरमार करतलो जाल्यार व्हडलीं फळीं तरी काडूंक जाय आसलीं पूण ल्हान फळ्यांनी कितें करतलो तें ताच्या ध्यानांत येना जालें. तें सारकें निराश जालें.

कातरिल्लें तें लाकडाचें साहित्य घेवन थवय आपल्या घरा आयलो आनी ताचेर काम करूंक लागलो. लोळग्यां पासून आपल्या गोरवांक थारूंक ताणें एक गोटो उबारलो. ल्हान ल्हान फळ्यांचीं बॉक्सां करून तातूंत गोरवांची खावड दवरली आनी थोडीं फळीं आडोसाक लायलीं. तांकां तेंकून तण राशीक घालें. झाडाक खूब दूख जाली. आपणें चिंतिल्लें एक आनीक जालें एक म्हण.

दुसरें झाड एका रांपोणकाराच्या ताब्यांत पाविल्लें. ताणें तें भोंगसाळींत व्हेलें आनी खूब

लांब फळीं काडलीं. ताचे पासून ताणें आपणाक नुस्तें मारूंक वचूंक फायद्याक पडटा अशी बोट करपाक तें वापरलें. ह्या रांपणकाराचे विचार पळेवनूच झाडाक दिशिल्लें हाचे कडेन तारूं करूंक जावंचें ना म्हण, आनी तेंच खरें जालें. हेंवूय झाड निराश जालें. लोकांक घेवन दर्यांत भोंवपाचें ताचें सपन खरें जाल्लें पूण ते खारवी आसले. तातूंत वॉर्रर नासलें, सोबीताय नासली. तारूं जावपा बदला तें नुस्तें धरपाचे बोटींत बदलिल्लें.

तिसऱ्या झाडाची काणी वेगळीच थारली. ताका विकतें घेतिल्लो मालक तें शिंकाळूंक लागलो, तेन्ना त्या कामदारान सांगिल्ली गजाल खरी दिसली. ताची कांडी बारीक पूण बरीच अखंड आसली. ताणें ताका भोंगसाळींत व्हेलें आनी ताच्यो पातळ अश्यो पाटयो काडल्यो. आपल्या नव्या घराक तांची गरज पडटली अशें धरून ताणें त्यो पाटयो एका भितरल्या रुमांत मांडून दवरल्यो. आपलो फुडार काळोखांत पडलो अशें चिंतून तें तिसरें झाड बरेंच खंती आनी दुखी जालें.

जेरुजालें परत एक फावट आपल्या वेव्हारीक जिवीतांत भितर सरलें. ल्हान तशीं व्हड, दादले तशे बायलो, आपल्या कामांत गुंतून गेलीं. एका बोडक्या दोंगरार केदें व्हडलें प्रकरण घडलें हें चडशा जाणांच्या लक्षांत आयलें ना, पूण जे दोंगराचेर वताले, ताणीं पाद्री झेवियराचें शाणेपण पळेल्लें. ताची दुरदीश्ट पळेल्ली आनी पर्यावरणाचे नदरेन शारांत न्हय जाल्यार दोंगराचेर तरी हरयाळी आसूंक जाय हाचेर भर दिल्लो म्हुण स्थानीक लोकांक ताचो अभिमान जाल्लो. पूण जेरुजाल्याच्या त्या इत्सा प्रगट केल्ल्या तिनूय झाडांची अवतीकाय कितें जाल्या तें कोणाक खबर आसलें? तांचीं सपनां भंग जाल्यांत म्हण कोण जाणा आसलो? तीं तिगांय वेग-वेगळ्या जाग्यांचेर अस्तव्यस्थ जावन पडिल्लीं. जायत घडये तांकां आपल्या सपनांचेर विसर पडिल्लो.

ह्या संवसारांत जायते फावटी नियतीचो वेगळोच खेळ पळेवंक मेळटा. कोण तरी चिंतता तशें घडना, तर भलतेंच घडटा. तेन्ना सूख आनी दुख, सोंतोस आनी निराशा, गर्व आनी अभिमान सारक्यो भावना आपलें रूप दाखयतात. मागीर दोळ्यांतल्यान खोशेचीं दुकां ना जाल्यार काळजांतले उल्हास भायर सरतात. जेरुजाल्यांत तेंच घडलें.

एक दीस एक गर्भेस्त अस्तुरी कश्टत आपल्या घोवा बराबर वतना त्या थवयाच्या घराकडेन पावली. घोवान थवयाक विचारलें, ''बाब, म्हजी बायल गर्भेस्त आसा. तिच्या बाळंतपणाक हांगा खंय तरी जागो मेळत?'' तो थवय घुस्पलो. ताचें घर इल्लेंशें आसलें आनी ताच्या घरा कुशीक गोठो आसलो. ताणें तांकां गोठ्यांत व्हेलीं आनी विसव घेवंक सांगलें. थोड्या वेळान ते गर्भेस्त अस्तुरेन थंयच एका भुरग्याक जल्म दिलो. तिच्या घोवान थंयचें एक ल्हानशें बॉक्स काडलें आनी तातूंत तण घालून बाळकाक दवरलो. त्याच खिणाक एक अजाप घडलें. तो भुरगो पर्जळूंक लागलो. ताचेर एक वेगळोच प्रकाश फांकारूंक लागलो. तेन्ना तें इत्सा प्रगट करपी पयलें झाड अभिमानान भरलें. आपल्या पासून केल्ल्या त्या गोठ्यांत एके वाटसूर अस्तुरेक प्रसूत जावंक मेळ्ळें आनी आपल्याच बॉक्साचेर तिच्या पर्जळीत भुरग्याक आलाशिरो मेळ्ळो म्हण तें गर्वान भरलें. ताच्या सपनां परस हें व्हड भाग्य आसलें.

वर्सां पासार जालीं. दुसऱ्या इत्सा प्रगट करपी झाडा पासून केल्ल्यो बोटी नुस्तें मारूंक वताल्यो, पूण जायते फावटी नुस्तेंच नासतना पर्थून येताल्यो. ह्या अपेसाक लागून त्या झाडाच्या खांदयांक दुख्ख जातालें. आपलें नशीब खोटें असो तांकां आभास जातालो. अशे परिस्थितींत एक दीस कांय खारवी बोटीचेर चडले आनी दर्यांत गेले. पावसाचे दीस आसले. ते दर्यांत आसतना अकस्मात वाऱ्याचो नेट वाडलो आनी बोट सगळीच हालूंक लागली. दर्याच्यो ओसाडी बोटींत भितर सरूंक लागल्यो. बोटींत आशिल्ले सगले भियेले. तांचे मदलो एकलो न्हिदून आसलो. हेरांनी ताका उठयलो. ''गुरूजी, दर्यांत वादळ जालां आनी आमकां दिसता आतां आमची बोट बुडटली. उठ.'' तो उठलो. ताणें रागार-फुगार जाल्ल्या दर्याचेर एक नदर घाली आनी आपलो हात उबारलो. खिणा भितर वादळ शांत जालें. ही करणी पळोवन बोटीचेर आशिल्ले सगळे शांत जालेच पूण चड अजाप जाली ती स्वता बोट. त्या दुसऱ्या झाडाची इत्सा आसली आपणें जायत्या प्रवाशांक घेवन दर्यांत भोविल्लें, पूण वादळ जाल्ल्या दर्याक शांत करपी मनशाक घेवन भोंवता हाचे परस दुसरें व्हडपण क आसूंक शकता!

निमाणें इत्सा प्रकट करपी झाडाचें जालें तें पळोवया. पाटयो करून आपल्या खातीर कातरून दवरिल्ल्या झाडाचो मा रोमन सरकाराचो अधिकारी आसलो. सरकारान कोण एका मनशाक खुर खिळावपाचो हुकूम घालो तेन्ना खुरीस क सरकाराक तसलें लाकूड जाय पडलें. क तरी सांगलें ह्या अधिकाऱ्या कडेन पाटयो आ म्हण. तोंडाक येता ती किंमत मागूंक ला नितीघराच्या वडीलान ताका त्यो पाटयो हा लायल्यो आनी रोमन सरकाराच्या शिपाय तांचो खुरीस केलो. तो खुरीस फर्माण मारिल्ल त्या मनशाच्या खांदार दिलो आनी रस्त्या वेल्य घेवन वचूंक लागले. रस्त्याच्या दोनीय वाटे लोक रावून खुरीस घेवन वतल्या मनशा फकांडां मारूंक लागले. कोण ताचेर थि उडोवंक लागले. तो बाबडो खुरीस घेवन प उठत वतालो. मदींच ते शिपाय ताका मारता ओडीत, लकयत ताका उंच दोंगरार व्हेलो आ ताका खुर्सार खिळायलो. एक आकांता आवाज जालो आनी सगल्या संवसारा काळोख पसरलो. तेन्ना कितल्या जाणांनी त खुर्साक नमस्कार केलो, ताचे पांय पडले. पळेवन त्या तिसऱ्या झाडाक व्हड अभिमा भोगलो. वेगळेच तरेन आपलें सपन ख जाल्ल्यान तें खुशेन भरलें.

इत्सा प्रगट करपी ह्या तिनूय झाडांक जेजूच स्पर्श मेळ्ळो. ज्या गोरवांच्या गोट्यांत त जल्मल्लो तो पयल्या झाडापासून तयार केल्ल गोटो आसलो. मागीर उदकांत वादळ आयिल्ल तेन्ना खारव्यांचे बोटींत न्हिदून आशिल्लो त जेजू आसलो आनी खुर्सार खिळायल्लो तोबू जेजूच आसलो. इतल्या म्हान मनशाक घेवंक आनी भोगूंक त्या तिनूय झाडांचें नशीब थारल आनी ल्हानपणांतली तांची इत्सा पूर्ण जावन त धन्य जालीं.

– विन्सी क्वाद्रुस
आर्लेम राय, सालसेत-गोंय
मो. : ९८२२५८७४९८

चिऊ... म्हजें चिऊ

- आशा शानभाग

आमचें चिऊ फाल्यां हनिमुनासांवन येवपाचें... हांव ताका येवकारपाचे गडबडींत आसां. आंवय... चिऊ कोण काय म्हणटात? शी... सामके गडबडींत आसां हांव न्ही? विसरलेंच. तर चिऊ म्हळ्यार आमची धूव. एकली एकसुरी धूव. जाय जाय म्हणून जल्मल्ली आमची धूव. चिन्मयी. पंदरा दिसां आदीं ताचें लग्न जालें आनी दोनूय घरचीं आरती-परती जेवणावळ करून धूव-जावंय हनीमुनाक गेल्यांत. मुन्नार. केरळांतल्या बॅकवॉटरांतले हावसबोटीचेर राबितो केला तांणी. थंयच्यान दिसपट्टी धा-बारा फावट आमकां फोन करी चिऊ. आमी दोगांय खो-खो हांसतालीं. ''पोरां हनिमुनाकच गेल्यात न्हीं?'' चार फावट हांणीं म्हाका विचारलें लेगीत. हांवें पदर तोंडार धरून हांसचें. फाल्यां गोंयां येवपाक रेल्वेंत बसतात. हो फोन आयला.... ह्या वेळार म्हळ्यार रातच्या साडे धा-पावणे इकरांक केलो ताणें. आमी खूब हांसलीं आनी दोगांयनी वांगडाच म्हटलें... ''खरेंच हीं दोगांय हनीमुनाकच गेल्यांत कायऽऽऽ?'' आमच्या दोगांयचो हांसो केदो वेळ लेगीत थांबलो ना.

आमी न्हिदपाक गादयेक फाट लायली मात, हांचें घोराख्यान जोरजोरान सुरू जालें. वय जाल्ल्यान पयलींच दोळो लागप कठीण आनी तातूंत हांचो हो बँडबाजा जोरजोरान. देवाक हात जोडले. ''सगल्यांचें बरें कर रे सायबा. धुवे-जावंयाक बरी बुध्द दी आनी बरें कर तांचें.'' फाल्यां सकाळीं आमचें चिऊ पर्थून येवंक भायर सरपाचें. काणकोण रेल्वेस्टेशन आमकां लागींच. फकत पांच मिन्टांचे वाटेर. जावंय पणजेचो. करमळे देंवन वचचे परस पयलीं हांगाच येतलीं तीं शेर्त! चिऊक तांदळाच्या पिठाची कांदो, कोथमिरे पालो घालून भाकरी आनी घरावें लोणी आवडटा. जावंयाकय बीन. फाल्यां घरांत पावलीं की आल्याची च्या आनी भाकरी पळोवन पोरां खुशाल जातलीं. जावंयाक पुन्नपोळयो भोव आवडटात. फाल्यां सांजचो सवितबायेक आफोवन पुन्नपोळयांचो बेत करतां. सकाळीं चार चकल्यो आनी डबोभर शंकरपाळयोय करतां. पोर पुरो जावन येतलें तें म्हज्या गळ्यांतच पडटलें पळय. चिंततां चिंततां केन्नातरी दोळो लागलो म्हजो.

दुसरे दिसा सकाळसावन म्हजी धांवधपट सुरू जाली. पुरण तयार करपाची तयारी केली. मैदो चाळुनच दवरलो. शंकरपाळी, चकल्यो पटापट करून डब्यांनी घाल्यो. दोन सेपराद पाकीटां करून चिऊच्या घरा व्हरपाक दवरलीं. चिऊ आमची एकली एकसुरी धूव. लाडा-कोडान वाडयलें तरी संस्कार खूब बरे दिल्ले ताका आमी. शिकोवन न्हय तर आमचे वागणुकेंतल्यान दाखोवन. 'दिल्ले घरा बरें करतलें तुमचें चली.' हें तोखणायेचें उतर जायते आमकां सांगताले आनी जालेंय तशेंच. तोंडा-तोंडांनीं चिऊच्या गुणांची तोखणाय जावन चिऊचे मांयन आमच्या घरा येवन चिऊक मागणी घाली. ''तुमी किदें घालचें-करचें हें हांव सांगना. पूण तुमकां विनवणी करतां की कितें घालतात तें आमकां कळीत करात. आमचे सुनेक आमकांय दोन वस्ती करपाक जाय.'' ताचे मांयच्या ह्या एकाच उतरान तिचें सुपायेदें काळीज आमकां समजलें.

खरें सांगतां तुमकां... चिऊक बऱ्या संस्कारा वांगडाच हांवें एक विखारी शिकवणय दिल्ली. 'आमचें घर हेंच तुजेंय घर.' एकलीच धूव... आमच्याच म्हऱ्यांत आयुश्यभर रावचें इतलोच हेत आसलो म्हजो. आनी इतलें आयुश्य ह्या घरांत काडून लग्न जाले उपरांत लेगीत ताणें केल्ल्या फोनावेल्या उलवण्यांत जाणवतालें की म्हजी शिकवण ताच्या रक्तांत भरसुनच गेल्या. केरळच्यान येवपी फोन लेगीत तशेच. ''हांवें आमच्या घरा खातीर हें घेतलां आनी तांचे घराखातीर तें.'' हांव आमचीं आनी तांचीं हीं उतरां आयकून खुशाल जातालें.

चिऊच्या लग्नादिसा आमचे हे धरण फुटिल्लेवरी रडले. पूण म्हज्या दोळ्यांतल्यान एकूय थेंब आयलो ना. कारण हांव जाणतालें म्हजें 'वीश' खंय मेरेन पावलां तें. चिऊ आमकां सोडचें ना हें हांव जाणतालें. आमचो हो येऽऽदो व्हडलो तीन बेडरुमांचो फ्लॅट... आनी तांचो तीन बेडरुमांचो आमचे फ्लॅटा एदोच बंगलो. आमच्या घरांत आमी तिगांच. तर तांचे थंय मांय-मांव, देर-जाव तांचीं भुरगीं आनी हीं दोगां. विस्कळ जगण्याची सवंय आशिल्ल्या चिऊक कचकच आवडचोच ना. हाचेर हांव शेर्त. हे चितनेन म्हजो जीव घुसमटतालो. पूण हे मात शांत... थीर आसले.

''आमचें चिऊ साकर आनी ताचे घरचीं... मांय-मांव, देर-जाव दूद कशें. सामकें भरसून वतलें चिऊ थंय.''

हांचें अशें उलोवणें आयकून हांव तिडयतालें.

''आमकां म्हातारपणांत कोण?''

हांवें मनांतले मनांत फडफडत हो प्रस्न करप.... मनांतच.

हा... हु... करून आयज सोपून फाल्यां उदेलो. हांव व्होडविकायेन रेल्वेच्या टायमाची वाट पळोवंक लागलें. सकाळ सरली. दनपार वयर चडली. हांवें हांकां विचारलें, ''आयज गाडयो लेट काय किदें?''

''जाणां कोण!'' हांणीं टि. व्हीवेली नदर न हालयतां जाप दिली. निमणो बापुयूच तो! दादलो. आवयचें काळीज कशें कळटलें? हांवें डायरेक्ट चिऊचो मोबायल ट्राय केलो. ''हॅलो'' अनवळखी आवाजांतली जाप आयली. ''कोण?''

''हांव दिया गे. भय्या आनी भाबी सकाळीं पावलीं. आतां न्हिदल्यांत तीं. तांकां डिस्टर्ब करपाक नाका म्हणून हांवें घेतलो फोन. भाबी उठली की सांगतां हांव.'' फोन कट.

हांवें फोन आपटिलो. म्हज्या आंगांतल्यान हुमेच्यो दोडी व्हांवपाक लागल्यो. आमचें घर पयलीं आसुनय हें हांगा न देवतां डायरेक्ट करमळे देंवलें आनी घरा गेलें ह्या विचारान म्हजें मन-काळीज गोठलें. प्रेसांव वयर-सकयल जालें. हांव र तें पळोवन हे धांवत आयले.

''आगो जालें किदें? चिऊ बरें अ मुगो?''

''चिऊ सकाळींच घरा पावलें खंय ताच्या

'ताच्या' ह्या उतरांवेलो म्हजो जोर जाण हांकां किदें तें समजलें.

''आगो चली म्हळी की मनाची तय दवरपाक जाय ताका पयस करपाची. म्हजे तुजें करचेपरस चिऊक आमच्या दोन घ आसात अशें चितपाक जाय आमी. दोन घरां. चार आवय-बापूय अशें चितल्यार चिऊय सुर जातलें आनी तुंवय. चिऊ साकर कशें भरसत आनी तोखणाय तुजीच जातली. धुवेक आवय बरी शिकवण दिल्या म्हणून. पूस ते दोळे. आ सांबाळ स्वताक. हाचे फुडें म्हाका तूं आ तुका हांव. चिऊ आपुणूच फोन करतलें पळ आमकां.'' हांणी म्हाका समजायलें.

खरेंच... हांचें म्हण्णें साप्प खरें. म्हाक पटलें. दोळे पुसून हांव चिऊच्या फोनाची वा पळोवंक लागलें.

■

– आशा शानभाग

सादोळशें – काणकोण, मो. ९४०४१४५३३७

BROADWAY
BOOK CENTRE
KNOWLDGE IS POWER

Goa's Biggest Book Stores

15% discount for **Bimb** Readers, bring this ad, and avail of discount

PANJIM: Ashirwad, 1st Floor, Nr. Caculo Island, 18th June Road, Panaji, Goa.
Tel. 6647037/ 6647038. **Mob:** 98224988564/9860030339.
Email: bbcbooks@rediffmail.com, fahimbbc@gmail.com

CANDOLIM: Landscape Holiday Unit, Ground flr, near Dr. Dukles Hospital & Research Centre, Aguada Fort road, Candolim, Goa. **Tel.** 9860030339

MARGAO: Paulinoes Building, Ground flr, near Popular High School, Comba, Margao Goa.
Tel. 9860030339

म्हाका सुटी पडल्या

- ब्र. जॉन आल्फोन्सो

'आतां हांव फ्री. आतां कसलेंच टेन्शन ना. म्हाका सुटी पडल्या.' अशें एक तरनाटो म्हजे लागीं उलयतना म्हणूंक लागलो. 'सुटयेंत तुजी कसली येवजण आसा?' म्हजो विचार. 'स्पेशल कांयच ना सर.' तरनाट्याची सडसडीत जाप. 'म्हाका मौजा मारूंक जाय. मायाचो म्हयनो, परबां, फेस्तांचो म्हयनो. मौजेचो म्हयनो.' अशें जायतेत्र कितें तरी तो तरनाटो उलयत रावलो. त्या तरनाट्याचीं उतरां म्हज्या मनांत घट्ट रिगलीं. खरें म्हळ्यार, ह्या सुटयांचेर नियाळ करपाचे यत्न हांवें केल्यात, पूण गंभीरतायेन तितलो विचार जावंक ना. हालींच हांवें 'त्या' तरनाट्याचें मन समजून घेवपाचे यत्न केले तेन्ना ह्या विशयाचेर गंभीरताय वाडली.

म्हज्या भुरगेपणार, आमकां सुटी पडतच आमी मामागेर वो माशेनागेर (मावशेगेर) रावूंक वेतालीं. हाचो उगडाच जिवो आसा. थंय आमी चडशीं सोयरीं एकठांय जातालीं. खुशालकायेन वेळ सारतालीं. तरेतरेचे खेळ खेळटालीं. एकामेकाची वळख बरी जाताली. दुसरे वाटेन केन्ना केन्नाय एकामेकांक कुसां लायतालीं. एकामेकाचे पांय ओडटालीं. पूण हें सगळं थोडो वेळ चलतालें. रोखडींच बरीं जातालीं. मामी वो मावशी आमकां गोड गोड खावपाक दिताली. आमी तांगेर आयल्यांत म्हुणटच तांकांय खोशी जाताली. ओतुंब्राची सुटी एकल्यागेर जाल्यार मायाची सुटी दुसऱ्यागेर वचप जातालें.

तरनाटी पिराय जाली तशी हातूंत आपोआप बदल घडलो. सुटयेंत नवें कितेंय तरी शिकचें अशें दिसतालें. कुटुंबांतच रावप जातालें. सोयऱ्यांगेर वचप आनी रावप खूब कमी जालें. खरें म्हळ्यार ही बरी संवय आसली. अनवळखी परिस्थितीक फुडो करूंक खूब फायद्याची जाताली. समाजांत घडटल्या घडितांची वळख घेवंक थोड्या प्रमाणांत तरी फायदो जातालो. आयज सुटयांनी वेगळेंच रूप घेतलां. आयज भुरगीं तर टिवी, मोबायल, इंटरनेट सोडून वचूंक सोदिनांत. 'आण्टी, तुमगेर इंटरनेट आसल्यार हांव तुमगेर येतां.' असली जाप आयज भुरगीं दितात. दुसऱ्यांगेर वचून दुसऱ्यामदीं मिसळ जावंक, तांकां वळखून घेवंक आयजची आमचीं भुरगीं सोदिनांत. खंयतरी आमी चुकतात व्हय?

'खुशी आसा ताका वाट मेकळी आसता.'

अशें म्हणटात न्हय? आमच्यांनी विविध तरेन आमच्या सुटयांचो उपेग करूं येता. आमचें ध्येय तर मनांत दवरून सुटयांच्या दिसांनीं आमी वावुरले जाल्यार अदीक फायदो जावं येता. 'आमच्या सुटयांच्या दिसांनींय आमी शिकत रावचें कितें?' अशें आमचीं साबार तरनाटीं प्रस्न करतलीं. प्रस्नूच केले म्हणून सोंपलें कितें? हाचेर गंभीरतायेन नियाळ जावंचो अशें दिसना?

'आमकां सुटी कित्याक दितात? मौजा मारूंक. इतले म्हयने आमी शिकलीं. आतां तरी आमकां भोवूंक नाका...?' अशें कांय तरनाट्यांनी ह्या सुटयांविशीं उलयतना आमकां प्रस्न केले. तरनाट्यांनीं सुटयांनीं पासून फक्त शिकचें आनी सापूच मौजा मारची न्हय वो भोंवचें न्हय अशें हांव म्हणूंक सोदिना. पूण सुटयांनीं पासून आमचो वेळ फावो ते भशेन बऱ्या वावरा खातीर सरलो जाल्यार भोव फायदो जावंक पावता. फावो ते भशेन म्हळ्यार, एकमेकाची वळख घेवन, कुटुंबा वांगडा थोडो तरी वेळ सारून, कोण कोण आमचीं सोयरीं आसात तांगेरूय वचून एक दोन दीस तरी सारले जाल्यार आमची वाड जावंक आमी आमकांच आदार दितलीं. आयज आमचीं जायतीं भुरगीं-तरनाटीं सुटयांनीं मौजा जाय म्हणटात. कसली मौजा? कित्याक मौजा? खंय मौजा? हाची जाप मात जायत्या तरनाट्यां कडेन ना. कांय तरनाटीं सुटी पडल्या म्हुण दर्या वेळेर गेल्लीं. मायाचो म्हयनो, पिकनिकेचो म्हयनो, मौजेचो म्हयनो. हें तांच्या मनांत कोणेंतरी घातललें. तांचे मौजेक मर्यादा आसूंक ना. खूब सोरो पियेलीं. कुडिचो भोग घेतलो. तांच्या प्रमाणे खुशाल जालीं आनी घरा परतलीं. तरनाट्यांनों, ही कसली मौजा? कसली खुशालकाय?

आमी वर्सभर शिकतात. सुटी दितात ती मात्सो विसव घेवंक आमकां दितात. हें सगळें म्हाका मान्य आसा. पूण आमी ओगीच मोबायल, इंटरनेट, फेसबूक घेवन दीस आनी रात बसचे परस कितेंतरी नवें शिकपाचे यत्न केले जाल्यार कितें वायट? 'हांव म्हज्या मामाक तितलो वळखना जाल्यार सुटयांनीं तांगेर वचून हांव कितें करतलों? तांचो एकटोच चेडो तो दीस-रात मोबायल घेवन आसता. तर हांवेंनूय म्हजें लॅपटॉप घेवन बसल्यार म्हाका फायदो जाता.' अशें एकटो चवदा वर्सांचो भुरगो ह्या सुटयांविशीं उलयतालो.

सुटयांच्या दिसांनीं साबार संस्था भुरग्यांक - तरनाट्यांक जायत्यो कार्यावळी घडोवन हाडटात. असल्या कार्यावळींनीं वांटो घेवंक आमचीं थोडीं तरनाटीं सदांच फाटीं. 'आमकां खंय वेळ आसा? आमी बेकार?' असले साबर प्रस्न करूंक आमचीं तरनाटीं फाटीं रावनात. सुटयांविशीं आमची वृत्ती आसा तातूंत बदल जावपाची गरज. सुटयांच्या दिसांनीं चड विसव घेतल्यार बरें. पूण नाका जाल्ल्या कार्यावळींनीं वांटो घेतलेल्या परस फुडार घडपी वो ध्येयाविशींच्या कार्यावळींनीं वांटो घेवन सुटी खुशालकायेन सारली जाल्यार जिवाक पासून सूड जातलें.

■

- जॉन एम्. आल्फोन्सो कार्मेलीत,
म्हापशें-गोंय. मो. ९०९६६४७३४

मनसंवेदना

पन्नाशी

पन्नाशींत पावतकच
बायलो जावंक लागतात
मनान ल्हवपीक
सर्वांग सुंदर
मातृदेवता कश्यो

सुरंगानी गच्च गुंथिल्ल्यो हळदुव्यो
पटयो कश्यो परमळूंक लागतात

देवा मुखावेल्या उजवातींवरी घमघमूंक लागतात
आल्तारावेल्या संथ शांत मेणवातीवरी पेटूंक लागतात
सगल्यांच्योच आदीमाता आवो कश्यो वागूंक लागतात
जाणवायेच्या ताज्या म्होंवाच्यो शिंसल्यो जावन
व्हांवूंक लागतात दर एकाच्या काळजा मनांत
अणभवाच्या भांगर साणीर घासून पुसून

लख्ख जावन चकचकूंक लागतात वज्र कश्यो
दाट दुदावेली साय जातात
स्निग्ध मायाळ लोणी जातात
दर एकट्याचे काळजीन ओथंबून
भरिल्ली माणीक मणी जातात
मागीर सगल्याकच जायजायसो
दिसूंक लागत, ओडलायणो भासूंक लागता
सांगात तिचो

– राजश्री सैल
फा. आग्नेल कॉलेज,
पिलार.

फक्त इतलेंच

पळय, आयक
खंयतरी, कसलोसो आवाज आयकूंक येता
कसलीतरी हालचाल सुरू आसा
सावध राव
मातशें लेगीत बेसावधपण
सगळेंच झोंबून घेवन वतलें
मागीर बाजार नटतलो, नटयतले
खरेदी विक्री जातली, करतले
कूड, मन
रक्त, उदक
मोग, सूड
सगळेंच विकतले
देशभक्ती, देशद्रोह
इमानदारी, बेमानी
दर्यो, जमीन
कित्याचीय खरेदी जातली
आतां तरी पळय
आतां तरी आयक
बेसावध रावं नाका
बेपर्वायेन वागूं नाका
उरिल्लो
एकसुरो एक सूर्य लेगीत
मळबासयत
लोक पावणेर काडटले
तेन्ना मतींत दवर फकत एकूच गजाल
सूर्य कोणा एकल्याचो नासता

– डॉ. सुलभा कोरे
पाथर्ली रोड,
डोंबिवली(पूर्व) मुंबय.
मो. : ९८२०४६८९१९

कितें चल्लां?

मनाच्या हुंबऱ्यार
नखेत्रांची लिकलिकताली सुल
पुनवेचो चंद्रीम
मनालागीं
दोळ्यांमुखार
नितळ हळडुवें सपन
आंगणांत कितलें?
सुखाचें चान्नें शिवरिल्लें
आंब्याचे ताळे बांदिल्ले
मळबाचे तेंगशेर
उस्वासाच्या भरते भारार
उमाळ्यांचेर उमाळे
चौ दिकांनी
आल्तड-पल्तड
सरभोंवतणीं खंयच्यान आयलो
जाया जुयांचो घमघमाट
हालतात धोलतात
ह्या रानांचीं पानां
हें कितें चल्लां
म्हज्या वांगडा
ह्या संवसारांत
फकत तिचो हात
हातांत आयलो
उरिल्लो ना कांयच
संवसार पयलो!

– इंद्रजित घु
मंगळवेढा
जि. सोलापूर
मो. : ९४२३०६०११

पिश्या मना

दोन दुकां गळ्ळीं पोल्यार
खोशयेंत ताचे सामील जातना
हुंडक्यांनी रडिल्लें काळीज
वाटो आमच्यो वेगळायतना

आयज सैमाक चडल्या नशा
धूंद आमकां तोखेतना
तेन्ना कुपांय गेल्लीं आटून
आमकां घडये थातारतना

थरोवन मांडिल्ल्या नात्याची
घडी आयज गुठलायतना
नांवा बगर नवो प्रवास
तुजे साक्षीन आळयतना

दी वचन चंद्र सुर्या
दी वचन निळ्या दर्या
परत चुकली वाट जाल्यार
थातार नाका पिश्या मनां
थातार नाका पिश्या मनां

– अन्वेषा सिंगबाळ
मडगांव गोंय
९९२३४४२७४६

दडकांनीं दुकां झडय

वच तूं
निर्वस्त्र
अनवाणी
चिरंतन घाव्यांनी आंग सजय
कात सोलून वताक घाल
दडकांनीं दुकां झडय
मनिसपणाचेर पोटतिडकेन उलय
मनशांक उलो मार
देवांक उलो मार
तुजें कोण एक आयकुपाचो ना
हांगा सगळे न्हिदल्यात सासणाचे
हे निशब्ध पोकळेंत
फकत निरव शांतता आसा....

सभाग्या, तुजो हो प्रयोग
नाका थंय चलता....

– आर रामनाथ
मो. ९८५०४५८७६३

कळच ना...

मंदिरा मुखार
दर्शनाक रांगो
सगळे भक्त देवाचे
तरी सुध्दां समाजाक आसता
राग मत्सर झुजां
मनशाचें मनीसपण कशें ना जाता
कळच ना...
कितलो सोद वखदांचो
लागत आसता दिसान दीस
तरी मनीस रोगान बेजार
जीवान काबार, कसो जाता
कळच ना
वेंचणुकेचे पयलीं कांय दीस
नेतो भिकारी जाता
भाऊ दादा आत्या ताई
कितलीं नातीं जोडटा
वेंचणुके उपरांत कसो विसरून वता
कळच ना...
गरिबां खातीर कितल्यो
सरकारच्यो येवजण्यो
मेळोवपाक मात
चपलां झरून वतात
गरीब गिरेस्तांमदली वेर
वाडत वाडत कित्याक वता?
कळच ना...

– उदय नायक
काणकोण – गोंय.
मो. : ८८०५३३३९०५

प्रासंगीक

कोरेज्मातलें प्रायश्चीत

पुराय वर्सभर बरें जिवीत आपणावचें अशी देव अपेक्षा करता. निदान कोरेज्माच्या काळांत तरी पाप-मुक्तीची संद आपणावची अशी अपेक्षा धर्म-गुरु बाळगीतात. पूण २१व्या शतकांतलो मनीस काना-मनार घेता सो ना. ह्या खातीर दर वर्सा शिंजीच्या बुधवार इगर्जीनी खास शेरमांव दितात. ह्या दिसा दर एकल्यान आपल्या कपलार गोबर वो काळी माती लावन घेवंची संवय आसा.

कार्नावाल हो मौजेचो काळ जाल्यार कोरेज्म हो प्रायश्चीताचो काळ. कार्नावाल आनी कोरेज्म हांचें नातें तुटप केन्नाच शक्य ना. क्रिस्ती धर्मगुरू कार्नावाल ही एक परब न्हय म्हुण समजावपाचो खूब यत्न करतात. सामान्य क्रिस्तांव हें मान्य करपाक सदांच फाटीं उरला. क्रिस्ती मनशाक हे दोनी काळ एकसारकेच. कार्नावाल ही हेर परबां सारकीच एक परब मानप सभावीक आसा. हाचें कारण दोगांय मदलो संबंद. जेन्ना ३ दिसांचो कार्नावाल सोंपता त्याच खिणाक कोरेज्माक आरंब जाता. कार्नावालाची मजा, बोवाळ, संगीत, नाच सगळें अचकीत टप्प जाता. सोरो आनी मांसाहारी जेवण पयस जाता.

कार्नावाल आनी कोरेज्म हीं उतरां लॅटीन भाशेंतल्यान कोंकणींत घुसल्यांत. कोरेज्माच्या ४४ दिसांच्या काळाक इग्लीशींत *लॅटीन सिजन* म्हणटात. दर वर्सा तारीख बदलता जरी आसली, तरी दीस केन्नाच बदलना. मांडावळ जशाक तशीच उरता. आयतार धरून सुरू जावपी कार्नावाल नेमान मंगळारा रातीक सोंपता. मागीर जो बुधवार येता तो शिंजीचो बुधवार (Ash Wednesday) उपरांतले ४० दीस आनी संदानाचो बिरेस्तार (Maundy Thursday) निमाणो सुक्रार (Good Friday) आनी पवित्र शेनवार (Holy Saturday) हे सगळे वट्ट ४४ दीस. होच तो कोरेज्माचो काळ.

कार्नावाल जसो पुर्तुगेजांनी ब्राजील सावन गोंयांत हाडलो, तशें कोरेज्माकय हाडलें. खरें म्हळ्यार कोरेज्माक चड म्हत्व मेळचें, असो हेतू बाळगून कार्नावालाची प्रथा चालू जाल्ली. पूण ह्या आधुनीक काळार चित्र उरफाटेंच दिसता. मजा-मस्ती करपाक तीन दीस कमी पडपाक लागल्यात. कोरेज्माच्या ४०-४४ दिसांनीं लेगीत कार्नावाल पसरला म्हळ्यार अतिताय जावची ना.

क्रिस्ती शास्त्रा प्रमाण कोरेज्माक विशेश म्हत्व आसा. जेजूच्या जिविताचेर कोरेज्म आटापलां, जेजू क्रिस्तान भौशीक प्रचाराक आरंभ करचे पयलीं दंडवणेची कसरत केल्ली. आपखोशयेन ४० दीस वनवास भोगलेलो. जेवण ना तें ना, उदकाचो घोट लेगीत घेनासतना खर उपास केल्लो. आत्मीक बळ मेळचे खातीर सर्वश्रेश्ठ बापाकडें मागणें करीत रावलो. जे-जे खीण फुडें सारतालो, हाचेर नियाळ करीत रावलो. आपणें ज्या प्रसंगाक तोंड दिवपाक जाय ताचें चित्र मनांत घोळोवपाक लागलो. संवसारांतल्या दर एक मनशाक सासणाच्या जिवीताचो मार्ग उक्तो करपाची जापसालदारकी आपणाचेर आसा, हाचो आडावो घेत आसलो. ह्या खातीर आपणें पापी मनशाच्या हातांतल्यान भिरांकूळ मरण स्वीकारपाक जाय. त्या उपरांत तीन दिसांनीं पुनर्जिवीत मेळोवपाक जाय. हो उद्देश बाळगून ४० दीस उपास करप योग्य अशें दिसलें.



हाचें फळ म्हुण जेजूक उपाट दैवी शक्ती प्राप्त जाली. शेकीं मागणें सोंपोवन अरण्यांतलो भायर सरून गांवांत वचपाची वाट धरली. शिमेरूच सैतान प्रत्यक्ष रूपान जेजू सामकार प्रकट जालो. एकार-एक ताळणी मांडीत रावलो. आपणाक नमस्कार केल्यार सगळें साम्राज्य जेजूचे सुवादीन करपाचें हांयस दाखयलें. पूण हांगासर दैवी शक्ती सैतानी शक्तीक मातूय बळी पडली ना.

देव बापान दिल्लें मिशन जेजून पुराय केलें. सैताना आड प्रचार केलो. सतान आनी मोगान जियेवपाचो शूभ संदेश कळीत केलो. मरणा उपरांत सगळ्यांक सासणीक जिवीत आसा हाचो खुलासो केलो. बरें केल्यार सर्ग आनी वायट केल्यार नर्क, हाची खोलाय स्पश्ट केली. सैतानी शक्तीचेर जैत व्हरपाक दैवी शक्ती मेळोवप अत्यंत गरजेचें हें मनशाक पटलें आनी त्याच देखीन मनिसकुळ जगपाक लागलें. हें ध्येय बाळगून क्रिस्ती समाजान १९व्या शेकड्यांत कोरेज्माक आरंभ केलो. पयलीं दक्षीण

अमेरीकेंत, उपरांत येवरोपांत, मागीर हेर देसांनीं कोरेज्माची प्रथा विस्तारली.

कोरेज्माचो काळ फळादीक जावंचो. दर क्रिस्ती मनशान दैवी शक्ती आत्मसाथ करची, पातकी जिवीत सोडून दिवचें, एकमेकांकडे एकचारान वावुरचें, जनावरांचें मांस खावप ना, सोरो-ड्रग्स ना, सिगार-तंबाकू ना, फुगसांव-पार्ट्यो ना, लैंगीक संबंद ना आदी गजालींचेर काथोल्क संप्रदाय भर घालीत आयल्या. उपास आनी मागणें करप हो कोरेज्माचो फाटी-कणो. हो कणो मोडल्यार हेर कार्यां बेउपेगाचीं जावंक पावतात. उपास म्हळ्यार जेवण कमी करप आनी सादें तें जेवप, अशी समजीकाय इगर्ज-माता दीत आसता. दुर्दैवान ही शिकवण दिशीं-दिशीं ना नपयत जावपाचे वाटेर आसा. नेमान उपास करपी मनीस मेळप कठीण जाला. तातूंत मांस चाकी नासतना कोण रावला आसत जाल्यार अजापच म्हणपाचें. घरांत जर शिजलेंना तरी भायर हॉटेलांनीं मेळटाच. जिबेची रूच आडावपाक सहन शक्ती कमी पडटा. आपूण मांस खातां अशें उक्तेपणी कोणूच सांगीना, तरी ही गजाल लिपून उरना. मांस-मटण विकपी दुकानार जावपी गर्दी कमी जाता शी ना. जेवणा-मांडार दिसपी हेमबर्गस, चिकन रोल, बीफ पेटीस, चेवरीस पाव नेटान खपतात. सोऱ्याचीं बारां म्हण रितीं आसनात. मटको-जुगार बंद जायना. तियात्र, सिनेमा पळोवप कमी जायना. मागण्यांचो वेळ टिवीन घेतलेलो आसा. बायबल वाचपाचो वेळ चकाटांनी घेतला.

पुराय वर्सभर बरें जिवीत आपणावचें अशी देव अपेक्षा करता. निदान कोरेज्माच्या काळांत तरी पाप-मुक्तीची संद आपणावची अशी अपेक्षा धर्म-गुरू बाळगीतात. पूण २१व्या शतकांतलो मनीस काना-मनार घेता सो ना. ह्या खातीर दर वर्सा शिंजीच्या बुधवारा इगर्जीनी खास शेरमांव दितात. ह्या दिसा दर एकल्यान आपल्या कपलार गोबर वो काळी माती लावन घेवंची संवय आसा. कपलार गोबर लायतना पाद्री अशें उचारता - "उगडास धर मनशा, तुका धुल्लांतल्यान रचला, तूं पर्थून धुल्लांत वेतोलोय." हाचो अर्थ असो की देवान आदावांक, ह्या पयल्या मनशाक मातयेचो घडयल्लो. मातयेचें बावलें आपल्या हातांनीं तयार केल्या उपरांत, नाका पुडांनी हुस्कार घालून जिव-प्राण दिल्लो. संवसारांतली ही कूड सर्गार वा नर्कांत वचूंक जायना. फक्त अत्मो थंय वता. हे कुडी वरवीं केल्लें पाप वा पुण्य निर्णायक जाता. हे तात्पुर्ते कुडी खातीर मनशान देवापासून पयस वचपाक कोणाक जाय?

मनशाक उजू मार्गान चलपाक कठीण लागता. देवान दिल्ली पवित्रताय भश्टावप सोंपें दिसता. ह्याच पसत संवसारांत वायट घडणुको चड प्रमाणांत घडटात. भावार्थान जाका कोरेज्म पाळपाचें आसा तो मनीस केन्नाच तडजोड करिना. दैवी शक्ती आपणावपाक कसोच फाटीं रावना. ह्याच खातीर धर्म तिगून उरला. असल्यांचे आमी आभारी.

■

- नेसिओ डिसौजा
आर्लेम - राय, गोंय.मो. : ९८५००५९१२७

प्रत्येकाच्या घरांत जाय अशीं बिम्ब प्रकाशनाचीं तीन नवीं पुस्तकां



गजानन जोग
हांच्या १२ कथांचो संग्रह.
एकूण पाना : १४२
मोल : १८० रुपया

दिलीप बोरकार
हांची अत्यंत संवेदनशील आनी
काव्यमय कादंबरी
एकूण पाना : ३२४
मोल : १९९ रुपया

एडवीन जे. एफ. डिसोजा
हांचो २२ कथांचो संग्रह
एकूण पाना : १९२
मोल : १२० रुपया

चोवदावी काणी

सिंहासन बत्तीसी

- माया अनिल खरंगटे

राकेसाक पुण्याय दान दिली

चवदाव्या दिसा भोज राजा शिंवासना म्हऱ्यांत वतकर चवदावी परी जिवी जाली. तिणें राजाक म्हळें, ''राजा विक्रमादित्यावरी तूं जर दानशूर आसत जाल्यारच ह्या शिंवासनार बसपाचो धीर कर. हांव रतिप्रिया नांवाची परी. तुका विक्रमाची कथा सांगतां.''

अशें म्हणून तिणें काणी सांगपाक सुरवात केली- एक फावट विक्रम तिर्थयात्रेक गेल्लो. कृष्णा न्हंयचे देगेर कांय जाण सभेक बशिल्ले. तो थंय गेलो. थंय एका पुराणिकान आख्यान सुरू केल्लें. तातूंत तो दुसऱ्याचेर उपकार करपाची व्हडविकाय सांगतालो. लोक गूंग जावन आयकताले. पुराणिकान एक श्लोक म्हळो, ताचो सारांश असो आसलो- 'रूख फळां दितात ते दुसऱ्यां पासत, न्हंयो व्हांवतात त्यो दुसऱ्यांचेर उपकार करपाक, गायो दूद दितात त्यो दुसऱ्यांचेर उपकार करपाक आनी आमची कूडय आमी दुसऱ्यांचेर उपक करपा पासतच वापरूंक जाय.'

विक्रमान पुराणिकाची सांगणी आयकली. ताका तें पटल इतल्यांत कितें जालें, ते न्हंयचे पेले वटेनच्यान एक मनी आपले बायले वांगडा न्हंयच्या पात्रांतल्यान हळुहळू चल येतालो. न्हंयेंत चड उदक नासलें. सदचे संवकळिचे लो न्हंयेंतल्यान यो वच करताले. पूण बायले सांगातान येवपी त मनशाचो पांय चुकून खोल उदकांत गेलो आनीक तो बुडूं लागलो. ताची बायलय बुडूंक लागली. लोक बोवाळ घालूं लागले, पूण पयसुल्ल्यानच! तांकां वाचोवंक कोणच उदकां उडी घेय नासलो. सभेक आयिल्ले लोक देगेर रावन फक आड्डताले.

तेन्ना फकत विक्रमच लोकांचे गर्देंतल्यान मुखार सरलो ताणें न्हंयत उडी मारली आनी त्या घोव-बायलेक वयर काडली भायर येतकर त्या मनशान विक्रमाक म्हळें, ''तुमी म्हाक आनी म्हजे बायलेक वांचयली. हांव तुमचे उपकार कश

पावोवं? हांव गरीब, म्हजेकडेन कांयच धन ना. हांवें दोन वर्सां जें तप केलां ताची पुण्याय तुमच्या हातार सोडटां.''

दुसऱ्याचेर उपकार करपाचें आख्यान आयकुपी सगळे जाण हें पळयताले. त्या ब्राह्मणान ओल्यानीच विक्रमाच्या हातात आपल्या तपाची पुण्याय म्हणून अर्घ्य (उदक) सोडलें.

थंयच्यान विक्रम मुखार गेलो. वाटेर रानांत पाविल्लेकडेन एक राकेस ताका मेळ्ळो. ताणें विक्रमाक आडायलो. ताणें विक्रमाक पळोवन 'म्हापुरसा!' म्हुण उलो मारलो. ताणें मुखार म्हळें, ''हे नीच योनींत रावपाचो म्हाका वाज आयला. तूंच म्हाका हातुंतल्यान सोडोवंक शकता. म्हजेर उपकार कर!''

विक्रमान म्हळें, ''हांव तुजो कसो उध्दार करूं? तूंच सांग पळोवया.''

राकेसान म्हळें, ''म्हाका जर कोणेंय पुण्याय दान म्हणून दिली जाल्यार म्हाका मुक्ती मेळटली.''

विक्रमाक ब्राह्मणान आपली पुण्याय दान केल्ली. तीच पुण्याय ताणें राकेसाच्या हातार सोडली. ते बरोबर तो राकेस नाच्च जालो आनी ताच्या जाग्यार एक दिव्य असो देव उबो रावलो. विक्रमाक अजाप जालें. तेन्नाच त्या देवाक वयर व्हरूंक मळबांतल्यान विमान सकयल आयलें. तो त्या विमानांत बसलो. वतना ताणें विक्रमाक म्हळें, ''हांव तुका लागून शिरापांतल्यान आनी हे वायट योनींतल्यान मुक्त जालों. तुका जिवीतभर असो परोपकार करपाची बुध्द जावं!''

विक्रम समाधानान अवंती नगरांत परतलो.

इतली काणी सांगून रतिप्रिया नांवाची परी म्हणूंक लागली, 'राजा, इतले सहजतायेन तूं आपलो जीव त्रासांत घालून दुसऱ्याक वाचयतलो? आनी आपल्याक मेळिल्लें पुण्य राकेसा सारक्या वायट मनशाचो उध्दार करपा पासत तूं दितलो आसलो?'

भोजराजान म्हळें, ''रतिप्रिये, हांव ह्यो ज्यो गजाली आयकतां पळे, ताका लागून म्हज्या जिवितांत बदल घडून येतात. म्हाका ह्या शिंवासनार बसपाचे खोश्ये परस हें जें गिन्यान मेळटा ताची चड खोस जाता.''

ती परी शिंवासनाक वचून चिकटली.

■

– माया अनिल खरंगटे
दवर्ली, नावेली – गोंय.

माणकुलीं

युनिफॉर्म, टाय, शूज घालून
क्युट दिसतात माणकुलीं
अर्दे न्हिदेंतल्यान उठून
गटागटा दूद पिवन
टिफीन गुठलावन
रडकुऱ्यां धांवतात माणकुलीं
बळजबऱ्यां खांदार मारून
आवय खरशेता
हातांत बॅग घेवन
बापूय सुस्कारता
शीशुवाटीकेच्या दारांत
एकूच दार उगडून
आया आनी टिचर
ओडून घेतात माणकुल्यांक
भुरग्यांल्यो हुयेली आयकून
काळीज जड जावचें न्ही म्हुण
धेंगसो घालून धांवडायतात
आवय-बापायक
दार बंद जातकच
तांच्यो किंळच्यो, हुयेल्यो
बंद दारा फाटल्यान
सगळेच कानाआड करतात
बारा वरांचेर हांबेत हांबेत
धांवत आवयचे वेंगेंत वतना
आवयचो आवंडो घुस्पता

– सुषमा तिळवे
जेसीनगर, फोंडें-गोंय
मो. : ९८२३०५५७५१

लिलूची भेट

"**हां**व गुलाबाचीं फुलां हाडटलें." रीमान ताळयो पेटीत म्हळें.

"हांवें टिचरीक सेंटाची बाटली हाडून दवरल्या." शीलान म्हळें.

"म्हजेकडल्यान तरेतरे फुलांचो व्हडलो बुक्के!" अंकितान नाचत नाचत म्हणलें.

"म्हजे आईन टिचरीक सुंदर साडी घेतल्या." शीलान सांगलें.

शिक्षक दीस दोन दिसांर आयिल्लो आनी भुरगीं टिचरीक कसली भेट दितलीं, हें उलयतालीं.

"तूं कितें दितलें गो, लिलू?" तांणी विचारलें.

लिलून म्हळें, "पळोवंया."

लिलू एक खूब हुशार चली. तिचो बापूय एक माळी आशिल्लो आनी तो शेजारच्या बंगल्यांत काम करतालो. लिलू ताचें एकटेंच अपुर्बायेचें भुरगें. ताणें ताका गांवचे शाळेंत शिकूंक घातलें. पूण लिलूचो बापूय अकस्मात दुयेंसांत भायर पडलो.

लिलूची आवय मोठ्या धिराची. तिणें लिलूक सांगलें "बाय, तूं भिवूं नाका. शाळेंत वचत राव, बरें शिकत राव काम करून तुका हांव शिकयतलें."

घराफाटल्यान तांचो इल्लोसो जमनी कुडको आशिल्लो थंय तांणीं भाज्येचो मळो केलो. दीसभर दोन घरचीं काम करून, सांजेची आवय भाजी घेवन बाजारांत विकूंक वताली धाकलें लिलू आठ वर्सांचें पूण तेंय कामाक हातभार लायतालें.

ते दिसा, आवय यो सर काळोख पडिल्लो. लिलू अभ्यास करतालें. केन्नाय हांसत मुखार येतलें लिलू आयज येदेंशें तोंड करून बशिल्लें.

आवयन ताका मायेन पोशेलें आनी विचारलें, "बाय जिवाक बरें दिसना गो? जोर बी आयला?"

लिलून रडत म्हळें, "आये, परवां शिक्षक दीस गे! हांव टिचरीक कसली भेट दिवूं? ती म्हाका कितली बरी करता पुस्तकां, युनिफॉर्म बी दिता, न्ही गे?"

लिलूचे आवयन म्हळें, "लिलू, रडूं नाका. आमी कसलोतरी उपाय सोदुया."

दुसरे दिसा, दोगांय बाजारांत भोंवून आयलीं. कसलीय बरी वस्तू दिसल्यार, ती म्हारग! फुलांचो बुक्के तर पन्नास-शंबर रुपयांचो.

लिलूची आवय कसलो तरी विचार करताली. तिणें लिलूक म्हळें, ''आगो, तिका आमी आमच्या मळ्यांतली भाजी दिवया मुगो!''

लिलून म्हळें, ''आये, हांसतली गे म्हाका सगलीं भुरगीं!''

लिलूचे आवयन समजावन सांगलें, ''लिलू आपल्याक कितलें परवडता, तितलेंच दिवप. अती थंय माती.''

सकाळींफुडें, दोगांय आवय आनी धूव मळ्यांत गेलीं आनी बरीऽ ताजी भाजी वेंचून हाडली. एक ल्हानशे टोपलेंत लिलूचे आवयन भाजी सुंदर सजयली. पांचवी पांचवी पालक पानां, जांबळीं वायगणां, भेंडे आनी पांच तांबडीं तोमाटां. वयर एक तुवालो धांपलो.

शाळेंत, सकाळीं सगळ्या शिक्षकांचो सत्कार जालो. मागीर आपआपल्या वर्गांत वतकूच भुरग्यांनी आपापले टिचरीक भेटी दिल्यो. पुडयांनी, फुलांनी टिचरीचें टेबल भरून गेलें. लिलू मात्शें फाटीं राविल्लें.

टिचरीन विचारलें, ''लिला, यो. मुखार येना?''

लिलान टोपली ल्हवू टिचरीचे हातांत दिली आनी म्हळें, ''हॅपी टिचर्स डे.''

टिचरीन तुवालो कुशीक काडलो आनी ताची रंगरंगाची भाजी पळोवन म्हळें,

''वा! लिला, तुजी ही भेट म्हाका खूब आवडली. हिचो बरो उपेग करूंक मेळटलो.''

मागीर वर्गाक टिचरीन सांगलें, ''भुरग्यांनो भेटीचें मोल केन्नाय पयशांनी करू नये. ते भेटींत कितली आपुलकी, कितलें प्रेम आसा हें पळोवंचें.''

■

– इंदू अशोक गेरसप्पे
बंगळुरू

ब्रह्मांड भोंवडी

टिचर सांगता :
बॉला भशेन खंय
पृथ्वी वाटकुळी
उकत्या मळबांत
काडटा घुंवडाळी

घुंवत आसता ती
आपले भोंवतणीं
तशीच भोंवता खंय
सुर्या भोंवतणी

आमीय घुंवतात
पृथ्वी घुंवतना
चालूच आसता खंय
आमची प्रदक्षणां

भरल्यांत म्हुण सांगता
अजापां अंत्राळांत
खुणायतात तीं खंय
अभ्यास करतल्यांक

नियाळात म्हणटा ब्रह्मांड
मुखार पातळिल्लें
भुरग्यांनीं खंय तें
शिकून घेवचेलें

आमी भुरगे करतले
ब्रह्मांड भोंवडी
सोदून हाडटले
थंयचे सवंगडी



– प्रकाश पाडगांवकार
पर्वरी – गोंय
मो. : ९४२३०६०३८४

- सुधा खरंगटे



एक आसलें मिकी

ह्या झाडावेल्यान त्या झाडार उडक्यो मारीत तें खेतें माईच्या घराकडेन पावलें. मागीलदारांत मनीषा बोरां पिकल्यांत काय पळयत बोरीच्या मुळांत उबें आसलें.

''माई, माकोड आयला पळय... धाकटुलोच...'' ताणें म्हळें.

पळय जाल्यार भुकेन कासावीस जाल्ले भशेन तें खेतें माईच्या तोंडाक पळयतालें.

माई पयलींच मोव काळजाचें! तातूंत मोनजाती विशीं अत्यंत माया! त्या खेत्याक पळयतनाच ताचो जीव कळवळ्ळो. भितर वचून एक केळें हाडून ताणें पयसुल्ल्यानच त्या खेत्या सामकार उडयलें.

खेत्यान केळें जमनीर पडूंक दिलें ना. वयलेवयर जिकून घेतलें आनी थंयच आशिल्लो कळसो उबारलो, उमथो घालो आनी पांयार पांय घालून ताचेर बसलें. केळें सोलून खालें...

... साल काडून मनीषाक 'घे' म्हणिल्ले भशेन ताचे मुखार धरली.

माईक आनी मनीषाक अशेंऽ हांसूंक आयलें.

''आरे चोरा! केळें खाता तूं आनी साल मात म्हाक दिता?'' मनीषा ताचेर तापलें. तशें तें खेतें पोटाक हात लावन आनीक खावपाक दी अशो कुरवो करूंक लागलें.

... ताणें मागीर एक रोटी खाली.

... एक टमाट खालें...

... बचकभर शीत जेवलें....

आनी वाटयेंत घाल्लें उदक पिवन आयिल्लें तशें झाडाचेर उडक्यो मारीत थंयच्यान गेलें.

''माई, कोण गो तें? खंयच्यान आयिल्लें काय? सऽगळें खावन बी गेलें. पाडपडिल्लें म्हाका केळ्याची साल आनी दितालें...'' मनीषाक तें गेलें म्हणून वायट दिसतालें.

''आगो, कोणालें तरी पोशिल्लेंच खेतें तें! माकडांचे, खेत्यांचे खेळ करपी बी घेवन भोंवतात पळय... ताणीं शिकयिल्लें जातलें... कशें बशिल्लें पळयलें ना!''

''हय! पांयार पांय घालून बरेंऽ राजा शें बशिल्लें... न्ही?'' मनीषान हांसत म्हळें... ''गेलें कित्याक तें?''

''गळ्याक बांदिल्ली दोरी तोडून पळून आयलां तें...'' माईन म्हळें.

''पूण तुका कशें कळ्ळें गो?'' मनीषान अजापान विचारलें.

''ताच्या गळ्याक दोरयेचो कुडको लांबतालो पळय आंगूळभर... पळोवंक ना तुवें?'' माईन म्हळें.

– आनी इतल्यारच ती खबर सोंपली.

पूण सोंपल्या खंयची? दुसरे दिसा तीच खबर परती चालू...

सकाळ जातनाच खेतें दारांत उबें!!

सामको विठोबा कसो! कमरार बी हात दवरून!!

मनीषा सामकें खूश!! ताणें म्हळें "माईऽ, आयलें गो तें!"

"तें?... कोण गो?"

"तेंच!... कालचेंच!!" मनीषा खोशयेंत उडक्यो मारूंक लागलें. माईन भायर येवन पळय जाल्यार खेतें दारांत उबें!

माईक पळोवन सरळ ताचे मुखार येवन ताचे साडयेचें पोंत हातांत धरून ताका तेंकून उबें!!

"आगो, च्या पिवपाक आयलां?" माईन हांसत विचारलें आनी भितरल्यान एक पोळो हाडून ताच्या हातांत दिलो.

खेंत्यान पोळो घेतलो आनी बोरीच्या झाडाच्या खांकोळांत बसून पोळो खावंक लागलें.

"माई, हें आतां आमगेरच रावतलें शें दिसता... आतां ताचें नांव कितें दवरया गो?" मनीषाक नांवां बी दवरपाची मोठ्ठी उमेद!!

भितर टी. वी.चेर मिकी माऊसाचें कार्टून चलतालें. माईन म्हळें - "मिकी नांव कशें आसा?"

मनीषान ताळीच मारली. "बेऽस्ट! हांव आतां ताका मिकीच म्हणपी!"

पोळो खावन जातकच मिकी आपूण ह्या घरांतलेंच जाल्ले भशेन हांगा-थंय बोवाळूंक लागलें. ओगीच दारांत बांदिल्ली कपडे सुकोवपाची दोरी धरून झोंपाळो घेतिल्लेभशेन केलें! घरांत भितर सरून जनेलाचेर शें बसलें. घरांत कितें-कितें आसा तें पळोवंक लागलें.

भावोजी बाजारांतल्यान आयलो. ताणें हातांतली पिशवी मेजार दवरली आनी नुस्तें दिवपाक भितर गेलो. हेवटेन मिकीन सरळ पिशवी उस्तून तातुंतल्यान एक टमाट काडलें आनी खावंक लागलें.

"... एऽऽ... आरेऽ... हुर्त... हुडूत... चल थंयचें... आगोऽ... बडी खंय गो ती? बेगीन हाड. खेंत्यान व्हेलें पळय टमाट..." भावोजीचो बोवाळ सामको!

मिकीन कें-कें-कें-कें- असो सो आवाज काडून दांत विचकायले आनी भावोजीच्या आंगार गेल्लेभशेन केलें. भावोजीन ताका धांवडावपाक बडी काडली तर तें सरळ वचून माईच्या फाटल्यान लिपलें आनी अशेंऽ तोंड भायर काडून पळयता... दांत विचकायता... परतेंऽ फाटल्यान लिपता...

"आगो... आगो... तुका बुड्डीत बी तें खेतें! खेंत्याचो दांत, नाखूट बी लागल्यार विखारी बी जायत!" भावोजीन माईक सादूर केलें. "तशेंच उबें राव... हालनाका हां... हांव आयलों बडी घेवन..."

मिकीन हाचेर जाप म्हणून, मेजार चडून माईचो हात धरून ताका तेंकून उबें रावलें.

"भावोजीऽऽ... तें मिकी आमगेलें... ताका मारूं नाकाऽ" मनीषा मोठ्यान आड्डलें.

भावोजीन कपलार हात मारलो. "सुणीं - मांजरां पोसतात तीं थोडीं... म्हणून आतां खेतेंय पोसूंक लागलीं तुमी?" अशें म्हणत भावोजी हांसतच भायर हॉलांत गेलो.

"घे रे मिकी... केळें खा..." मनीषान एक केळें ताका दिवपाक केलें... पूण मिकी मनीषाचेर मातशें रागारच शें! "आगो मिकी, हें म्हगेलें हां..." अशें म्हणून माईन मनीषाक वेंगांत काडिल्लें तें मिकीक नाकसुरें गेल्लें. तें दांत विचकायत मनीषाचेर धांवन गेल्लें...

"माई, मिकी म्हाका दांत दाखोवन चाळयता गोऽ!... पळय ताका... धर ताका मातशें..." मनीषान म्हळें.

"मिकीऽ, हांगा यो गो तें!... मनीषाक कोणें चाळयिल्लें?" माईन म्हळें... तशें मिकी तकली सकल घालून माईच्या वेंगांत येवन बसलें. तरी माईच्या तोंडार राग सो दिसता हें पळोवन ताका हांसोवपाक ताच्या पदराचें पोंत दोनय हातांनी तकलेवयर धरून नाच करूंक लागलें.

मनीषाकच न्हीं, माईन कोणाकच लागीं घेवन ताची अपुरबाय केल्ली मिकीक सोंसनासली.... केंचें-केंचें - असो आवाज काडून ताका दांत दाखयतालें. दिदीक आनी एक दीस केलां तें सोंसपाचें न्ही! दिदीन सहज म्हणून माईच्या खांदार हात घालो... मिकीन हात काडून कुशीन दवरलो. दिदीन मागीर माईक वेंगांत घेवन 'म्हजें तें माई... तूं चल थंयचें...' म्हळें.

त्या बरोबर दिदीच्या हाताक असोऽ एक चिमटो काडलो... दिदीच्यो किंळच्यो सामक्यो! आठ दीस तो चिमटो काडिल्लो जागो काळो-निळो जावन आसलो.

घरांत येवपी वचपी लोकांमदीं मिकीच्यो करण्यो बऱ्योच 'लोकप्रिय' जाल्ल्यो. ''मिकी नाच कर गो'' म्हळ्यार नाच बी करून दाखयतालें तें! भावोजीन बाजारांतल्यान फळां बी हाडलीं तशें भावोजीच्या फाटोफाट भोंवतालें.

''आगो, तांतलें एक मिकीक दी गो'' अशें भावोजीन म्हळ्ळें तशें माईक तें दी म्हणून धोंगशिल्ले भशेन फाटीक लागप.

त्या दिसा भावोजीन केळ्यांबरोबर चिकूय हाडिल्ले.

''माई, केदे मोठे चिकू पळय... सामके रसरसशीत! खा - खा म्हणटात म्हाका...'' मनीषान म्हळें.

''मिकीक एक दी गो...'' भावोजीन म्हळें.

''माई चिकू पांचूच आसात. मिकीक केळें दी तूं... ताका कितें कळटा भावोजीन कितें दी म्हळां तें...?'' मनीषान म्हळें.

''घे गो मिकी... केळें घे...'' माईन मिकीक केळें काढ दिलें.

मिकीन केळें घेतलें आनी रागान शेंवटून मारलें.

''आग्गो? कितें जालें?... केळें नाका... हें घे टम तुका...'' माईन मिकीक एक टमाट दिलें.

मिकीन टमाट घेतलें आनी मेजार शेंवटिलें आनी रागार जावन माईक फाट करून भावोजी म्हऱ्यांत गेलें.

''आगो, मिकीक दिलो ना गो चिकू?'' भावोजीन विचारलें मागीर ''घे सायबिणी... चिकू जाल्यार चिकू घे..'' म्हण माईन मिकीक चिकू दिलो. मिकी खोशशी जावन चिकू खाय बसलें.

एक दीस मनीषा माथ्यार न्हाल्ले केंस सुकयत फॅनापोंत सोफाचेर आड पडिल्लें.

''माईऽ, मिकीक पळय गोऽ'' मनीषाचो रडकुरो उलें आयकून माई धांवतच सालांत गेलें. पळय जाल्यार मिकी मनीषाचे तकलेकडेन बसलां आनी ताचे केंस उस्तून उवें सोदता...

''मिकीऽ, तुवें मनीषाक कितेंय केल्यार तुका फाल्यांच्यान होशमोराद!!'' माईन ताका तिडकीन सांगलें.

मिकी परतें मनीषाचे वाटेक गेलें ना. पूण माजरांच्या, सुण्यांच्या फाटल्यान लागतालेंच! कल्लूची तर सामकीच फाट घेतालें.



कल्लू हें माजराचें बारकेलें पील.... कोणेतरी थंय हाडून सोडिल्लें. फाट-पोट एक जाल्लो तो इल्लोसो जीव पळोवन मनीषान म्हळें - ''आंवंय! सामकेंच 'कल्ल' कशें माजर हें!'' तेन्नाच्यान ताका नांवच कल्लू पडिल्लें. ''कल्लू, हांगा यो गो!'' म्हळ्यार तें आफयता ताचे सरीं धांवत वतालें. माई ताका नुस्तें उजरायतना बारीकशें वेल्लेचें बोडूक, नाजाल्यार ल्हानशें सुंगट बी ताच्या तोंडांत दिताली. ''खा हां! खावन मातशें घटमूट जा.'' अशें म्हणून ताका पोशेतालें. कल्लूची अपुरबाय करून माई ताका खावंक घालता हें पळोवन मिकीक ताची तिडक मारताली. तें हळूच ताची शेंपडी ओडटालें, ताचो कान ओडटालें आनी ताची बोबाट घालतालें.

त्या दीस सोमार जाल्ल्यान माईन नुस्तें घेतलें ना. पूण दारांतल्यान नुस्तेकान्न वता ती पळोवन कल्लू 'मींव-मींव' करून माईच्या पांयांक घश्टुवपाक लागलें. माईन मागीर नुस्तेकान्नीक आपोवन पांच रुपये दिवन इल्लेंशें करबट कागदार घेतलें, कल्लू मुखार दवरून 'खा हां' म्हणून माई आपल्या कामाक गेलें.

अकस्मात कल्लू आकांतान 'मींव-मींव' करता तें आयकून मनीषा मागीलदारांत धांवलें. पळय जाल्यार कल्लू बोरीचे तेंगशेर चडून बसलां.... जीवाच्या आकांतान रडटा आनी सगळेंच कडकडटा.

''भावोजी, बेगीन यो. कल्लू पळय खंय चडून बसलां तें!'' मनीषान भावोजीक उलो केलो.

''देंवपाक येना जाल्यार ही पिडा झाडार चडलीच कित्याक? आतां हाका सकयल कशें देंवोवपाचें?'' अशें म्हणत भावोजीन आंबे काडपाचें कोबलें हाडलें आनी कल्लूच्या म्हऱ्यांत पावयलें.

''त्या कोबल्यांत बस कल्लू.. भावोजी तुका सकल देंवयतलो.''

मनीषान कल्लूक कितलें सांगलें... पूण कल्लू कोबल्यांत बसपाक कशेंच तयार ना. वेल्यान चडच कडकडपाक लागलें.

इतल्यांत भितरलें काम आटापून माई थंय पावलें. कल्लू आनी झाडार चडून बसलां हें पळोवन ताका सामकें अजाप जालें.

''आब्बा!! इतलें अशक्त, भिवकुरें तूं!!... आनी ह्या कांट्याच्या झाडार इतले वयर चडलें तरी कशें तूं? आनी रडून-रडून नुस्तें घेवंक लायिल्लें तें खालें तर?... काय कावळ्यांक खावयलें गो?... आतां देंव कशें देंवता तें!... चडलां तशें देंव... नाजाल्यार ह्या कोबल्यांत बस...'' माईन कोबलें कल्लूक तेंकयलें.

माईक पळोवन कल्लू चडच आकांत करूंक लागलें. कोणाक कितें करचें तेंच कळना जालें...

- इतलो वेळ भावोजीक तेंकून हें सगळें नाटक बरेंऽ करून पळयतालें तें मिकी माईक पळोवन अशेंऽ कोनशाक गेलें आनी दोनय हातांनी दोळे धांपून चोरशें बसलें.

माईची नदर ताचेर पडनाफुडें माईन म्हळें - ''अश्शें बरें सांग... तुज्योच करण्यो मगो ह्यो? आगो चोरा...!! मिकीऽ, मिकीऽऽ'' माईन रागान मिकीक उलो केलो.

मिकी हळूच येवन तकली सकल घालून माईमुखार उबें रावलें.

''पऽयलीं काड ताका सकल! मिऽकीऽऽ आतांच्या आतां कल्लूक सकयल देंवय..!!''माई रागान आड्डलें.

मिकीन बोरी मुळांत वचून पयलीं वयर पळोवन कल्लूक दांत विचकावन दाखयले. पूण मागीर सडसडीत झाडार चडून कल्लूक हातांत घेवन सकयल देंवलें आनी ताका माईच्या हातांत दिलें.

''नुस्तें खंय ताचें?'' माईन विचारलें.

तशें मिकी कुशीन उडयिल्ली कागदाची पोंटली घेवन आयलें. तातूंत कल्लूचें नुस्तें आशिल्लें.

''परतें म्हणून तूं कल्लूचे वाटेक वचशीत जाल्यार सांबाळ.'' माईन ताका धपकायलें.

मिकी तकली सकल घालून ओग्गी!! माईकडेन पळय लेगीत ना... सगळीं ताका हांसपाक लागलीं.

बोवाळ आयकून शेजारची कृष्णाबाय थंय पावली... तिणें म्हळें - ''बरें मुगो बाये तूं!! अशें माजरांच्या बी फाटल्यान लागता तें... त्या चोरांच्या फाटल्यान तरी लाग... तांकां धांवडाय...''

''कालचे चोरयेची खबर म्हणटा मगे तूं?'' माईन विचारलें. ''कोणे व्हेली तुजी वेढ, कळ्ळें मागीर?''

''कोणें म्हणून कितें आनी सांगपाचें? तें सांगपाक घाडी खुबोवंक नाका. सकाळचीं दोन पोराटीं शीं आयलीं... गस्त घालूंक आयिल्ले भशेन... हांवें तांकां धपकायलीं... पूण 'माय, कुछ खानेको दो... दो दीन से भुखे है' म्हणूंक लागलीं. तांचे काकूटेक गेलें... हांकां खावंक कितेंय दिवपाक म्हणून मातशी फाट परतिल्या मात... परत पळयल्यार तीं पोरांटीं नाच्च जाल्लीं. तांचे बरोबर मेजावेली घडयाळ ना... माथ्यार न्हातलीं म्हणून कानांतली वेढ काडून वाटयेंत घालून मेजार दवरिल्ली... तीय ना... खिणाभितर फारायली...''

इतल्यांत पिंजके कपडे घाल्लीं दोन भुरगीं... 'कुछ दो माय... कुछ दो माय...' करीत तेवटेन आयलीं.

''पळय... तांचे काकुटेक वयशीत... त्रासांत पडटली...'' कृष्णाबायन परतेंऽ माईक सावध केलें.

''मिकीऽ, तांकां कितेंय दी पळोवया...'' माईन तांचेकडेन बोट दाखोवन मिकीक फर्मायलें.

मिकीन एकदां तांचेकडेन पळयलें... खातालें तें टमाट माईच्या हातांत दिलें आनी चें-चें-चें करीत दांत विचकायत तांचेर जुडून गेलें. ''माय, कुछ नको माय... इसको बुलावो माय...'' करीत दोगय पोरांटे मुखार धांवतात... फाटल्यान मिकी धांवता...

तांकां बरेंऽ पयस रस्त्यार मेरेन पावोवन मिकी परतें आयलें आनी पांयांर पांय घालून स्टुलार बसून, माईच्या हातांतलें टमाट घेवन खावंक लागलें.

''खऱ्यांनीच भुकेल्लीं पोरां आसत तीं... भितर चपाती आशिल्ली... दिवंक जातालें...'' माई चुरचुरूंक लागलें.

''शी...! शी...! तूं तांकां लागीं करपाचें नांवच काडनाका. कृष्णाबायन म्हळें. ''म्हाका भोगलां न्ही? सादूर रावपाक जाय.''

इतल्यांत पेद्रू भाटकार आपल्या दारांतले दोरयेर कपडे सुकत घालता तें मिकीन पळयलें. मिकीलें पेद्रू भाटकाराकडेन कशेंच पटनासलें. भाटकाराल्या पेरीच्या झाडांक मोठीं मोठीं पेरां लागिल्लीं. मिकी एक दीस पेरीचेर चडून एक मोठें पेर घेवन थंयच मेरेर बसून खावंक लागलें. भाटकारान धांवत येवन ताचेर गाळींचो शिंवोर घाल्लो. फातर मारून मिकीक थंयचें धांवडावन घाल्लें.

त्या दिसाच्यान भाटकार दिसलो मिकी ताका चाळयतालेंच! मुद्दाम पेरी चडून पेरीचे धोडे तोडून भाटकारा शेंवटीतालें. मागीर भाटकार गा घालीत फातर घेवन ताच्या फाटल्य लागतालो.

– मिकीक तो एक खेळच क जाल्लो.

आंगणांत कपडे सुकत घालूंक लांब लांब दोरी बांदिल्ली. दोरयेर धवीफुल मुस्तायकी भाटकारान सुकत घाल्ली मिकी ते दोरयेर चडून खेळ करूं लागलें. मदींच झोंपाळो सो घेवप. मदींच दोरयेर चडून नाच सो करप. भाटकार व्हडलो दांडो घेवन मिकीच्य फाटल्यान लागलो. मिकी बोरीच्या झाड चडून लिपून बसलें.

त्या दिसाय तशेंच जालें. कपडे सुक घाल्या बरोबर मिकी वचून दोरयेव हुमकळ्ळें...

"हें त्या खेत्याचें पाडा पोडों.. मुगे बानियान चोय म्हेळें केलें.." भाटकार व्हडलो दांडो घेवन आयलो. तशें मिकीन बानियान दोनय हातांनीं तकलेवयर धरलें आनी आपलो नाच सुरू केलो. भाटकार चडच तापलो... फातर मारूंक लागलो. त्या बरोबर मिकीन तें पिंजकें बानियान धरून मदींच पिंजलें आनी पताको लायिल्लेभशेन दोरयेर लांबयलें. भाटकाराक दांत विचकायत माईगेर धांवलें.

फाटोफाट भाटकार माईगेर पावलो. "आगो, चोय तुगे खेंत्याक बांदोन घाल. पोत्तें म्हुगे देरासामकार तें दिसूंक फावोना... नाजाल्यार आर्म आसा मुकोडें... एकाच फारान काबार कोत्तेलों तेका...!" भाटकार माईचेर तापूंक लागलो.

माईक राग आयलो. "जगावेलें खेतें तें! दारांत आयलें तर कितेंय खावंक वडयलें जाल्यार हांवें पोसलां अशें जायना..."

"तेशें जाल्यार आयच्यान तेका खावंक घालचेंना तूं. तुवेंच खावंक घालून मातयलां तेका.... सुण्यांक, माजरांक खावंक घालता... घाल... त्या खेत्याक घालें जाल्यार चोय..." भाटकार धमकी दिल्ले भशेन रागान बडबडत गेलो.

त्या दिसाच्यान माईन मिकीक घरांत घेतलें ना. सगळी दनपार तें बोरीचेर बसून बाबडें कशें पळयतालें आनी भाटकार भायर बसून माई ताका जेवण घालता जाल्यार तेळटालो. माईन मागीर चपातेक केळें गुठलावन फातोर मारिल्लेभशेन मिकीचेर शेंवटून मारलें. तोंडान मोठ्यान म्हळें – "हें एक जगावेलें खेतें! त्रास दिता सगळ्यांक... वच थंयचें ओंवाळून... आमगेर नाका... आमच्या दारांत नाका..."

फातर मारिल्लेभशेन मिकीचेर टमाटां, पेरां, केळीं शेंवटून मारप जातालें. मिकीक हीं सगळीं नाटकां कशीं समजतालीं कोण जाणा! पूण ताणें शेंवटयिल्लें खाण वयलेवयर जिकून घेवचें, बोरीच्या खांकोळांत बसून खावचें!"

पळयतल्यांक दिसप... माई मिकीक धांवडावन घालता.

भाटकार तेळत बशिल्लो. तो खूश जालो.

मिकीन भाटकाराक त्रास दिवचे मात सोडले नात. भाटकार दिसलो रे दिसलो... मिकीलें दांत विचकावप सुरू! भाटकारान आतां आपलें आर्म भायर काडिल्लें. मिकी दिसलो तशें ताचेर आर्म जोखप. मिकीन पळून वचप. दोन-चार दीस अशेंच चल्लें. मिकीक मागीर तें सदचेंच जालें. 'नवो खेळ' अशें चिंतलें जातलें ताणें. मागीर ताणें एक बरीऽ बडी सोदून काडली. भाटकारान आर्म जोखलें तसो पळून वचनासतना मिकी भाटकाराचेर बडी रोखतालो. भोंवतणचो लोक हो खेळ पळोवन हांसताले...

हें पळोवन भावोजीन म्हळें – "आगो, भाटकार दिसपट्टो ताचेर अर्म जोखता... एक दीस गुळी घालत... हांव एक सरपळी हाडटां... तूं ताका आफय आनी बांदून घाल."

भावोजी खऱ्यानीच सरपळी घेवन आयलो. पूण मिकी बांदूंक दिता? हाचेपयलीं दोरयेन बांदपा खातीर माईन थोडो यत्न करूंक ना. हातांत सरपळी दिसल्यार तें कशेंच लागीं येना जालें.

"हीं लक्षणां बऱ्याचीं न्ही हां! मिकीक तीं फकाणां दिसतात. भाटकारान ताका मारपाक ही बरी आयडिया काडल्या." भावोजीन म्हळें. आनी खरेंच दुसऱ्या दिसा भाटकारान आर्म जोखलें. मिकीन दांत विचकायत बडी रोखली. भाटकाराच्या आर्मांतल्यान सुटिल्ली गुळी... मिकीच्या हड्ड्यांत रोमली.

... मिकी थंयच सकल पडलें...

भाटकार व्हडाव्हडान फुशारक्यो मारतालो... "चोड बुदवंत सोजमतालें... आर्म जोखल्यार म्हजेरच बडी जोखतालें... म्हुजीं फकाणां कोत्तालें... आयज जुस्त सांपडायलें तेका..."

भाटकार ओर्रान सांगतालो... आनी जमिल्ले लोक मिकीचे चुरचरे करताले.

माईच्या दोळ्यांतल्यान दुकां-धारो लागल्यो. ताका कशें तरी थातारून भावोजीन मानायाक आफोवन मिकीक बोरीच्या मुळांतच फोंड मारून पुरपाक लायलें.

– अशे तरेन माईचे जिणेंतलो 'मिकी' नांवाचो अध्याय सोंपलो.

■

– सुधा खरंगटे
आकें, मडगांव – गोंय.
मो. ९५४५०२०१०१

शाळेंत भुरगीं येतकच तांचो देव म्हळ्यार टिचर. तीं सदांच घरा येवन सांगतात, टिचरीन अशें सांगलां आनी टिचरीन तशें सांगलां. ल्हान भुरग्यांक खूब मोग आसता टिचरिचो. तांचे आवय-बापूय जरी दुसरे शाळेंत हेडमास्टर आसले तरी तांकां आपलेच टिचरीची व्हडवीक आसता. भुरगीं सकाळीं उठून आपल्या बागेंतलीं गुलाबाचीं फुलां लागीं करतात आनी टिचर येता काय म्हण वाट पळयतात. टिचर शाळेंत येतकच फुलां दिवन तांकां हांसून येवकार दितात. वेळ पळय नासतना दीसभर Good Morning Teacher अशें म्हणत रावतात. टिचरीन तांकां Good Morning म्हणसर तिची वाट पळयतात. आपले मोगाळ टिचरीन जर तांकां तांचे चुकिची जाणविकाय करून दीत जाल्यार भुरगीं रोखडींच रडटात. आपल्या घरांतल्यो सगळ्यो बऱ्यो वायट गजाली तीं शाळेंत येवन टिचरीक सांगतात. टिचरीन बऱ्या कामाक व्हेरी गूड म्हणलें तर तीं दिसभर उमेदीन नाचतात.

तापयलें जाल्यार ती तापोवणी ते टिचरीन उलो मारल्या बरो कांय खिणांत विसरून वतात. भुरगीं चड्शीं टिचरीक विचारता 'टिचर तुजो बर्थ-डे केन्ना गे?' आपले आवडटे टिचरि बर्थ-डे म्हळ्यार भुरग्यांक सगळ्यांत व्हडलो सण. सम जर टिचरीक एक पेन जाय पडलें आनी तिणें मागलें तर सग जाणां टिचरीक पेन दिवपाक झगडटात आनी फुडें धांव येतात. टिचरी असलें म्हाका टिफीन जाय, वॉटर बॉटल जा कांय वेळां टिचरीन नवे कपडे घातले जाल्यार भुरगीं म्हणटा 'You are looking beautiful, तूं आयज बरीऽ दिसता

तांचे आवय-बापूय जरी हिरो वा हिरोईन आसले त तांकां तीं कांयच म्हणनांत. आपल्या आवय-बापायचो वाढदी तीं विसरतात. मात टिचरीचो वाढदीस याद दवरतात.

चार दीस आपली टिचर शाळेंत येवंक ना जाल्यार त रोखडींच टिचरीक येवन विचारतात, 'मीस, तूं बरी नासली?

टिचरिच्या कपड्यांक मातसो लेगीत खडू लागलो जाल्या 'मीस तुका खडू लागला' अशें सांगतात. बाजारांत वा खंयू टिचर दिसली जाल्यार उलो मारीत, धांवत येतात. भुरग्यांच वाढदीस आसलो जाल्यार बरी ती चॉकलेट तीं टिचरीक दितात. एकूच चॉकलेट पुरो म्हळ्यार चार पांच चॉकलेट मेजार दवरतात. आवय-बापायन जर सांगलें, 'लेज खा नाका' जाल्यार भुरगीं कशींच आयकनांत आनी तींच उत तांचे टिचरीन सांगलीं जाल्यार आयकतात. एका भुरग्याक तान लागली जाल्यार सगळ्या भुरग्यांक तान लागता. एकट्याक टिचरीन तापयत जाल्यार बाकिचीं सगळीं भुरगीं ओगी रावतात घरा कितलीय मस्ती करूं पूण शाळेंत मात टिचरीचे नदरेंत वायट जायनात. कांय वेळार खुबशीं भुरगीं आपले आवडटे टिचरीक लागून शाळेंत मुद्दाम येतात. टिचर विद्यार्थ्यांच्या जिणेचो एक असो घटक. तांकां समजून घेता तोच खरो शिक्षक आसता.

– श्वेता चोडणकार
कोलवाळ तार, बार्देश – गोंय.
मो.: ९९२३६५५१३३

कोलो आनी कोली

एक आशिल्लो कोलो आनी एक आशिल्ली कोली. दोगांय रानांत रावतालीं.

एक दीस कोल्यान कोलयेक विचारलें, ''कोलये, आमी म्होंव खावंक या गे?''

कोलयेन म्हळें, ''या''

दुसऱ्या दिसा दोगांय म्होंव सोदूंक गेलीं. दोगांयनी हेवटेन तेवटेन पळयलें. कोल्याक एका झाडार म्होंवाचें पोळें दिसलें. ताणें भुल्लुसून म्हळें, ''हांवें कितें देखलां... हांवें कितें देखलां...''

कोलो सुरसूर करून झाडार चडलो. कोली सकयल रावली; कोलो आपल्याक म्होंव उडयतलो हे आशेर.

कोलो म्होंव खाता मेण उडयता, म्होंव खाता मेण उडयता. पूण कोलयेक इल्लेंय म्होंव उडयना.

''म्हाका इल्लें म्होंव दी मरे.'' कोलयेन कोल्याक म्हळें.

''घे तुका.'' अशें म्हणून कोल्यान इल्लें मेण कोलये म्हऱ्यांत उडयलें.

कोलयेक आयली भिरकी. तिणें सगळें मेण पुंजायलें आनी तें घेवन घरा आयली. तिणें त्या मेणाचें एक सोबीत बरें घर बांदलें.

म्होंव खावन जातकच कोलो घरा आयलो. पळयत जाल्यार कोलयेन नवें घर बांदलां. ताका लज जाली. तो परत रानांत गेलो आनी शेण घेवन आयलो. ताणें त्या शेणाचें एक घर बांदलें. मागीर भायर उबो रावन ताणें मोट्यान म्हळें, ''वता, वता खूब यो, म्हजें घर सुकून वचूं. कोलयेचें घर कडून वचूं.''

वत आयलें. कोल्याचें घर सुकूंक लागलें. कोलयेचें घर कडून हालूंक लागलें. घर कित्याक हालता काय म्हणून पळोवंक कोली भायर आयली. पळयल्यार कोल्यान शेणाचें घर बांदलां. तिका कळळें हें काम कोल्याचेंच म्हणून.

तिणेंय म्हळें, ''पावसा पावसा खूब यो... म्हजें घर सुकून घट जावं, कोल्याचें घर व्हांवून वचूं.''

घोघो करून पावस आयलो. कोलयेचें घर घट्ट जालें. कोल्याचें घर व्हांवून गेलें.

***

कांय तेंपान कोलो पर्थून कोलयेगेर आयलो. कोलयेक पांयां पडलो आपूण तुगेर रावतां म्हणून. शिंयाचे दीस आशिल्ले म्हणून कोलयेक काकुळट आयली. तिणें म्हळें, ''रावता जाल्यार राव पूण भायर भितयेक तेंकून राव.'' कोलो दिसभर हांगा थंय भोंवून रातचो कोलयेगेर भितयेक तेंकून रावंक लागलो.

एके रातीकडेन कोलयेक भायर उजो दिसलो. तिणें विचारलें, ''कोल्या उजोसो घाला रे?''

रावलो आनी आपूण तिर्थाक आयलां म्हणपाचेंय तो विसरलो.

कोणें तरी घंटा वाजयली आनी तो भानार आयलो. तळयेर हातपांय धुवन तो देवाच्या दर्शनाक गेलो.

देवळांतल्यान भायर येतनां पळय जाल्यार मनशांची गर्दी पडल्या. तोय बी थंय गेलो. थंय कांय भक्त कांय गरिबांक जेवण वाडटाले. तांतलो एक उपाशी मनीस पानार पडटा तें एकेच फावटीन गिळटालो आनी आनीक मागतालो. वाडटल्याचे सगले जिनस सोंपले तरी त्या मनशाची भूक सोंपलीना. निमाणें दोनय हात जोडून वाडटल्यान माफी मागली आनी दुसरे फावट ताका पोट भर वाडपाचें उतर दिवन ताणें आपली सुटका करून घेतली. ह्या पोटाच्याक लागून बाकीचे जेवंक बशिल्ले ते सारके जेवंकच पावले नात. पूण पेटूमलान म्हळें, "दुसरे फावट सारकें जेवण घेवन यो. आनी आयक, म्हाका पोट भरतलें जाल्यार सादारण शंबरेक मनशांचें जेवण लागता."

"बरें आसा." अशें म्हणून दानी भक्तान आपली बिटकी कवळ्ळी.

हें सगलें पळोवन सोयऱ्याक विचित्र दिसलें. ताची भूक आनी तानय न्हिवली. आतां परत शारांत वचपा खातीर तो दुसरे वटेंतल्यान चलूंक लागलो. दुसरे वटेनच्या रस्त्यार दोंगर आशिल्ले. आसल्यार आसूं, वारो तरी लागतलो म्हण तो तेच वाटेन वचूंक लागलो. तो रस्तो एका कोंड्यांच्या जंगलां लागसारच्यान वतालो. थंयच एके कुशीक बसून एक मनीस एक पेटारो विणटालो. ताका पळोवन सोयऱ्यान विचारलें, "बाब रे, इतलो व्हडलो पेटारो तूं कित्याखातीर विणटा? आकार पेटाऱ्याचो पूण भंगसाळ कसो जाला. इतलो व्हड पेटारो तूं कोणाखातीर विणटा?"

"म्हजे खातीर. हांव एक मानांय. म्हाका तातूंत दोन-चार बैल गाडयांनी भरून व्हरपा इतलें सामान घालूंक जाय. तुका केन्नाय असलो मानांय जाय पडल्यार म्हाका आपय. कळनाफुडें रोखडोंच येतां."

सोयऱ्याक हो वांठार विचित्र दिसूंक लागलो. ताणें सडसडीत पावलां उबारलीं आनी तिनसांजेर आपल्या येजमानाल्या घरा पावलो. हात पांय धुंवन सोयऱ्यान म्हळें, "शेटजी, आतां आनी वेळ कित्याक? म्हजो चलोय बी आयला. रोखडींच उलोवणीं करया. इतल्यान आपआपल्या धंद्याक वचूंक मेकळे."

"हय हय. चलोय बी दिसूंक बरो, गुणेस्त आनी हांसमूख आसा. आतां आनी वेळ नाका." अशें म्हणून येजमानान नोकराक सांगलें, "चल, भितर वचून सेठानीक सांग चलयेकडल्यान च्या, मिठाय भितरले कुडींत धाडून दी म्हण."

इतलें म्हणून ताणें आपल्या सोयऱ्यांक भितरले कुडींत बसोवंक व्हेंले. सेठजीलें चली च्या मिठाय बी घेवन आयलें. सोयऱ्याक चली पसंत पडलें. ताणें म्हळें, "बरें तर, येता आमी. चली सोदूंक म्हण भयर सरिल्ले. जाय तशी चली मेळ्ळी. आनी तूंय बी आमचेभशेन गिरेस्त वेपारी. दोगांचोय घराबो सारखो म्हणटकच लग्न जुळोवंक कांयच हरकत ना. तुजें सांग."

येजमानान म्हळें, "हें म्हजें अ म्हज्या चलयेंचें भाग्य. घरांत बशि कडेन म्हाका फावो तसो न्हवरो मेळ्ळ धांव धपटी काडच्यो पडल्यो ना आमकां पसंत आसा."

"देव बरें करूं सेठजी, हांव भोंवंडे आयिल्ल्याचें सार्थक जालें. आतां स कितल्या लोकांक आमंत्रण करूं तें. सोयऱ्यान येजमानाक विचारलें.

"तुका जाय तितल्या." येजमान सांगलें.

"पूण एक आसा. आपयिल्ल्यां कांयच उणें पडूंक जायना. म्हजो एकलो पूत. लोकांक बोट दाखोवंक जाग आसूंक जायना." सोयऱ्यान सांगलें.

"तूं कांयच काळजी करी नाका म्हजीय बी एकलीच धूव. तूं कितल्या लोकांक घेवन यो, सगल्यांची सरबरा जातली. जाय तितलें खाण-जेवण पियेवंक उदक, सरबत, च्या काफी सगलें मेळटलें. पूण कित्याचोच इबाड जावचोना हाची काळजी तुमीय घेवची पडटली. अन्नाक हांव अन्नपूर्णा देवी मानतां. तिचो अपमान जावंक जायना. अन्न भायर पडूंक जायना. बाकी दिवपा-घेवपाचेंय हांव उणें पडूंक दिवचोंना. आनी लग्नांत दिल्ल्यो वस्तू आमी घरांत दवरिनात. देखून त्यो बरोबर घेवन वचच्यो पडटल्यो."

"कांय हरकत ना. आमचे कडच्यान कायंच उणें जावचें ना. आतां येतात

आमी. म्हूर्त काडून धाड. आमी वाट पळयतात.'' इतलें सांगून सोयरो भायर सरलो. येजमानान ताका तिळो लावन निरोप दिलो.

दीस गेले. चलयेकारांनी लग्नाचो म्हूर्त काडून धाडलो.

चल्याल्या बापायक चलयेल्या बापायन सांगिल्लें याद जाली. 'अन्न भायर पडूंक जायना. दिल्ल्यो वस्ती घरांत उरूंक जायनात.' आपणें चड लोकांक व्हेंले जाल्यार जेवण उणें पडूंक जायना. तशें जाल्यार आपलीच बदनामी जातली. अन्न चड उरलें जाल्यार भायर पडटलें आनी तो खुबतलो.

ताका तीर्थ थळार मेळिल्ल्या त्या पोटाऱ्याची याद जाली. तेच बरोबर तो पेटारो विणपी आनी तो न्हंय शोशून घेवपी दोगांचीय याद जाली. तांकां आमंत्रण दिवन हाडपाचें ताणें येवजिलें.

उपरांत ताणें पुताक दोनचार मित्रांक बरोबर घेवंक सांगून आपूण त्या तिगांकय आपोवंक गेलो.

लग्ना दीस. बापूय पूत पांच-स लोकांक घेवन लग्नाच्या माटवांत पावले. तांकां रावंक चलयेच्या बापायन व्हडले धर्मशाळेची तजवीज केल्ली. पूण न्हवरो फक्त पांच-स जाणांक घेवन आयिल्लो पळोवन ताका तिडक मारली. ताणें म्हळें, ''हें कितें, हांवें साबार जाणांची वेवस्था केल्या आनी तूं फकत इतल्याच लोकांक घेवन आयला?''

चल्याच्या बापायन म्हळें, ''तूं भियेवं नाका. तुजी कसलीच गजाल फुकट वचचीना.''

''म्हळ्यार कितें? हे चार-पांच जाणच सगलें जेवतले?'' चलयेच्या बापायन विचारलें.

''तूं शांत राव. चल, आयिल्ल्यांची सरबराय करूंक लाग.'' चलयेच्या बापायन सांगलें.

चलयेच्या बापायन सगल्यांक सरबत, च्या, काफी दिवपाचो आदेश दिलो. सगले च्या,सरबत दिवपाच्या कामाक लागले. तो न्हंयचें उदक शोशून घेवपी आशिल्लो ताका त्या पेल्यांत घालून दिल्लें सरबत ताळ्याकच लागलें ना. कितलेशेच पेले पियेतकच ताणें म्हळें, ''हें अशें नाका. कळसो हाडात.'' कळशानय पियेवन तान भागना जातकच ताणें पिंपां मागयलीं.

करतले करीत आशिल्ले आनी हो पियेत आशिल्लो. सरबत पियेतकच तो च्या पियेवंक लागलो. च्या मातसो हून आशिल्ल्यान ताका पियेवंक वेळ लागलो आनी करतल्यांक मात्शी उसरपत मेळ्ळी.

आतां जेवपाचो वेळ जाल्लो. पानां वाडूंक घेतलीं आनी पोटारो जेवंक बसलो. पानार भाजी वाडली. पुरी वाडचे पयलींच सोंपताली. 'आनी हाड, आनी हाड.' ताका वाडटा तें पावनाशिल्लें.



रांदप्यांक परत परत रांदचें पडटालें. बाकीच्यांचें खावन जालें आनी ते पोटाऱ्याची मजा पळयत उरले. निमाणें पक्कान्नां करूंक दवरल्यांत म्हण सांगतकच तो 'जातकच उठयात' अशें सांगून थंयच न्हिदलो.

हेवटेन म्हूर्ताचो वेळ जाल्लो. सगले सव्याकडेन गेले. लग्न जालें आनी व्हंकल पावणी व्हरपाचो वेळ आयलो.

चल्याच्या बापायन सांगलें , ''चलयेक दिवपाच्यो वस्तू ह्या पेटाऱ्यांत घालात.'' ताणें त्या पेटारकाराक फुडें काडलो. चलयेवटेंतल्या मनशांनी वस्तू पेटाऱ्यांत भरल्यो. तरीकय पेटारो अर्दो रितोच.

चलयेचो बापूय समजलो. ताणें वेयाचे पांय धरले आनी चूक मागली. म्हळें, ''म्हाका वरशें मारिल्लें. म्हजे आस्पतीचो म्हाका गर्व जाल्लो. पूण तुज्या मनशांनी म्हजो गर्व जिरयलो. आतां तूं तुज्या मनशांक सांबाळ. आनी म्हजी लज राख.''

चल्याच्या बापायन म्हळें, ''हो पोटारो उठ्ठकर जेवंक मागत. देखून रांदून दवरूंक लाय. उपरांत हांव तांकां घेवन वतां.''

ते प्रमाणें पोटारो उठ्ठकर चलयेच्या बापायन तो मागता तितलें वाडलें आनी मागीर चल्याचो बापूय व्हंकल पावणी घेवन घरा आयलो. घरा येतकच ताणें मिठायेचे दोन पाटले दिले आनी पोटाऱ्याक धाडलो.

मानांयाक ताणें हातूण पांगरूण आनी बरे कपडे दिले. तशेंच मिठायय बी दिली. न्हंय शोशून घेतल्याकय ताणें मिठाय, कपडे बी दिले. आनी सगल्यांक धाडून दिले. सगले खोशी जाल्ले. परत केन्नांय जाय जाल्यार सांगून धाड म्हण सांगून ते गेले.

हेवटेन ताचो चलो सुंदर बायल मेळ्ळी म्हण खूश आशिल्लो आनी लग्न बरे भशेन जालें म्हण सेठजीय खूश जाल्लो.

(नेपाळी लोकांकाणी)

■

– किरण म्हांबरे
मडगांव – गोंय.

उत्रांची जुगलबंदी

'अ'न हाडलें अनस
'ब'न हाडले बटाट
'क'न हाडलें कणस
अनस, बटाट, कणस
म्हणूंक लागलीं
रस, रस, रस...

'ब'न हाडलें बॅट
ताणेंच हाडलो बॉल
'व'न हाडली विकेट
बॅट, बॉल, विकेट
खेळूंक गेलीं क्रिकेट
क्रिकेट, क्रिकेट...

'त'न हाडलें तबलें
'प'न हाडली पेटी
'स'न हाडली सतार
तबलें, पेटी, सतार
तिगांय नाचूंक लागलीं
सारे, गम, पद नीसा

'द'न हाडलो दुदी
'क'न हाडलें कणंग
'न'न हाडलो नाल्ल
दुदी, कणंग, नाल्ल
हांसत खेळत नाच!
तांचें जालें खतखतें

– डॉ. भिकाजी घाणेकार
राज कॉम्प्लेक्स,
ताळगांव – गोंय
फोन : २९०४२६२

- मीना काकोडकार

चिंटू बुकी आनी सुकण्या पील

सकाळ जाली तसो चिंटू बुकी जागो जालो. काल राती दादीले कोठयेकुडींतलो हुंदीर मारिल्ल्यान दादीन चिंटूची बरीच तोखणाय केल्ली, बशीभरून दूद पिवयिल्लें आनी तळिल्ल्या बांगड्याचो कुडको खावयिल्लो. तें सगळें खावन चिंटून ताणून दिल्लें तो बद्द सकाळफुडें जागो जाल्लो.

चिंटू दिसूंक भोव सुंदर आशिल्लो. ताचो रंग शिंवाभशेन हळडुवो आशिल्लो. ल्हंव बरीच व्हड आशिल्ल्यान शिंवाभशेन ताकाय आयाळ आशिल्लेवरी दिसताली. चिंटूची गोंडो कशी शेंपडी तर पळयतल्यांचें मन भुलयताली.

उठनाफुडें चिंटून चारय पांय ताणून आळस काडलो. एक जांबय दिली आनी तो निवळसाणीक लागलो. पयलीं ताणें आंग चाटून निवळ केलें. दर एक पांय तंबोरो कसो वयर काडून ताणें तो चकचकीत केलो आनी उपरांत शेपडी दावकुलांत धरून तिचोय केंसान केंस निवळ केलो. उपरांत शेपडी एरियल कशी वयर धरून चिंटू पासयेक भायर सरलो.

सद्दां सकाळीं चिंटू दर्या देगेर वतालो. मोव मोव रेंवेंत पांय बुडयत भोंवंक ताका खूब आवडटालें. रेंवेंतल्या बुराकांत दावकूल घालून तातुंतल्यो कुल्ल्यो भायर काडून तांच्या फाटल्यान धांवकय ताका आवडटालें. त्या भायर रांपण बी ओडून जातकीर देगेर नुस्तें चटम् मटम् करूंक मेळटालें.

दादील्या घरा कडल्यान दर्या चड पयस नाशिल्लो. भाटांतल्यान सरळ दर्यादेगेर वचूंक मेळटालें. काल सांजवेळा दादी आनी हेर दोग चौग जाण सोप्यार बसून गजाली करताले तेन्ना चिंटू दादीचे मांडयेर न्हिदिल्लो. पूण ताचे कान तांच्या उलोवण्याकडेन आशिल्ले.

दर्याच्या उदकाचेर तेलाचो तवंग उफेता... देगेर कितलेंशेंच नुस्तें मरून पडलां. रापणकारय चिंतेस्त जाल्यात अशें कितेंशें ते उलयताले.

''असली परिस्थिती आयल्यार माणसुकी ना.'' दादीन म्हळें.

चिंटूकय हुसको जालो. मनशांकच नुस्तें मेळ्ळें ना जाल्यार माजरांक आनी खंयचें मेळटलें अशें ताच्या मनांत येवन गेलें. पूण दर्यांत तेल कशें कितें पावलें तें ताका कळना जालें.

''मनशांच्या कर्तुपांक लागून सगल्याक प्रदूशण जायत आसा.'' दादीचीं उतरां ताच्या कानार पडलीं.

''प्रदूशण म्हणटात तें हें तर!'' चिंटून शेपडे गोंडो हालयत थारायलें.

तो दर्यादेगेर पावलो तेन्ना पळयत जाल्यार कितलेंशेंच नुस्तें देगेर मरून पडलां. तें खावंक सुकण्यांची देगेर गर्दी जाल्ली. कावळे तर सगल्यांक आमडून आपूणच सगळें गटम करूंक सोदताले.

चिंटू सदांच दर्यादेगेर पासयेक येतालो देखून चडशीं सुकणीं चिंटूचे संवकळीचीं आशिल्लीं. तांकां तें नुस्तें खाता तें पळोवन चिंटून म्हळें, ''आरे तुमी हें

कितें करतात? हें मरून पडिल्लें नुस्तें खावन तुमचें पोट इबाडटलें. घडये तुमीय बरे ना जातले.''

पूण चिंटून कितलेंय समजायलें तरी कोण्णें ताचेकडेन लक्ष दिलें ना. मेल्लें नुस्तें चोंचावन खावंक सगळे गुल्ल जाल्ले. पूण चिंटून त्या नुस्त्याक तोंड लायलें ना. तांकां समजावन तो वाजेलो आनी देगेवयल्या खडपांचेर वचून बसलो.

इतल्यांत ताच्या कानार कोणाचो तरी उलो पडलो.

''चिंटूऽऽ, चिंटूऽऽ''

चिंटून हेवटेन तेवटेन पळयलें.

''चिंटू ऽऽ'' परत ताच्या कानार उलो पडलो.

चिंटून परत सगल्याक नदर भोंवडायली. व्हडल्या खडपाचे सकले वटेन एक सुकणें पडिल्लें.

चिंटू धांवत थंय गेलो. पळयत जाल्यार निळू सुकणें! चिंटून काचाबूल जावन ताका विचारलें, ''निळू, कितें जालां? तूं अशें कित्याक पडलां?''

निळूक उलोवपा इतली पसून शक्त नाशिल्ली तरीकय सगलें बळ एकठांय करून ताणें म्हळें, ''चिंटू, म्हाका कितें जालां तें हांव सांगूंक नकळों. पूण हांव चड वेळ वांचचें ना इतलें म्हाका खबर आसा. घडये देगेवयलें मेल्लें नुस्तें हांवें खाल्लें ताचो परिणाम आसूं येता.''

चिंटून ताका पोशेत म्हळें, ''निळू, तूं भियेवं नाका. मारीमानाली बांय लागींच आसा. हांव तुका उदक हाडून पिवयतां. तूं रोखडेंच बरें जातलें.''

''ना रे चिंटू. हांव आनीक बरें जावचें ना. पूण म्हजो जीव मरे म्हज्या घोटेरांत घुसपला. तातूंत हांवें एक तातीं घाल्लें. हांव आनी म्हजो घोव उमेदीन तें उबयतालीं. पूण कालसावन म्हाका तो दिसना. ताकाय कितें तरी जालां आसतलें. ना जाल्यार तो म्हाका एकल्याक सोडून वचपी न्हय.''

चिंटूक निळूक कशें समजावचें तें कळना जालें.

निळूच्या निळ्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवंक लागलीं. 'म्हज्या फाटल्यान कोण उबयतलो रे म्हजें तांतीं? चिंटू, म्हजेर उपकार कर आनी म्हजें अपुर्बायेचें तांतीं तूं उबय आनी म्हज्या पिलाची आवय आनी बापूय तूंच जा.''

चिंटू आयकतच उरलो. निळूक पिशें बी लागूंक ना मू? अशें ताचे तकलेंत आयलें.

''निळू, हांव बुकलो मगो. म्हाका तांतीं उबोवपाचो मातय अणभव ना. तूं खंयच्याय सुकण्याक सांग...''

''चिंटू म्हज्या भावा, म्हजेक आतां चड वेळ ना. उपकार कर अ म्हाका उतर दी. हेऽ त्या मुखावयल झाडाचेर म्हजो घोंटेर आसा... ना म्ह नाका...'' निळूचो आवाज मंद जाय गेलो.

चिंटूच्यान ताची ती अवस्था पळो नज जाली. ताणें मायेन आपलें दावकू निळूच्या माथ्यार दवरलें आनी पळय पळयतां निळून प्राण सोडलो.

चिंटूच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हावं लागलीं. ताणें रेंवेंत फोंड काडून निळू पुरलें आनी तो निळून दाखयिल्ल्या झाड दिकेन वचूंक लागलो.

आपूण दादीक सांगनासतना हां आयलां. तो आपलो हुसको करतल अशें चिंटूचे तकलेंत येवन गेलें. पू आतां ताचो नाईलाज आशिल्लो. निळू तांतीं उबोवप चड म्हत्वाचें आशिल्लें

झाडाचेर बरोच वयर निळूचो घोंटे आशिल्लो आनी त्या घोटेरांत एव

सुपुल्लें धवेंफुल्ल तांतीं आशिल्लें. चिंटू सांबाळून घोटेरांत देंवलो आनी तांतयाचेर ताणें अळंग आपलें पेडावण दवरलें. आपूण असो सुकण्याच्या घोटेरांत बसून ताचें तांतीं उबयतां हें कोणेंय पळयल्यार आपल्याक कितें म्हणटले अशें तकलेंत येवन चिंटूक हुसको जालो.

हेवटेन दादी बाबडो चिंटूक सोदून सोदून खरशेलो. दादीचे यादीन चिंटूचेय दोळे भरून आयले.

निळूच्या घोंटेराच्या लागींच आशिल्ल्या दुसऱ्या झाडाचेर कावळीणीचो घोंटेर आशिल्लो. कावळीण घोंटेरांत परतली तेन्ना तिचें लक्ष चिंटूचेर गेलें. निळूच्या घोंटेरांत हो कितें करता? असो तिका हुसको जालो. "आरे चिंटू, तूं निळूच्या घोंटेरांत कितें करता? ताचें तांतीं खावंक आयला काय कितें?" कावळीणीन चिंटूचेर धेंगसो घालो. "आनी निळू खंय गेलें?"

चिंटून तिका सगळी खबर सांगली. एक बुकलो जावनय चिंटू सुकण्याचें तांतीं उबोवंक बसला म्हणून कावळिणीक चिंटूची तोखणाय दिसली. पळयतां पळयतां एक बुकलो सवण्याचें तांतीं उबोवंक बसला ही खबर सगल्याक पातळ्ळी.

दोन चार बुकले आनी माजरां झाडार येवन चिंटूक पळोवन गेलीं. एका बुकल्यान आपली शेंपडी फुलोवन चिंटूचेर धेंगसो लेगीत घालो. "आरे, आमचीं पिलां जल्माक येतात तेन्ना आमी माजरांच्या आदाराक मात लेगीत वचनांत आनी तूं हांगा सुकण्याचें तांतीं उबोवंक बसून आमच्या नाकाक काळें लायता? उठ पयलीं थंयचो."

चिंटून म्हळें, "बाबानो, हांवें निळूक उतर दिलां ताचें तांतीं उबयतलों म्हणून आनी ताच्या पिलाचो बापूय जातलों म्हणून. म्हजो जीव गेल्यार पसून जाता पूण हांव ताका दिल्लें उतर मोडचों ना."

झाडा सकल कांय कुत्रे आशिल्ले. चिंटूचें उलोवणें आयकून तांणीं व्हडल्यान भुंकून ताच्यो भगल्यो केल्यो.

तांतयांतल्यान पील भायर सरतकीर हो पाखां नाशिल्लो बुकलो ताका कसो उडूंक शिकयतलो काय म्हणून सुकण्यांनीं कुलकुलाट करून विचारलें. पूण चिंटून कोण्णाची पर्वा केली ना. निळूक दिल्लें उतर पाळप इतलेंच ताणें ठाम थारायिल्लें.

हाचे उपरांत कांय दीस गेले आनी चिंटूच्या पोटाक खातखुतल्यो जावंक लागल्यो. ताणें मातशें कुशीक सरून पळयल्यार तांतयांतल्यान पील भायर सरता. चिंटूक खूब्ब खोस जाली. ल्हवूच दावकूल मारून ताणें तांतीं फोडून भायर येवंक पिलाक आदार केलो आनी पळयतां पळयतां पील भायर सरलें. पाखां नाशिल्लें तें बाळो कशें पील पळोवन चिंटूक अजाप जालें. तें निळूभशेन मातय दिसनासलें. कावळिणीन म्हळें, "हुस्को करूं नाका. ताका पाखां फुटटकीर निळू बशेन दिसतलें तें."

माजर आपल्या पिलांक चाटून निवळ करता हें चिंटूक खबर आशिल्लें. ताणें त्या पिलाक अळंग चाटलें आनी आपल्या पोटापोंदा घेतलें. पिलाविशीं मायेन ताचें काळीज उपाट भरून आयिल्लें.

चिंटू इतले दीस हालनासतना घोंटेरांत बसून राविल्लो. कावळिणीक ताची तोखणाय दिसताली. एका सुकण्याचें तांतीं उबोवपी बुकलो तिणें पयलेच फावटी पळयिल्लो देखून ती ताका जाता तसो आदार करी. अदीं मदीं ताका कितेंय खावंक बी हाडून दियी.

चिंटून तिका विचारलें, "पिलाक भूक लागतकीर कितें दिवूं?" कावळिणीन म्हळें, "ताका किडे बी

खावय.'' पूण पिलाक घोटेरांत एकलेंच दवरून किडे हाडूंक कसो वचप हें चिंटू चितूंक पडलो. इतल्यांत ताका झाडाचे एक खांदयेक बुराक पडला आनी तातुंतल्यान किडी भायर सरतात तें दिसलें. चिंटू उडी मारून ते खांदयेर गेलो आनी ताणें किड्यांचेर दावखूल मारलें. कांय किडे ताच्या नाखटांक शिरकले. चिंटू धांवत घोंटेरांत परतलो. पील चोंच उकती करून ताकाच पळयतालें. ताणें अळंग नाखटांतल्यो किडी काडून ताका खावयल्यो. ताका अशें खावयताना चिंटूक भोव खोस भोगली. ताका दादीची याद आयली. दादीय असोच मायेन ताका खावंक घालतालो.

आपूण अकस्मात ना जालों म्हणून दादीक खूब्ब वायट दिसलां आसतलें हें चिंटूक खबर आशिल्लें. दादीचे यादीन चिंटूचे दोळे भरून आयले.

पिलाचें पोट भरलें तशें तें चिंटूच्या पोटापोंदा मुंगरलें.

ल्हवू ल्हवू ताका सोबीत पाखां येवंक लागलीं. आतां तें जूस्त निळूभशेन दिसूंक लागलें. पिलाची चींव चींव आयकतकीर ताका केन्ना भूक लागल्या, केन्ना तें आपल्याक उलो मारता तें चिंटूक जूस्त समजतालें. पिलय चिंटूक आपली आवय समजून सामकें ताचे वेंगेंत गोठेतालें.

आतां प्रस्न आशिल्लो तो ताका उडूंक शिकोवपाचो. चिंटून कावळिणीक विचारलें ''आतां हांव कितें करूं? म्हाका काय उडूंक येना. मागीर हांव ताका कसो शिकोवं?''

कावळिणीन म्हळें, ''सगल्यांत पयलीं तूं ताका घोंटेरांतल्यान भायर काड. घडये हेर सुकण्यांक पळोवन तें आपशींच उडूंक शिकतलें.'' चिंटून पिलाक अपुर्बायेन घोंटेरांतल्यान भायर हाडलें आनी मुखावयले खांदयेर बसयलें. मळबांत उडपी कितलींशींच सुकणीं ताणें पिलाक दाखयलीं. पूण पिलान उडपाचें नांव घेतलें ना. तें खांदयेर घट्ट बसून चिंटूक पळयतालें. चिंटून आपल्या कपलार दावकूल मारून घेतलें. आतां कितें करप ताका कळना जालें.

इतल्यांत चिंटूचे तकलेंत एक कल्पना आयली. ताणें बशिल्ल्या थंयसावन लागींच आशिल्ले दुसरे खांदयेर उडी मारली आनी पिलाक आपल्या म्हऱ्यांत आपयलें. आपल्याली मम्मी आपल्या म्हऱ्यांत ना. खांदयेर आपूण एकलेंच आसां तें पळोवन तें भियेलें. ताका ताचे मम्मा म्हऱ्यांत वचपाचें आशिल्लें. ताणें मम्मा म्हऱ्यांत वचचे खातीर उडी मारली आनी पडत म्हणून तें आपसूकच पाखां हालोवंक लागलें.

ताका अशे तरेन उडटा तें पळोवन चिंटू खुशाल जालो. ल्हवूल्हवू पील उडूंक शिकलें. कावळिणीन म्हळें, ''चिंटू आतां तुजें पील उडूंक शिकलें. हाचेफुडें तुका ताचो हुसको करचेली गरज ना. आतां पिलाक घोंटेराची आनी तुज्या आदाराची गरज ना. निळूक दिल्लें उतर तुवें पुराय केलें.''

हें आयकून चिंटूक एकेवटेन दिसलें आनी एके वटेन वायटय दिस इतले दीस घोंटेरांत रावन ताका ल्हान व्हड करतना ताका पिलाची मा लागिल्ली. पूण चिंटूक खबर आशि सुकण्यांचीच न्हय तर सगल मोनजातीचीं पिलां रोखडींच आ बापाय पसून स्वतंत्र जातात.

चिंटूक आतां दादी म्हऱ्यांत प वचपाचें आशिल्लें. कावळिणीचो निरो घेवन तो आपले घरचे वाटेक लागलो ताचें पील आतां मळबांत उडटालें.

दादी भायर बल्कावांत पेपर वाची बशिल्लो. चिंटू मोन्यांनी ताच्या म्हऱ्या गेलो आनी दादीच्या पांयांक आ घश्टीत ताणें 'म्यांऽऽव' म्हळें.

चिंटूचो आवाज कानार पडटकी दादीन पेपर एकदम सकल काडलो पळयत जाल्यार मुखार ताचो अपुर्बायेच चिंटू!

''आरे, हांगा येयात. हो पळ आमचो चिंटू परत आयला.'' अ म्हणून दादीन सगल्यांक आपयलें.

सगल्यांनी चिंटूक गराडोच घालो सगळीं जाणां चिंटूक एकच प्रस्न विचारतालीं, ''चिंटू, खंय आशिल्ले रे तूं इतले दीस?''

आनी मळबांत उडपी सुकण्यांक पळयत चिंटू 'म्यांऽऽव' म्हणत हांसतालो.

■

– मीना काकोडकर

मडगांव – गोंय

पक्षांचीं घरां

- उषा ज. कामत

"बाय मेघन घे. हो फुलां पाटलो दवर देवा म्हऱ्यांत." सुगंधान हातांतली नाल्लांची पिशवी सांबाळत मेघना कडेन दिलो फुलां पाटलो.

"आज्जे हे पळय चार नाल्ल पडिल्ले सकल. ते दवरतां आं." सुगंधान नाल्ल दवरले आनी जोतें घालें वचपाक.

"आगो चारच पडिल्ले मगो? सारकें पळयल्लें मगो आशिकुशीक?"

"हय गे. चारच पडिल्ले." वतां वतां सुगंधान म्हळें.

"नाल्ल कसले? सुके बोणे हे." नाल्लांची पिशवी उबारून घेवन आज्जी भितर आयली. मेघनाचो पप्पा खाड करतालो बेसीना कडेन. थंय येवन आज्जेची बडबड सुरू जाली.

"आरे सुधीर पळय मरे. नाल्ल सगळे सुकून पडटात. तुका मेळना रे पाडेली?"

दर दोन-चार दिसां आड नाल्ल सुकून पडटाले आनी मागीर आज्जेची सुरू जाताली बडबड. सुधीरान सोदले जायते कडेन पूण पाडेलीच मेळनात. ताणें दोगां-चौगांक सांगूनय दवरलें.

असोच एक सप्तक गेलो आनी कोणेंतरी सुधीराक एका पाडेल्याचो फोन नंबर दिलो. तेच राती त्या मोबायल नंबरार फोन करून सुधीरान पाडेल्याक आपयलो. आयतारा येवपाचें फिक्स जालें.

आज्जेच्या जिवाक मात्शें सूऽ जालें. २० रुपयांचेर नाल्ल पावला आनी घरचे माड आसून लेगीत भायले नाल्ल खावपाक तिच्या जिवार येतालें. खरें तर तांच्या पोरसांत फकत दोन माड आशिल्ले.

बरे घसघशीत वयावेले माड ते. तांकां नाल्लय बरे लागताले. आज्जेन शेनवारा माळ्यावेले खोटले काडून घेतले. ती उमळशिकेन आयताराची वा पळयताली. आनी मेघन? आज्जेची बडबड आनी उमळशीक पळोवन तें लेगीत फुलिल्लें. "पप्पा बरोबर हांवूय वतलें आं नाल्ल पुंजावपाक." ताणें पयलींच मम्मी पप्पाच्या कानार घालून दवरिल्लें.

फाटल्या पावसांत सात-आठ म्हयन्या पयलीं असोच एका पाडेल्याक धरून, नाल्ल काडिल्ले तेन्ना पावस म्हुण मम्मीन आनी आज्जेन ताका पोरसांत वचपाक दिवूं नासलें. थंय खूब झाडां वाडल्यांत. गॅरेजीकडेन निसर जाल्या अशें किदें किदें सांगून ताका

घरांतल्यानच पळय म्हुण सांगिल्लें. मेघन हें सगळें घट्ट तकलेंत धरून राविल्लें.

आयतारा सकाळीं मेघन सदचेवरीं बेगीनच उठलें. ''आगो, आज आयतार. शाळा ना. मागीर कशें उठलें तर तूं बेगीन?'' मम्मीन विचारलें.

मेघनाक जुस्त कळ्ळें. मम्मी मुद्दाम विचारता म्हुण. ''आगे जाग आयली म्हाका. उठचें शें दिसलें म्हुण उठलें.'' हांसतच मेघनान म्हळें, ''चोरा! बरेंच बुदवंत जालां आतां! सातवेक पाविल्ल्याचो परिणाम हो.''

साडेणव वरांचेर आयलो पाडेली. आज्जेन दोनूय पाटले हाडून दवरले भायर व्हारांदार. पप्पा फुडें येवचे पयलींच मेघन जोतें बी घालून तयार, मागीर पप्पा आयलो आनी पाडेल्याक घेवन फाटले वटेन पायणींतल्यान पोरसांत घेवन गेलो. पप्पा, ताचे फाटल्यान मेघन आनी फाटल्यान पाटले घेवन पाडेली. ओळीन तिगांय पोरसांत भितर सरलीं. पाडेल्यान पाटले सकल दवरले आनी वयर पळयत रावलो.

ल्हान ल्हान पेरांचे, चिकुचे रूख, दसणिचीं तरातरांच्या फुलांचीं झाडां, करबेल, कोडूलींबू, करमलां, बिमलां हांचींय ल्हान ल्हान झाडां आनी तेंकून तेंकून बरे घसघशीत वाडिल्ले माड. आंबे, पणसाचीं झाडां आशिल्लीं पूण तीं सामकींच ल्हान.

पाडेली हात कमरार घेवन वयर पळयतच उरलो. पप्
कळना किदें जालें तें. थोडो वेळ वतगर विचारलें, ''
किदें जालें? चडटा मरे माडार?''

''ना भाटकारा, पळय तुमच्या दोनूय माडांचेर घा
घरटीं बांदल्यांत आनी घारी माडाकडेनच भोंवत आस
पळय पळय. सामकें वयर दोन चुडटां मदीं, वयर तेंग
पळय.''

''हांव जर वयर चडपाक गेलों तर मध्यारच येवन
म्हजे तकलेर चोंच मारतली. सामकी डेंजर ती. तांचें
सगळेकडेन आसता. ना बाबा हांव चडना माडार.'' पाडे
परतलो.

''आरे पूण...''

पाडेली गेलोच...

पप्पा आनी मेघन रिते खोटले घेवन घरांत भितर सरल
जनेलांतल्यान पळयतले आज्जेक कळूं ना. ती बेगीनबेग
भायर आयली.

सुधीरान तिका सगळी खबर सांगली. ती निर्शेली. मेघन
निर्शेलें. पूण किदें करतलीं?

आज्जी म्हणपाक लागली. ''खरें तें चारूय वटेन बिल्डींगे
आंब्या पणसाचे वा दुसरे कसलेच व्हड रुखच नात. घरां ख
बांदपाचीं ह्या पक्षांनी?''

''म्हणून मागीर मेळटात त्या झाडांत बांदतात हे पक्ष
घरां. तांची तरी बाबड्यांची कितें चूक?'' समजूतपणा
मेघन उलयलें. ''आनी बरे आमचेच माड मेळ्ळे तांकां.''

''तरी बरें आमी आतां रोयल्यांत हीं आंब्या-पणसांच
झाडां आनीक थोड्या वर्सांनीं तरी पक्षांक घरां बांदून रावंव
सुवात मेळटली.'' हांसत हांसत ताण कमी करपाक सुधी
उलयलो.

''चल कांय नजो. आमी आमचे माड भाड्यान दिल्यात
घारींक अशेंच समजुया. चल मेघन, कॅरम खेळया दोन डाव.''

■

– **उषा ज. कामत**, हरिमंदिरा लागीं,मडगांव – गोंय

'खेळ मांडियेला'ची काणी-

- स्मिता तिंबले



भुरग्यांची भावनीक वाड सैमीक रितीन फुलप हें तांच्या आहारा इतलेंच गरजेचें. आहारांतली त्रुटी विटामीन दिवन भरून काडूं येता. पण भावनीक घुसमटमाराचो बळी थारिल्लें भुरगें ताची खरी वळख सोदपांत शेणून वता. ताची बुद्धी चिड्डून, एकाद्या कीड लागिल्ल्या फुलाभशेन ताची गत जाता. हाचें सगल्यांत बरें उदाहरण 'खेळ मांडियेला' ह्या पुस्तकांत मेळटा.

पांच-स वर्सांच्या डिब्ज ची ही काणी. आवय-बापायचें सहजपणान मेळूंक जाय आशिल्लें तें प्रेम मेळूंक नाशिल्ल्यान ताची वाड करपता. वयल्यान तो मतीमंद असो खुद्द ताचे आवय-बापूयच ताचेर शिक्को मारतात. आपली चूक तांकां कळून येता. पण तेन्ना खूब कळाव जाल्लो आसता.

गोरो-गोमटो, भांगराळे केंस, आनी निळेशार दोळे. सगळे सोबीत अशा ताच्या रुपांत उणीव दिसता ती हांश्याच्या किरणांची. ताच्यो तांबड्योगूंज ओठां पाकळ्यो केन्नाच हांसनात. उलय लेगीत नात. शाळेंत वर्गातलीं भुरगीं बांकार बशिल्लीं आसतना डिब्ज मात वणटी कुशीनी रांगत रावता. नाजाल्यार वर्गाचो कोनसो गांठटा. कोणूय म्हऱ्यांत गेल्यार ताचें किळाच मारप आनी नाखटांनी बुचकारप सुरू जाता. ताच्यो शिक्षिका ताका सुदारपाक सोदतात पूण तांकां तें शक्य जायना. पूण, अजाप म्हळ्यार ताका मंदबुद्धीचो थारावपाक त्यो तयार नात. तांकां दिसता की, ताचेमदीं थोडी-थोडी सुदारणा जायत आसा. एक अतिबुद्धिमान मेंदू ताचेभितर काम करीत आसा असो तांकां दाट दुबाव येता. म्हणून त्यो प्रयत्न सोडिनात. पुस्तक हातांत घेवन खूब वेळ तातुंतल्या अक्षरांकडेन पळयत रावपाचे ताचे संवयींतल्यान तो पुस्तक वाचता आसूंक जाय असोय तांकां दुबाव आसता.

डिब्जा क लागिल्ली कीड मारपाचें कठीण काम मिस ए हातांत घेता. प्ले थिरपी चो प्रयोग करून ताका ताच्या स्वत्वाची जाणीव करून दिता. ताचे मदीं एकवटिल्ल्या गिन्यानाक ती वाट करून दिता. ताच्या भावनीक कोंडमारांतल्यान ती ताची सुटका करता.

खेळण्यांतलीं जनावरां, घरां, बावल्यो, रेंव, घराच्यो वणटी आनी खूब कितें मांडून दवरिल्ली एक विस्कळ कूड म्हळ्यार प्ले रूम. हे कुडींत मिस ए ताका दर बिरेस्तारा घेवन वता. ती खेळणीं दिसतकूच डिब्ज, हें घर, हें माजर अशें एक एक खेळणें हातांत घेवन उलोवप सुरु करता. मिस ए तेन्ना फकत ताणें उलयल्लें तेंच उतर परत म्हणटा. ल्हवू-ल्हवू तो पुराय वाक्य उलोवंक लागता. ती त्याच अर्थाचें मात्शें वेगळें वाक्य ताचे कडेन उलयता. अशा उलोवपांतल्यान ताचेकडेन आशिल्ली शब्दसंख्या आनी ताका आशिल्लें सरभोंवतणचें गिन्यान प्रकट जाता.

तशेंच, ह्या खेळपांतल्यान डिब्जचें भावनीक निस:रण जायत रावता. ताच्या मनाचीं बंद दारां उकतीं जातात. ताच्या मनांत खूब खोल, घराचीं दारां, कुलपां हांचे विशीं तिडक आसता. ताच्या खेळांतल्या घराचें दार उगतें करप, घराच्यो वणटी काडून उडोवप, बावलेक आनी सैनिकांक रेंवेंत पुरून दवरप अशा वागपांतल्यान ताचो भयण आनी

बापायवयलो राग व्यक्त जाता. भावनेच्या भरांत तो ज्यो आपणें रचिल्ल्यो कविता म्हणटा तातुंतल्यान ताचें मन मळब मेकळें जायत रावता आनी ताचें मानसीक दुयेंस उणें जायत वता. ताचें वर्गांतलें वागप सुदारता. घरांतल्या वागपांतूय फरक जाणवता.

मिस ए जेन्ना खोलायेन हे विशीं सोद घेता तेन्ना तिच्या मुखार डिब्जच्या इल्ल्याशा जीवनाचें पुस्तकूच उक्तें जाता. आवय-बापायक नाका आसतना ताचो ह्या जगांत प्रवेश जाल्लो आसता. आवय दोतोर-सर्जन आनी बापूय सायन्टिस्ट. दोगांय बुद्धिमान आनी महत्वाकांक्षी. आपल्या करियरा आड येवपी ह्या भुरग्याचें आगमन तांकां त्रास दिवपी दिसता. तातूंत, तो जाल्लो तेन्ना तकलेचो आकार व्हड. दिसपाक कांयसो कुरुप आशिल्ल्यान ताचे बद्दल माया न दिसतां ताची लजूच तांकां दिसपाक लागता. ताचो राग करप, ताका घरांत बंद करून कुलूप घालप असलें केल्ल्यान तीं दोगांय एका बुद्धिमान मेंदवाची वाट लायतात. एक तरणी आंकरी चिड्डितात. पूण दोतोर जेन्ना तो मंदबुद्धी न्हयअसो निर्णय दिता आनी तांची चूक दाखोवन दिता तेन्ना तांचे दोळे उक्ते जातात. आवय ताका सुदारपा खातीर नोकरी सोडटा आनी तरातरांनी ताका शिकोवपाचो यत्न करता. डिब्जचो मेंदू ती शिकयता तें शिकता पूण जाय आसता तें आवय-बापायचें सादें प्रेम न मेळिल्ल्यान तो स्वत्व शेणोवन बसता. अशे वेळार मिस ए ची प्ले थेरपी धावन येता. डिब्जच्या मनाचे बांद जातात आनी एका बुद्धिमान भुरग ताची स्वताची वळख घडटा.

सगल्यांकूच मार्गदर्शक थारपी हें पुस्तक. करीयर च्या नादांत आप भुरग्याच्या आयुश्याची जापसालदा सांबाळपासारकें नाजूक काम क कितलें जिकिरीचें आनी म्हत्वाचे ह आमकां वळख घडटा. पालकांचें भुरग्याक सगळ्यांत व्हडलें टॉनीक दि जगांतली दुसरी खंयचीय वस्त ता सुवात घेवंक शकना. तें योग्य वे योग्य मात्रेन भुरग्याक सैमीकपणान मे जाय. तें मेळप हो तर तांचो जल्मसि हक्कूच आसा. तो तांकां मेळूंकच जा अशेंच हें पुस्तक सांगता.

– स्मिता तिंब
मडगांव – गो

श्रेया प्रकाशनाचें
'बिम्ब' परिवाराक मायेमोगाचें आमंत्रण

काश्मिरी पावसकार हांच्या
'कपयाळें'
लेखसंग्रहाचो विमोचन सुवाळो
ता. : १९ एप्रिल २०१४
दीस : शेनवार
थळ : 'इंस्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघर, पणजी.
वेळ : सांजेच्या ४.३० वरांचेर

मुखेल सोयरे : **संजय हरमलकार**
मानाचे सोयरे : **प्रा. भूषण भावे**
सुवाळ्याचें अध्यक्ष : **दिलीप बोरकार**

- कृ. म. सुखठणकार

रंछोडदास

मे म्हयनो लागीं पावता तसो आतीबाय आनी दाजीचेर आकांत येता. आकांत ह्या खातीर की तांचीं नातरां येवपाक लागतात. तांकां तीन धुवो. तीन धुवांलीं भुरगीं, व्हडल्या रमालो अमित आनी सतीश, सीमालीं नेहा आनी अंजली आनी बीनालो अंकित. आतीबायक दीस पावना जाता. अमिताक खटखटें जाय, सतीशाक साठ, नेहा, अंजली खातीर शेवयो आनी शंकरपाळी. अंकिताक मात कितेंय चलता.

आजो आनी आज्येचो अंकिता खातीर जीव तुट्टालो. कारणूय तशेंच आशिल्लें, अंकित एका वर्साचो आसतना ताचो बापूय भायर पडिल्लो. बिना बँकेंत सर्विसेक आसल्या कारणान ताणें ताका हॉस्टेलांत दवरिल्लो आनी हाका लागून तो आवय बापायल्या मायेक पारखो जाल्लो. आज दाजी भाटांतल्यान बिबे घेवन आयलो. आतीबायक ते कोणा खातीर हाडल्या तें रोखडेंच कळ्ळें,

''तुमचे अपुरबायेच्या नातवा खातीर?''

''आनी कितें तर? तो काय तोंड उगडून मागिना बाकिच्यां नातरां सारको. पूण ताका ते आवडटात म्हुण हांव जाणां.''

''ताका निरोय आवडटा. तो येतकच नारुक सांगपाक जाय.''

''कोणाकूय माया लावपी भुरगो. बाकिचींय नातरां आमचींच पूण हो वेगळोच. बापायचें सारकेंतोंड लेगीत पळोवंक पावलो ना बाबडो.''

''नाका त्यो यादी परत. आवयचें आनी ताचें नशीब आनी कितें?''

''तें सोड, अंकिता खातीर स्पेशल तुवें कितें केलां मगे?''

''त्या पोराक आवडीच ना, ताका कितेंय चलता. गेल्या खेपे नातालांक जेन्ना आयिल्लो तेन्ना ताका विचारिल्लें, तो म्हणपाक लागलो आपल्याक लागून कांय स्पेशल करु नाका.''

''ताणें सांगलें तुवें आयकलें, बरें आसा.''

आतीबायलीं सगलीं नातरां शिकपाक हुशार. तातूंत अंकितूच मात्सो फाटीं. हाचो अर्थ तो फेल जातालो अश्यांतली गोष्ट न्ही, ताकाय ए ग्रेड मेळटाली. पूण अमित, सतीश ए+ ग्रेड सोडी नाशिल्ले. नेहा, अंजली तर नॅशनल टॅलन्ट टॅस्टी बऱ्या पयकी मार्कांनी पास जातालीं.

''आगे अंकितालें अक्षर पळे गे, मोतयां कशीं. ताची चित्रकला पळेल्या? म्हजें चित्र काडलां तें पळे. म्हाका पयलीं दिसलें हांव हारश्यांत पळेतां काय म्हुण!''

आजो अंकिताली कला पळोवन धन्य जातालो.

''हांवें पोरूं सादी गोदडी मांडिल्ली ताचेर ताणें डिजायन केल्लो पळोवन सीताबाय थंयच घट जाली. म्हाका म्हणपाक लागली ताची दिश्ट काड.''

आतीबायूय अंकिताली सामकी फॅन. बाकिच्यां नातरांक आजो आजी अंकिताली तुस्त करतात म्हुण नसाय जाताली. तांकां दिसतालें आमीं ताचे परस शिकपाक हुशार तरी आसतना तुस्त मात अंकिताली!

''आरे बाबानो आजकाल सगलेच शिकतात, मनशान पुस्तकांतलो किडो जावंक फावोना. अंकितूय शिकता पूण ताच्यांत ज्यो बाकिच्यो कला आसात त्यो वाखणपा सारक्यो!'' दाजी तांकां समजायतालो.

''ताका सदांच फकत ए ग्रेड मेळटा.'' अमित.

''मागीर कितें जालें? दिवाळेक ताणें दिव्यांची आरास केल्ली, तुमकां जमतलें? तुमी फकत मोबायल घेवन बशिल्ले.''

''ताचे कडेन मोबायल ना, नाजाल्यार तोय आमचे सारकोच बसतलो आशिल्लो.''

''ताणें स्वता जावन बिना मावशेक सांगलां आपल्याक मोबायलाची गरज ना, आपल्याक होस्टेलांतल्या ऑफिसांतलो फोन वापरपाक मेकळीक आसा म्हुण. आरे तुमी अजुन धाव्वेक लेगीत पावुना, कित्याक रे तुमकां ते मोबायल?'' दाजी तापलो.

''आमचे स्कुलांत सगल्यां कडेन आसा.'' नेहा.

''सगल्यां कडेन आसा तें तुमकां जाय?'' आतीबाय.

''हांचीं आवय बापूय आसा न्ही दिवपी, अंकिताक परिस्थितीची जाणीव आसा म्हणून आमकां ताचें कवतूक.''दाजी.

मे म्हयन्याची सुटी पडली तशीं सगलीं नातरां येवपाक लागलीं. नेहा, अंजली पयलीं पावलीं, अमित, सतीश मागीर जाल्यार अंकित निमणो पावलो. तो बशीर आयिल्लो. येतना ताच्या हातांत व्हडलें कप आशिल्लें.

''हें कसलें कप रे अंकित भाई?'' अंजली.

''म्हाका BEST STUDENT OF THE YEAR इनाम फावो जालां.''

''अशें कितें केलें तुवें वर्सभर सांग मरे सगल्यांक. सगल्यांक कळूं दी बाकिच्यांकूय देख घेवनी.'' दाजीन कवतुकान म्हळें.

''हांव आमच्या हॉस्टेलांत सकाळीं सारण मारुन लीप करतालों. थोडे भुरगे स्कुलांत वतना हॉस्टेलाच्या पॅसेजींतली लायट, फॅन चालूच सोडून वताले. रात जातकूच हांव सगल्यो लायटी, फॅन बंद करतालों कारण ती फकत आमच्या शाळेची बचत न्हय, IT IS NATIONAL SAVING. हांवें एक उपकरण विकसीत करुन आमच्या हॉस्टेलाच्या विंगांत बसयल्लें.''

''कसलें उपकरण रे?'' नेहाक आनी अंजलीक उमळशीक जाली.

''आगो आयका गो .''आतीबाय भायर आयली.

''हांवें रिफ्लेक्टर बसोवन सोलर बॅटरीचे मजतीन ल्हान वॉटर हिटर तयार केला. ताका लागून एक बाल्दी भर उदक धा मिण्टां भितर गरम जाता आनी हाका लागून आमच्या विंगाचे लायटिचें बिल जवळ जवळ वीस टक्के कमी जावपांत मजत जाली.''

''आमी तुजी नोबेल प्रायजा खातीर सिफारिश करुया.'' अमितान कुच्छित्रीपणान म्हळें.

''तुमकां ताचो अभिमान दिसपाक फावो अमित, दुस्वास न्हय. खेळांतूय ताणें कितलींशींच पदकां जोडल्यांत ह्या वर्सा. आतां तुमकां कळळें मरे आमचो अंकित कितें तो?'' दाजीन अमिताक म्हळळें.

''येया सगलीं जाणां मानकुराद तासून दवरल्या तुमचे खातीर. अंकिताक झाड पिके आवडटा मरे, दोन तुका दवरल्यात. हात पांय धू आनी यो.'' आतीबायन म्हळें.

''आमकां झाड पिके ना?'' सतीश.

''तुका काल दिंव ना रे? दिसान दीस ल्हान जायत वता मरे तूं!''

''तूं सदांच अशीच करता आज्ज्ये.''

''हय, तूं म्हजे सवतीलो.'' आतीबाय तापली.

''आज्ज्ये दी गे ताका, खांवनी, म्हाका मेळटलेच मागीर.'' अंकितान म्हळें.

''तुज्या वांट्याचें तूं खातलो, नस्त्यो अपुर्बायो हांव करचीना.'' आतीबायन म्हळें.

सगल्यां नातरांचो आजोळा एकठांय पयलोच दीस, घर कशें भरुन गेल्लें. आज्याक आनी आज्ज्येक तांकां खंय दवरुं आनी खंय नाका अशें जाल्लें.

''आरे हो पळे नारु दोंगरार वता, तुमीय वचा.'' दाजीन नातरांक म्हळें.

''आमकां टि.व्ही. पळोवंक जाय.'' सगलीं आडुलीं.

''टि.व्ही. तुमकां तुमचे घरा पळोवंक मेळऽ नाशिल्लो?''

''ना, परिक्षे कडेन आमकां मम्मी पळोवंक दी नाशिल्ली, आमकां जायते एपिसोड चुकल्यात.''अंजली.

''म्हणचे तुमकां काण्णां चुन्ना नाका तर हे खेपेक?''

''नारुक हाडपाक सांगल्यां आमी.''

''आगो, दोंगरार भोंवपाक वेगळीच मजा आसता.''

''पोरुं, कांटे लागून म्हजो फ्रॉक पिंजिल्लो. हांव वच्चेना.'' नेहा.

''तुमकां जाय तशें. आगो अंकित दिसना सो?''

''तो पोसांत वाटयांनी उदक दवरता सुकण्यांक, जणू काय तीं पियेतलीं.'' सतीश.

''हय बरोबर तें. ह्या गिमा दिसांनी सुकण्यांक तान लागता म्हुण तो हें करता. तो वेगळोच, हें मात खरें.''

''तुमीं ताची तुस्त करपाची सोडचे ना. आमच्यान कांयच गूण ना. आमी आजी म्हणटा तशीं सवतीलींच.'' अंजली.

''हय, म्हाकाय तशेंच दिसता.'' सतीश.

दुसरे दीसा आतीबाय कोठये कुडींतल्यान टणटणत भायर आयली.

''अहो कोठये कुडींत वचून पळेया तरी झाड पिके आंबे खाल्या आनी साली थ उडयल्या. तेवटेन घोटां पिकत घाल्लीं माड्डिल्यांत.''

''कोण खातलो? हुंदीर आसतलो!'' दा म्हळें.

''हुंदीर सोलून खाता? आनी हुंदीर हतया वजनाचो काय कितें? ते आंबे काडटना घोट कितें दशा केल्या ती पळेया. अंकितान अ उश्टावना म्हुण ताचो वांटो काडून दवरिल्लो हांवे

''नारुन खाल्या आसतले ते आंबे.'' अमि

''अमित नारु तुजे बरोबरचो न्हय, तो तु बापायचे पिरायेचो, पयली गोष्ट. दुसरी गो आमगेर कितलींशींच मनशां भायर भितर करत आपल्या कडेन ठोस पुरावो आसले ब दुसऱ्याचें नांव घेवचें न्हय. नारुन आयकल्ल ताका कितें दिसतलें?''

''आज्या तुजें म्हणणें आमी खाले आंबे?'' सतीश.

''आमकां वायट दिसलें फकत अंकिता झाड पिके आंबे खावंक मेळळे ना म्हुण आ घोटांची नासाडी जाली म्हुण, इतलेंच.''

''आसूं, आतां आंबे अजून उलगुना. मेळट ताका.'' आतीबाय.

सांजेचीं भुरगीं भाटांत खेळून घरा आयली सगलीं जाणां सकाळची गजाल विसरिल्लीं.

''चला तुमकां हांव हॉस्टेलांत म्हणटा प्रार्थना शिकयतां. हांव पयलीं म्हणटां, तु म्हज्या फाटल्यान म्हणात.'' अंकितान सांगल

''आमकां टि. व्ही. पळोवपाक जाय, हॉस्टेलांत रावता. तूंच म्हण तीं हॉस्टेलांतल पदां.'' अमितान म्हळें.

''प्रार्थना ही प्रार्थना आसता अमित हॉस्टेलांतली आनी घरची म्हुण वेगळी नासता प्रार्थना म्हणटकच मनाक वेगळीच शांती मेळटा अंकित तूं म्हण तुजी प्रार्थना.'' दार घालू दाजीन म्हळें.

सकाळीं परत आतीबायल्यो किळच्यो. ह खेपे दब्यांतले दूदफेणे गायब.

''आतां मात आमच्या घरांत भूतचेष्टा जात अशें म्हणचें पडलें. हांवें अंकिता खाती

सीताबायक सांगून दूदफेणे केल्ले तांची कोणाक तरी नसाय जाली.''

''आतां मात आमीं नारुचेर दुबाव घेना आं, पयलींच सांगता.'' अमित.

''तुमीं भायर वचा. तुमकां लागना तें.'' दाजीन नातरांक भायर धांवडांयलीं.

''म्हाका दिसता हें आमच्या नातरां भितल्लेंच कोणाचें तरीं काम. अंकिताची तांकां पयलीं पसून नसाय.'' आतीबाय.

'तातूंत दुबावूच ना पूण बोट दाखोवचें कोणा कडें?''

''तुमी ताची काळजी करु नाकात. आज हांव ताचो बंदोबस्त करतां.'' अशें म्हणत अंकित भितर सरलो.

''आसूं रे शाण्या. तुजेर सगलींच पयलीं बेजार. तातूंत आनीक भर नाका.'' आतीबायन अंकिताक म्हन्यांत घेत म्हळें.

''करुनी ताका कितें करता तें, मस्त्यांक बुद्द शिकोंवंकूच जाय.'' दाजीन म्हळें.

''आज्ये तूं फकत एक काम कर, रातचें जेवणा मेजार, म्हजे खातीर स्पेशल जिन्नस करुन कोठये कुडींत दवरलां अशें बेठेंच जाहीर कर मागीर पळे मजा.''

सांजेचीं सगलीं नातरां झरीर गेलीं. अंकित मात घराच रावलो.

''अंकित आज तुजे खातीर हांवें मुरांबो केला, कोणाचोच थंय हात पावचो ना अश्या जाग्यार दवरला. ना जाल्यार तुका मेळचोच ना तो.'' आतीबायन नातरांक रातचें वाडटना म्हळें.

''दाने दाने पर लिखा है खाने वाले का नाम. न्हय रे अंकित?'' दाजीन म्हळें.

रातचीं भुरगीं बेगिनूच न्हिदाव्याक पडलीं. पयलेच खेपे तीं झरीर गेल्लीं, न्हांवन तांकांय पुरो जाल्लें. मध्यानेर कोठये कुडींतल्यान बोवाळ आयकूंक आयलो.

''मम्मी, मम्मी.''

''कोण रे कोण रे?'' दाजी बॅटरी दिवो घेवन धांवलो. आतीबायूय थंय पावली. भुरगीं सालांतल्यान दोळे चोळीत थंय आयलीं.

कोठये कुडींत लख्ख बल्बाचो उजवाड पडिल्लो आनी मदोमद डांबर रकयल्ल्यावरी एक काळोच भुरगो उबो आशिल्लो, कोण तो वळखुपाक येनाशिल्लो.

''कोण हो?'' दाजीन बॅटरी दिवो ताचेर घालून विचारलें.

''हांव तो अमित.''

''हांगां कितें करता? आनी डांबर शें तुजेर?'' आतीबायन हांसो दामीत विचारलें.

''मुरांबो खावपाक आयिल्लों. मागीर कितें जालें खबर ना.''

''हांव सांगतां कितें जालें तें.'' अंकित फुडें आयलो.

''सांग बाबा, चोर सांपडलो.'' दाजी.

''अमित शेम! शेम!'' भुरग्यांनी पार्टी बदल्ली आनी अंकिता लागीं गेलीं.

''हांवें दाराक सांजचो स्विच बसयल्लो जेणे करुन दार उगडटकूच तो प्रेस जावन बल्ब पेट्टलो. दाराक एक हुक घालून एक नायलॉनची दोरी घाल्ली आनी शेणाच्या उदकांत भरिल्ली बालदी नारुक सांगून वयर कोण्याक हुमकळायली. अमितान दार धुकलें तसो स्विच प्रेस जालो आनी बल्ब पेटलो. दोरी ओडली गेली आनी शेणाच्या उदकाचो अभिशेक अमिताचेर जालो.'' अंकितान सगलो खुलासो केलो.

''शी घाण! शी घाण!'' भुरग्यांनी एकूच बोवाळ केलो आनी नाक दामीत तीं अमिता पासून पयस धांवलीं.

''अमित जालें तें जालें, सगल्यांची माफी माग आतां.''आतीबायन म्हळें.

"I AM SORRY आतां केन्नाच चूक जावंची ना.'' अमितान मान सकल घाली.

''आनी भुरग्यानो, आतां अंकित कितें तो कळ्ळो तुमकां? HE IS A GENIUS. तो 3 IDIOTSसांतलो रंछोडदास कसो दिसना तुमकां?'' दाजीन भुरग्यांक विचारलें.

''हय तर !!'' भुरग्यांनी म्हळें आनी अंकिताक उबारलो.

"THREE CHEERS TO OUR रंछोडदास!!'' भुरग्यांनी घोशणा दिल्यो सोडून अमित, तो मान्न्यान न्हावपाक गेल्लो.

■

– कृ.म.सुखठणकार,
रायबंदर – गोंय. मो. : ९८५०५३०७५६

वोंवळां

धोल बाजे

ह्या शिगम्या मेळांतल्यान नकळत गोंयच्या लोककलांचें, संस्कृतीचें दर्शन म्हाका भुरगेपणांत घडत रावलें. सणां-परबांची उमळशीक मनां-काळजार घट्ट वेंग मारून बसली. आयजय शिमग्या मेळांची प्रथा म्हज्या कुळारच्या गांवांत आसा. प्रत्येक गजाल आयज फक्त परंपरा चलोवंक जाय म्हण करप जाता. चडांत-चड लोक खेडवळ वाडारांतलो वाडो सोडून शारांत पावला. गांवांतले लोक शारांनी नोकरे धंद्याफाट्ल्या रमल्यात. वाड्यावयलीं कुळागरां आतां करपूंक पावल्यांत.

- शर्मिला वि. प्रभू

फाल्गून म्हयनो लागलो काय चारय वाटांनीं धोल ताशांचो आवाज कानार पडूंक लागता. फाल्गुनाक शिगम्या-जात्रांचो म्हयनो म्हळ्यार अतिताय जावची ना. माघ सोंपून फाल्गून लागलो काय गांवां-गांवांनी लोक शिगम्याचे तयारेक लागतात. धोल-शामेळीं नितळ-निवळ करून त्यो सजोवनय घेतात. धोलार तोणी पडून 'घुमचे कटर घुम्म' असो गडगंज आवाज आयकलो काय शिगम्यांच्या यादीन मन उमेदीन भरता. जांबावलेचो गुलाल, कुंकळच्यो सत्र्यो, काणकोण मल्लीकार्जून देवांच्यो शिशारान्नी, रावण-सत्तरी हांगासरलो करवली उत्सव, मोरजेचो घोडेमोडणी उत्सव अशा जायत्या उत्सवांची जात्रा ह्या म्हयन्यांत जातात. त्या शिवाय गांवां-गांवांनीं जावपी शिगम्यांचे उत्सव. ह्याच म्हयन्यांत होळयेची परब आसता. एके वटेन जीव तापोवपी गरमी, तर दुसरे वटेन शिगम्याची उमेद. एके वटेन सैमान केल्ली रंगीतफुलांची उधळण तर दुसरे वटेन होळयेची, शिगम्यांच्या रंगांची उधळण. ह्या रंगांची सया काळजार परमळटा आनी धोलांचो आवाज कितलो सो तेंप मनांत घुमत रावता.

शिगम्यावरी दसऱ्याकय धोलांचो आवाज कानार पडटा पूण तांचो ताल वेगळोच आसता. धोलार तोणी पडल्याशीवाय जसो शिगमो जायना तसो दसरोय जायना. आमच्या रीवण-गांवांत विमलेश्वराच्या देवळांत वर्सूकी दसऱ्याची एक प्रथा आसा. गांवचे सिमेर रावपी त्या XXXX समाजांतल्या लोकांनी दसऱ्या दिसांक देवळा लागसाराक देवळांत वचपाचे वाटेर रावन ध वाजोवप. दसऱ्याक देवांचे भेटीक वचपी प्रत भावीकान हांकां पयशे घालुनच देवळांत भि सरचें पडटा. पयस लेगीत वाड्यार हो धोल शामेळीचो आवाज कानार पडटा. पुराय वाताव दसरोमय जावन वता.

आमच्या गांवांत दोन शिगमे. एक दा मेळ नाचप्यांचो शिगमो आनी दुस विमलेश्वराच्या देवळांत चारी राती नाट पळयत राती जागोवपाचो शिगमो. म्हज भुरगेपणांत ह्या दोनय शिगम्यांची म्हाका भ उमळशीक आसली. ताका कारणय तशे आसलें. एक टिवी सोडल्यार गांवांत मनरिजवणे साधन म्हणटात तें दुसरें खंयचेंच नासलें. देवळ मागीर जावपी उत्सव, परबां वेळार पुराय ग देवळांत खोशयेन, उमेदीन हाजीर आसताले दसऱ्या वेळार तर लग्न करून दुसऱ्या गांव दिल्ल्यो धुवो मुद्दाम कुळारच्या गांवांत दसऱ्या येताल्यो. दसरो शिगमो म्हळ्यार गांवांभायर राव साबार गांवकारय गांवांत मुजरत येताले.

शिगम्या मेळांच्यो तालमी शिगम्यांच्य पंद्रसभर आदीं सुरू जाताल्यो. वाड्यावयल्या बाजारांत वतना नातर शाळेनसून येतना धो - ताशांचे आवाज कानार पडटाले. आमच्य वाड्यार मेळ आंगण खेळूंक येवपाचो दी म्हळ्यार पुराय वाड्यार खोशयेचें उधाणच कशे दारांतलीं आंगणां शेणान सारोवन रांगोळे सजतालीं. दारांतली तुळस धुंवन-पुसून नितळ निवळ करतालीं. मेळ वाड्यार भितर सर आदीं. वाड्यावयले देवणेर रावन व्हडा-व्हडा धोल ताशे वाजयत 'शबै-शबै' अश आळायताले. पुराय वाड्याक मेळ वाड्यार येत म्हणपाचें हें सिनाल आसतालें. तुळशी सामकार

दिवली दवरप, चवकेर उदकाचो तांबयो-पेलो आनी गोडा-खडे दवरप. तबलजीक-पेटी वाजयतल्याक चवकेर बसपाक शेंद्री घालप, मेळांक दिवपाचे तळयेची जावं आरतीची तयारी करप अशी पुराय तयारी करून दवरून वाड्यावयले लोक मेळांची वाट पळयताले. एक प्रथा आसली गांवचो मेळ आंगण खेळून गेल्या शिवाय दुसऱ्या गांवचो मेळ तें आंगण खेळूंक शकनासलो. आमची शाळा सुटयेवेळार जर मेळ वाड्यार पावत तर भुरग्यांचे खोशयेक शीम मेर उरनाशिल्ली. पौराणीक प्रसंगाचेर आधारिल्ली जावं एखाद्या सामाजीक प्रसंगाचेर आधारिल्ली अशी घडणूक, हे घडणुकेचें संगीत नाटकुलें हे खेळगडे सादर करताले. तांचो तो भेस, रंगयल्लीं तोंडां पळोवन एक तरेची उमेद कशी येताली. एखादो हनुमान, रावण, सीता, धनूष्य खांदार घेतिल्लो राम जावं अर्जून पट्ट करून लक्षांत येतालो. कोणाच्या आंगणांत बरें सादरीकरण करप, काय मातशें नाचून आटापते घेवप, त्या घरांत रावपी कुटूंबांचेर अवलंबून आसतालें. एखाद्रो भाटकार जावं गडगंज पसरकार आसत तर 'बरें जावन्या रे' अशी ओर्द सोडटालो. ह्या शिवाय तोणयां मेळांची तालगडी, साडयांचो गोफ इतलेंच न्हय तर दिवली नाच सुध्दां कांय दुसरे गांवचे मेळ सादर करताले. गांवच्या मेळांक खासा पांच नाल्लांची तळय भेटयताले. ही तळय म्हळ्यार एका खोटल्यांत पांच नाल्ल दवरप, चार पडी तांदूळ वांगडा विडो, विड्यार पयशे दवरप. आंगण खेळून जालें काय घरांतले वडील मनशान ही तळय भेटोवप आसताली. मेळां भितरलो एक म्हालगडो तुळशी सामकारा रावन सांगणी करतालो तेन्ना तळय दिवपी घरचो वडिलमनीस माथ्याक तुवाल्यांचो मुंडासो बी गुठलावन हात जोडून उबो रावतालो. सांगणी करून जातकच तुळशीर, घरार तांदूळ शिंपडावन मेळ दुसऱ्या घरा आंगण खेळूंक वतालो. गांवच्या मेळांक पांच नाल्लाची तळय तर हेर खंयच्याय मेळांक मात दोनच नाल्लांची तळय भेटयताले.

पुनव येता म्हळ्यार मेळ पुराय गांवांत खेळून कांय भायले गांवय खेळून येताले. पुनवे दिसाक मागीर मांडार मेळ खेळटालो. ह्या वेळार खेळगड्यांनी जे जे खेळांचे, नाचांचे, नाटकुल्यांचे, तालगड्यांचे प्रकार म्हण बसयल्यात तांचें पुराय सादरिकरण ह्या मांडार जातालें. तें पळोवंक गांवांतलीं जाण्टीं तशीं भुरगीं सांजवेळचीं मांडार एकठांय जातालीं. मांड खेळून जातकच मागीर हे खेळगडे होळयेक दहन करपाक माडी मारूंक कुळागरांत येताले. खंयच्या वर्साक कोणाच्या कुळागरांतली माडी मारप हें तांकां नेमून दिल्लें आसतालें. मारिल्ली माडी वाजयत-नाचयत गांवच्या मदेकाक आशिल्ल्या देवळाच्या आंगणांत हाडून तिची विधिवत, वर्सपध्दती प्रमाण पुजा करून मागीर तिचें दहन करताले.

रोखडोच मागीर गांवांतल्या देवळांत राती जागोवपाचो शिगमो जातालो. चार रातींक चार नाटकां आनी मागीर गुलाल खेळप. गांवांतल्या नाट्य मोग्यांनीं बसयिल्लीं हीं नाटकां पळोवंक गांवचीं जाण्टीं तशीं भुरगींय देवळाच्या प्राकारांत जमतालीं.

ह्या शिगम्या मेळांतल्यान नकळत गोंयच्या लोककलांचें, संस्कृतीचें दर्शन म्हाका भुरगेपणांत घडत रावलें. सणां-परबांची उमळशीक मनां-काळजार घट्ट वेंग मारून बसली. आयजय शिमग्या मेळांची प्रथा म्हज्या कुळारच्या गांवांत आसा. प्रत्येक गजाल आयज फक्त परंपरा चलोवंक जाय म्हण करप जाता. चडांत-चड लोक खेडवळ वाठारांतलो वाडो सोडून शारांत पावला. गांवांतले लोक शारांनी नोकरे धंद्याफाटल्या रमल्यात. वाड्यावयलीं कुळागरां आतां करपूंक पावल्यांत. खेड्या-पाड्यांनी ई-शीक्षणांचो प्रसार जाल्ल्यान सगळेंच मुदार जालां. मेळ आयलो म्हणून धांवत येवपी अशीं आयचीं भुरगींबाळाय नांत. टिवी, केबल, लॅपटोप, टॅब, मोबायल अश्या साधनांनी भुरग्यांचीं मनां पुरायपणान घुस्पल्यांत. पयलीं वरवीं आयज काळ ना. म्हज्या गांवांत लेगीत जायतीं मनरिजवणेचीं साधनां पावला कणकणी उपलब्ध आसात. ते दीस कश्टांचे आसले तरी त्या जिवितांत एका तरेची एकामेकां बद्दलची आपुलकी, माया पावला-पावला कणकणी जाणवताली. जिणेंत एके तरेची उमळशीक आसली देखून आयजय त्यो यादी काळजा कुरकुटांत कायमचो राबितो करून आसात.

मडगांव शिगमोत्सवा वेळार चित्ररथ मिरवणूक पळोवंक वतकच हो धोल-शामेळींचो घुमचे कटर घुम्म आवाज कानार पडटा. नकळत काळजांत राबितो करून आशिल्ल्यो कुळारा गांवच्यो शिगम्या मेळांच्यो यादी दोळ्यां सामकारा नाचूंक लागतात. मागीर नकळत मन गावंक लागता.

'चानयेच्या पिला तुका तिन गो पाट
रावणान शिते व्हेल्या दाखय वाट'
घुमचे कटर घुम्म, घुमचे कटर घुम्म.
'भले भले बामणां भाजी करपली
भाजयेच्या वासान बोमली परतली.'
'शबय, शबय, शबय.'

■

– **शर्मिला प्रभू**, आगाळी – फातोर्डा.फोन : २७४०६४०

- रुपा कोसंबे.

हांव हें अशें

'आतां व्हरून सोडल्यार जाता हांकां. आपलेशितमी ल्हव ल्हव खावपाक करतात तीं' पुसी आनी पमी जनेलाच्या पड्ड्याचेर चडून घसरगुंडेवरी गुडगुडून सकयल येतना आण्टी अंकलाक सांगताली तें हांवें आयकलें. आतां आनी कोणाक व्हरून सोडपाच्यो गजाली करतात तर? हांवें पमी-पुसीक पळयलें. दोगांय खेळपाक दंग आशिल्लीं.

गॅलरीक हुंबकळटल्या कड्डाच्या घोटेरांत साळोरेन तीन पिलां काडल्यांत. तोंडांत कितें कितें धरून दोन साळोऱ्यांक घोटेराच्या भायर-भितर करतना हांव सद्दां पळयतां. तेऽदीस ज्योकी आयिल्लो. 'पोरांक मात्शीं व्हड जावं दी, हांव व्हत्तलो तेंका' म्हण बडबडटालो. खरें म्हळ्यार म्हाका तेन्ना ताचो राग आयिल्लो. हाका म्हण सगळोच स्वार्थ. त्या पिलांक बी व्हरून दितात काय ज्योकीगेर? काय भायर आसा तो भिशू रातभर भोंकून दोळो लावपाक पसून दिना म्हण ग्रॅनी परवंताली, ताका व्हरून सोडटली काय? हांव चिंतूंक पडलें. इतले म्हणसर पड्ड्याचेर आशिल्ल्या पुसीन म्हजे वयल्यान उडी मारली आनी त्या बोवाळांत ताच्या पांयांचें नाखूट म्हज्या नाकाक लागलें. म्हजें नाक सामकें चुरचुरपाक लागलें. हांव राग्गान ताची कंप्लेन घेवन म्हज्या मम्मा म्हऱ्यांत धांवलें. पळय जाल्यार मम्मा निकत्याक पडिल्ल्या मोव मोव वतांत बरीऽऽ पातळून पडल्या. तिका तशी न्हिदिल्ली पळयनाफुडें हांव म्हजी कंप्लेन विसरलें आनी सोमतेंच वचून 'च्यॉक-च्यॉक' करून म्हजे पेटपुजेक आ केलो. मम्माचो मूड बरो आशिल्लो. ति अपूरबायेन फाटलो पांय म्हजेर दवरलो आ म्हाका वेंगांत घेतिल्लेवरी केलें.

म्हजे फाटोफाट म्हाका सोदपाक आयिल्ल पमीन आनी पुसीन हांव दोळे धांपून दूद ओड तें दिस्त पळयलें. मागीर आनी तीं कळा करतात? आयलीं दोगांय धांवत आनी म्हाक खड्ड्यो मारीत मारीत मम्माक लुचपा खाती धोंगसूंक लागलीं. मजा म्हळ्यार मम्माय त्य वतांत बरीऽ न्हिद लागिल्लेवरी पडिल्ली. आम मस्ती करून पसून तिणें आमकां तापयलें आनी सदचेबशेन थंयची उठूनय वचुना.

पोट बरें टुम्म जातगीर हांवें ल्हवच तकल वयर काडून पुसी आनी पमीचेर नदर मारली तांचेंय जाल्लें जावये. दोगांनीय दोळे पिटीपिट करून म्हाका पळयलें, हांवें तांकां पुट्ट करू दोळो मोडलो. म्हजी कुरू तांकां रोखडीच कळ्ळी. 'वन, टू, थ्री' घे आमी मम्माच्य पोटार उडक्यो मारपाक सुरवात केली. मम्मा आळसाविल्ल्यावरी आमकां तोखेत रावली म्हणसर मदींच उठली. आपले फुडले पां पातळावन जमनीर खरपिल्लेवरी केलें. तों आऽऽ करून व्हडली एक जांबय काडली आनी सोमतेंच म्हाका ल्हेंवपाक सुरवात केली. मम्माची जीब म्हज्या अशी आंगावयल्यान भोंवता तेन्ना म्हाका खूब्ब आवडटा. मागीर हांव दोळे बिले बंद करून घेतां. पूण दोनच मिनटां. रोखडीच पमीक आनी पुसीक नसाय जाता. दोगांय लागली 'म्यांव म्यांव' करून मम्माक घशटुवपाक. 'मम्मा म्हाकाय ल्हेंव, म्हाकाय चाट' जीव खातात

सामकीं, कश्शींच आयकनात. मम्मा मागीर बेजारली. तिणें म्हाका कुशीक काडलें. आपले चारीय पांय अश्शे एकठांय हाडले, अश्शी बोटांचेर उबी रावली आनी सगळें आंग वयर उबारून एकदम लांब कशी जाली. मम्मान अशी पोज घेतगीर म्हाका दीस्त कळटा आतां ती आमकां कश्शीच लागीं करपाची ना आनी जालेंय तशेंच. तिणें आमच्या वयल्यान उडी मारली आनी गेली रांदचे कुडींत आण्टील्या पांयांक घश्टपाक.

ग्रॅनी तर चडशी न्हिदुनच आसता. आण्टीय जाण्टी जाल्या. जाण्टी जाल्या म्हणचेपरस तिच्या धोपरांनीं तिका लागीं हाडल्या. ऊठ-बस करतना 'आवय गे, आवय गे' म्हणत रावता. चलतना बडी घेवन चलता. मम्मा अशी अवचीत येवन पांयांकडेन घुटमळपाक लागली म्हणटगीर तिका आपूण पडत म्हणपाची भिरांत दिसता. मागीर ती हातांतली बडी वयर काडून मम्माक मारिल्लेवरी करता पूण मारिना मात केन्नाच. मम्माय तें जाणां. तिणें तशें करतगीर भिल्लेवरी करून मम्मा थंयच आडवी जाता आनी पांय पोटाकडेन हाडून तिच्या पावलांक आपली तकली दोनूय वटेच्यान घांसता. मागीर आण्टी तशीच तिका उखलून आपले हड्ड्याकडेन व्हरता आनी आपले वोंठ तेंकोवन तिच्या कपलाचो बरो उमो घेता. मम्माचे वाटयेंत मागीर दूद आनी ब्रेडाचे कुडके पडलेच म्हण समजुवपाचें. ह्या दिसांनीं तिच्या वाटयेंतलो एकेक कुडको घेवन आमीय चाबडावपाक बसतात. पूण आज ना. आज पोट सामकें टम्म जालां. खावंदी सगळें मम्माकच. नाय जाल्यार तिचें दूद ओडून ओडून आमी नाकाशेवट करतात तिका, म्हाका शाणेपण येवजता.

'पळयलां? पोरांनी लुचून लुचून दैना करून उडयल्या आवयची. आज तिळसांजचें सोडून येयात पळोवया तांकां. सगळो कापूस झडयलो म्हज्या पोरान' मम्माक पोशेतां-पोशेतां आण्टी अंकलाक सांगताली तें परतय हांवें आयकलें. म्हणचे? सकाळीं व्हरून सोडपाच्यो गजाली चलिल्ल्यो त्यो आमच्योच तर? आमकां सोडटलीं? मम्माक आमचे हांगाच दवरून? खंय काय? कोणागेर? थंय मागीर आमकां कोण? दूद कशें पिवपाचें आमी? दूदय ना आनी खावप तरी कितें? काल बेठेंच म्हुण मम्माच्या वाटयेंतलें इल्लें शीत खावन पळयिल्लें. आवय्स्, एकदम तीख तीख लागलें. दोळ्यांतल्यान सामकीं दुकां शेंवटलीं. मम्माच्या दुदूक वचून तोंड लायतगीर भगभग थांबलो. कशें जातलें आमचें? तेऽऽ दीस पुसीन तर ओंकून सगळी हळशीक केल्ली, मागीर मम्मानच ताका ल्हेंवून ल्हेंवून निवळ केल्लें. हांव म्हणटां, सोडटलींच जाल्यार मम्माकय आमचे बरोबर सोडात न्हय? मागीर तीच पळयतली कितें करपाचें तें? कशीय करून आमचें पोट भरतली ती. सगळें खावपाक शिकयतली. तिचें दूद पसून पिवपाक मेळना जाल्यार कोताक येता. पूण मम्मा जायच आमकां, ना जाल्यार आमची अपुरबाय कोण करतलो तर? आनी ते रातीबशेन जालें जाल्यार कितें करपाचें?

.... ते राती आमकां दूद-बिद पियेवपाक दिवन व्हरांड्यांतल्या आमच्या पोळेराचेर आमकां घालून मम्मा खंयतरी गेल्ली. हुंदरांक सोदपाक बी आसत. बरेऽ रातीर कोणतरी ल्हवल्हव आमच्याच म्हऱ्यांत येता सो म्हाका दिसपाक लागलें. सपनांत बी काय? पमीक आनी पुसीक हांवें हालोवन हालोवन उठयलें. पूण तीं परत परत कवनाळें करून न्हिदतालीं. हांवेंच मागीर दोळे ताणून पळयलें. जाल्यार खरोच गरादीवयल्यान कोण तेळटालो. हळदुव्याच दोळ्यांचो. मम्माचे तर न्हयच हे दोळे. म्हज्या मम्माचे दोळे बरे निळेच. मागीर? हांवें बारीकसाणेन पळयलें. आं, हो तर शेजारच्या बंटीगेरचो बुकलो. पोरसांत आण्टी नुस्तें उजरयतना म्हज्या मम्माक एक पुसून शेष्ठी केन्नाच दिना तो खावपाक. गुर्रगुर्र करता आनी मिश्यो-बिश्यो फिस्कारून झुडून मम्माच्या आंगार येता. पळयल्यार पुसून राग मारता ताचो म्हाका. आनी हो आतां इतले रातीचो दडत दडत, आमचे वटेन सो कित्याक येता काय? म्हजेर कलकल आयलो. तेभरशीं हांवें पमीक आनी पुसीक नाखटांनी बुड्डून उठयलीं. तीं लागलीं व्हडाव्हडान रडूंक. हांवेंय म्हज्यान जाता तितले व्हडान बोवाळ घालपाक सुरवात केली. मम्मा खंय आशिल्ली कोण जाणां. पूण बोवाळ आयकून व्हडलीं व्हडलीं धेंपा घालत ती आमच्या म्हऱ्यांत आयली. बुकल्याक पळोवन तिवय भिल्लेभशेन जाली. पूण तिणें कळाव केलोना, सोमतें आमचे तिगांयचेय गोमटेक घांस मारून आमकां घरांत भितर घेवन गेल्ली. कित्याक आयिल्लो तो बुकलो, येदे रातीक आमकां एकटींच पळोवन?

तिळसांज जावपाक आयली तशी आण्टीन आमकां तिगांकय मम्मा म्हऱ्यांत हाडून सोडलीं आनी मम्माक ऑर्द सोडली, 'घे गो, धर तांकां पान्यांक'. मम्मान सोमतेंच आपल्याक आमचे सुवादीन केलें. दूद दितां दितां ती आमका एकेवटेन ल्हेंवताली खरी पूण तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं. पमीचें आनी पुसीचें लक्षच नाशिल्लें. तीं मम्माक खड्ड्यो मारून मारून दूद ओडटालीं. म्हाका मात कांयच नाका कशें दिसतालें....

दोळ्यांमुखार अवचीत काजळी आयली. काळखाचे बांयत पडिल्लेवरी. पमी आनी पुसी बुचकुळ्यो खाल्लेवरी वयर-सकयल जातालीं. भियेवन गजाली मारतालीं. दुसरेवटेन मम्माचो आर्त स्वर कानार सादतालो. स्कुटर स्टार्ट मारिल्ल्याचो आवाज जालो आनी आवाजाक मम्माचोय स्वर विरळ जायत गेलो. आंगांत सगळो थरथर कसो. तरीपसून आण्टीलें उलोवप कानार आयलेंच... 'खंय तरी बऱ्या घराच्या कुशीकशें नाजाल्यार नुस्त्याच्या मार्केटांक सोड तांकां. पोटाक आनी मरपाक नाका....

***

म्हऱ्यांतच ब्रेकाच्या करांयच् आवाजान हांव भानार आयलें. आनी मात्शें जाल्यार चाका पोंदाकच आसपाचें... हांवें हेवटेन-तेवटेन नदर मोखली. पमी-पुसी खंयच दिश्टी पडनाशिल्लीं. स्कुटरीवेल्यान एक सोबीतशें चली आनी ताचो चडकरून बापुयच जावये म्हऱ्यानचशीं उबीं. बापूय फडफडतसो उलयलो. ''अशें रस्त्यार सोडपाचें आसत जाल्यार, पाडपडिल्लीं मोनजातीक पोसतात पूण कित्याक देव जाणां''... म्हाका रडपाक पसून आयलेंना. मनांतच

चिततालें, ''तुमी पूण कित्याक वाचयलें? मम्मा म्हऱ्यांत नासतना आमची आनी गत वेगळी कितें जातली? मेल्यार पूण सुटपाचें...''

''पप्पा, पप्पा आमी व्हरुया रे हाका? काय बरें पळयता पळय आनी दिसताय कितलें सुंदर, पांय तर धवींच लुवां घाल्लेवरी.''

''पिसावलां गो? फ्लॅटान आनी खंय दवरतलें तूं ताका? चल ताका मात्शें कुशीक दवरून वचया आमी घरा.''

''व्हरया रे पप्पा, प्लीज प्लीज. हांव पळयतां ताचें, दिदीकय खूब आवडटात माजरां. आनी? डॉलीगेर माजर ना? तेंवय फ्लॅटांकच रावता न्ही? हांगाच उल्लें जाल्यार कोणाचेय गाडयेपोंदाक पडून मरतलें मरे तें.''

''आगो पूण तुजे मम्मीक राग येतलो.''

''ना, ना, तिचो राग हांव निवळायतां. नाच जाल्यार मागीर फाल्यां परत हांगाच हाडून सोडया ताका. पूण रातचें हांगा दवरपाक नाका.''

तें आनी रावलें ना. सोमतेंच म्हाका खाक्यांत मारलें आनी लागलें म्हाका टुकूटुकू करून पापयो दिवपाक. म्हज्यो अश्यो पापयो कोणेंच केन्ना घेतल्योनात. ताच्या तोंडाक पोवाचो वासूय बरो येतालो. आण्टी घेताली म्हज्या मम्माची पापी पूण म्हजी मात केन्नाच घेतलीना. तिणेंय आनी म्हज्या मम्मानय. मम्माक खंय येताली तर पापी घेवपाक? ती लाडान फकत खड्डेक खड्डी मारताली. त्या बायचो पप्पा आमकां तेळत आशिल्लो. ''चल या रे बेग्गीन घरा. म्हाका सगळ्यांक सरप्राइज दिवपाक जाय.'' ताणें कांय उलयनासतना स्कुटर स्टार्ट मारली. बाय म्हाका घट्ट वेंगेंत घेवन स्कुटरीचेर दोनयवटेन दांग घालून बसलें आनी एक हात पप्पाच्या खांदार दवरलो. हांवें परतय हेवटेन तेवटेन नदर मारली. पमी आनी पुसी पयस पयस पुसून दिसलींना. तीं दिश्टी पडिल्लीं जाल्यार पूण हांव बायच्या हातांतल्यान सुटून सकयल उडी मारपाचें. मम्माची सामकी याद आयली. कितें करता आसतली काय? आमकां सोदत भायर भितर भोंवता आसतली. बोवाळ मारून मारून गळो पसून दुखला आसतलो बाबडेचो. हांवें मोन्यानीच दोन दुकां गळयलीं आनी बायचे वेंगेंत आनीकूय मुंगरलें.

घराकडेन पावून स्कुटर थांबता थंय आसा. घे बायचो बोव्वाळ. ''दिदी, मम्मी, आज्जे बेग्गीन भायर येयात, कितें हाडलां तें पळयात तरी'' दिदी च्या पितालें जावये. ताच्या हातांत बिस्कीट आशिल्ली. म्हाका पळयनाफुडें ताणें उडकीच मारली आनी बायच्या हातांतल्यान म्हाका झोंबून घेतलें. मागीर घे, दोगांय लागलीं अपूरबाय करपाक. दिदी तर हातांतलें बिस्कीट म्हज्या तोंडांत चोंदतालें. म्हाका पमी-पुसीची याद आयली. तीं आसतलीं काय थंय? कितेंय मेळ्ळां जातलें काय खावपाक? काय कोणाच्याय गाडयेपोंदा बी पडून...?

''हाका आनी कित्याक घेवन आयल्यांत तुमी? ताचें आनी कोण करतलो? नाका जाल्लीं एकेक कर्तुबां. व्हरून सोडात पळोवया ताका आशिल्लें थंय'' मम्मीचो आवाज तापिल्लो.

''मम्मी आसूं गे आतां हाडलां तें. हांव जाणां, सगळें कशें कितें करपाचें तें. तूं कांयच करूं नाका ताचें.'' दिदीन तिका थातारलें, ताच्या हातांत ताटलेंत दूद आशिल्लें. केन्ना भितर वचून घेवन आयलें तें कळ्ळें पुसून ना.

''घालात जाय तसो गोंदळ.'' ती रागानच भितर गेली. इतले म्हणसर आजी म्हऱ्यांत आयली. तिणें म्हाका पोशेलें बी. पूण म्हणपाक लागली, ''मांजरांक चड म्हऱ्यांत घेनात. तांची ल्हंव नाकांत वता आनी मागीर दम्याचें दुयेंस जाता. आतां तिळसांजचें हाडलां तें आसूं. पूण फाल्यां व्हरून सोडात आं बाय ताका.'' ती आयली भितर गेली.

'फाल्यांचें फाल्यां' हांव भितरले सुस्कारलें. हेवटेन दोगूय भयणींनी म्हजो ब थातो-मातो करपाक सुरवात केली. म्हजे ख मोव-मोव पोळेर म्हणू नाका, दूद म्हणू ना पाव, बिस्कीट, काकणाचे कुडके, पोळे ज तें. पूण म्हाका मात कित्याकच तोंड ला कशें दिसना आशिल्लें. हांव नेवान-ने दोगांच्याय तोंडाकडेन फकत पळयतालें. ति तरी याद जाल्लेवरी दिदी अवचीत उठलें. त एक प्लॅस्टीकाची कायल सोदून हाडली, ता रेंव घाली आनी मान्न्यांत व्हरून दवरत 'आयच्यान 'शी' 'सू' हांगा करपाचें आं' म्ह म्हाका ताणें ते कायलींत दवरलें. च आशिल्ल्या नळाच्या आवाजानच म्हाका सु जालें. 'कितलें अपुरबायेचें' म्हण म्हजो पराव्र सांगपाक दोगांय मम्मी म्हऱ्यांत धांवलीं.

रातचीं सगळ्यांचीं जेवणां जातगीर म्ह खातीरय दुदाचें शीत आयलें. पूण हांव म्हज पोळेराचेर दोळे धांपून बसलें. दोगांय म्हज म्हऱ्यानचीं कशींच हालपाक तयार नात पळोवन मागीर तांचे मम्मीन तांचेर धेंगसो घाल ''आतां वतात न्हिदपाक काय दार काडून घा भायर त्या माजराक?'' तशीं दोगांय बेगबेगी 'गुड नायट' म्हणून न्हिदपाक गेलीं. म्हाका केन्नातरी न्हीद लागली दिसता.

एकदम जाग आयली म्हण पळय जाल्यार भायर झिळमिळपाक लागिल्लें. पयलीं कळ्ळेंचना हांव खंय आसा तें. सगळें याद जातगीर जाणवलें, पोटाक चुरचुरून भूक लागल्या. म्हऱ्यांतल्या शिताक तोंड लाय जाल्यार कसलोसोच वास येतालो. हांवें भुरग्यां म्हऱ्यांत वचून पळयलें, दोंगांय सुस्त न्हिदिल्लीं. म्हाका व्हडल्यान रडचें कशें दिसलें. पूण म्हळें नाका, वगीच सगळ्यांक जाग येतली. हांवें ल्हवच मम्मीच्या पावलाक वचून घास मारलो. मम्मीन कूस परतिली. परतय हांवें तिच्या पांयांक हय-न्ही कसो घास मारलो. तशी ती सडसडीत उठून बसली. आतां म्हाका ही मारतली दिसता, हांव थर्त भियेलें. पूण ना. मागीर ती तोंड धुता थंय वचून हांव तिच्या पांयांक घश्टत रावलें. ती किचनांत गेली तशी थंयीय तिच्या पांयांकडेन घुटमळत रावलें, 'आगो, आगो वडोवशीत म्हाका पापया' म्हाका भूक लागिल्ली ती कळ्ळी जावये, तिणें म्हजी वाटी धुवन तातूंत दूद घालून दिलें. हांवें तें अधाशावरी सोपयलें. मागीर मान्न्यांत वचून म्हजो कार्यक्रम उरकून घेतलो आनी ती च्या पिवपाक बसली तशी तिच्या पांयांकडेन म्हजे पांय पातळायले आनी ताचेर तकली दवरून पडून रावलें. मेजावयली उठून वतना ती आज्जेक सांगताली, 'कितेंय जावं, गुणेस्त कशें दिसता पोर.' आज्जेनय म्हजेकडेन तोखणायेन चयलें.

बाय आनी दिदी उठनाफुडेंच म्हज्या म्हऱ्यांत धांवत आयलीं. पूण थंय गणमणपाक बी बसलींनात. शाण्या भुरग्यांभशेन बेगीबेगीन तोंड धुंवन ब्रेकफास्ट घेवपाक येवन बसलीं. आज्जेन म्हळें पसून, 'आवय्स, आज सूर्य खंयचेवटेन उदेला काय? एकामेकांचेर तापसाणी ना, झगडीं नात, कसलोच बोवाळ ना, हट्टय ना.' दिदीन ल्हवच म्हाका दोळो मोडलो आनी च्या पितांपितां इल्लीशी च्या म्हजे ताटलेंत रकयली. म्हाका च्याचो वास बरो आयलो आनी चाखून पळयतगीर दुदाच्याहून बरो लागलो. हांवें आनी इल्ली घालतलें म्हण ताच्या तोंडाक पळयलें. तें घालतलें इतल्यान आज्जेन ताचेर धेंगसो घालो. ''आगो माजरांक च्या घालनात. च्यान तांची ल्हंव वता'' ताणें बेगबेगीन आपलो हात फाटीं घेतलो आनी आपलें सगळें खावन-पिवन जातगीर ती म्हाका दुदांत बुडयिल्लो उणो घेवन आयलीं. हांवेंय चड नखरे करिनासतना ल्हवल्हव खावपाक सुरू केलें. म्हज्या मम्माचें दूद तर आतां मेळचेंच नाशिल्लें. खातां-खातां पमी-पुसीची याद आयली. आज तांचेच म्हऱ्यांत व्हरून सोडटलीं काय म्हाका? काल आजी भुरग्यांक सांगताली व्हरून सोडपाक.

पप्पा ऑफिसांत वतगीर मम्मी म्हजे म्हऱ्यांत आयली. तिणें म्हाका पोशेलेंशें केलें आनी बायक विचारलें, 'आगो हाचें नांव कितें दवरलां गो तुमी?'

''आमकां आतां स्कुलाक वचपाक जाय न्हय, येतगीर ताचेर विचार करुया आं.'' बायन जाण्ट्यावरी म्हळें आनी मम्मी फुस्स करून हांसली.

म्हाका जिवाक सूऽऽ जालें. म्हणचे म्हाका हीं सोडचीनात तर! बशिल्लें थंयच्यानच हांवें एक टुण्ण करून उडी मारली. बाय म्हाका उखलपाक वतालें पूण ताचे मम्मीन दोळे मोठ्ठे करतगीर तें बूट घालपाक पळ्ळें.

कसोय आसूं, पूण हो घराबो म्हाका खूब्ब आवडिल्लो. 'देवा, पमीक आनी पुसीकय अशींच कोणूय मेळूं दी रे बाबा.' बाय आनी दिदी शाळेंत वतगीर घर किण्ण कशें जालें. भायर बरें वत पडिल्लें. गरादीच्या खाचींतल्यान भितर आयिल्ली चुडटेची सावळी बरी आडवीतिडवी नाचताली. तिचे बराबर हांव खेळूंक लागलें. थोड्याच वेळान म्हाका वाज आयलो. आतां कितें करपाचें? हांवें रांदचेकुडींत पासय मारली. आजी गॅसाकडेन कितेंतरी करताली आनी मम्मी आदोळेचेर बसून सोय काततली. हांव तिच्या पांयांक घश्टुवपाक गेलें. म्हाका पळयनाफुडें आज्जेन म्हळें, 'माजर आनी सोय खावपाक हजर' मम्मीन आयदनांतली इल्ली सोय काडून म्हजे मुखार घाली. हांवें खावपाक पळयली पूण म्हाका तो सुवाद व्हडलोसो आवडलोना.

आतां करप तरी कितें? हांवें बेठेंच खांची कोनशाक वचून बारीकसाणेन पळोवपाक सुरवात केली. 'आतां पळय, पाली, जल्ले बी वखदाक पसून रावचेना घरांत' आजी तोखणायेन मम्मीक सांगताली. तेंवूय करून म्हाका वाज आयलो. मागीर दाराकडेन वचून हांव दोगांचीय वाट पळयत बसलें. बशील्लेकडेन म्हाका लकण आयली काय कोण जाणा... म्हजी मम्मा, पमी-पुसी सगळीं हेवटेन-तेवटेन बोवाळिल्लेवरी दिसतालीं. पूण म्हऱ्यांत गेल्यार मम्मा कशीच चिवेंक धरिनाशिल्ली. हांव मम्मा-मम्मा करून दुकांनी रडलें. पूण मम्मा पयस पयस कशी....

बेलीच्या आवाजान हांवें कच्च करून दोळे उगडले. दार उगडटना बाय आनी दीदीन दोगांनीय म्हाका बरोबरच वयर काडलें. बाय म्हणपाक लागलें, 'कितें जालें शोनु. मम्माची याद आयली? ललू नाका हां, हांव तुका दुदू घालतलें, मेमें घालतलें, कितलीं दुकां पळय दिदी ताच्या पोल्यार'' रोखडेंच दिदी भितर वचून कापूस भिजोवन घेवन आयलें आनी म्हजे दोळे पुसपाक लागलें. ''शोनु, आयच्यान तुजें नांव पिटू दवरया आं, पिटू'' तें उलयत आशिल्लें. ''पिटू, पिऽऽटूव्वा' मनांतल्या मनांत तें हांवें दोन-तिनदां म्हणून पळयलें आनी म्हाका तें आवडिल्ल्यान ताचे तकलेक अशशी म्हजी खड्डी मारली. ताका तें बरें दिसलें. ''पिटू, आनीक मार, आनीक मार'' म्हण म्हजेकडच्यान परतपरत ताणें खड्डी मारून घेतली. जालें, मागीर बायच्या वांट्याक कमी पडलें. ताणें दिदीच्या हातांतल्यान सोमतेंच म्हाका ओडून घेतलें आनी सकयल दवरलें आनी 'यो पिटू, यो पिटू' म्हण म्हाका आफ्यलें. हांवेंय येवन 'चिमाटी-चिमाटी-खोट्टी' केलें. दोगांय खोशशी जालीं.

''मम्मी, आज्जी, पिटूक पळय, पिटूक पळय आ.'' म्हण तें पयस वचून बसलें ''पिटूऽऽ एक-दोन-तीन''... हांव नकळो तर? तीन म्हणटकच धांवत वचून हांवें खड्डेक खड्डी मारली. सगळ्यांक मज्जा दिसली.

''पुरो आतां, कपडे बी बदलपाचे नात? हात-पांय धुले? अशें करश्यात जाल्यार पिटूक व्हरून सोडपाक सांगतलें हांव आं.'' म्हण ती फडफडनाका, दोगांय धांवधांव. तें उलोवप रागान न्हय तर फकाणांनी म्हण म्हाका दिस्त कळ्ळें.

***

म्हजे दीस मजेंत वताले. आतां मम्माची, पुसी-पमीची तितलीशी याद येना आशिल्ली. कितलेशेच खेळ हांवेंय सोदून काडिल्ले. मम्मीन कावळ्यांक चपातेचे कुडके वडयले म्हणटगीर जनेलांतल्यान पालार उडी मारून ते परत हाडून खावपाक बसप. मम्मीन मागीर 'वाडिल्लें नाका सांडिल्लें जाय पोराक' म्हण म्हजे तकलेर ल्हव थापट मारप. आजी देवाचें वाचपाक बसली म्हणटगीर तिचे लागीं वचून होटयेंत बसप. पप्पा तर बरो वल्तेराचेर लोडेतालो आनी 'पिटू,पिटू' म्हण आपले मांडयेर थापटां मारतालो. मागीर हांव धांवत वचून उडी मारून ताचे मांडयेर बसतालें. म्हजी अपुरबाय केले बगर तर ताका हांव केन्नाच पेपर पसून वाचूंक दिना आशिल्लें.

भुरगीं बी शाळेंत वतगीर हांवें वचून जनेलाचेर बसप. सकयल एक बरेंऽ घर आशिल्लें. आशी-कुशीक झाडां आशिल्लीं. मांजरां-सुणींय दिसतालीं. त्या घरांतली काकी भायर-भितर करतना दिश्टी पडटाली. केन्ना झाडांक उदक शिंपताली. मदींच माजराकडेन-कुत्र्याकडेन बी उलयताली. तांकां वयल्यान पळोवपाक म्हाका बरी मज्जा येताली.

बाय-दिदी शाळेंतल्यान येतगीर जेवन-बिवन जातगीर दाराफाटल्यान रावन म्हजेबरोबर लिपचेल्यांनी खेळटालीं. पयलीं पयलीं दिदी बी अभ्यासाक बसलीं म्हणटगीर हांव तांच्या पुस्तकांचेर वचून बसतालें. एक दीस दिदीन म्हजेर थापट दिलें, ताका दुसरे दीस गणिताचो पेपर आशिल्लो. आनीक एक दीस तर हांव मरपाचेंच सामकें. ताचें जालें कितें, जोर आयलो म्हण बाय इश्कोलांत वचूंक नाशिल्लें म्हण ताणें क्लासींतल्या रोहनाची वही हाडिल्ली. म्हजीं नाखटां बुड्डूंक लागलीं म्हणटगीर त्या वहीचो पापेलांव हांवें बरो खरवडाय खरवडाय खरवडायलो. म्हज्या मम्माक पळयिल्लें हांवें, ती केन्नाकेन्नाय झाडांचेर नाजाल्यार लाकडांच्या कुडक्याचेर बी आपलीं नाखटां अशीं घश्टिताली. बाय यो जाल्यार रोहनाच्या वहीच्यो तिस्त्यो. तें व्हडाव्हडान गजाल मारपाक लागलें. ताची मम्मी

धांवत आयली. ताणें सोमतेंच राग्गान म्हाका वयर उखल्लें आनी आतां जमनीर मारतलें इतल्यान मम्मीन म्हाका ताच्या हातांतलें काडून घेतलें आनी वयल्यान, ''चूक तुजीच, दुसऱ्याल्यो वस्ती सांबाळपाक कळना जाल्यार कित्याक हाडप, मोनजात ती, ताका कितें कळटा?'' म्हण बरेंच तापयलें. मम्मी म्हण हांव साल्वार. हांचें म्हण म्हाका एकेकदां कळच ना, हांवें कितें करपाचें? नाखटां बुड्डतात म्हण सोफार बुड्डिल्यार मारतात. कदेलार खरवडायल्यार मारतात. हांव ओगीच रावलें. ते दीस दिदीन नेलकटर घेवन म्हजीं नाखटांच कापलीं. तरीकय हांव वग्गीच रावलें. केन्ना म्हजीं कर्तुबां पळोवन म्हजी अपुर्बाय करतात. मोबायलाचेर फोटू काडटात, कॅमेऱ्याचेर रिकोर्डींगय करतात आनी केन्ना केन्ना अशीं जिवारय उठतात. पूण म्हाका बायचो राग बी आयलोना. आसूं हांवच अनाडी.

नुस्त्या कप्याबगर म्हाका उंडी वचना म्हण दिदी केन्नाकेन्नाय म्हज्या शितांत शिवराक बी आसता तेन्ना खाऱ्याच्यो तिस्ती का घालतालें. हांव वासान मागीर जेवतालें. सोमाराक ताणें सुकीं सुंगटां घालून श कालयलें. म्हाका तें बरेंऽ लागलें म्हुण अ ओड ओडलें. दुसरे दिसाक उठतनाच पो लागलें चाबूंक. कशें पूण सांगू हांकां? म्ह मम्मा केन्नाकेन्नाय पोरसांत वचून तण कित्य खाताली तें म्हाका समजलें. पूण थंय तण अ खंयचें? तुळशीचो एक व्हाज मात आशिल्ल हांवें तींच पानां चाबडावपाक सुरवात केल मम्मीन म्हाका दिस्त पळयलें. तिका कळ दिसता, तिणें म्हज्या ताळ्यांत कितेंतरी कडूक घालें. जीव गेलो सामको. पूण रोखडेंच दिसपाक लागलें. बरीऽ ती मम्मी.

हरशीं बाय आनी दिदी म्हाका जे घालतालीं. पूण म्हाका ते दीस तांची तिडक मारली. सामको वाज आयलो म्हण हांव अभ्यास करतात थंय पासय मार जाल्यार, दोगांय एक गुबगुबीत बावलो कसो घेव बसल्यांत. तांबडेच ओंठ, येदे व्हडले कान कपलार नामो आनी दाट ल्हंव आशिल्ली ताक एकामेकांकडेन पास करून बरीऽ किटकिट्टाल कितें, अपुर्बाय करतालीं कितें. हांवें तीं अभ्या करतात तेन्ना तांकां डिस्टर्ब करप ना आनी त हें करतात तें बरें? हांव मदींच रावलें आनी त्य बावल्याक धरून बरें नाखटांनी भुरकिलें, ताच्य नाकाकच घांस काडले. 'पळय पळय पिटू कसो राग येता तो टेडी बेराची अपुर्बाय केल्यान हांव त्या टेडी बेर काय फेडी बेर ताच्यो तिस्त्यो करपाचें. हांवें शेपटी बी फुलयिल्ली पळोव ताणींच मागीर ताका आलमारींत काडून दवरल म्हण तो साल्वार.

अशींच एक दीस दोगांय चिटयो उडोव खेळटालीं. तीं खेळटात तीं पळोवन म्हाका तांचेबरोबर खेळन दिसलें. चिटयो उडयनाफुडे हांवेंय धांवत वचून एके चिटयेचेर पांय दवरलो दिदीन बेगबेगीन म्हज्या पांयांपोंदची चिटी काडू मोठ्यान वाचली. 'पेपर सोप्पो' ताणें म्हाक म्हज्यांत घेवन 'थँक्यू पिटू' म्हळें. म्हाका कां

कळ्ळेंच ना. दुसरे दिसाक इतिहासाचो पेपर आसूनय ताका खऱ्यानीच सोप्पो गेलो. मागीर घे, कसलो अभ्यास करप, कपडे कसले घालप, टिफीनाक कितें व्हरप असलें सगळें चिटयांवरवीं हांवच थारायतालें.

दिदी आनी बाय कॉम्प्युटराचेर एकेक करामती करतालीं त्यो पळयत रावचेल्यो. दनपरां अशेंच न्हिदिल्लेकडेन एक दीस म्हाका व्हडल्या-व्हडल्यान माजर रडिल्ल्याचो आवाज येवंक लागलो. आब्बा, आनीकय माजर बी हाडलां काय कितें हाणीं घरांत! म्हण हांव सगळ्याक सोदून हांच्या अभ्यासाचे कुडींत आयलें. दिदी कॉम्प्युटराचेर कितें करतालें आनी बाय पुस्तकांत तकली घालून आशिल्लें. पूण आवाज तर शेर्त हेच कुडींतल्यान येतालो. हांवें धांवत वचून दिदील्या मेजाचेर उडी मारली. कसलो वास बी येनाशिल्लो. पूण आवाज येतालो. हांवें थंयच आनाळ्योगुनाळ्यो काडल्यो आनी व्हडाव्हडान बोवाळ घालपाक सुरवात केली. 'नाका गो त्रास दिवंक ताका' म्हण बायन धपकायतगीर दिदीन तो कॉम्प्युटरा वयलो आवाज बंद केलो. मागीर आज्जेक आनी मम्मीक आफोवन ताणें एक खबर वाचून दाखयली. 'ब्रिटनाक रावतल्या चार वर्सांच्या फ्रेझराक खंय ऑटिज्म नांवाचें दुयेंस जाल्लें. ताका लागून खंय तो लोकांकडेन उलोवपाक, तांचेबराबर मिसळपाक शकनाशिल्लो. ताच्या आवयबापायन ल्हान माजराक हाडलें आनी मागीर तो ल्हवल्हव बरो जालो खंय. ताका खंय माजरानच सुदरायलें आनी माजरानच जीवनदान दिलें नाजाल्यार ताचें पुराय जिवीतच खंय धोक्यांत आशिल्लें.' ''आतां कळ्ळें मगे तुमकां, माजर कित्याक जाय तें घरांत?'' बायन कमरार हात घेवन मम्मीक विचारलें. ''कळ्ळें, कळ्ळें बसात आतां अभ्यासाक'' म्हण मम्मी आनी आजी म्हाका घेवन पोशेत भायर गेलीं. वतां वतां हांवें बायचेर नदर मारली. तें आपली कॉलर तायट करून दिदीक दाखयतालें.

***

हांव जनेलांत येवन बसलें. सकयल काकी बसून नुस्तें उजरायताली. कोणाची नदर नाशी पळोवन कावळ्यान एक थंयची शेश्टी उबारली आनी सोमतो बसलो वचून झाडार. थंय आनी एक कावळो काय कावळीण काय ताचीच वाट पळयिल्लेवरी बसून आशिल्ली. कावळ्यान आपले चोंचींतलें काडून अश्शें पांयांपोंदा धरलें आनी लागलो इल्लो इल्लो कुडको काडून ताच्या तोंडांत घालपाक. म्हणटासर वास लागिल्लेवरी एक माजर धांवत काकी म्हऱ्यांत आयलें, ताचे फाटोफाट दोन पिलांय आशिल्लीं आनी ताच्या दुदाक दपतालीं. हांवें बारीकसाणेन पळयलें, आरे हें तर शिबू. हांव हांगा आयिल्लें तेन्ना म्हज्या येदेंच आशिल्लें तें, आपले आवयफाटल्यान भोंवतना आनी तिचें दूद पितना पळयतालें ताका हांव. ताचेर बरे हळदुवेच पाट दिसताले म्हण हांवेंच ताचें नांव 'शिबू' दवरिल्लें.

एक धवोफुल्ल बुकलो पाडसार 'म्यांव' 'म्यांव' करत हेवटेन तेवटेन भोंवतालो, कोणाक तरी सोदिल्लेवरी. म्हणटासर एक पिट्टोळी फुर्र करून तोंडांत कापूससो घेवन पासार जाली. आरे हीं सगळीं जाणां बरीं आपल्याक जाय तशीं जाय थंय भोंवतात आनी हांव मात हांगाच रांदची कूड, दोन रूम आनी हें हॉलाचें जनेल इतलेंच म्हजें जग. एकदम थंयच्यान म्हाका सकयल उडी मारीन कशें दिसलें. पूण इतले सकयल उडी मारतगीर हांव...? हड्ड्यांक घपघपूंक लागलें... केन्नाच मेळचीना काय म्हाका हांचेवरी मुक्त जीण जगपाक? ना, ना, एक दीस संद सादून हांगाच्यान सुटका वाट करून घेवंकच जाय, खरखर करून झाडांचेर नाखटांनी बुड्डुवपाक, पोटांत चाबता तेन्ना पोरसांत वचून तण खावपाक, सुरसूर करून वयर चडपाक, त्या बुकल्यावरी पाडसार भोंवपाक आनी... आनी....!

■

– रुपा कोसंबे

व्हडलें भाट, ताळगांव. मो. ९४०४९१४४३७

रुचीक आनी पथीक

नोवा काजुबियो

NOVA
Fresh & Delicious
CASHEW NUTS

गोंयांत सगळ्याक मेळटात

निर्मुपी :

रामकृष्णा कॅश्यू वर्क्स्

साखळी - गोंय.

भलायकी



वखदांचो दुरूपेग आनी नवें शेड्यूल H1

- राज वै

वखदांचो जावपी दुरूपेग उणो करपाचो प्रयत्न करपा पासत भारताच्या भलायकी खात्यान 'ड्रग्स आनी कॉस्मेटीक' कायद्यांत एक नवें शेड्यूल H1 निर्माण केलां. ह्या शेड्युलांत ४६ वखदांचो आस्पाव केल्लो आसा. हो कायदो १ मार्च २०१४ सावन लागू जाला.

'लॅन्सेट' ह्या आंतरराष्ट्रीय नामनेच्या जर्नलान एक संशोधन उजवाडाक हाडलां. तातूंत भारतांत अँटीबायोटिक्साच्या दुरूपेगान 'सुपरबग' कशे तयार जाल्यात हें नमूद केलां. सुपरबग हे अशे तरेचे बॅक्टेरिया आसात जांचेर लागींलागीं सगळ्याच अँटिबायोटिक्सांचो असर जायना. अँटिबायोटिक्साच्या गैरवापरान आनी अतीवापरान तांची प्रतिकारशक्त अशी निर्माण जाल्या. ह्याच लॅन्सेट जर्नलांतलो संपादकीय लेखूय ह्याच विशयाचेर आयला आनी हाका लागून भारताक संवसारभर नाका जाल्ली प्रसिध्दी मेळ्ळी. तातूंत संशोधकांनी त्या 'सुपरबग' बॅक्टेरियाक NDM1 (न्यू दिल्ली मेटॅल्लो-बीटा-लॅक्टमेझ - १) अशें नांव दवरलें. ताका लागून भारतांतले जायते तज्ञ, संशोधक, अधिकारी आपल्या देशाचें नांव इबाडटा म्हुण तिडकल्ले. पूण ती वस्तुस्थिती आसा आनी ह्या गजालींक आमी भारतीयूच जापसालदार आसात म्हणपाचें सगळ्यांक खबर आसा.

अँटिबायोटिक्साच्या वापराक लागून जायते फावटी बॅक्टेरियामदीं एक वो चड अँटिबायोटिकां आड प्रतिकार शक्त निर्माण जाता. अनुवंशीक बदल जावन हे बॅक्टेरिया ह्या अँटिबायोटिक्सां आड प्रतिकारशक्त घडोवन हाडटात. ही प्रतिकारशक्त मागीर बॅक्टेरिया आपले फुडले पिळगेक हस्तंतरण करता. अशे तरेन एक एक करून जायतीं अँटिबायोटिकां ह्या बॅक्टेरियांचेर अपेशी थारतात. अँटिबायोटिक रेसिस्टन्स ही एक संवसारा मुखावेली समस्या जावन आसा. पूण आमच्या देशांत ही परिस्थिती चडूच गंभीर आसा. जायत्या बॅक्टेरियांमदीं जायत्या अँटिबायोटिकां आड रेसिस्टन्स निर्माण जालां आनी हाका लागून खूबश्या इन्फेक्शनांक तिसऱ्या आनी चौथ्या जनरेशनाची गरज पडटा. (हाचेर जायतीं इंजेक्शनां मेळटात) हाका लागून रूग्णांचो खर्च जायते पटीन तर वाडटाच, त्या भायर सायड इफेक्टूय वाडटात.

हें अशें घडप उणावचें ह्या उद्देशान सरकारान शेड्यूल H1 त केलां आनी तातूंत ४६ अशीं वखदां आस्पावन घेतल्यांत (जांचो दुरू जाता वो जावंक शकता) हातूंत ११ टिबी आनी कुश्ठरोगावेलीं वख ११ सायकोट्रोर्माक वखदां आनी २४ अँटिबायोटीक आसात.

ह्या कायद्याप्रमाण शेड्यूल H1 मदलीं वखदां

- ॲलोपॅथीक दोतोरांच्या रसेदाचेरूच विकूं येतात.
- रसेद हें परीपूर्ण आनी मुळावें आसूंक जाय. पोरणें रसेद चलचें न
- फार्मासीस्टाचे देखरेखीनूच तांची विक्री जावंक जाय.
- वखदां दितकूच फार्मसीस्टान 'DISPENSED' स्टॅम्प मारूंक ज जाका लागून हें रशेद वापरलां म्हणपाचें नमूद जाता आनी ता पर्थून पर्थून वापर जायना.
- वखदांचें बील रूग्णाक दिवंक जाय, जाचेर वखदांचें नांव, बॅ नंबर, एक्स्पायरी तारीख, रुग्णाचें आनी दोतोराचें नांव आनी पत्ते कंपनीचें नांव आनी गुळयो कितल्यो दिल्यात त्यो आसत फार्मासीस्टान बीलाचेर आपली निशाणी करप गरजेची.
- त्या भायर आतां फार्मासिस्टाक एक शेड्यूल H1 रजिस्टर दवरच पडटा. तातूंत दरेक शेड्यूल H1 वखदाची विक्री नमूद करची पडट वखदाचें नांव, संख्या, तारीक, रुग्णाचें आनी दोतोराचें नांव आन पत्तो. हो रेकोर्ड तीन वर्सां मेरेन सांबाळचो पडटा.

हो कायदो जरी दोतोरांक, रुग्णांक आनी फार्मासकारांक कटकटीच जरी दिसलो तरी तो वखदांच्या योग्य वापरा पासत खूब गरजेचो आस देखून सगळ्यांनीच ताका तेंको दिवन तो पाळपाचो यत्न करूंक जाय.

(चलता...

- राज वैद्
इंडियन फार्मास्युटिकल ॲसोसिएशन
पणजे - गोंय, मो. : ९४२२०६२२८
E-mail : rajxvaidya@gmail.com

उतरकुवाडें

– संतोष शिवराम हळर्णकार
बांदिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१



आडवे

१. उजवाडान नदर भिलभिलावप, ५. दोन मनशां मजगतचें उलोवणें, ७. जमनीर व्हांविल्लें उदक, हेवटेन तेवटेन शिवरिल्लें उदक, ८. रक्त, १०. पळून वचपाचो मार्ग, ११. गिन्यान मेळोवप, शिक्षण घेवप, १४. व्रताचो कडकड, खूब उश्णताय, १५. अभिमान बाळगुपी, १७. पणसाची एक जात, रोसान भरिल्लें, १९. उपाय, शस्त्र, २०. हिंदू म्हयन्याची तिसरी तीथ, २१. उबगण, वाज, २३. पन्नास आनी धा, २४. नमळायेन केल्ली मागणी, पराथणी, २६. आंखणी, थारावणी, तयारी वा रोताची बडी, २८. चित्रपट, २९. सीतेचो बापूय, ३०. अभिनेत्री, हिरोईन.

उबे

१. दिरबान, भरिल्लें, २. देणे – घेण्याविशींचो विस्वास, ३. तोडप, बरोवप, उखलप, सारप, ४. म्हार, ५. साधू, ६. क्रिकेटिंतल्यो शंबर धांवड्यो, शंबर वर्सांचो तेंप, ९. आडखळ, अडचण, ११. भारतीय क्रिकेट पंगडातलो एक गडी, १२. अशीर आनी ल्हान ल्हडें, १३. मत, शेरो, १६. शंकर, महादेव, १८. ल्हान, २०. हुशार, फिशाल, २२. राजाची बायल, २४. मळबांतल्यान वचपी यान, २५. जडसाण, भार, २७. शरीर, कूड (हिंदी), XX मन धन, २८. आंतेर म्हळ्यार XX फळ.

मार्च १४ उतरकुवाड्याची जाप

आ	का	श	वा	णी		प	च	प	च
ज		री	त		फि	र	व	प	
वे	पा	र		भा		म		ई	द
र	व		अ	र	व	ळ			रो
	सा	व	शी	त				बों	डो
का	ळो		र		म	त	ळ	बी	
ये		ब		चं	द	न		ळ	क्ष
म	क	र		दा			अ		ण
ना	ट	क		मा	व	सो	भा	व	
न		य	ज	मा	न		व	र	ण

गुजरात 'पॅटर्न'

मनीस खरें उलोवपी आसलो म्हुण जायना. तो खरें उलयता अशें दुसऱ्यांक दिसूंक जाय. हो लोकीक न्याय भाजपाच्या फुडाऱ्यांक खबर आसा सो दिसना. कित्याक, ते एक दीस एक सांगतात आनी दुसऱ्या दिसा जिस्त ताचे उरफाटें सांगतात. गुजरातचे वेंचणुकेंत भाजपाक मेळ्ळें तें हिन्दुत्ववादाक मेळिल्लें जैत, अशें तांणीच म्हळ्ळें - इतलेंच न्हय, तर हो 'गुजरात पॅटर्न' आमी आतां सगळ्या वेंचणुकांनीं चलयतले, अशेंय म्हळ्ळें. म्हणटासर, 'प्रवासी भारतीयां'च्या संमेलनांत गुजरातांत जें घडलें तें aberration आशिल्लें (आड वाटेन गेल्ल्यान घडिल्लें); हे मुखार आमी असलें खंयच घडूंक दिवपाचे नात, अशें तांणीच म्हळ्ळें वाचूंक मेळ्ळें.

'फ्रिडम फस्ट'च्या ऑक्टोबर-डिसेंबरच्या आंकांत In the grip of a frightening mindset माथाळ्या खाला आयिल्ल्या नगीनदास संघवींच्या लेखांत गुजरातांत पयर ज्यो वेंचणुको जाल्यो तांची फाटभूंय सांगल्या. ते म्हणटात, गोधराकाण्डा उपरांत वेंचणुकां मेरेनच्या काळांत गुंडांनी -

१. सुमार आठशीं लोकांक जिते मारून उडयले. तांचो कसलोच गुन्यांव नासतना.

२. तांचीं तीस हजार घरां आनी दुकानां लुटलीं वा उजो घालून लासून उडयलीं.

३. तशीं तीन हजार वाहनां (गाडयो, टेम्पो बी धांवतेरीं) मोडून वा हुलपावन उडयलीं. आनी-

४. एक लाख सात हजार लोकांक आपणालीं घरांदारां सोडून 'रेफ्युजी कॅम्पां'नी वचून आसरो घेवचो पडलो.

नगीनदास 'कितेंय' बरोवपी मनीस न्हय. देसांतले एक जबाबदार पत्रकार म्हुण तांणी देसांत तसो गुजराती समाजांत भोवमान जोडला. तांकां खंयच्याच राजकी पक्षाची ओड ना. तशी खंयच्याच पक्षाची तिडक ना. मदेस्त - impartial - कोणाचोच पक्षपात नाशिल्ले एक पत्रकार ते. तांणीं दिल्ल्या आंकड्याच्या खरेपणा संबंदान दुबाव घेवपाचें कारण ना.

ते म्हणटात, ह्या भयांक्रूत घडणुकांक लागून लोकांच्या सभावांत जे बदल घडून आयल्यात ते पळेतकूच तुमकां जो थरथरो भरतलो ताचे मुखार वयल्या आंकड्यांक लागून जी भोगल्या ती खंत तुमकां 'कांयच न्हय'शी दिसतली. आनी सांगतात, 'जें घडलें तें तुमकां कशें लागलें' काय म्हुण कोणाकूय विचारात - शिक्षकांक विचारात, पत्रकारांक विचारात, सरकारी नोकरांक विचारात, पोलिसांक विचारात, खंयचेच भानगडींत पडनात असल्या साद्या पसरकारांक विचारात, 'अशेंच जावंक जाय आशिल्लें.... खूब मातयले तुमी ह्या लोकांक माथ्यार घेवन... तांकां तांची सुवात दाखोवन दिवंकूच जाय आशिल्ली... बरी बुद्द शिकयली तांकां आमी गुजराती लोकांनी' हेच तरेची जाप तुमकां सगळ्यांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळटली.

'बरें दिसलें ना' अशें म्हणपी लोक आयज गुजरातांत खंय सामकेच कडेक पडल्यात.

फाटल्या अर्द शतमाना सावन हांव गुजर समाजाक खूब आपलेपणान वळखत आयल थंय इतल्यो भेसूरवाण्यो घडणुको घडटल्यो अ सपनांत लेगीत केन्ना दिसूंक नाशिल्लें. गुजरा लोकांक हांव 'शामळुभाय' (सामकींच बा कुळां), संकश्ट कोंसळटा तेन्ना 'रणछोडभा (झुजामळ सोडून पळून वचपी), 'शुं शां पै चार' सोडून कांयच समजना असले (फक पयशे करपी पसरकार) म्हणीत आयिल्ल आयज ते तशे उरूंक नात, अशें दिसलें. गां पसून ते पयस - सामकेच पयस - गेल्या नरेन्द्र मोदीक ते आतां नवो 'अवतार' मानूं लागल्यात अशें दिसलें.

आनी खूब खूब वायट दिसलें.

गुजरात असो दुस्वासी केन्ना सावन जालो तर खंय १९६९ सावन. (कित्याक लागून नगीनदासांनी सांगूंक ना. पुणून) ह्या दुस्वासा वारो घालून पेटोवपाचें काम अडवाणींनी खं आपणाले रथयात्रेन खूब म्हळ्यार खुबूच केले रथयात्रा तांणी सुरू केली ती लेगीत सोमना मंदिरा सावन - पोरण्या इतिहासाचे उगडा लोकांच्या मनांत जागोवन आनी खुबळावन परिणाम - बाबरी मशीद मातये भरवण करपा जे कारसेवक अयोध्येक पाविल्ले तांचे मजगत गुजराती कारसेवक सगळ्यांत चड आशिल्ले

अशें विश्व हिन्दू परिशद मोट्या अभिमानान सांगता. इतलेंच न्हय तर केन्द्र सरकाराच्या घर खात्यांत गुजरात राज्याची 'खंयच्याय खिणाक केदेय दंगे जावं येतात' असल्या 'a communal riot prone zone' म्हुण नोंद जाल्या. कितलेशेच दंगे - कसलेंच कारण नासतना - थंय फाटल्या कांय वर्सांत जाल्यात. एकूच राज्य हें पुराय देसांतलें, जंय पयलेच फावट दुसऱ्या खंयच्याच पक्षाचो आधार घेनासतना भाजप सत्येर आयला. भाजपांतल्यो भितरल्यो धोशी आनी मेंग्या, सारकें काम करिना असल्या सरकारी कारभाराक लागून सात वर्सांत पांच सरकारां थंय आयलीं तरूय भाजप थंय घट पाळांमुळां पातळावन उबो आसा.

पक्षांतल्या धोशींक लागून आनी सदळ राजकारभाराक लागून रुळावेल्यान देंविल्ली भाजपाची गाडी सारकी रुळार हाडपा खातीर भाजप हाय कमांडान नरेन्द्र मोदींक गुजरातांत धाडून दिल्ले. (ते खासदार जावन दिल्लीक पाविल्ले.) मोदींनी गाडी इतली बेस बरी रुळार हाडली की तांचे आड दांत वोंठ चाबून उलोवपी पत्रकार लेगीत 'वेंचणुकेंत आतां भाजपाक कोण उडोवंक पावचो ना' अशें म्हणपाक लागले. तेवूय गुजरातांत घडलें ताका एकले मोदीच जापसालदार, येदेंय व्हडलें हें हत्याकांड तांणीच घडोवन हाडलें, ताणीच लोकांक खुबळावन घाले, अशें खासा तेच ताळो सरांटून म्हणटा आसतना.

पोलीस दंग्यांत पडले तेन्ना पोलीस कमीशनर पांडे हांणी 'हांकां ख्यास्त जावंक जाय' अशें मोदींक सुचयलें. तेन्ना मोदींनी कांय पोलिसांच्यो रोखड्यो बदल्यो केल्यो; पुणून खंयच्या पोलिसांच्यो? दंगे करतल्यांक धरून भितर घालताले तांच्यो.

नगीनदासांचो लेख सगळो हांगा दिवपाचो मनांत ना. खूब व्हड म्हुण. पुणून ह्या हत्याकांडाक लागून जो दुसरे तरेचो परिणाम गुजराताचेर आनी गुजराती समाजाचेर जाला ताची बारीक तेळणी तांणी केल्या तिचो थोडो वांटो हांगा दिवंक जाय. ते म्हणटात-

युरोपीय संघान गुजरातच्या हत्याकांडाची सर विसाव्या शतमानाच्या तिसऱ्या दसकांत

हिटलरान घडोवन हाडिल्ल्या जर्मनींतल्या हत्याकांडा कडेन केल्या. गुजरात राज्यांतूच न्हय तर पुराय भारतांत व्यापार धंद्यांत पयसो घालचो काय न्हय हे विशीं युरोप अमेरिकेंत आतां लोक दुबाव उकतावपाक लागल्यात. घालचो न्हय म्हणटल्यांचो आवाज सगळ्यांत चड वयर सरपाक लागला. इतलेंच न्हय, तर युरोपाच्या न्यायालयां मुखार मोदींक आनी तांच्या सरकाराक उबे करपाची भास लेगीत थंयचे कायद्याचे कांय जाणकार उलोवपाक लागल्यात.

संवसारीकरण आतां कोण थांबोवंक पावपाचो ना म्हणटल्या ह्या भारत देसाक हें पुटवपाचें तर नाच, चुकोवंकूय येवपाचें ना.

नगीनदासभाई आनीक कांय भेसुरवाण्या गजालीं कडेन आमचें लक्ष ओडटात. ते म्हणटात -

फकत स सप्तकां भितर ह्या हत्याकांडान गुजराती समाजांतल्या मदल्या वर्गांतल्या शिक्षीत बायलांक आनी भुरग्यांक लेगीत जनावरां पाश्ट सभावाचीं करून उडयलीं. दुकानां लुटपांत सगळ्यांत चड वांटो हांचोच आशिल्लो. एक फावट ही कीड गुजराती समाजांत रिगली म्हणटकूच ती पुराय समाज पोखरून उडयले बगर रावपाची ना.

सरकार आयज सुमार ९२ रेफ्यूजी कॅम्प थंय चलयता. ह्या कॅम्पांनी आसऱ्याक येवन राविल्ल्या लोकांक 'तुमी आतां तुमच्या घरा वचात' म्हुण सरकार सांगता आसतना कोण वचूंक तयार जायना. 'आमी रावताले थंय दुसऱ्या जमातिंचे लोक रावतात... आतां थंय केन्ना कसली हावळ आमचेर येत, सांगूंक येना. आमचेच जमातिचे लोक जंय रावतात थंयच व्हरून आमकां वसयात' अशें ते सांगतात. म्हळ्यार, शेंकड्यांनी वर्सां सावन एकठांय रावन आयिल्लो गुजराती समाज आयज फुटून कुडके कुडके जावन पडला. तातूंत 'विश्व हिन्दू परिशदे'न मुसलमान समाजाचेर आर्थीक, सामाजीक बहिष्कार घालात म्हुण हिन्दूंक उलो मारून सांगिल्ल्यान गुजराती समाजाची विघटणाची प्रक्रिया नेटान चलपाक लागल्या. परिणामीं, गुजरात आतां उग्रवाद्यांक जल्म दिवपी थळ जातलें अशें जाणकार म्हणटात. दंग्यांक लागून जांचीं घरचीं मनशां मेलीं, मोडून पडलीं, अपंगूळ जालीं, जांच्या बायलांचेर बलात्कार जाले, जांची आशिल्ली नाशिल्ली सगळी संपत गुंडांनीं लुटून व्हेली ते निर्शेवन उग्रवादी जाले जाल्यार कोणें अजाप करचें न्हय म्हणटात.

उग्रवाद्याची निर्यात फकत पाकिस्तानूच करता म्हुण शिणपांत अर्थ ना. उग्रवादी फकत मुसलमानूच आसतात, अशेंय ना. आनी ते भायल्यानूच येतात अशेंय ना. बिहारांतले आनी आसामांतले उग्रवादी हिन्दू, नागालँड मिझोराम बी उदेंत-उत्तर वाठारांतले किरिस्तांव आनी खलिस्तान निर्माण करपा खातीर जे वावुरताले ते शीख आशिल्ले. गुजरातांत जे जल्मा येतले ते मुसलमान आसतले. पुणून पाकिस्तानान प्रशिक्षीत करून धाडिल्ले न्हय, आमीच आमच्या करण्यांनी तयार केल्ले. ते भारताक जड वतले.

आनी पाकिस्तान 'क्रॉस बॉर्डर टॅररिझम' बंद करून तांचेच कडल्यान आपणाक जाय तें काम करून घेतलें.

हो 'गुजरात पॅटर्न' भाजपाक वेंचणुकेंत जैत जोडून दीत. पुणून हिन्दुस्तान संघटीत करपा बदला कितल्याशा जमातिंचीं पाकिस्तानां निर्माण करून देशाच्यो तिसत्यो वाद्यो करून उडयतलो.

गुजरात पॅटर्न देसाक खूब म्हारग पडटलो.

■

प्रियदर्शन

प्रिय पूर्वा,

बेळगांवां कोंकणी परिशदेक तूं म्हाका मेळ्ळें तेन्ना तुका हांवें हे आदीं खंयतरी पळेलां असो म्हाका भास सो जावंक लागिल्लो. पूण खंय पळयलां हाची याद मात जायनाशिल्ली. तशें तुका हांवें हे आदीं खंय खंय पळयलां, उदय गुडेची चली म्हुण जाणां आशिल्लों. पूण ती वळख काय तशी मनांत घर करून रावपा इतली गडद नाशिल्ली.

आमचे कोंकणी चळवळींत आमचे वांगडा वावुराले त्या सगळ्यांचीं लग्नां जाल्यांत, तांकां भुरगींय आसात आनी अमको वो अमकें अमक्या अमक्यालें, वो अमक्यालो इतलीच आमकां तांची वळख. ताचे परस वेगळी वळख तांची आसा म्हणपाचो आमी विचार केलोना वो तशी वळख करूनय घेतलीना. तुजीय म्हजे खातीर तशीच वळख आशिल्ली. तें मरे अमक्यालें आं! इतलीच. हीच मर्यादीत वळख घेवन आमी कोंकणी चळवळ चलोवपाचो यत्न करतात. देखून म्हाका आमचे चळवळीचें अपेश तें हेंच अशें दिसता.

तूं समीर केळेकाराक वळखता. समीर हें वेगळें स्वयंभू व्यक्तीत्व. पूण तो गुरूनाथ केळेकारालो मरे! अशें जेन्ना कोणूय म्हणटा तेन्ना म्हाका तिडक मारता. समीराची वेगळी वळख आसा. तीच गजाल युगांक नायकाची. हेमा आनी पुंडलीक म्हजे कोंकणीचे चळवळींतलीं सहकारी. पूण 'हो आपलो चलो' म्हुण ताणीं आपल्या पुताची केन्नाच वळख करून दिली ना. युगांक नायक आयलो तोच स्वताची वळख घेवन. कोंकणीच्या फुडाराची आस जागवता ती असल्या वेळार.

हांव उदय गुडेक वळखतां. आमच्या बिम्ब प्रकाशनान ताचें 'अमुरपिक्यो चिंचो' हें पुस्तक काडिल्लें. ताका हांव बिम्ब मासिक धाडटालों. ताणें सुर्वेक वर्गणी बी भरिल्ली जावंक जाय. उप्रांत कितें जालें खबर ना. ताका अंक धाडपाचें बंद जालें. म्हजो सभाव मात्सो भिडस्त. हांव वाटेर मेळटा तेन्ना कोणाच कडेन ह्या विशयाचेर उलयना. पूण तुवें बेळगांवां म्हज्या मुखार येवन सांगलें, 'दिलीपकाका, म्हाका बिम्बाचें वर्गणीदार जावंक जाय' तेन्ना म्हाका तुजी अपुर्बायूच दिसली. हांवें म्हणिल्लें, तूं कित्याक जाता वर्गणीदार? उदय गुडे आसा दिसता! तर तुवें म्हळें, ताचें ताका पळोवं. हांव नोकरी करतां. कमायतां. म्हाका म्हजे खातीर 'बिम्ब' घेवपाचो आसा.

हे जापेन खरें सांगूं तुका, म्हाका काळजांतल्यान खोस भोगली. हीच खोस तर म्हज्या सारख्याक बिम्ब मासिक चलोवंक उर्बा दिता. तूं नोकरी करता अशें दिसच नाशिल्लें. म्हाका दिशिल्लें तूं कॉलेजींत शिकता. पूण तूं तर कॉलेजींत शिकयता. अर्थशास्त्र

हो विशय मगो? हीच आमचे कोंकणीची तांक. म्हज्या सारक्या कोंकणीच्या एका सेवकाक तुमचे सारके नवे पिळगेकडल्यान हीच अपेक्षा आसा, खंयच्याय विशयांत तुमी फिशाल जायात. पूण कोंकणीकडली वार तोडूं नाकात. शणै गोंयबाबान ती पुरल्या ती ओगीच न्हय. ती पुरचे आदीं ताणें सगळे वाटांनी खोलायेन विचार केल्लो आनी तुमच्या सारक्या आनी तुमचे पिरायेच्या आशिल्ल्या तेन्नाच्या आमच्या सारक्या भुरग्यांकडल्यान आकांताचीं सपनां बाळगिल्लीं. आमी आमचे तांकी प्रमाण शणै गोंयबाबान दाखयल्ले वाटेन चल्ले. तुमकांय ते वाटेवेल्यान चलतना पळोवन हड्डें भरून येता.

आतां याद जाली तुका खंय पळयल्लें म्हणपाची, बिम्बाच्या फाटल्या वर्साच्या एका अंकांत 'गेट वेल सून' पंगडाचो एक फोटो हांवें दर्शनी पानार छापिल्लो. जायते युवा काळीं टि-शर्टां घालून सरकारा आड आड्डत मोर्चा काडटात ताचो. तातूंत मुखारूच एक चली घोशणा दिता तें तूंच! आमीय तुजे पिरायेचे आसतना मोर्चा बिर्चा काडला. मार-बीर खाला. चलयो मोर्चांत वांटेकार जाताल्यो. पूण तुमी जे तरेन आनी संख्येन वागीणी कश्यो आक्रमक जा तश्यो त्या काळार खूब उण्यो आशिल्ल्यो. म्ह लक्षांत तूं उरलें तें तेच पासत. कोंकणीच्या फुड पासत आमकां असल्योच रणरागिणी जाय.

मागीर हांवें तुजो 'सपन साद' कविता सं वाचून काडलो. पयलीं चाळिल्लो वयलेवयर. मा वाचतलों सवकासायेन म्हुण दवरिल्लो. वाचपाक हो फोटोच आनी त्या फोटवांतली तु आक्रमकतायच कारणीभूत जाली. पूर्वा, तुम पिरायूच ही कविता करपाची, सपनां रंगोवपाच हालींसराक तुजे पिरायेचीं खूबशीं भुरगीं कवि करतात. कोंकणी अकादेमी सारकी संस्था त पुस्तक काडपाक पालव दिता. मागीर हीं भुर खंयच दिश्टी पडनांत. कविता जर तरण्या रगता अन्याया आड झुजपाक स्फूर्त दिना, ताका रस्त्य देंवपाक लायना जाल्यार ते कवितेक जीव नासत तूं कविता रचूनच ओगी रावलेंना तर खासा ह आंदोलनांत पडलें. म्हज्या सारक्या एका मासि चलोवप्याक वर्गणीदारां फाटल्यान लाजलज्ज भीड-मुर्वत सोडून वर्गणी पासत धांवचें पडट म्हजे आदले पिळगेन तेंच केलां आनी उबग येवन तो वावर सोडून दिला. पूण हांव पळ कितलो नशीबवान! तुजीं सारकीं भुरगीं आपू जावन मुखार येतात आनी वर्गणी भरतात. ह घडणूक ल्हान आसत, पूण म्हज्या सारख्या कितली उर्बा दिवन वता जाणा तूं? तुजे सारकी आनीकूय भुरगीं मुखार आयलीं जाल्यार म्हज्य सारक्यांक सरकारा मुखार हात पसरावपाचो प्रसंगू येवपाचो ना.

आसूं, खूब बरयलें. तुवें तुजे 'कुवाडें' कवितेंत म्हळांच, ***जिणेचें तत्वज्ञान कितले कडे आयकलें. पूण जेन्ना अणभव वांट्या आयले तेन्नाच जिणेचें कुवाडें आपशीं सुटूंक लागलें.*** खरी गजाल ती! अणभवां लागुनूच जिणेचें कुवाडें सुट्टा. तत्वज्ञानां आयकून न्हय. हेंय केदें व्हडलें तत्वज्ञान पळय! आसूं तुवें वर्साची वर्गणी भरल्या खरी, वर्सभर तुक अंक मेळटलो, पूण तातूंत तुजी एखाद्री कवित आसतली व्हय? पूर्वाची कविता 'सपन सादा परस मुखार पावल्या हें म्हाका कळूंक जाय न्हय,

म्हुण! तुजे कवितेची वाट पळयतां.

इश्टागतीन तुजोच,

दिलीप...

आकर्शण

भांगराळें गोंय अस्मिताय आनी उदय भेंब्रे भोवमान समितीन घडोवन हाडिल्ले कार्यावळींत कोंकणी चळवळींतले म्हालगडे फुडारी ॲड. उदय भेंब्रे हांकां 'भांगराळो गोंयकार जीवन सिध्दी' भोवमान भेटयतना राष्ट्रीय ख्यातीचे गुजराती साहित्यकार सितांशु यशश्चंद्र. कुशीक किशोरीताई भेंब्रे, दावे वटेंतल्यान चेतन आचार्य, पुर्णानंद च्यारी, आर एस् भास्कर, रामदास कामत, दामोदर नायक, पांडुरंग नाडकर्णी, पुंडलीक नायक, आशालता वाबगांवकार, बस्ती वामन शणै आनी टी आर सदानंद भट.

कोंकणी साहित्य आनी भाशा सेवा पुरस्कार जैतवंत महाबळेश्व सैल, माणिकराव गावणेकार, पावलू मोरास, फादर लुईस गोमिश, अन्वेशा सिंगबाळ, गोपीनाथ गावस, अजय बुवा, डॉ. रेवणसिध्द नायक, ग्वादालूपं डायस, प्रकाश पर्येकार, विन्सी क्वाद्रूस आनी डॉ. एल. सुनिताबाय हांचे वांगडा मुख्य सचिव बी विजयन, गीता धर्मराजन, कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष पुंडलीक नायक, उपाध्यक्ष प्रा. भूषण भावे आनी सचिव मेघनाथ परब.

आकर्शण



नामनेचे कथाकार श्री. गजानन जोग हांच्या 'खांद आनी हेर कथा' ह्या कथासंग्रहाचें विमोचन हालींच पणजेच्य 'गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स'च्या सभाघरांत मोठ्या दबाज्यान जालें. पुस्तकाचें प्रकाशन एम्. ई. एस्. महाविद्यालयाच आदले उप प्राचार्य आनी नामनेचे समिक्षक डॉ. हरिश्चंद्र नागवेकार हांच्या हस्तुकीं जालें. त्या वेळार पुस्तकाचेर आकाशवाणी पणजी केंद्राचे संचालक माधव बोरकार उलयले. अक्षदा भट पुराणिक हाणीं कथा वाचन केलें. ह्या वेळार प्रकाशनाचे जाळवणदार दिलीप बोरकार आनी कामिनी हाजीर आशिल्लीं.

पत्रकार आनी कवी संजीव वेरेंकार हांच्या 'हाडा मांसाचीं देवळां' ह्या व्यक्तिचित्रणात्मक ललित लेखांच्या संग्रहाचें प्रकाशन निकतेंच गोंय विधानसभेचे सभापती राजेंद्र आर्लेकार आनी मंगळुरच्या विश्व कोंकणी प्रतिश्ठानचे अध्यक्ष बस्ती वामन शणै हांच्या हाजेरींत जालें. ह्या वेळार रघुनाथ साकोर्डेकार, मुकेश थळी, सुभाष जाण फोटवांत दिसतात.

आकर्शण

नेहरू युवक केंद्राचे दक्षिण गोंयचे संचालक आनी गायक शिरीष लवंदे हांच्या गितांची 'ओठा वयलीं गितां' सिडीचें प्रकाशन हालींच मडगांवच्या रवीन्द्र भवनांत मोठ्या दबाज्यान नामनेचे गीतकार आनी कवी ॲड. उदय भेंब्रे हांच्या हस्तुकीं जालें. हे सिडींत आठ गितां आसात आनी दरएक गीत विमोचन करपाचो आगळो वेगळो सुवाळो आशिल्लो. ह्या वेळार शिरीष लवंदेची आवय प्रमिला लवंदे, नारायण मावजो, गुरूनाथ केळेकार, ॲड. एस्पिरतियानो डायस, राजीव शिंदे, रत्नाकर खांडेपारकार, अर्चना खांडेपारकार आनी वंदिता लवंदे हांच्या हस्तुकीं हें विमोचन जालें.

कोंकणींतले नामनेचे कवी आनी गीतकार ॲड. उदय भेंब्रे हांच्या हस्तुकीं हालींच जॉन आगियार हांच्या 'सांज' ह्या कविता झेल्याचें विमोचन जालें. ह्या वेळार गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्सचे आदले अध्यक्ष मांगिरीश पै रायकार, बिम्ब मासिकाचे संपादक दिलीप बोरकार मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर आशिल्ले. माचयेर उक्तावण सुवाळ्या वेळार प्रकाशक नवदीप आगियार आनी कवयित्री मिलन वायंगणकार हाजीर आशिल्लीं.

बिम्ब परिवाराक शुभेच्छा....

वेस्टर्न बेवरेजीस प्रा. लि.

आर. एस्. कामत

वेवस्थापकीय संचालक

रजिस्टर्ड ऑफिस,
राज विहार।।
विजखात्यालागीं, आकें,
मडगांव - गोंय ४०३ ६०१
फोन (ऑ.) : (०८३२) २७३९६३८, २७३३८०३
(घर) : २७३५१५३, २७५३२९७
फॅक्स : ०८३२-२७३९६३८
ई-मेल : wbpl@goa.telecom.com
ई-मेल :wbpl@sify.com
फॅक्टरी : एम्.१०, कुंकळी इंडस्ट्रीयल इस्टेट, कुंकळी, सालसेत-गोंय ४०३७०३
फोन : २७६४५२२, २७६४६८१

taan
CARBONATED BEVERAGE

यूनियन बैंक ऑफ इंडिया
अच्छे लोग, अच्छा बैंक
Union Bank of India
Good people to bank with

बिम्ब परिवार

स्नेह मेळावो - आनंद सुवाळो

आनी

दिलीप बोरकार हांच्या

सखी वसंधरा

बऱ्या साहित्या वांगडा बऱ्या मनशाची आयज गरज : डॉ. सुलभा कोरे हांचें प्रतिपादन

'देवान ही सुंदर सृश्ट रचल्या आसत जाल्यार ताचे फाटोफाट शब्दांचो ईश्वर हो साहित्यीक आसा आनी ताणेय शब्दसृश्टीची निर्मणी करून जिवीत रंगरंगयाळें करून उडयलां. ह्या संवसारांत व्हड व्हड प्रतिभावंत साहित्यीक, कवी आसात पूण ते सगळेच बरे मनीस आसतलेच अशें सांगूं नज. आयज बऱ्या साहित्यीकां वांगडाच बऱ्या मनशांचीय गरज आसा. हो बरो मनीस म्हाका साहित्यीक दिलीप बोरकारा मदीं पळोवंक मेळ्ळा' अशें उलोवप नामनेची हिंदी, मराठी लेखिका आनी कवयित्री डॉ. सुलभा कोरे हांणी केलें.

धर्मलक्ष्मी, आगशी हांगा नामनेचे साहित्यीक आनी 'बिम्ब' म्हयनाळ्याचे संपादक दिलीप बोरकार हांच्या 'सखी वसुंधरा' हे कादंबरीच्या लोकार्पण सुवाळ्या वेळार त्यो उलयताल्यो.

'सखी वसुंधरा' हें 'बिम्ब' प्रकाशन संस्थेचें 100वें प्रकाशन आसा. ते निमतान 'बिम्ब'चे वाचक, लेखक हांचो दिसभराचो स्नेह मेळावो आयोजीत केल्लो.

बिम्ब परिवार

स्नेह मेळावो - आनंद सुवाळो

बिम्ब परिवार
स्नेह मेळावो - आनंद सुवाळो

Buy a Luxury Villa with its Own Private Plot

PLOT SIZE
280 TO 425
Sq. Mts

The Highland Villas

PORVORIM - GOA

SavoirFaire

The Highland Villas is a residential enclave that is unique in its very concept of private, independent plots within a secure complex with all amenities. The beautifully designed villas, combined with our very central location and the concept of plot ownership assures you of lasting asset value.

Design Combinations

- 3BHK + Car Porch + Open Terrace
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Family Lounge + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters

MEMBER OF CREDAI GOA

Club House

Classy Streetscape

Well-equipped Gym

Tennis Court

Children's Park

Basketball Half-Court

Project approved by leading Housing Finance Institutions

Construction work in full swing and some villas nearly ready for possession

HIGHLAND CONSTRUCTIONS PVT. LTD.

www.highlandvillasgoa.com

501, Citicentre, Patto Plaza, Panjim, Goa 403 001 INDIA.Tel/Fax: +91-832-2437296
Mobile: +91 99234 12021 & +91 80077 42020 E-mail: highlandvillasgoa@gmail.com

NATIONAL AWARD WINNER FOR **BEST HOLIDAY HOMES 2010**

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa &
Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in

POSTTAL LICENCE NO. G-2/RNP.Goa/01/2011-12

NARAYAN (NANA) BANDEKAR GROUP

Our business has grown.
Our clients have multiplied.
Our values however have stayed the same.

A leading business group in Goa, NRB has always stayed true to its core values of integrity and social responsibility. Today, these values extend into our hospitality chain- Palette Hotels, our manufacturing division- Bandekar Speciality Valves Corporation (BSVC), retail and entertainment businesses. In short our transparent business associations, professional employee relations and strong commitment to community welfare make NRB a modern dynamic company with good old-fashioned values.

10 CALANGUTE
An Exclusive Boutique Hotel
Calangute - Goa
9011056625
www.10calangute.com

THE HQ
Vasco - Goa
250 0015 / 16 / 17 / 18
www.thehq.in

NRB-Norbert's fitness Studio
Vasco - Goa
9822120180

PanAsian BOWL
Miramar - Goa
645 5547

MEKONG
Miramar - Goa
645 5547

NRB GROUP©

MINING & EXPORT | MANUFACTURING | HOSPITALITY | EVENTS & CONCEPTS | WELLNESS

Redg. Office: 601, 6th Floor, Dr. Ozler Forum, Near St. Andrews Church, P. O. Box 31, Vasco-da-Gama, Goa – 403 802.
T: +91-832-2512563/2848 F: +91-832-2501997 www.nrbgroup.biz

RNI Regd. No. GOA KON/2008/304